चैत्रांगण

अच्युत तोटेकार

चैत्रांगण

सुरेखा प्रकाशन

चैत्रांगण

कथा

अच्युत घारेश्वर तोंटेकार

सुरेखा प्रकाशन

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पालवान हें पुस्तक,
लेखकाचें 'पयलें पुस्तक अनुदान येवजणे' खाला छापलां.

© सौ. उषा अच्युत तोटेकार
नगर, प्रियोळ
पो. म्हार्दोळ, गोंय

पयली उजवाडावणी :
ऑगस्ट १९८८

उजवाडावपी :
अच्युत तोटेकार
सुरेखा प्रकाशन
नगर, प्रियोळ
पो. म्हार्दोळ, गोंय

छापपी :
हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें, गोंय
४०३४०१

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल :

पस्तीस रुपया

मम विद्याजीवनस्य शुभारम्भो यया कृतः ।।
तस्यै जनन्यै रुक्मिण्यै ग्रन्थो भक्त्या समर्प्यते ।।

जिणे म्हज्या हातांत पाटी-काडी दिवन
श्री ग णे शा चिरून घेतली
ते म्हजे आवीक
सगेस्त रुक्मिणीबाय हिका भक्तिभावान

— अच्युत

कथांची पयली उजवाडावणी

शाबलुलो देव ('आकाशवाणी' १०. ५. १९६६) धुंदी ('जाग' दिवाळी अंक ८०) मुज गडगडली ('सुनापरान्त' दिवाळी पुरवणी ८७) गेले ते दीस (राष्ट्रमत –) आमी दोगां ('कोंकणी' दिवाळी अंक ८२) ध्यास ('कोंकण भारती' मे ६८) तिची नदर ('राष्ट्रमत' पुरवणी ६७) मोरया ('कोंकण भारती' फेब्रुवारी ६९) सुखाच्या सोदांत ('कुळागर' दिवाळी अंक ८७) बनखण ('कुळागर' ८२) थोंटो बाळकृष्ण ('आकाशवाणी' १६. ८. ६२) जेन्ना काळखी रात सोंपता ('जाग' दिवाळी अंक ८७) आवयली व्यथा ('आकाशवाणी' १६. ४. ६९) वीख चडलें, वीख देंवलें ('कोंकणी' वर्सुकी अंक ८७-८८) आनी शंभू जीव दिता ('जाग' दिवाळी ८२) वोंवळ ('कोंकण भारती' मे ६९) सत्याचो पुजारी ('कुळागर' दिवाळी अंक ८०) चौगां आवय ('आकाशवाणी' १८. ६. ६८) प्रेमनगरचो पावणो ('कोंकणी' दिवाळी अंक ८३) नसती ब्याद ('कुळागर' मे ७९) आंबे आनी मोग ('परमळ' ७२) निकाल ('आकाशवाणी' ८. १०. ६९)

नमळायेन....

"चैत्रांगण" हें म्हजें पयलें पुस्तक.
कोंकणी सरस्वतिच्या आंगार म्हजो हो पयलो पुस्तकालंकार घालतना म्हजे अंतस्कर्ण अुपाट अुमेदीन भरून आयलां. हाच्याफुडें तिजी घसघशीत सेवा करपाची प्रेरणा तिणे म्हाका दिवची अशी हांव प्रार्थना करतां.

पुण्यांत रावपी नामनेचे गोंयकार साहित्यिक पं. महादेवशास्त्री जोशी – जांकां प्रत्यक्ष भेटपाचो आजून योग येवना. तांच्यो गांवगिरे जिणेर बरयिल्ल्यो मराठी कथा वाचून म्हाका कोंकणी कथा बरोपाचो स्फुर्त मेळ्ळी. तशेंच म्हजे शेजारी भौ. रवींद्र केळेकार हाणीं म्हजें लिखाण वाचून सतत बरयत रावपाची अुबा दिली. तांच्या पाठबळग्यांत म्हज्या कथानिर्मितीक पोसवण मेळया.

कथासंग्रह पुस्तक रूपान छापून येवचो हें म्हजें खूब वर्सांचें सपन श्री. पुंडलीक नायक हाणीं आपुलकायेन सगली जबाबदारी घेवन खरें केलें. पुस्तकाक प्रस्तावना मागली तेन्ना मात ते अनमनले.

"तुमी म्हज्या आदले बरोवपी. तुमच्यो कथा आमी भुरगे आसतना वाचताले. हावें प्रस्तावना दिवप म्हणचे ..."

"तुजेकडेन साहित्यिक ज्येश्ठता आसा. म्हाका तुजीच प्रस्तावना जाय."

अशें सांगून प्रस्तावना फोर्सान घेतली म्हळयार जाता. ताणीं म्हज्या अुतराक मान दिलो. देव बरें करूं !

सौ. हेमा नायक हिणें आपलो मोलादीक वेळ खर्चून कथांतलीं अुतरां निगुत करून मांडावळ आकर्शक केली. मुद्रक श्री. हिरू नायक हाणीं पुस्तक बरेतरेन छापून दिलें. श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हाणीं पुस्तकाक सोबित मुखचित्र दिवन "चैत्रांगण" रंगयलें. ह्या सगल्यांचो हांव निजाचो अुपकारांत आसां.

अर्पणपत्राचो मजकुर संस्कृत काव्यरूपांतूय आसचो ही म्हजी भावना म्हजो अिश्ट श्री. दुर्गाराम अुपाध्ये हाणीं पुराय केली. तांचो म्हजेर कितलो मोग !

म्हज्या ह्या पुस्तकाक "गोवा कोंकणी अकादेमी" चो अर्थिक पालव मेळ्ळो देखून हें पुस्तक छापून आयलें हांव तांचो ऋणी आसां.

म्हजीं हीं दोन अुतरां बरयतना श्री. पुंडलीक नायक, तांचें कुटुंब आनी कामगार परिवाराकडल्यान "सुरेखा प्रकाशन" ची खुबूच "अपुरबाय" जाल्या हाचो निरंतर अुगडास अुरतलो.

नगर – प्रियोळ
पो. म्हर्दोळ-गोंय
४०३ ४०४

– अच्युत तोटेकार

अंत्रुजी जिविताचो वर्णनाकार

आपणाल्या 'चैत्रांगण' कथा संग्रहाक हांवें प्रस्तावना बरोवची अशी श्री. अच्युतबाब तोटेकारांनी म्हाका विनंती केली आनी हांव कांचवेलों. आजवेर म्हज्या समकालीन बरोवप्यांच्या पुस्तकांक वा नवोदितांच्या पुस्तकांक प्रस्तावना वा उत्तेजनार्थ स्वरुपाचीं दोन अुतरां केन्ना भिडेन जाल्यार केन्ना खोशयेन बरयल्यांत. पुण अच्युत बाबा सारख्या जाणटेल्या लेखकाच्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवप म्हळचार... ताचें आनीक एक कारण म्हळचार हांव जेन्ना साहित्याच्या मळार निक्तीच कसरत करतालों, तेन्ना अच्युतबाबा सारख्या लेखकांच्यो कथा म्हाका साहित्यिक पोसवण दिताल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्रावयलें "बल्कावांचेर गजाली" सारखें तांगेलें कुटुंबीक स्वरुपाचें संवादीलेखन म्हाका भौच मानवतालें. आनी आतां अच्युतबाबांच्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवपाच्या विचारान जीव खासावीस जालो. पुण अच्युतबाबांच्या मोग आनी नम्रतायेच्या पासान म्हाका बांदून घातलो.

श्री. अच्युतबाब आज पिरायेन छाप्पन्न वर्सांचे. सव्वीस वर्सांआदीं ताणी कथा बरोवपाक आरंभ केल्लो. आज पाव शतकाच्या कळावा उपरांत तांचें पुस्तक उजवाडा येता म्हळचार कोणांकय चुटपुटे दिसपाचे पुण अच्युतबाबांक ताची खेद-खंत ना. साहित्याच्या संवसारांत ते आजुनूय आपणांक विद्यार्थी लेखतात आनी भोव नमळायेन साहित्याकडेन पळयतात.

एकाद्या व्हड मंदिराची बुन्याद रचताना खूब लोक वावुरताना दिसतात. थोडे जाण, कामांक नेट येंवचो म्हण काम करतां करतां बोवाळ करतात. थोडे निखटोच बोवाळ करतात. पुण कांय जाण तोंड धापून वावर करतात. अच्युतबाब त्या तोंड धापून वावर करपी मनशां भशेन. तांकां जेन्ना कोंकणीचें म्हत्व आनी शक्त ह्यांचो दिस्टावो जालो तेन्ना सावन ते कोंकणींतल्यान बरोवपाक लागले. हेर कोंकणी लेखकानी, कोंकणीतल्यान बरोवप आनी कोंकणीचो पुरस्कार करप ह्यो दोनूय गजाली बरोबर केल्यो. पुण निखट्या लेखनाबगर हेर कितें करप हो अच्युतबाबांचो सभावगूण नासलो. पुण कोंकणीवयलो तांचो मोग आनी निष्ठा सामकी निर्जी, खंयच्याय स्वाभिमानी कोंकणी लेखकाच्या मोगा आनी निष्ठेइतकी.

कोंकणी कथा खऱ्या अर्थान बळ्ळी ती गोंय सुटके उपरांत. विशय, शैली, आशय ह्यातूंत कोंकणी कथाकारांनी वेगवेगळे प्रयोग करून कोंकणी कथेक भारतीय कथेच्या पांवड्यार व्हरपाचो एक अभिमानाचो आनी तोखणायेचो यत्न केलो.

आयज कोंकणी कथेचीं कांय खाशेलेपणां स्पश्ट जावपाक लागल्यांत. गोंयचें प्रादेशिक वातावरण, प्रादेशिक व्यक्तिरेखा आनी वास्तव रेखाटपांत कथाकारांनी जैत जोडलां. श्री. चंद्रकांत केणी आनी श्री. अ. ना. म्हांबरो सारखे एक-दोग कथाकार सोडले जाल्यार भौतेक कथाकार आपणाल्या कथांनी ही प्रादेशिकता उबी करपाक वावुरताना दिसतात.

थळावेंपण वा प्रादेशिकता हें आयचे कोंकणी कथेचें एक खाशेलेपण. पुण ताचो आरंभ पंचवीस वर्सांफाटीं अच्युतबाबां सारख्या कथाकारांनी केल्लो हें आमी विसरूंक फावना. देखूनच आज जर कोणाय प्रादेशिकतेची नवलाय सांगपाक लागलो जाल्यार ते समा जांवचेना.

अच्युतबाबांच्यो कथा पोरण्या तंत्राच्यो. कथा मांडपाक नवीं नवीं तंत्रां ताणी सोदून काडूं नात पुण त्याखातीर तांची कथा कडेक पडना. तांची खंयचीय कथा एकदां हातान घेवन पळवची. पयल्याच धपक्याक वाचप्याक ओडून घेवन सोपमेरेन आपणा भोवतणी खिळावन दवरपाचें कसब तांचे कथेठांय आसा. तांचे कथेचो सगळ्यांत व्हडलो गूण तो हो.

अच्युतबाब अंत्रुज म्हालांतल्या प्रियोळ गांवचे. गोंयचे संस्कृतायेंत अंत्रुज म्हालाचें योगदान व्हड. अंत्रुजेंत सैम आनी संस्कृताय हातान हात घालून नंदता. अंत्रुजेंतलीं शेतां, भाटां, कुळागरां, देवळां, प्राकार, तळयो, वझरे ह्यो सैमीक

गजाली तशेंच चवथ, दिवाळी, जात्रा, पालखी आदि उत्सव, आनी तातूंत भाटकार, मागेली, शेतकार, मुंडकार, भट, भावीण हांचेमदले संबंद आनी संघर्ष, हे आजवेर, अंत्रुजकार ललित लेखकांच्या लेखनाचे विशय जाल्यात. वाचप्यांकडल्यान त्या लेखकांक बरो येवकारूय लाबला.

अंत्रुजचीं खाशेलेपणां आनी वैशिश्टयां पळोंवपाचीं आसत जाल्यार अच्युतबाबांच्यो कथा मुजरत वाचच्यो. अच्युतबाब म्हळयार अंत्रुजी जिविताचो वर्णनाकार !

अंत्रुजेंतले भौतेक उत्सव, परबो, धार्मिक व्रतां, संस्कार तांच्या कथांनी अचळय देंवल्यात. तांच्या कथांचे विशय जाल्यात. 'मुज गडगडली' कथेंत मुंजीचें वर्णन, 'गेले ते दीस' आनी 'मोरया' कथांतलें चवथीचे परबेचें वर्णन, 'आमी दोगां' कथेतलें जात्रेचें वर्णन, 'जेन्ना काळीखी रात सोंपता' कथेतलें गांवगिरे भजन पद्धतीचें वर्णन. 'प्रेमनगरचो पावणो' कथेंतले श्री सत्यनारायणाचे पुजेचें वर्णन ही सगळीं वर्णनां सामकी जिवीं तट्टीत जाल्यांत. त्या भायर पावला पावलाक अंत्रुजेंतल्या कुळागरांची, देवळाच्या प्राकाराची, रानाची वर्णनां चित्ताक भुलसणी घालतात.

एकाद्या सुवाळयाचें वा प्रसंगाचें ते वर्णन जशे खुलोवन करतात त्याचप्रमाण गांवगिरीं व्यक्तिचित्रांय ठसठशीत बरीं चितारतात. 'शाबलुलो देव' कथेंतलो सडेभावार्थी शाबलू, 'मुज गडगडली' कथेंतलो धूर्त पुरयत भट, नटयेच्या मोगाची आस्त धरपी 'तिची नदर' कथेचो नायक गणूभटजी, 'आवयली व्यथा' कथेंतली असाह्य व्यथेची राधा, वासनेच्या नरकांतल्यान मुक्त जावपाक धडपडपी 'वोंवळ' भावीण, 'सत्याचो पुजारी' कथेंतलो सत्यवादी बाबा ही व्यक्तिचित्रां तांगेल्या खाशेल्या वैशिष्टयांसयत उठून दिसतात.

ह्या कथांनीं कांय भावविश्वां बरेतरेन रुपकाराक आयल्यांत. आपणाल्या कृष्णदेवा भोंवतणी शाबलून विणिल्लें भक्तिपुराय भावनाचें वलय नास्तीकाकूय मान बागोवपाक लायता. (शाबलूलो देव), गणपती बरोबर अेकरूप जाल्ल्या सोनुल्याच्यो कवळया मनाच्यो भावना जीव आकुळ-पिकूळ करतात. (मोरया)

संग्रहांतल्यो कांय कथा तातुंतल्या वेगळेपणाखातीर मतित उरता. बाबलो आनी तुळशीची गांवगिरी रांगडी जीवनपद्धत नदरेंत भरता, (धुंदी) शेताचे बाबतींत फसगत जावन निराश जाल्लो मधू लक्षांत उरता तो ताच्या भावार्ती

समभावाक लागून. मधू आपणाल्या नशिबाक बोल लायता पुण आपणांक नाडव्याक दुशण दिना. (गेले ते दीस). गुरुजी खिणाच्या मोहाक बळी पडटा आनी गणिकांच्या मनांतल्यान सासणाचे उतरतात, तेन्नाची गुरुजीची दुखेस्त अवतिकाय काळजाक चिमटो काडटा. (प्रेमनगरचो पावणो)

अच्युतबाबांच्या कांय कथांनी देवावयलो भावार्त येता. पुण तो भावार्त दुबळो वा कुड्डो न्हय. त्या भावार्थाचो अुदेव भक्तितल्यान जाल्लो आसता. 'शाबलुलो देव' आनी 'जेन्ना काळखी रात सोंपता' ह्या कथांतल्यान ताचें खरेंपण पारखुपाक मेळटा.

मोगी जिविताच्यो आनी शृंगारीक प्रसंगाच्यो जायत्यो कथा संग्रहांत आस्पावल्यात पुण शृंगाराचे बाबतींत बरोवप्यान बरोच संयम दाखयला. गरज थंय सूचकताय स्वीकारल्या. आनी ताका लागून कलात्मकता सादल्या.

वझरो जितलो सदळसाणेन व्हांवता तशी अच्युतबाबांची सुटसुटीत शैली. संवाद हें ते शैलीचें अेक खास आकर्शण. घडये आकाशवाणीचें सुटसुटीत संवादाचे तंत्र तांकां कथेच्या संवादाक अुपकारक थरता आसुंये.

घटनां, पात्रां, संवाद, वर्णनां हांचो आस्पाव भोवतेक सगळ्याच कथांनी जाला, त्या खातीर तांच्यो कथा घटनाप्रधान वा व्यक्तिप्रधान म्हण मानूं येतात. मात तांगेलीं 'नसती ब्याद' ही कथा विशयाचे आनी रचनेचे नदरेन बरीच वेगळी उतरल्या.

अच्युतबाब तोटेकार अेक कसबी कथाकार. अेका कथाबिजाची कीट तो घेता. फूक मारून ती फुलयता. म्हणटा म्हणसर किटिचो अुजो जात्चो तशी तांची कथा फुलता आनी फुलता म्हणसर पेटिल्लो उजो भक्क करून पालोवचो तशी तांची कथा, ज्या वेगान विस्तारता त्याच वेगान सोंपता. कथा सोंपतकूच वाचप्याच्या मनांत अुरता तें कथेचें बीज, अुज्याचे ज्वाळे भाशेन.

बळवय – फोंडे
गोंय

–पुंडलीक नायक

मांडावळ

पान नं.

१. शाबलुलो देव — १
२. धुंदी — ७
३. मुज गडगडली — १४
४. गेले ते दीस — २३
५. आमी दोगां — ३२
६. ध्यास — ४१
७. तिची नदर — ४६
८. मोरया — ५४
९. सुखाच्या सोदांत — ६०
१०. बनखण — ६९
११. थोंटो बाळकृष्ण — ७९
१२. जेन्ना काळखी रात सोंपता — ८५
१३. आवयली व्यथा — ९६
१४. वीख चडलें, वीख देंवलें — १०१
१५. आनी शंभू जीव दिता — ११०
१६. वोंवळ — १२०
१७. सत्याचो पुजारी — १२५
१८. चौगां आवय — १३६
१९. प्रेमनगरचो पावणो — १४१
२०. नसती ब्याद — १४८
२१. आंबे आनी मोग — १५५
२२. निकाल — १६५

१. □

शाबलुलो देव

फाटलीं चाळीस वर्सां शाबलू ज्या दिसाची मोटे अथ्रकणयेन वाट पळेतालो तो ताचे जिणेंतलो भाग्याचो दीस एकदांचो उदेलो. त्या दिसा सकाळ जायनाफुडें तो पोटांत उदकाचो थेंबो पासून घेनासतना न्हालो आनी काशेदांतलें नवें पुडवें आनी कुतांव आंगार चडोवन देवळांत वचपाक भायर सल्लो. ताचीं पावलां सपासप देवळावटेन पडटालीं.

गांव फाटीं पडल्याबराबर ताणें एक ल्हानशी दोंगुल्ली चडूंक सुरवात केली. उदेंतिच्या सुर्यान जनेलांतल्यान निकतीच तकली भायर काडिल्ली. अस्तमतेचो थंड वारो सगल्याक शितळकाय फापडीत वतालो. मळबाच्या आंगणांत कोणेंतरी धव्या कुपांची बेस बरी रांगोळी घालून दवल्लेली. अर्दिशी दोंगुल्ली चडनाफुडें शेनायेचे मंजूळ सूर ताच्या कानांत भरूंक लागले. आनी कांय वेळान तो मळबाक तेंकपी देवळाचो भांगरा घूड ताका दिसूंक लागलो. हो देखावो पळयना बराबर शाबलू इतलो खुशालभरीत जालो कि, आपणें देवळाच्या प्राकारांत केन्ना पांय दवल्लो तेंच ताका समजलें ना.

देवळाचो प्राकार तोर्णां उबारून आनी बनेरां बांदून सोबयल्लो. थंयचे हवेंत तरेतरेच्या फुलांचो गोड वास भरिल्लो. वेद -मंत्रांच्या घोशान थंयच्या वातावरणांत पवित्रताय आयिल्ली. देवळाच्या देल्लात हजारांनी लोक उबे आशिल्ले. जळीमळीं आपवांवुरपी वावुरताले. देवाचे भेटेक आयिल्ल्यांची रांग लायताले.

शाबलू बेगीबेगीन देवळांत वचपाक फुडें सल्लो. तसो एका आपवावुरप्यान ताका आडायलो आनी तिडकून विचाल्लें :

"खंय घुसता फुडें फुडें ? गर्देत चिड्डून मरपाक बी आयला काय कितें रे ?"

"नारे बाबा, मरपाक येवना हांव. म्हाका देवाची भेट जाय."

शाबलून भियेंभियेत जाप दिली.

"मागीर थंय फाटल्यान वचून लायनींत उबो राव. देवाची भेट जावपाक वेळ आसा."

आपवावुरपी गुरगुल्लो.

शाबलून पळयलें निदान अदर्या मैलाची रांग आसुंये. ताणे आपवावुरप्याकडेन काकुळटेन पळोवन म्हळें –

"बाबा, म्हातारपणाक लागून उबें रावं नज. पांय थरथरतात."

"मागीर आयला कित्याक ? देवा–भेट जाय जाल्यार रांगेंत उबो राव. नाजाल्यार चलूंक लाग हांगच्यान ; मदींच उबो रावन लोकांक आडखळ करूं नाका."

आपवावुरपी धेंगशेलो. आनी ताणें शाबलूच्या हाताक धरून ओडीत व्हरून रांगेच्या निमण्या तोंकाक उबो केलो. बाबडो शाबलू ! मोन्य.नी उबो रावलो. कोण वळखतालो ताका आज ? कोण जाणटालो ताच्यो भावना ?

खरें म्हळयार शाबलूच्या हातान आज देवाची स्थापना जावपाची. पुण ताका कोणें विचाल्लेंना. निदान देवा–भेटेचो तरी पयलो हक्क ? तोय नाशिल्लो. इतलेंच न्हय तर भेटेक गेला थंय आपवावुरप्याकडल्यान उणीं दुणीं घेंवचीं पडिल्लीं. पुण ताचें ताका वायट दिसलें ना. तो मोट्या अभिमानान आनी संतुस्टायेंन रांगेच्या निमाण्या तोंकावेल्यान देवळाच्या घुडार नदर लावन उबो आशिल्लो.

कितलें सोबीत आनी भव्य आशिल्लें तें मंदीर ! आपल्या कृशणदेवा खातीर हे भशेन देवूळ केन्ना जायत अशें शाबलून सपनांत लेगीत खरें धरूंक नाशिल्लें. जाल्यारूय चमत्कार जाल्लो खरो ! ज्या जाग्यार कांय वर्सां फाटीं सुको सडो आशिल्लो, कांटयां–खुटयांचीं झिलकुटां आशिल्लीं, दिसाचो लेगीत ज्या जाग्यार मनीस भोंवपाक भियेतालो, अशा जाग्यार एक व्हडलें मंदिर उबें जावन, देवाचे भेटेक हजारांनी लोकांची रांग लागिल्ली.

शाबलू विचार करतालो तसो फाटल्या चाळीस वर्सांचो एकेक प्रसंग ताच्या दोळयांमुखार जितेपणी उबो रावंक लागलो.

त्या वेळार शाबलू आपल्या वांगडयांसयत ह्याच मळार गोरवां चरोवपाक हाडटालो. गोरवां सोडपाचीं आनी थंयच्या वडामुळार येवन ताणीं खेळपाचें. भाजीभाकरी खावपाची. गावपाचें–नाचपाचें !

दर वर्सा गांवांत गोरवां पाडव्याचो उत्सव जातालो. राखण्यांनीं श्रीकृष्णाची सुपुल्ली मूर्त रंगीत घुमटेंत दवरपाची, तिची पूजा करपाचीं आनी ती घुमटी माथ्यार घेवन 'धे धेणुल्या धेंणल्या पावस शेणुल्यो.' अशें म्हणत गांवभर नाचपाचें. उत्सव सोंपलो म्हणचे कृश्णाक विसरून वचपाचें.

शाबलून येवजिलें, अशें न्हय. आमच्या गोरवांक सांभाळपी–तांकां चुकल्यार घरची वाट दाखोवपी–त्या कृश्णाक विसरपाचें ना. ताची वर्सुयभर याद दवरपाची. ताणें आपल्या सौंगड्यांक हो विचार सांगलो. सगल्यांकूच तो मानवलो. दुसऱ्याच दिसा शाबलून एक पाशाणाची कृश्ण मूर्त तयार करून हाडली. कपलार मोरा–पांखां तुरो, खांद्यार कांबळ, कमराक काश्टी आनी हातांत लांब बरी बडी आशिल्ली.

सगळ्यांनी मेळून ते मुर्तीची रानांतल्या वडामुळार स्थापना केली. नित्याक ते रानांतल्या चित्रंगी फुलांनी तिची पुजा करूंक लागले. तिका कातलेचो निवेद्य दाखोवपाक लागले. बऱ्यावायटाक गाराणें घालूंक लागले. देवाक वत, पावस लागचो न्हय म्हणून ताणीं तिचेर चुट्टांची एक खोंपय बांदली. शाबलूक दिसतालें आपल्या कृश्णाखातीर एक ल्हानशें देवूळ जावंचें. पुण तें जातलें कशें ? मागीर ताणी देवा खातीर एक डबी केली. तांतूत ते भक्तीन पै–पैसो उडोवंक लागले. पुण अशें करून वर्सांतल्यान तीन–चार रुपये जमचे आनी पावसाळो आयलो तसो गरजेक लागून खोंप शिवपा खातीर ते सोंपून वच्चे. वर्सां फाटल्यान वर्सां वतालीं पुण देवूळ काय जायनाशिल्लें.

शाबलू व्हड जालो. ताचें लग्न जावन तागेर भुरगींय जालीं. ताचो संवसार गरीबकायेचोच आशिल्लो. तरी पुण आपल्या कृश्णाक देऊळ जायना हो विचार ताजे तकलेंत घोळतालोच. मागीर केन्नातरी निर्शेवन ताणें कृश्णा लागीं वच्चें, हात जोडचे आनी दोळ्यांत दुकां हाडून म्हणचें –

"कृश्णा, तुका देवूळ बांदचें अशें म्हज्या मनांत आसा. पुण हातान जमना. म्हजे दोळे उकते आसतना तूं तरी कोणाच्याय मनीं मुखीं वच आनी म्हज्या मनांतलें हें कार्य करून घे."

शाबलूच्या देवाचे खोपटे लागींच एक मिनाची खण आशिल्ली. खणींत मीन मेळना जावन सावकार बेजारिल्लो.

एक दीस शाबलून ताका म्हळें,

"सावकारा, तूं म्हज्या कृश्ण देवाकडेन मागणें कर. तो तुका धंद्यांत जैत दितलो."

सावकाराक तें मानलें.

शाबलू सावकाराक घेवन कृश्णासरीं आयलो आनी ताणें गाराणें घालें. तिसऱ्याच दिसापासून खाणींत मीन मेळूंक लागलें. मातयेक भांगराचें मोल आयलें.

सावकारान शाबलूक आपोवन घेवन विचाल्लें
"उलय शाबलू, हांव तुज्या खातीर कितें करूं ? घर–दार, जमीन –"
आयकून शाबलू गंभीर जालो. आनी हात जोडून थोडचा वेळान उलयलो –
"सावकारांनू. म्हाका तुजें कांय नाका. तूं दिता जाल्यार म्हज्या कृशणदेवाखातीर एक देवूळ बांदून दी."
"आरे, पुण देवूळ बांदून तुजो कसलो फायदो ?"
सावकारान प्रस्न केलो.
"सावकारानू, त्या कृशणाचे दयेन म्हाका सगलें परिपूर्ण आसा. तूं जाता जाल्यार इतलेंच कर म्हजे खातीर !"
शाबलून जाप दिली.
"बरें आसा."
सावकारान मान हालयली.
दुसऱ्याच दिसापासून त्या मळार देवूळ बांदपाक सुरवात जाली. फातरांच्यो, शिमिटाच्यो, रेवेंच्यो राशी पडल्यो. बरे बरे कारागीर आयले. देवूळ उबें जालें. जमनीक फरशी मांडल्यो. वंटी खांब्यांचेर कोरीव काम जालें. रंगरंगोटी जाली. आनी देवळाचेर भांगराघूड चडलो. येतलो वतलो देवळाची तोखणाय करतालो. शाबलूच्या मनांत आशिल्ले त्यापरस हजार पटीनी देवूळ बरें जालें.
देवळांत देवाची स्थापणूक जाली. लोक देवदर्शन घेवंक लागले. घांटीचो आवाज 'पुंडलीक वरदे हरी विठ्ठल' चो घोष मळबाक मेदूंक लागलो. शाबलूची तानेल्या वासरावरी अवस्था जाल्ली. केन्ना एकदां आपली पाळी लागता आनी धांवत वचून आपल्या कृशणदेवाच्या पायांक वेंग मारतां अशें ताका जाल्लें. देवळाच्या सोंपणाक पांय लागनाफुडें ताणें भीतर घालून घेतलें आनी धांवतूच तो ताच्या कृशणाक वेंग मारपाक गेलो.
"ए म्हाताऱ्या मामा, भितर खंय धांवता ? देव अनवाळो, देव अनवाळो आसा पयस रावन भेट घे."
एका गुबगुबीत उंडो कसो आशिल्ल्या भटान शाबलूक आडयत म्हळें.
शाबलून कांचवेल्ले नदरेन भटाकडेन पळयलें. तो गोदळ्ळो. पुण भटाचे वाटकुळे गरगरीत दोळे पळोवन ताणें आपणांक सांवल्लो आनी 'बरें आसा' अशें म्हणत हात जोडून तो दोन पावलां फाटीं सल्लो. ताणें गर्भकुडींतल्या कृशणाचेर नदर थिरायली. आनी तांचे जैतगीत गावंक ताजे ओंठ फुरफुरले. इतल्यांत ताचेर अजापाचो एक धपकोच बसलो. गर्भकुडींत पिंडिकेचेर ताच्या कृशणाची मूर्त नाशिल्ली. थंय आशिल्ली ती कृशणाची एक वेगळीच मूर्त. तिच्या माथ्यार मोरा पाखांचो तुरो नाशिल्लो. खांद्यार कांबळेची घडी नाशिल्ली. कंबराक काश्टी नाशिल्ली आनी हातांत बडीय नाशिल्ली !

एका खिणाभीतर शाबलूची उमेद जंयची थंयच विरजली. देवाचो जयजयकार करपाखातीर मेकळचा जाल्ल्या ताच्या ओठांतल्यान नकळटां उतरां भायर पडलीं. 'म्हजो कृष्णदेव खंय ?' तितल्यांत फाटल्यान कोणें तरी म्हळें

"म्हातारो पिसावला. ताका भायर घालात."

आपवावुरप्यान शाबलूक देवळा भायर हाडून सोडलो. भायर आनंदोत्सव चलतालो. धर्तरेचेर स्वर्ग देंविल्लो. कोण गायताले, कोण नाचताले, कोण भजन करताले. सगल्यांची ब्रह्मानंदांत ताळी लागिल्ली. आनी शाबलू मात हुंडक्यांनी रडत थंयच्यान भायर सरतालो. ताचें काळीज ताज्या मोगाच्या कृशणाखातीर आकांतून कळवळटालें.

पिशांतूकसो शाबलू घरा पावलो. दारांत पांय दवरिना फुडें ताचे घरकान्नीन सांगलें "धाकलो चेडो जोरान तळमळटा." पुण ताची खबर घेवपाचें ताका भान उल्लें ना. ताणें फक्त "हूं" म्हळें आनी तो कुशीच्या सोंप्यार बसून रावलो.

रात जाली तशें मनांत कितें तरी थारावन शाबलू भायर सल्लो. तो सामको त्या देवळालागीं पावलो. सावकारान नेमिल्लो पुजारी धुपारत करून घरा वचपाचे तयारेंत आशिल्लो. शाबलू थोडो वेळ थंयच्या एका झिलकुटा कुशीन थांबलो. पुजाऱ्यान देवळाक कुलूप लायलें आनी घरची वाट धल्ली. शाबलू ल्हवूच देवळाच्या प्रकारांत रीगलो.

देवळांत नवे मुर्तीची स्थापणूक करतना पोन्नी मूर्त प्रकारांत खंय तरी पुरून उडयतात अशें ताणें आयकल्लें. आपल्या कृशणाची ताणी अशीच अवस्ता केली जावंये, हें येवजून ताणें प्राकारांत सोद घेवपाक सुरवात केली. काळखांत तो हातापायांनी सांसपीत प्राकारभर भोंवलो आनी थोडचाच वेळांत ताका एके कुशीक फातरार कांय फुलां आनी पोंदा मातयेचो मोव थर दिसलो.

थंयच कुशीक पडिल्लें एक कुदळकें घेवन ताणें बेगोबेग फोंड उस्तुपाक सुरवात केली. थोडचाच वेळा उपरांत ताच्या हाताक मुर्तिच्या आकाराचें कितेंतरी लागलें. ताणें नेटानेटान तो फोंड उस्तिलो आनी तांतुतल्यान ती मुर्तिसारकी वस्त भायर काडून ताणें सांसपून पळयली. ती ताच्या कृशणदेवाचीच मूर्त आशिल्ली. माथ्यार मोरपिसाचो तुरो खांदचार कांबळीची घडी, कमराक काश्टी, आनी हातांत लांब बरी बडी आशिल्ली.

शाबलू ते मुर्तीक वेंगांत धरून कितलो तरी वेळ रावलो. ताच्या दोळचांतल्या दुकांनी ते मुर्तीच्या आंगावेली माती धुवन गेली.

शाबलूक बरेंच पुरो जाल्लें. सकाळपासून पोटांत अन्नाचो कण वचूंक नाशिल्लो थोडो वेळ थांबून तो उठलो आनी ती मूर्त घेवन चलूंक लागलो. तो फुडें वतालो तशें फाटल्यान तें देवूळ काळखाच्या पोटांत नाच्च जातालें. तो खंय वतालो तें समजूंक कठीण आसलें. जाल्यारूय तो अशा जाग्यार वतालो जंय

चिरेबंदी वणटी नाशिल्ल्यो, कुलपांची आडखळ नाशिल्ली, अनवाळचाचे निर्बंध नाशिल्ले, आपवादुरप्यांची कटकट नाशिल्ली, आनी श्रीमंतीचो तोरो नाशिल्लो.

हातांत कृश्णदेवाची मूर्त घेवन शाबलू त्या मळावेल्यान चलतालो. ताच्या देवाखातीर धर्तरेन पाचव्याचार तणाच्यो मोव पांयघडचो पातळायल्ल्यो. उदेंतेचो संथ वारो शेनायेचे गोड सूर काडटालो. मळबाच्या आंगणांत लाखांनी नखेत्रांची दिपरदना पेट्टाली. झिळमिट्यावेल्या उजवाडांत नवरत्नांची खण आशिल्ली. वाटे कुशीचे रूख चंवऱ्यो हालयताले आनी पेल्यान दोंगरामुळांत कृश्णदेवाचीं कवनां गायत नागमोडचा मोडणांनी न्हंय नाच करताली.

⁂⁂⁂

२. □

धुंदी

बाबल्यान बोलसांतलो रुपया भायर काडून पेद्रुचे गादये नाबीर नेटान माल्लो आनी म्हळें —

"एक पाव काजेल."

नाबी भितल्ल्यान ताम्रेतिचेर एक डामराचें बल्लशी बायल मनीस बशिल्ली. तिणे रुपया फोलिणांत वडयलो. आनी नाबीवयलें कोप फेणयेन भल्लें. बाबल्यान तें कोप उखल्लें आनी एका दमांत रितें करून नाबीर आपटिलें.

"कितें पचपचीत गो मारी...उदक चड घालां काय कितें?"

मारीन नाल्ला येदे दोळे करून म्हळें –

"मेलो रे हो पितलो...तुज्या ताळयांत तिख्याचो रोस वोतूंक जाय रोस...!'

बाबलो वयल्या सुरांत हांसलो..फेणयेची खरी रूच वळखुपी म्हज्या इतलो कोण ना.. ह्या आविर्भावान ताणें भोंवतणच्या गिरायकांच्या तोंडाकडेन पळेलें. आनी वोंठादेगेर आयिल्ले फेणये थेंबें दाव्या हाताच्या आंगठ्यान पुसून काडून जमनीर फाफुडले.

"बाबल्या, आमकांय समज मरे!"

कुशीन सोंप्यार बशिल्ल्या देमल्यान म्हळें. ताकाय बाबल्याचें तोंड पळोवन रूच आयिल्ली.

"तुका भीक लागल्या रे देमल्या?"

बाबलो देमल्याचेर उसळ्ळो.

"हांव दुडू दितलों, हांव सोरो पितलों... तूं दुडू दी तूं सोरो पी... ना जाल्यार त्या मारियाचें x x पी..."

बाबल्याचे कोटयेचेर सगळो गुतो हांसलो... देमल्यान तोंड खयण-शें केलें.

"सदा सर्वदा योग तुजा गडावा ऽऽऽ"

खुब्यांची पुडी हातांत घट्ट धरून बाबलो गुत्याचीं सपणां देंवलो. वाटेन येतना अशीच ताणें तीन गुत्यांक भेट दिल्ली. आनी तीन पाव मारिल्ले. आतांचो चौथो... पुराय एक बोतल पोटांत गेल्ली... आनी धुंदी इल्ली इल्ली चडपाक सुरवात जाल्ली. पायांसकलीं सपणां गडगडल्यासारको ताका भास जालो. निमाणे सपण पांय चुकून तो लवंडलो... नशीब, पडलो ना. त्या निर्जीव सपणांक ताणें आवयवेल्यान चरचरीत गाळ शेंवर्टिली आनी घरचो रस्तो धल्लो.

"सदा सर्ऽऽऽ वर्दा ऽऽऽ सर्ऽऽ वर्दा" म्हणत बाबळो वांकडीं तिकडीं धेपां मारीत पायां पोंदचो रस्तो कातरतालो. ताची कूड पाळण्यावरी झोंपयो खाताली. केन्ना रस्त्याचे दावे वाटेन तर केन्ना उजवे वाटेन. तोंडांत 'सदा सर्वदा' चो चरण घोळयत आनी दावो हात हवेंत वयर वावडीत मदीं मदीं तो तानोय मारी !

एक सायकल आयली आनी बाबल्याक घश्टून गेली... बाबलो सुण्यावरी फुल्लो.

"ए कोण तो ? सायकल पाराद... पाराद !"

ताणें पुलिसाच्या थाटांत शिलोणी माल्ली. कापांन्ज वाजोवंक येना ? कसली सायकल चलोवंक शिकला ? बेबदो खंयचो... बेबदो... !

बाबलो चलूंक लागलो. सदा सर्ऽऽ... तार ताणत वताली... काळी दोन.. धवी चार.. काळी पांच... उदेंतेचे दिकेन काळोख वयर सरूंक लागलो तशीं बाबल्याचीं पावलां नेटान पडूंक लागलीं.

मुखेल रस्तो सोडून पांयवाट लागली... काळी, झाडांच्या सांवळेंतल्यान ती बाबल्याच्या घरामेरेन गेल्ली ... वाटेंत ल्हान ल्हान चडटचो देंवत्यो आशिल्ल्यो .. खळयो फातर भरिल्ले ... अंधूक उजवाडा लागून वाट नीट दिस नाशिल्ली. बाबलो आपटत धापटत चलतालो. निर्जीव फातर खळयांचेर गाळिचो पावस शिवरायतालो.

दोंगुल्लेच्या मुळसांत एक माडा चुट्टांची खोंप आशिल्ली. तेंच बाबल्याचें घर. पडवेर पेत्रोलाचो दिवो जळटालो. ताच्या उजवाडांत तुळशी तांदूळ वेंचतालें.

खोपटेंतल्या दिव्याचो उजवाड दिसूंक लागना फुडें बाबल्यान बायलेक नेटानेटान उले मारपाक सुरवात केली... "तुळशी, आगो ए तुळशी, कान फुटले x x x चे... !"

तुळशीच्या काना मेरेन बाबल्याचे उले पावले. पुण तें उठलें ना. जापूय

दिली ना. सदां भशेन पियेवन आयला जातलो. बेबद्याच्या उतराक वालोर तो कितलो दिवस ! तुळशी उमथे मानेन तांदूळ वेंचीत रावलें.

बाबलो खळयें सकले वोटयेर पावलो. ताचो पांय कसल्या तरी मोवमोव जिनसाचेर पडलो. उपरांत पायांपोंदा कितें तरी वळवळळ्या सारकें दिसलें... तो उसळ्ळो. बोब माल्ली... "आवय गे ऽऽऽ मेलों !" तो थंयच लवंडलो.

तुळशी फडफडीत उठलें...आनी पेत्रोलाचो दिवो घेवन बाबल्यासरीं आयलें. बाबलो सगळोच कडकडट्टालो. काळीज धापेतालें. हातांतल्या खुब्यांचो वाटभर शींवर पडिल्लो...तुळशीन दिवो ताच्या म्हन्यांत व्हरून विचाल्लें,

"कितें जालें ?"

बाबल्याचे दोळे तांबडेगुंज जाल्ले. तोंड घामान थबथबलेलें. ताणे फाटले वटेन वाटेर बोट दाखोवन म्हळें,

"तो पळय, म्हांयडोळ केदें कोंडाळें करून पडला !"

म्हांयडोळ म्हळचाबराबर तुळशीक कच्च जालें. चाबलो जाल्यार मनीस कुसून कुसून मरता. अशें ताणें आयकल्लें.

"खंय आसा म्हांयडोळ ?"

तुळशीन विचाल्लें.

"तो पळय... !"

बाबल्यान बोट केल्लें ते वटेन भियेत भियेत पावलां वडयत तुळशी फुडें गेलें.

"तो पळय, तुज्या पायांकडेन...चाबत...फाटीं सर."

बाबल्यान आकांत केलो.

तुळशीन दिवो सकल करून पळेलें. तो म्हांयडोळ नाशिल्लो. आशिल्लो शेणाचो थापो. तुळशिची हांसू हांसून मुड्डी जाली.

"म्हांयडोळाक पळोवन हांसता...आगो, कोणाकूय आपय आनी ताका मारूंक लाय मुगो !"

बाबलो उलयलो.

तुळशी हांसतूच रावलें. तसो बाबलो तापलो.

"मद जाला गो ? काय हांसता पळय... !"

"आरे हो म्हांयडोळ ? हो तर शेणाचो थापो !"

तुळशीक हाशें आटापा येना जालें.

"शेणाचो थापो ? पाडा पडूं; हांव बेश्टो भिलों मरे !"

बाबलो सुकें-शें हांसलो.

"अक्कल गुत्यार दवरूप येतकूच अशेंच जावपाचें...चल आतां घरा."

"तुळश्या, म्हजी अक्कल वयर काडूं नाका...ते खुबे पुंजय..."

तुळशीन खुबे पुंजयले. दोगांय घरा आयलीं.

"तुळशी, घरांत वचून तांबयो भरून हाड आनी म्हजे पांय धूय. पायांक शेण लागलां म्हज्या."

बाबल्यांतलो 'घोव' जागो जालो.

"हय तर ! पाय धुतां, आरती करतां तुज्या तोंडाक !"

"सुबेज उलोवं नाका...ह्या शेणा घाणीच्या पायांनीं घरांत येंव ?"

"पायांक शेण लागल्यार घाण येता. आनी सद्दां सद्दां सोऱ्या घाणिचें तोंड घेवन घरा येवपाक कांय दिसना... ?"

"तुळशी, म्हजो सोरो वयर काडूं नाका. तूं उदक हाडटा काय ना ?"

"हाडटां. पुण दीसभर भायर वचून कितें जोडून हाडलां तें दाखय पळोवंया."

उलोवणे आंगलट येताशें पळोवन बाबलो तसो घरांत गेलो आनी उदकाचो बुडकुलो भायर हाडून पांयार वोतून घेतलो. पुण पांय एकठांय आनी उदक एकठांय अशे जाल्ल्यान पांय धुवपाचें काम जालें...शेण गेलेंच ना !

वांकडी तिकडीं पावलां शेंवटीत बाबलो पडवेर आयलो. बुशकोट खुंटयेक हुमकाळायलो...आनी सोंप्यार विडी फुसकायत बसलो. तुळशीन बिचाल्लें...

"हे खुबे हाडल्यात. नाल्ल मिरसांग हाडल्या मूं ?"

"तें घरांत ना ?"

"आसा. हाडून दवल्लां न्हय तुयें ?"

तुळशीन तावल्यो बावल्यो करपाच्या सुरांत विचाल्लें.

"अशें तोंकासावां मारून उलोवं नाका गो तुळशी. बायल म्हगजे कशी जाय सामकी..."

"अ हं ! पुरो पुरो...चड लायट फूल करूं नाका अकलेची पळोवया, आज जोडून कितें हाडलां तें.. "

तुळशीन खुंटयेचो बुशकोट उमथो केलो...बोलसांतल्यान फस्क विडयां बंडल आनी चार आठ आण्याचे पयशे जमनीर पडले.

"बायल कशी आसूंक जाय म्हणून गिन्यानां सांगतालो...आतां सांग ही तुजी जोड एका दिसाची...म्हजें सोड, तुज्या तरी पोटाचो खर्च जायत हातूंतल्यान ?"

"अगो, जोडलें म्हणून म्हाका खर्च ना ?"

"हय तर...त्या गुतेकारांची भर करपाक नाका ?"

"चल पळोवंया भीतर...बेश्टी किरकिर नाका ?"

"घरांत नाल्ल ना. मसालो ना. हे खुबे कितें पोरसांत किल्लत घालूं ?"

"किल्लत घाल ना जाल्यार कुसत घाल. पुण बोब मारूं नाका बेश्टीच !"

अशें म्हणून बाबलो सोंप्यार लवंडलो.

तुळशीन शीत आनी खुब्याचें कालवण केलें आनी बाबल्याक म्हळें,

" वाडून दवल्लां...जेवतलो जाल्यार यो..."

" अं."

बाबल्याक भूक अशी नाशिल्ली. पुण कितें तरी येवजून तो येवन म्हाणायेर बसलो आनी ताणें उलोवणें काडलें,

" तुवें घडचाळ हाडलें गो ? "

" खंयचें घडचाळ ? "

" तुज्या मावान व्हेल्लें तें ! "

" हांयें तुका सांगूं नाशिल्लें घडचाळ सारकें करपाक तीस रुपये खर्च आयला तो दी मागीर हाडटां म्हणून.."

तुळशीन जाप दिली. –

" हांव कित्याक दितलों तीस रुपया ? "

" तुज्यान सारकें करपाक जायना म्हणून वडयल्लें न्हय तुयें तें घरांत ? आतां सारकें करतकूच जाय पडलें ? "

" तें हांव नकळ ; म्हाजें घडचाळ म्हाका जाय. "

" जाय जाल्यार वच आनी हाड मेवण्याकडल्यान मागून. "

" हांव वचचों ना. तूं वच आनी हाड. "

" म्हाका गरज ना. "

" तुळशी, हांव वोगी रावपाचों ना. "

" कितें करतलो, मारतलो ? ... मारपाक तूं पोशिना म्हाका. हांव जोडटां हांव जेवतां.. वयल्यान तुकाय पोसतां."

" तूं म्हाजें घडचाळ हाडून दितलें काय ना ? "

" कित्याक तें... कोणाकूय फुक्या मोलान खावोवन सोरो पियेवपाक ! "

" हांव कितेंय करूं म्हजें घडचाळिचें. "

" तूं घडचाळिचें कितेंय कर. पुण तीस रुपये हातार पडल्या बगर हांव घडचाळ हाडूंक वचचें ना. "

" तुळशी, तूं म्हाका परतें परतें उलोवंक लावन तिडक हाडूं नाका. "

" कितें करतलो तूं ?... धेंकणे घालता तो... ! "

" सोणकुटी फोडटलों. "

" बाटली न्हय ती सोऱ्याची. "

" सोऱ्याचें नांव घेशी जाल्यार पळय. "

" मारतलो मूं मार... अक्कल आसा जाल्यार मार ! "

बाबल्याची तिडक मस्तकाक पावली. ताणें उखल्लें तें दिलें तुळशीचेर थापट...

" मारतलो मार.. आनिकूय मार... घोव म्हणून तितलो एकूच हक आसा

... बायलेक पोसूं नज तुज्यान... घरदार काबार केलें तुवेन... "

तुळशी रागान उलयतां उलयतां रडटालें. बाबल्यान आनी दोन चार थापटां माल्लीं. ताचो हात सणसणलो. ताणें कशें तरी चार घांस खाले आनी तो वचून सोंप्यार पडलो. तुळशी चवताळलेले नागणी सारखें निखटे फुत्कारे घालतालें. आनी करतलें किते ?

" देवा, पाड पडूं ह्या दादल्याचें...सदां म्हाका गुन्याव नासतना मारता."

तुळशी राग न्हिवोवन घेतालें.

बाबलो वोग्गी पडिल्लो. तुळशीच्या तोंडाचे तोफेक आपलो टिकाव लागचो ना हें तो जाणून आशिल्लो. ताची तकलीय बरीच जड जाल्ली. दोळेय लागीं येताले.

तुळशीक आयचो प्रसंग नवो नाशिल्लो. ताचें लग्न जावन दोन वरसां जाल्लीं. पूण घोवाच्या हातान मार खालोना असो एकादोच दीस वतालो. आयच्याच प्रस्नाचेर ताणें तीन-चार खेपो मार खाल्लो. पुण तेंय तितलेंच खंबीर आशिल्लें. माराच्या भयान जांव कसलेय आशेन मनाक माननां तो गजाल करपाची ताची केन्नाच तयारी नासताली.

घोवान माल्ल्या उपरांत तुळशीक खूब वेळां दिस, खंयतरी तोंड घेवन वचचें. पुण वतलें खंय ?

तसो ताका कोणूय आदार दित आशिल्लो. कारण तुळशी जुवान आशिल्लें. मस्त घटमूट आशिल्लें. देहाची कांत काळीसावळी आसली तरी अवयवांत रेखिवपण आनी सुंदरकाय भरिल्ली. ताजो आवाज गोड आशिल्लो आनी मुखा-मळार सदांच हांशें खेळटालें. ताका लागून पळयतल्याक तें जाय जाय अशें दिस. ताच्या खातीर कितलेशेच जाण लाळ घोंट्टाले, पुण ताणे आजून कोणाची दाळ शिजुंक दिवंक नाशिल्ली.

तें एका नुसतें भरपाच्या कारखान्यांत वतालें. थंयचो मॅनेजर तर ताचेर एकदम फिदा आशिल्लो. एक दीस ताणें तुळशीक आपल्या केबिनांत आपोवन व्हेलें. आपल्या कदेलाक तेंकोवन ताका बसयलें. च्या बटाटवडे दिले. आनी सांगलें,

" तुळशी, तुका पळोवन हांव पिसो जातां."

फुडलें आयकुपाक तुळशी थांबलें ना. दाराची खिळी काडून ताणें घरा धांव घेतली.

तें जाणा आशिल्लें...हे आलेभाव कोलेभाव सगले कामसाधू...आपली उमेद भागोवन घेतले आनी एक दीस चोथो कसो भायर मारून दितले...त्यापरस बाबलो कसोय आसूं, पिंडान सशक्त आशि ...ताची छाती मरदार आशिल्ली; हात-पांय घटमूट आशिल्ले. सादारण दोनचार मानाय आंगार आयल्यार तांकां भुंयेचेर लोळोवपा इतली ताकद ताका आशिल्ली. ताचो सभावूय मोगाळ

आशिल्लो. तुळशीचेर तो मनापासून मोग करी. थोडेशें पियेतालो आनी ती धुंदी चडली म्हणटकच तुळशीचेर केन्ना केन्ना हात उखलतालो.

बाबल्यान जोडून हाडलें ना तरी जाता. पुण मनीसपणांतल्यान मनशाक उठोवपी सोऱ्याचें व्यसन ताणें सोंडचें अशें तुळशीक दिस. त्या खातीर बाबलो पियेवन घरांत आयलो म्हणटकच ताका तें उलोवन उलोवन खातालें.

पुण ह्मची तुळशीक संवयूच जाल्ली. बाबल्यान एकादद्या दिसा तिळसना पियेवन येवन ताचेर थापट माल्लें ना जाल्यार तें मुद्दामूच ताका चाळोवन घालपाखातीर म्हणटालें–

"आज मारियाचें x x पियेवपाक गेलो ना ?" आनी मागीर रातीक रंग चडत वतालो.

तुळशी जेवन भायर आयलें. बाबलो सोंप्यार घोरेतालो. मदींच कितें तरी पदेतालो. तुळशीन कुशीक मांदरी सोडली आनी आड पडलें.

मध्यान जाली, तरी तुळशीक न्हीद लागूं नाशिल्ली. तें येवजितालें, फुडें कशें जातलें ? घोव असो बेब्दो. घरांत कितेंच पळेना. आमी दोगां आसासर बरें. पुण तिसरें आयलें म्हटकच. पुण आजून तिसरें कशें येना ? ताच्या उपरांत लग्न जाल्ल्या चेडवांची भुरगीं दिमकुऱ्यांनीं चलपाक लागिल्लीं. आपल्यागेर अशें न जावपाक ताचो सोरो कारण ? च्चे ! लक्षिम्यालोय घोव पियेता. पुण तागेर जालें ना ? हो पाड पडिल्लो पियेवन येता आनी रातचो भायर पडून रावता. फुडचान वचचें म्हळ्यार वीट.

येवजितां येवजितां तुळशी उठून बसलें. भायर धव्या फुल्ल चान्न्यांत धर्तरी न्हाताली. मळबांत चंद्रीम नखेत्रां वांगडा आटिफाटीनी खेळटालो. आंगणाच्या पेल्यान रातराणयेचो रूख फुलिल्लो. त्या वासान तुळशीचें मथें अवचित धुंद जालें. तें उठून आंगणांत आयलें. चान्न्यांत न्हालें. रातराणयेचो वास माळ्ळो. ताचो चंद्रीम पडवेवेल्या सोंप्यार न्हिदिल्लो. आडवी उदारी कूस परतितालो. ताचो धुंदी देंवतेक लागिल्ली.

चान्न्याची पसय बाबल्यामेरेन पावताली. ताची भरदार छाती आनी पिळदार मांडयानी तुळशीचें मन ओडून घेतलें. ताच्या काळजा थोके भराभर वाडत वचूंक लागले.

अवचित तुळशीचे तकलेंत एक धुंदी चडली. तें धांवत गेलें. सोंप्यार न्हिदिल्ल्या बाबल्याक ताणें वेंग माल्ली.

बाबल्याची धूंद देंवत अयिल्ली. तो पुराय जागो जालो. ताणें हात फुडें करून तुळशीक लागीं ओडून घेतलें.

एक धुंदी देंविल्ली, दुसरी चडत वताली.

* * *

३.

मुज गडगडली

मायाचे दीस. बारा तारीख. बारा वरां जावन तेरा मिनटां जालीं. 'कुर्यात बटोमंगलम' माटवांतल्या लोकांनीं हातांत उरिल्ल्यो सगल्यो अक्षता मुंजाच्या कपलार शेंवटिल्यो. मागीर पांच मिनटां फोगोटयांचो कडकड जालो. तातूंत गर्नेल 'ठो' 'ठो' करून फुटूंक लागले. मागीर माटवभर तरांतरांच्या उतरांनी भल्लेलो आवाज लॉवडस्पिकरावेल्यान झाडां-पेडां हुपीत गांवभर शेनाय लावन सांगत गेलो. येसवंत शेटीगेर मुंज गडगडटा.

"साखर वाटांत साखर."

"प्लेटी घेयात प्लेटी."

"बाटल्यो फोडात बाटल्यो."

एकटो दुसऱ्याक वोर्द दितालो . . . , दुसरो तिसऱ्याक... तिसरो चौथ्याक . . कोठये कुडीपासून माटवाच्या लोकांमेरेन लायन लागली. येसवंत शेट उठून गर्दींत घोसोळ घालूंक लागलो.

"हां सुसेगाद... हाका दी ताका दी... बायलो बायलांक दियात . . . दादले दादल्यांक . . ."

पटापट प्लेटी पावल्यो. . .फसाफस बाटल्यो फुटल्यो. . .दर एकल्याच्या हातांत प्लेट आनी बाटली. . . कदेलांनी बशिल्लीं तोंडां शेव चिवडयाचो भड्डो करूंक लागलीं. बटाटवडयांचो, दाडांपोनच्यान "चिक चिक" असो आवाज

येवंक लागलो. लाडवांचो पिठो गळ्यासकल देवयतना सरबत 'गुळूक गुळूक' जावंक लागलें. भितल्या भितर दादल्यांनी बायलांक, बायलांनी दादल्याक, चलयांनी चल्यांक कितले पावठ आनी कितल्यो बखानी माल्ल्यो. पुण कोण कोणाचेर राग काडूंक गेलीं ना. सगल्यांचे धेय एकूच—मुंज गडगडीत जावंक जाय.

पितांबर न्हेसून पामरी गुठलांवन भायर भीतर पासयो मारीत आपल्या चल्याचो मुंजी दबाजो बरेभशेन जाता हे पळोवन येसवंत धादोशी जालो. सोयऱ्याधायऱ्यांक तकली बावगोन हात जोडून ताणें 'बरो मूं' अशा अर्थाची मोनी वासपूस केली. मागीर एका फाटल्यान एक ढेंकर सुटले . . . लोक उठले . . . मुंज्याकडे वचपाक नंबर लागलो. कोणें बोल्सांतल्यान कवरां . . . कोणे पोतयेंतल्यान रंगीत पेपरांतलो गुठलावन हाडिल्लीं आयदनां भायर काडलीं. मुंज्या भोंवतणी लोकांचो किल्लो उबो जालो. खिणा खिणांक अहेराची रास उंचाय घेताली. तसो बारा वर्सांचो मुंजो तातूंत लिपत गेलो. इतलो वेळ बाबूभट मुंज्याफुडयां बसून आशिल्लो. प्लेटीचे आनी बाटलेची वाट पळयत. पुण आतां लोक ताका धुकलून, आपटून, दांग मारून लेगीत फुडें वताले आतां आपली धडगत ना हे वळखून तो कोणाल्या तरी दांगेपोनच्यान वाट काडीत गर्दी कापीत एकदांचो माटवांतल्यान भायर पडलो.

कशें हें वरभर तरी चलतां प्लेटो, भेटी आनी फोटे म्हळ्यार वरभर वतलेंच. तोवेळमेरेन कितें करपाचें ? बाबुभटान खाकेतल्या अंतरपाटान आंगावेल्यो अक्षता फापुडल्यो. घामान पचपचीत जाल्लें आंग पुसलें आनी धडधडटें काळीज घेवन माटवांत एके कुशीन कदेलार दामून दिलें.

धडधडटें काळीज आजून थीर जावंक ना. येसवंतागेर मुंज थारतपासून ताचे कुरसांव धडधडूंक लागिल्लें. कुरसावांचे कितें आशिल्लें म्हणून न्हय. कोणाकूय नाटकांत पार्ट घेवन स्टेजेर चडटना जाता तातूंतले आशिल्लें तें.

मानाप्रमाण नाटकांत विनोदाचें काम करपी पार्टयांचेर एकदम धैर्यधर करचो तसो तो आयची मुंज संपादपाक आयिल्लो. म्हणचे मारून मुठकून कोणीं तरी ताका वैज केल्लो

मुंज पार पाडप म्हणचे सादेंसुदें काम न्हय. कितलेशेच सामान लागता. शिवाय मान भौमान, केन्ना कोणाक, ताजेर हजरजबाबी उलोणीं उप्रासीत प्रस्नाक शास्त्राच्या आकारासंत निर्णय दिवप, भारदस्त वागणूक आनी व्यवहारिक रीत, नीत नेम अशा कितल्याश्याच गुणांनी भरिल्लो संपादक मुंजीक जाय. पुण बाबू दिसपाक वामनमुर्ती. अणभवाची गांठ ना. मुंजीचो गंध ना. ताज्या स्वतःच्या मुंजीची याद लेगीत केन्नाच व्हांवन गेल्ली.

बाबून पुरेत सदूमामांक सांगिल्लें—म्हाका मुंज संपादप जमचे ना. पुरेतूय तें जाणून आशिल्लो. पुण येसवंत शेटीनूच तो प्रसंग हाडलो.

त्या दिसा पुरेत सदूमामागेर तेराकेचो डाव मांडिल्लो ... वांगडी सदांचेच घरचे कशे. सकाळचीं भटपणां करचीं दनपरां भूस मारचो सांजचें इस्पिक बडोवचे, कुशीन बाबुन पुस्तक घेवन संथा म्हणपाक बसपाचे. पुण लक्ष खेळार. पुरेताचे लक्ष बाबूचेर पावले जाल्यार ताका एकाद्या चरणाचीं संथा दिवपाची. खेळ रंगार आयलो म्हणचे तीय ना. आजूय तशेंच. बाबू सत्यनारायणाचे कथेचें पुस्तक घेवन बशिल्लो. आनी तेवटेन खेळ रंगार आयिल्लो.

"गुरुर्ब्रम्हा गुर्रुविष्णु" –

म्हणून बाबू थांबिल्लो ... इतल्ल्यान 'पुरेतमाम, पुरेतमाम' म्हणून उल्ले मारीत येसवंत शेट येवन दारांत उबो रावलो.

पुरेत सदूमाम डाव सोडून उठलो. येसवंत म्हळचार बडे प्रस्थ ... म्हणचे दुडवांनी. पुरेतान येवकार दिवन ताका वदेलार बसयलो.

"पुरेतमाम, हांव बोवाळार आसा. म्हगटकूच चड वेळ घेना ..."

येसवंत शेटीन जुदींतलीं भुजां हालयत म्हळे ...!

"सांग कितें वोर्द ?"

"पुरेतमाम, मे म्हयन्याचे बारा तारखेक चल्याची म्हणचे मधुची मुंज करपाची ठरयल्या ... आकजांव गडगंज जातलो. सामान खर्चाची पर्वा ना. पुण जानव्या पोड तुज्या हातान चल्याच्या गळयाक पडूंक जाय."

"बारा तारीक. मायाची ... म्हणचे तेकली ... परां !"

"हय. म्हणचे कितें जालें ... फाटीं तुका विचारून गेल्लो. मागीर उल्ली म्हणचे उल्लीच ती."

"आरे, पुण तुवे आठ दीस पयलीं कळोवपाचें ..."

"कित्याक ... ?"

"बारा तारीख हाऊसफुल्ल आसा !"

"कशें जातलें तर ?"

"मुंज फुडे धुकळ ..."

"चे ... चे आमगेली सगली तयारी जाली. व्होंवळीको छापून वांटल्यो. माटव शिंगाल्लो ... मिठाय केली ... चणे-मूग लेगीत फुगत घाले. लॉवडस्पीकराक ॲडव्हान्स दिले ..."

"बरे केलें. म्हणचे सगल्यांत निमाणी याद पुरेताची"

"म्हणचे म्हजो रकाद तुका मेळुंना ?"

येसवंतालें बंडल.

"ना."

"जांव. कितें करतलो ... ? पुरेतान ना म्हणून कशे जातलें ?"

"आरे, पुण म्हाका आनी चार मुंजी आसात ... म्हजेकडे चार भट आसात ते

बुक जाले. शिवाय त्याच दिसा एकल्यालो बारसो आनी दुसऱ्यालो बारावो आसा. तातूंत कोणूय सोंपलो – "

" पुरेतमाम, अभद्र नाका उलोवं...पुण म्हज्या मधूक जानवे घालपाक तूं जायच... "

" चे. कशे जातले आतां... "

पुरेतान माथें बुडोल्लें. दोन-चार पासयो माल्ल्यो...आपल्याक आपुणूच किते विचारतां. आपुणूच जाब दितां अशे तरेकवार भाव पुरेताच्या तोंडार उदेले, अस्तमेक गेले. इस्पीक वांटून बशिल्ले भिडू तेवटेन वाट पळयताले. बाबू सत्यकथा उगडून मंत्र गुरुमुख करपाची वाट पळयतालो.

" बरें. किते जाता ते जांव. तुका भट धाडटा. हांव फाटल्यान येतां. करूया तुगेली मुंज. "

" म्हगेलीं न्हय म्हज्या चल्याची. "

येसवंत खुशालभरीत जावन खतखतून हांसलो. मागीर सगलेच हांसले... येसवंत उठलो,

" हां आनी ऐक. तूं कोणांकूय धाड पुण आमची मुंज " वेदोक्त " जावं जाय हां... ! "

" बरे . . . बरे चल तूं पावलें म्हजेर ! पुरेतान उतर दिलें. "

पुरेतान भिडूंक सांगलें . . .

" इस्पीक कवळात ते . . . आनी बाबू, तुजे नैमिशारण्य गुठलो कुर्कुटां दवर आनी फोल पेन घेवन यो. "

" कित्याक ? "

बाबून भीत भीत विचाल्लें.

" कुंयकुंय किते करता रे ? परंच्या मुंज ठल्या येसवंतागेर तूं नकळ ? तुका आतां मुंज शिकयतां . . . "

" मुंज ? "

किंकोत गुन्यावांक फाशीची ख्यास्त फर्मोवची तशें पुरेताची उतरां आयकून बाबुच्या काळजांत 'धस्स' जालें.

" येदी व्होडली मुंज . . . व्हडलो दबाजो . . . वेदोक्त ते . . ! हांव मंत्र नकळ तंत्र नकळो. . . "

" भियों नाका. आमगेल्या सगल्या यजमानांक मंत्र कळना. तंत्र कळटा. तितले बरोन घे. . .चार मंगलाष्टकां धडधडीत पाठ करून मायकावेल्यान शेवटून दी. . . परतून परतून हाताक हात लाय म्हणून सांग. . .मदीं मदीं उरफाटीं सुरफाटीं बसय. . .आनी तूं जेन्ना मंत्र म्हणटलो तेन्ना घांट वाजयत राव. . .म्हणचे सगले येथोवन जावन वतलें. "

पुरेताच्या ह्या भाषणाचेर हांशाचीं नारगां पेटलीं
" सदूमामा, म्हाका खरेलोच धीर जायना. "
बाबू काकुळतेक आयलो.
" नाटकांत पार्ट करतना स्टेजीर चडपा पयलीं अशेंच जाता. पुण नाटक सुरू जालें म्हणचे हांव वोगीच भितालों अशे दिसता. तशें तुजें जातलें. "
" पुण. . . ? "
" आज आनी फाल्यां तुका मुंजीची येसाय. चल हाड फोल–पेन. "

पुरेतान बरोवन दिल्ले मुंजीचे वेळेरेची फोल बोल्सांत दवरून बाबून येसवंत शेटीच्या माटवांत पावल दवल्लें . . . सगलो माटव बेफेत शिंगारिल्लो. लायटीचो चकचक. . .लॉवडस्पीकराचो धडधड. . ., सोयऱ्या धायऱ्यांचो बोवाळ. . .बाबून काळजाक हात लावन पळयलो. . . धडधडूं नाका तूं. . .म्हळयारूय धडधड थांब नासली.

बाबूक पळयनाफुडें भटुर्गो–भटुर्गो म्हणत कांय जाणांनीं बोवाळ घालो. तितल्यांत गुळगुळीत धोंदार आनी नाकापासून तकलेमेरेन नामां ओडिल्लो येसवंत शेट तार्कतिकेन भायर आयलो. . .तो उंची पितांबर न्हेशिल्लो. आनी पामरी पांगुल्लेली. ताणें बाबूक पायाच्या नाखटापासून केसांच्या तोकामेरेन पळयलो आनी आंबट तोंड करून म्हळें,
" सगले सोडून तुका धाडला रे ? "
" हय. नाका जाल्यार वतां. "
" वता खंय ? मुंज कळटा मरे तुका ? "
बाबून उश्णें अवसान हाडून म्हळें,
" कळटा म्हणचे ? पळयशी तू "
" बरें तें नाका, आमगेली मुंज सामकी गडगडूं जाय हां ! "
" तूं काळजी करूं नाका ! 'न भूतो न भविश्यति' अशें करून दाखयतां. . . "
बाबून काळीज दामीत म्हळें.

बाबून सामान घेवन पुण्यवचन मांडले. . .पुरेतान बरोवन दिल्ले वळेरेप्रमाण एक एक काम करीत रावलो. पुण्यवचन केलें. मंडपदेवता दवल्ली. मुंज्याक तेल, हळद लायली. म्हाल्या फुडच्यां बसोन बोड तासून घेतलें, आवयचे मांडयेर बसोन उष्टावळ केली. आनी येसवंताफुडे मुंज्याक बसोन 'कुर्यात बटोर्मंगलम ' इतल्यार पावयलें. . .फोटोग्राफरान हें सगले आपल्या कॅमेऱ्यांत बंदिस्त केले. बाबून बोल्सांतली फोल काडून पळयली. चडशे तंत्र जाल्ले. . .थोडेशे उल्लां. . .प्लेटीची आनी बाटलेची वाट पळोवन निमाणे ताणें कदेलार बसला थंय दोळे धांपून घेतले . . .मनांत म्हळें, इल्लो माथ्यावेलो शीण तरी देंवोवंया.

कितलो वेळ गेलो कळ्ळें ना. येसवंतान बाबूक खांद्याक धरून हालयत म्हळें,

"आरे तूं हांगा बसला ? सगल्याक सोदतात. चल आटप बेगीन. पत्रावळी वडोवपाक जाय."

बाबुभटान दोळे कुस्कुरीत बोल्सांतले चिटीचेर नदर मात्ली. होम पेटोवप, भगवें वस्त्र मुंज्याक गुठलावप, समिधा जाळप, कमराक मुंज बांदप, दंडकष्ठ दिवप आनी खांकेक झोळी लावन मुंजाक काशियात्रेक धाडप...

कामाचें विमान धावंक लागलें...यजमान, यजमानीण, मुंजो आनी भटमाम चरचरीत कामाक लागले.. यजमानाचें लक्ष, कोण जेवण कडसूंक पळयता ताका 'राव राव जेवण करून वच' म्हणपाचें. यजमानीन फक्त शालू आनी आंगावेले मांगर सारकें करून वेगवेगळे हावभाव करीत फुड्चां येत तिच्या कानांत फुतफुतत आशिल्ली. मुंजाचो मामा परत परत येवन काशियात्रेची चौकशी करतालो. रांदपी जेवण निवता म्हणून सुचयत आशिल्लो...जेवणाक बशिल्ले आशेन भितल्ल्यान पत्रावळीची वाट पळय जिबल्यो वोंठावेल्यान भोंवडयताले. भटपणाचेर लक्षूच ना. बाबूभटान ताडलें. अर्ध्या वरा भीतर वळेरेप्रमाण सगल्यो खुमो पार पाडल्यो...मुंज जाल्ली जाली तो काशियात्रेक चल्लो, म्हणून झोळी दिवन मुंजाक म्हळें-

"भवति भिक्षां देही अशे म्हणत सगल्यांफुडचांत वच..."

"पयलीं आज्याकडे."

येसवंत शेटीन सुचयले.

"आनी ताका मंत्र म्हणूंक लाय."

"बरें आसा."

बाबुभटान मुंज्याक हाताक धल्लो आनी आज्या म्हून्यांत उबो केलो. आनी मुंजाक सांगले

"म्हण भवति भिक्षां देही."

आज्यान बोल्सांत हात घालून धा रुपयांची नोट भायर काडली आनी नातवाक विचाल्लें-

"मुंज जाली मरे ? पळोवया जानवें, त्याबगर भीक ना."

मुंज्यान गळ्याकडे हात व्हेलो.. आनी आज्याकडेन पळयलें...आज्यान वोक्लांतल्यान तिरकस नदर मात्ली

"किते रें जानवें ना...?"

मुंज्यान भटमामाल्या तोंडाक पळयलें...भटमामाक शेळो घाम सुटलो.

"जानवें ना, जानवें ना."

भुरगीं ताळयो मारीत नाचलीं.

"कितें जानवें ना ?"

येसवंत शेट फुडें आयलो ...यजमान्नीन म्हळें,

" ना. "

कितल्याशा लोकांनी येवन विचारचें ' जानवें ना जालें' . . . ही जाप. बाबुभट भुयेक घट जालो. गची धल्ली. .जण एकलो येवन विचारता,

" बाबुभट जानव्याशिवाय कसली मुंज केली ? "

कांय जाणांनी आंगार हात घालून विचारपाक सुरवात केली.

येसवंतान आनी ताचे बायलेन आकांत केलो. . .

" येदी मुंज केली फुकट गेली. . . "

वातावरण तापत गेलें. . .येसवंताच्या सैन्यांतलो एकेक शिपाय बाबुभटाच्या कानाकडे उतरांचो मारो करूंक लागलो. . .चूक जाल्ली. . .पुण ती आयकून घेवपाचे मनस्थितींत कोण नाशिल्लो. ताणे चूक मागपाक तोंड उगडच्या पयलीं. . . दुसऱ्यालो प्रस्न. . .तूं भट काय कोण ? चौथ्यालो, शितितार आसा मरे काय थुंवला. . . ? एक लॉवडस्पीकर थांबलो आनी कितलींशींच तोंडां कडकडूंक लागलीं. येसवंत भार आयिल्ल्याभशेन माटवभर नाचूंक लागलो. आतां बाबूक कोण, कोण खांदाक धुकळूं लागले. प्रस्नाचे बाण सोंसप बाबूक सोसपा जालेंना. ताणे संद पळैली आनी गर्दी कापीत थेट घरची वाट धल्ली...

"आरे गेलो, पळळो. . आडयात ताका. "

बोवाळ जालो.

" वचूं दी. गाडी घेवन घरा वचूंया आनी पुरेतमामाक जाब विचारूंया. "

येसवंतान दांतओठ चाबून उतरां काडलीं. . .तितलीं धांवतां धांवतां बाबूच्या कानार पडलीं. . .

पुडवे वयर खोवन बाबू उगडो धांवत घरा येता ते पळवन पुरेताल्या मनांत पाल्ल चुकचुकली. . .कितेंय तरी लचांड घेवन आयलो.

बाबू घरांत येवन दोळे धांपून ठार पडलो. . .सगलें आंग खतखत्तालें. घामाच्यो पांवळयो व्हांवताल्यो.

" किते जालां बाबू ? "

पुरेतान तीन चार खेप विचाल्लें. पुण बाबुली दांतखीळ सुटना. पुरेत धांवत घरांत गेलो. . .तांबयोभर उदक हाडलें. चार खेप पचपचीत तोंडार माल्लें. पेलो भरून तोंडाक लायलो. चार घोंट पोटांत गेल्या उप्रांत बाबून दोळे उगडले आनी म्हळें,

"पुरेतमाम, घात जालो. ते सगले म्हज्या फाटल्यान लागल्या. आतां पांच मिनटांत गाडयेन हांगा पावपाचे आसा. "

बाबून उलयताना धापेतालो.

बाबून मुंजीत कितेय तरी घुस्पागंदळ केलो. पुरेतान मनांत गांठ माल्ली. . .

" ते येवंदी. भियो नाका. कितें जालां ? "

"सगली मुंज पार पाडली. पुण हांवे जानवें घालूना. त्याखातीर ते सगले खुबाळ्या. हांव जीव घेवन आयलों म्हणून सुटलों. आनी आतां जितो उल्लों तरी लोकांक तोंड दाखोवपाक जागो ना. . .हांव तुका सांगतालो. . .म्हाका मुंज जमपाची ना म्हणून. पुण तुवे फोर्सार केलो आनी. . ."

"पुरो. आरे बाबू, मुंज बांदतात ती जानवें घालपाखातीर. . .इतलेंय तुका खबर ना? सामको येंडो मरे तूं."

पुरेतान तिडकत म्हळें.

"पुण पुरेतमाम, तुजे वळेरेंत जानवें घालपाचें कलमूच ना. मागीर म्हजो कितें गुन्याव?"

"पळोया वळेरी..."

पुरेतान वळेरी चाळून पळयली. खरेंच. वळेरेंत जानव्याचें नांवूच नाशिल्लें.

पुरेतान कपलार हात मारुन घेतलो . . .!

"बरें उठ तूं. भीतर वच आनी जेवपाक बस."

पुरेतान सांगले.

"ते आतां येतलेच हांगा . . ."

"येवं दी. तूं भियेंव नाका. तुवें जानवें घालें ना तें बरें केलें. ते आयले जाल्यार तांका हांव जाप दितां . . ."

बाबू भितर वचपाक दारांत गाडयेचो व्होर्न . . . चौग–पांच सकल देंवले. तरतरीत पुरेता घरांत भितर सल्ले. खासा येसवंत पितांबरांत आशिल्लो. . . कांय जाण पुडव्या बानयेनांत. . .

पुरेतान येयात–बसात अशें म्हणचे पयलीं येसवंतान तिडकून विचाल्लें

"तुवें आमगेर धाडिल्लो तो भट काय कोण?"

"आरे यजमाना, कितें जालां?"

पुरेतान विचाल्लें.

"कितें जाला काय विचारता? तुवें धाडिल्लो भट पावना घरा?"

येवन जेवणाक बसला. पुरेतान थंडायेन सांगलें.

"कितें केलें ताणे? उजो घातलो माटवाक. . .?"

"येदी व्होडली आमी मुंज केली. . .उदकासारके दुडू मोडल्ले. . .पुण पुण x x x गेलें सगलें!"

येसवंत फसाफस रडूंक लागलो.

पुरेतान आवाज देवयलो आनी थंडसाणीन येसवंतांक विचाल्लें –

"आरे कितें जालां तें सांग. . .हांव समर्थ आसा!"

"सगली मुंज बरी केली ताणें. . .पुण निमाणे मेरेन ताणें मुंजाक जानवें घालें ना. . .मुंज फुकट गेली. . .फुकट!"

येसवंत.

पुरेतान पोट धरून पोटभर हांसून घेतलें आनी तांकां विचाल्लें –

"तुमी इतले आबूज कित्याक जाल्यात ?"

"म्हणचे आमचे मुंजिचें इतलें थतरबितर जालें आनी तूं हांसता ?"

"हय. ताणें जुस्ताजुस्त केलां."

"जानवें घालिना ती मुंज ?"

"तुवें त्या दिसा म्हाका कितें सांगिल्लें ? पुरेताच्या हातान जानव्या पोड म्हज्या चल्याच्या गळयांत पडूंक जाय !"

"हय. म्हणिल्लें हांवें"

"मागीर हावें कोणाक धाडिल्लो ? भटाक भट म्हणचे पुरेत न्हय. पुरेताचो कारभारी. . .ताका हांवेंच जानवें घालूं नाका म्हणून सांगिल्लें. . .कारण ?"

"? ? ?"

"ताका जानवें घालपाचो अधिकार ना. यः पूरं हितं कोरति सः पुरोहितः ! जानवें घालपाचो अधिकार म्हजो. आनी तें घालपाक हांव येवपाक भायर सरतालों, ते तुमी पयलींच हांगा धुमाकुळ घालपाक आयले."

पुरेताचीं उतरां मुदयेर थीक कशीं बसलीं. चवताळिल्ले दैवज्ञ ब्राह्मण शांत जाले. 'आपलींच पिशेपणां जालीं' शितापयलीं मीठ खालें अशीं तोंडां जालीं आयिल्ल्यांची.

पुरेत तांबडेरूंद देगेचें पुडवें भायर काडून न्हेसले. शेदाचो मोतया रंगाचो सदरो घालो. वयल्यान जरी देगेची उपरणी पांगुल्ली. . .माथ्याक तांबडो फेटो बांदलो आनी मारवाडी व्हाणो घालून धीर गंभीर झेतांत येसवंताचे गाडयेंत येवन बसलो. . .भटाची चाडी करपाक आयिल्ले मोन्यानीं वचून गाडयेंत बसले.

गाडी येसवंताच्या दारांत पावली. . .सगलीं तोंडा सुतकावरी जालीं. कोणूच उलयलो ना. पुरेत नीट माटवांत गेलो. येसवंताक, ताचे बायलेक आनी चल्याक पाटार बसयलीं. जानवें आपणे हातांत घेतलें आनी मुंजाक सांगले–

"म्हण. .यज्ञोपवीतं परमं पवित्रं. . ."

आनी आपल्या हातान जानवें मुंज्याच्या गळयांत ठोकून दिलें.

सगल्यांच्या तोंडार एक अनवळखी चमकाय उदेली. पुरेतान विचाल्लें –

"येसवंत मुंज कशी जाली ?"

"बेफेत. एकदम गडगडली !"

अशें म्हणून येसवंत खुशालकायेन हांसलो.

※※※

४.

गेले ते दीस....!

रात वाडत वताली तसो पोरांचो कलकलाट चडत वतालो. कांय पोरां धोलकीं बडोवन डबक् डबक् आवाज काडटालीं. ताच्याच वांगडा कांसाळयांची झिगचे झिगय उसळटाली. कांय वेळाउप्रांत मारांद फडफडले...पार्वती पुते हर हर म्हाऽऽ देवचो सूर मळबाचो थाव घेवपाक गेलो आनी नरकासुराचो बाबलो शबै घालूंक लागलो. भोंवतणी जमिल्ल्या पोरांनीं ताळयो पेटून किलांटी मारून आनी वाकडचो तिकड्यो उडयो मारून फुगिल्ले खोशयेक वाट मेकळी करून दिली.

वयल्या वाडयार सजयल्लो नरकासूर सकल्या वाडयार येंवक लागलो. मिरवणुकीन.

अितलो वेळ अधीरतायेन वाट पळोवपी प्रसाद फुडल्या दारांतल्यान धांवत मधुच्या फुडयांत गेलो आनी ताणें बापायचो हात ओडीत म्हळें,

"बाप्पा, तो पळय नरकासूर येता. आमी वचूंया पळोवपाक !"

"पिशा, भायर दंव पडला. दंव खावन थंडी जाली जाल्यार ! आमकां नाका तो नरकासूर."

"बाप्पा, अितलींय भुरगीं नाचतात दंवांत; तांकां जांवची ना थंडी ?"

"आरे, तांचे आवय बापूय घेत तांची काळजी. आमकां कितें ?"

"आनी बाप्पा, पोरूं व्हेलो नाशिल्लो तुवें म्हाका नरकासूर पळोवपाक तेन्ना खंय जाली म्हाका थंडी ?"

पशान विचाल्लें. ताचेर मधून मात्शें तापून म्हळें,

"पोरूंचें कितेंच सांगूं नाका तूं. ते दीस गेले. चल बस थंड !"

मधुचो धेंगसो पडनाफुडें प्रसाद सुमतीसरीं गेलो आनी हुंडक्या हुंडक्यानीं रडत म्हणूंक लागलो –

"आई, तूं तरी व्हर गे म्हाका नरकासूर दाखोवपाक."

सुमतीच्यान पोराची काकळूत पळों नज जाली. तिणें म्हळें,

"हांव दाखयतां तुका नरकासूर. पुण फुडें वचपाचें ना. त्या गोयंडचाकडे उबें रावपाचें आनी नरकासूर पळोवन रोकडेंच परतून येवपाचें."

"बरें आई !"

"चल तर !"

दोगांय गोयंडचाकडे आयलीं.

रस्त्यावेल्यान नरकासुराची मिरवणूक वताली. जाणटे मनीस लेगीत पोरांचे उमेदीन नाचताले. मधेकाक पेट्रोलमेक्साच्या उजवाडांत अगडबंब नरकासूर धोलतालो तांबडयागुंज दोळयांचो, माजराचे शेपटयेचो, मिशांचो. वेतभर जीब वोंठांचेर लोमकळटा. असो.

ताका पळयनाफुडें प्रसादान किलांट माल्ली. ताच्या काळजांत कांपरें भल्लें. ताणें आवयक म्हळें,

"आई, आमी घरांत या."

"कित्याक रे ?"

"म्हाका भंय दिसता."

"कसलें भंय ?"

"खूबूच मातला तो नरकासूर. आमकां खातलो !"

"चल तर. या आमी."

पशाक घेवन सुमती घरांत परतली. पशाचें सकाळच्यान सूरू आशिल्लें टुण्टुणें परतें चालू जालें.

"आई, अनूं तुमी फोग हाडूंक ना. मारान हाडूंक ना. आमगेर दिवाळी ना गे?"

पशाच्या विचारपान सुमतिच्या काळजांत कळवळें. परत परत तीच जाप दिवन ती वाजेल्ली. आनी पशान तर सामकीच फाट घेतिल्ली...

"आमगेर दिवाळी कित्याक ना ?"

सुमती हे खेपे वोगीच रावली.

"त्या विनूगेर मगे कितल्या तरांचो फोग हाडला. कितल्या तरांचीं खाणां केल्यां... घरभर पंटचो मांडून दवल्ल्यात. नरकासुराक माल्ल्याउप्रांत पेटयतलीं खंय तीं !"

"चल, आतां रात जाली... न्हिदपाचें आसा न्हय तुकां ?"

सुमतीन विचाल्लें.

सुमतीन प्रसादाक हांतुणाचेर न्हिदयलो. पुण बरोच वेळ ताका न्हीद लागलीना तो परतें परतें येवजितालो. पोरूं आमी दिवाळेक कितली मजा केल्ली. पुण अनूं कितेंच ना. विचालें जाल्यार बाप्पा तापता. आई उलोवणें परतिता. कितें कांयच कळना... येवजितां येवजितां प्रसाद न्हिदलो. आनी उप्रांत सुमती !

मध्यान रात परतली. अुमाशेचो काळोख दाटिल्लो. पयस खयींतरी धोलक्याचो आवाज नरकासुराची मिरवणुक वचपाची जाणीव दितालो. हाच्याशिवाय सगल्याक शांत आशिल्लें. मदींच अेकादो रातकिडो किर्रऽऽ करून शांततायेचो भंग करपाचो यत्न करतालो, अितलेंच !

मधू घराचे फुडले पडवेर अेका पोन्न्या वल्तेरार बसून येवजितालो. गेल्ले दीस...गेल्ले प्रसंग, गेल्ल्यो यादी ! कितल्योतरी सुख दुखांच्यो चट्टयो देंवत्यो. आनी कितल्यो तरी आस्त निरास्तेच्यो भरत्यो सुकत्यो.

मधुचो जल्म त्याच घरांत जालो. पन्नास वर्सां पयलीं. तेन्ना हें घर कितलें तरी व्होड आशिल्लें. घर व्होड तशें कुटंबूय व्होड... घरांत पांच पंचवीस मनशां. जमीन जुमल्याचें उत्पन्न भरपूर. वर्सभर घर दाण्यागोटयांन भरिल्लें आसपाचें. भागेली मगशेती येवपाचे. कोण भात, कोण सुपारी, तर कोण नाल्ल घेवन आयल्या ऊप्रांत जेवण खाण, च्या ऊदक घेवन, घराण्याक बरें मागून वचपाचे.

चवथ–दिवाळी आयली म्हणचे विचारूं नाका. नवरात्रांत देवळांत हुमकाळायतात तेदचा मखरांत गणपती बसपाचो. गणपती मुखार भागेल्यानी हाडून दिल्ल्या फर्माशेन माटोळी गच्च भरताली. कितले घड, कितलीं शिपटीं, कितल्यो पेंडी. पांच दीस उत्सव चलतालो. निमाण्या दिसा आरती सोंपसर कोंब्यान साद घालपाचो. दिवाळी म्हणचे चवथीचेर ताण. रातभर नरकासुराचो बोवाळ. फांतोटेर घरभर पंटचांची आरास. जे पडवेर मधू आतां बशिल्लो थंय. घरांतल्या सवायशिणीनीं पाट मांडपाचे. रांगोळयो घालपाच्यो. दादल्यांक आरती ओवाळपाच्यो आनी मागीर भागेल्यानीं घराच्या मालक मंडळीक तेल रगडपाचें. मनशांवांगडा सगली पडवी तेलान न्हावन वचपाची. मौज मस्कऱ्यांक रंग चडपाचो. दीस कोंडोभर वैर आयलो म्हणचे फोवांच्यो पंगती बसपाच्यो. आगरो! चार पांच तरांचे फोव. चारपांच तरांची खाणां. आगऱ्याचेर दीसभर सोयरे धायरे, शेजारा पाजारी येवपाचे. तोंड गोड करून वचपाचे.

पुण काळाक हो उत्कर्ष सहन जालो ना. घराचे वांशे फिल्ले म्हणचे घर फिरता अशें म्हंटात. घराण्याचो कर्तो मनीस व्यसनी जालो. जुगारान घर धुवन व्हेलें. गिरेस्तकाय सोंपली. जमीन सावकारान फुक्या मोलान गिळ्ळी. घरांतली मंडळी पोटाफाटल्यान धाय दिशांनीं गेली आनी अेक दीस घराच्या पाख्यान मुयेंचो थाव घेतलो आनी हें सगलें पळोवपाक घरांत उल्लो तो मधू आनी लग्न

जावन निकतीच घरांत हाडिल्ली ताची बायल सुमती !

घराचो अेक कोणसो धरून ताणीं आपलें बिराड थाटिल्लें. मळब कोसळ्ळें तरी जांटयांचो वारसो सोडचों ना या अभिमानान.

मधूक ना शिक्षण ना सिरविस. पोट चलपाचें कशें ?

दोगानीं मेळून पापडांचो धंदो सुरू केलो. सुमतीन पापड लाटपाचे आनी मधून दिसभर फिरून ते विकपाचे.

ल्हवू ल्हवू धंद्याचो जम बसलो. गिरायकी वाडत गेली. सुमती आपल्या हाताखाल आनी अेक दोगां कामेरीं घेवन काम करूंक लागली. मधून बऱ्यो बऱ्यो वळखी करून घेतल्यो. नवीं नवीं गिरायकां मेळूंक लागलीं. धंद्याक तेजी आयली. संसाराचो खर्च भागून चार पैशे गांठीक उरूंक लागले. थोडचा तेपान सुमतीच्या आंगार अेक दोन भांगराच्यो वस्ती आयल्यो. घरा भोंवतीं मातयेभरवण जाल्यो वोसऱ्यो परत्यो उब्यो जाल्यो. घराक आयिल्ली मसणकळा वचून थंय जिणेचें नवें चैतन्य सजून आयलें.

गोंय स्वतंत्र जालें; गांवागावांनी बँको आयल्यो. मधून सेविंग खातें उघडलें. दुडू अेकठांय जांवक लागलो. पांच-पंचवीस हजारांची माया जाली. मधूक दिसलें. दुडू आज आसा फाल्यां ना. त्यापरस अेकादी जमीन घेवची. बरें उत्पन्न मेळत. म्हातारपणचो काळ सुखांत वचत.

आनी एक दीस मधून आपलो विचार सुमतीच्या कानार घालो.

"हें पळय सुमती, तुवें हे पापड लाटप आनी हावें ते विकप हें सदांच चलचें ना. आमी थोडी जमीन घेवया. म्हातारपणांत आदार जायत."

ताचेर सुमती हांसली.

"तुमकां म्हातारपणाचे येन्नाच दुवाळे जाले ?"

मधून एके अर्थपूर्ण नदरेन सुमतीकडे पळयलें; सुमती लजली. तिच्या लजपाचें कारण मधूक उमगलें; सुमतीक दीस गेल्ले.

मधून म्हळें,

"फकाणां न्हय. हावें आयकलां. दिवाडे एक शेत विकपाचें आसा. पंचवीस खांडी खंड. भाटकार तीस हजारांक दिवपाक तयार आसा."

"म्हाका कांय समजना...तुमका बरें दिसता तशें करात."

सुमतीन म्हळे.

मधून शेत पळयलें...दुकुमेंत तपासून घेतले. शेताचें मोल थल्लें आनी एक दीस विक्रीपत्र जावन शेत मधू-सुमती हांच्या नांवार जालें. त्याच अदमासाक सुमती बाळंत जाली. चलो जालो आंगवणेचो चलो. दोगांनींय मोठे उमेदीन चल्याचें नांव प्रसाद दवल्लें.

शेताचो पयलो खंड येवन मधुचे पडवेर पडलो. मातान उपाट भरिल्ले साक

घराच्या पारयाक तेंकले. धनलक्ष्मी धान्यलक्ष्मीच्या रुपान घरांत प्रगट जाल्ली. सुमतीन हळद कुकूम घालून धान्यलक्ष्मीचो भौमान केलो. भागेल्याक गोड उदक दिलें. गोडशाचें जेवण वाडलें. मधू-सुमतीचे खोशेक आज शीम मेर नाशिल्ली.

दुसऱ्या दिसा दोगांनीय जोडयान बसून सत्यनारायणाची पूजा केली. घरच्या भाताचो नेवेद देवाक दाखयलो. जांटयांक वाडी दवल्ली. वाडयाक जेवण घाळें. येतल्या वतल्यांकडल्यान मधू आनी सुमतीच्या कर्तुत्वाची तुस्त जांवक लागली. अभिनंदनाचो स्वीकार करतना फाट बावगून गेली.

त्या उप्रांत आयिल्ली पयली दिवाळी कितले उमेदिची आनी उर्बेभरीत. सुमतीन म्हळें –

"अनूं पसऱ्यावेले फोव नाका. घरचें भात आसा. भरपूर फोव कांडूया!"

पंधरा वर्सांपयलीं मोडून अडगळींत पडिल्ली लाठ सारखी जाली. चार दीस लाठीक थारो मेळ्ळो ना. शेजाऱ्नी येतां वतां सुमतीक म्हूंटाल्यो–

"आमकां आपयतली मगे फोव खांवक?"

सुमती म्हण्टाली –

"देवादयेन कांय उणें ना. पोटभर खांवया!"

आनी फाटलीं कांय वर्सां मर्गोळिल्ली दिवाळी नवी उर्बा घेवन मधुगेर उदेली.

मधून पयले राती प्रसादाक वयल्या वाडचार व्हरून नरकासूर शिंगारतना दाखयलो. त्या उप्रांत बापूय–पूत मिरवणुकीवांगडा भोंवन आयले. फांतोडेर नरकासूर म्हणून प्रसादान तुळशीकडे कारीट फोडलें. घरभर पंटचो पेटयल्यो. तरेतरेचो फोग लायलो. उजवटचार वासू, शेताचो भागेली आयलो. ताणें मधूक आनी प्रसादाक तेल लायलें. तेल रगडटना कातकुल्यो जावन पशा इतलों खुदखुदलो विचारूं नाका. उप्रांत आईन ताका न्हाणयलो. बाप्पान नवी मुस्तायकी चडयली. वास माथ्याक घालो. आनी मागीर देवाक दाखोवन सगल्यांनीं फोव खाले. घरच्या शेताचे. कष्ट काडून विकते घेतिल्लया शेताचे.

मधू–सुमती फोव खांवक अेकमेकामुखार बशिल्लीं. तांच्या दोळयांतल्यान उदक व्हांवतालें. आनंदाचें. खूप कष्ट काडले. त्रास सोसले ताचें सार्थक जाल्याच्या समाधानाचें!

शेजारी पाजारी आयले. फोव खावन गेले. दिवाळेचो आनंद दुपेटीन जालो. आपल्या ल्हानपणची दिवाळी अणभवल्याची थोडीभोव जायना मधूक अनुभूति मेळ्ळी.

दिवाळी जाली. शिमगो सोंपलो.

मिर्गाचे दीस लागीं आयले. शेतकामत्यानीं शेतांत जोतां धल्लीं. शेतांतले मातयेचे दिखळे परतले. पेपरांत खबर छापून आयली. सगलीं कुळां शेताचीं धनी

जालीं.

मधून खबर वाचली. पायांसकली जमीन दोशीं जावन आपुण मुयारांत पट्टा काय ताका जालें. मधून सुमतीक खबर वाचून सांगली. गळो सुकिल्लो. उतरां सारखीं फुटनाशिल्लीं. 'आवय गे ऽऽ सोपलीं आमी' अशें म्हणत सुमतीन भुंयेर बसकण मारली. मधू तकली दामून धरीत वल्तेरार लवंडल्लो.

बरोच वेळ कोण उलोयलोना. घरांतलें वातावरण सुतकी जाल्लें. घरांतलो कर्तो सवरतो मनीस सोंपतकूच जाता तशें !

"सरकारान कायदो केलो तरी वासू समजुतदार मनीस आसा. आमी पिरायभर पै–पैसो एकठांय करून शेत घेतलां हें तो जाणा. आमकां तो पाळो दिल्याबगर रांवचो ना."

सुमतीन आस्त पर्गटायली.

"देव करूं आनी वासूक बरी बुद्ध दिव."

मधून म्हळें.

आंतऱ्या पैऱ्यांन मधूगेर येवन च्या मारून वचपी वासू चार दीस जाले आयलो ना. घराकडे कोणूय बरें नासत म्हणून तो पावलो ना जातलो. मधूक दिसलें. अधीं मधीं कालवण जांव तोंडाक मागूंक येवपी वासूची बायलूय फिरकु ना. जमनीची मालकी मेळळ्याउप्रांत ताणें आमचो सबंध तोडलो जायत ? मधू विचारांत पडलो.

पंधरा दीस गेले तरी वासूची भेट जाली ना. एक दीस मधूक बाजारांतल्यान येतना वासू मेळळो. मधूक पळयनाफुडें ताणें तोंड फिरयलें. तरीपुण मधून ताका हटकिलो, 'हालीं खैरे ?' म्हणून विचाल्लें ! 'ना हालीं फावना' अितली वयल्यावयर जाप दिवन तो कडसलो. ताचें तें वागणें पळोवन मधू चडूच निशेंलो.

शेत पिकलें म्हणजे सदांभशेन वासू निरपाक येतलो 'भाटकारा शेत पिकलां लुंवीन म्हण्टां' अशें म्हणून नुस्त्याची गाथन घरांत पावयतलो. अशी एक पिशी आस्त मधुच्या मनात आशिल्ली. पुण ती फट जाली. एक दीस खबर मेळळी; वासून शेत लुंवलें आनी सगलें भात आपल्या घरा व्हेलें.

तरी पुण मधुक दिसतालें. सगलें ना जाल्यार थोडें तरी भात घेवन वासू येत ; निदान दिवाळेक फोवांपुरतें. पुण तीय आस्त पोल जाली.

मागीर एक दीस मधूच वासुगेर गेलो. त्या दिसा वासू भाताचें माप करतालो. पुण तें मधूक दिवपाक न्हय. गिरायकाक दिवपाक...

मधू वासुच्या दारांत उबो आशिल्लो. पुण वासू ताचेकडे उलयलो ना. परतें ताणें तोंड मात काळें केलें. मधून विचाल्लें

"कितें रे वासू तुवें आमकां सोडले ? "

"ना. हालीं फावच ना."

वासून सदांची जाप दिली.

अडीअडचणेच्या वेळार वासू मधुगेर येवपाचो, मधून ताका मदत करपाची, केन्ना पैशांची तर केन्ना आनी कसलीय. तो वासू दारांत गेल्या उप्रांत निदान बस तरी म्हूंटलो अशें मधूक दिशिल्लें. पुण वासून तितलेंय केलें ना. मधू निर्लज्ज्याभशेन थंयच उकुडचांनी सोंप्यार बसलो आनी म्हळें,

"अितले दीस तूं भात घेवन येत म्हणून वाट पळयली. निमाणो आयलों कितें जाला तें पळोवचें म्हणून."

"जातलें कितें? पेपरांनी सगलें छापलां कायद्याफुडें कोणाचें शाणेपण चलता?"

वासून जाप दिली.

"आरे, पुण तुजी अित्सा आसल्यार तुका भात घालपाक कायदो आडयना."

मधून म्हळें.

"पुण सगळ्या शेतकारानीं खंड घालूं ना. हांव कसो घालूं?"

वासून प्रस्न केलो.

"आरे, पुण बाकीच्या शेतमालकांभशेन हांव न्हय. म्हजो सगलो संवसार, बायलेच्यो वस्ती दागिने विकून हांवें शेत घेतलां. तुवें खंड दिलो ना जाल्यार फुडें कशें रे आमचें?"

मधून काकुळतेक येवन विचाल्लें.

"तें म्हाका कितें. सरकाराक विचार!"

वासून रोखांत जाप केली.

"तें सगलें खरें रे. पुण अिल्लो मनिसपणाचे नदरेन येवजून पळय."

मधून लाचारीच्या आवाजांत म्हटलें.

"हय पुण कायद्याफुडें कोण कितें करतलो?"

"तुवें भात घातलें ना जाल्यार उपाशी मरपाचो प्रसग येंतलो आमचेर!"

निर्लज्ज्याभशेन मधू उलयलो...

"कितें करूं हांव. म्हज्यान कायदो म्होडूं नज."

वासून आपली लटकी दुर्बळकाय उक्ती केली. जणू काय कायद्याचे तंतोतंत पालन करपी आपुणच.

"देव तुका बुद्ध दिता तशें कर."

अशें सांगून मधू घरा आयलो. सुमती दारांत उबी रावन वाट पळयताली. घोवाचो कष्टी चेरो पळोवन ती कितें तें समजली.

मधू वल्तेरार लंवडलो. दोगांचीय नदरा नदर जाली. मधूक भडभडून आयलें.

"सोपलें सगलें सुमती. आमचें भात गेलें आनी शेतूय गेलें. आतां मरपर्यंत तुवें पापड लाटपाचे आनी हावें जगार भोवन ते विकपाचे."

मधुच्या तोंडातल्यान उतरां फुटलीं त्या उतरांनी घायाळ जाल्ली सुमती जखमी जनावराप्रमाण रडूंक लागली.

ती दोगांय रडटालीं. कितलो तरी वेळ. कोण कोणाचो समजूत घालतलो ?

"आई."

भायल्यान पशाचो उलो आयकूंक आयलो. तशे दोगांनींय दोळे पुसले. तोंडार आडेचें हांशें हाडलें. शेजाऱ्यागेर भात उबेक लागलें. फोवाचे कांडप सुरू जालें. मधूगेर सगलें सामसूम. लाठ बेकार पडिल्ली. मधून सुमतीक सांगलें,

"अनूं भात आयलें ना तेन्ना दिवाळी मनोवपाची ना. दिवे लावपाचे ना. फोवूय खावप ना. कडकडीत उपास करपाचो. कायदो करणाऱ्यांच्या नांवान !"

सकाळच्यान प्रसाद शेजाऱ्यांगेर वचून येतालो. थंय कितें करतात तें पळोवन घरांत विचारतालो.

"आमगेर हें कित्याक ना ?"

ताका जाप दितना मधुच्या दोळ्यांमुखार फाटलो अेकेक प्रसंग येतालो आनी त्या उगडासान अंतस्कर्णाक वेदना जाताल्यो.

...प्रसादाक सुस्त न्हिद लागल्या. ताका सपनां पडटात. पोरूंचे दिवाळेचीं. आपुण नरकासूर पळोवपाक बाप्पाचो हात धरून वयल्या वाडयार गेला. खूब फोग लायतां. घरभर पंटचो पेटयतां. वासू आयला. तेल लायतना खाकेंत हात घालून मुद्दाम कातकुल्यो करता. आईन खूप तरांचे फोव केल्या. दुदाचे, ताकाचे, गोडाचे, फोडणेचे आनी तरा तरांचे. आई बाप्पाक आनी म्हाका ओंवाळटा. असो एकेक प्रसंग !

फांतोड जावपाक आयली. खंयतरी पयस गर्नाल फुटले, फोगोटचो जाल्यो. नरकासुराक माल्लो जातलो. सुमती उठली आनी धोवाचे कुडींत आयली. मधू वल्तेरार पडून आशिल्लो. तकली हातांत गच्च दामून धरून.

"हें कितें ? तुमी सगली रात जागेच ?"

सुमतीन विचाल्लें.

"हय. कितेंय केल्यार न्हीद येना."

मधून सांगलें.

"जे आशेर आमी आजमेरेन जियेलीं ती आस्त पालवली. जगपाचें कशें तेंच कळना !"

"अेकसारखें तेंच येवजून कितें जातलें ? आतां पशा उठलो. ताच्याखातीर कितें करपाचें हाचो आदीं विचार करात."

सुमतीन म्हळें.

"हय. आमची दिवाळी सोंपली तरी ताच्याखातीर कितेंय करूंक जाय !"

"शिवाय देव धर्म ना ?"

"हय. भायर उजवाडूं दी. हांव पसऱ्यार वचून अर्द कील फोव हाट्टां. तांचो देवाक नेवेद दाखोवया आनी पशाक खांवक दिवया. मनशान मनीसपणा सोडलीं तरी आमी देवाक विसरपाचे ना. चल तूंय वच, आनी न्हावन तुळशीमुखार पंटी लाय."

मधून सांगलें.

※※※

५.

आमी दोगां....!

बऱ्याच वेळाउप्रांत रुपा साबुद्दीर आयलें. ताका कळ्ळें, आपलो जीव कापसावरी ल्हव ल्हव जाला. आंग दुखता. गळो सुकला. ताणें फुडचांत उबे आशिल्ले नर्शीकडेन खुणेन पिवपाक मागलें.

घोंटभर काफी ताळयासकल देंवनाफुडें रुपाच्या जिवाक हुशारी आयली. ताची लिकलिकती नदर नर्शीचेर थिरावली.

"रुपा, चलो जाला. तुका परबीं."

नर्शीन म्हळें.

तकलेर अेकदम मार बसचो तशी रुपान मान उपडी केली आनी दोळयांत आयिल्ल्या दुकांक वाट मेकळी करून दिली.

रुपाचो हो पयलो वयलो बाळंटेर. पुण येदचा वेळार ताचें कवतूक करपाक ... मायेन फाटिवेल्यान हात मोंवडावपाक कोणूच नाशिल्लो.. खरें म्हणचे ताका चलोय नाका आशिल्लो आनी चलीय !

"रुपा, कितलो गोरो आनी गुबगुबीत पळय."

नर्शीचो आवाज परतो रुपाच्या कानार आदळ्ळो आनी तें चडूच ग्हिन्नळें.

खुबशो बायलो बाळंटेरांत मरतात... तें सूख म्हाका कित्याक ना? कोणागेर मुरगें जलमाक येतनाच सोंपता. तेंय भाग्य म्हज्या कपलांत ना... जल्म आवयन दिवपाचो... मरण...? रुपान अेक लांब सुस्कारो सोडलो आनी आंगावयले

चादरीन दोळे पोशेवन घेतले.

"रुपा, चल्याक पदरापोंदा धरतलें ? हांव अुखलून दितां."

एके मोगाळ कल्पनेन रुपाचें काळीज शिरशिल्लें. तरी पुण नेटान तकली हालोवन रुपान नर्शीचें सांगप फाफडून उडयलें. नर्शीन परतून तोच प्रस्न केलो. पुण रुपा उलयलें ना.

ताका उलोवचेशें दिसतालें. ह्या चल्याक जल्म दिवपाखातीर हांव आजवेर जियेलें. म्हाका आतां कोणाकडेन संबंद दवरपाचो ना.

"विपरीत बाये तूं.."

अशें कितेंशें गुणगुणत नर्स दुसऱ्या रूमांत गेली.

हरशीं हे नर्शीची रुपाक कटकटूच जाताली... नाका नाका तें विचारताली. तुगेलीं कोण मनशां आसात. घोव कितें करता... तुज्या वांगडा कोणूच कित्याक येवंक ना...? रुपान कितेंय तरी सांगूंक जाय म्हणून सांगिल्लें... म्हाका लागींचें कोण ना... घोव लश्करांत आसा. पयस, पाकिस्तानचे शिमेर ! पुण हें सगलें फट. आपलो घोव स म्हयन्या आदीं आपले कडेन झगडून भायर सरून गेल्लो. ताचो हो वेळ पत्तो नाशिल्लो... तो खंय आसा... ह्या संवसारांत काय संवसारा भायर ? खबर नाशिल्ली !

दोन वर्सांपयलीं रुपाचें अशोका वांगडा लवमॅरेज जालें. घरच्यांचो विरोध पत्करून. विरोधाक लागून घरचीं पयसावलीं. तरीपुण रुपा खंबीर आशिल्लें. अशोक सकले जातींतलो आसलो तरी बरे शिर्विशेर आशिल्लो... हातांत पैसो येतालो. सुखाक अुणेंपण नाशिल्लें... दोगांचो संवसार. तिसरो जावं तिसरी जाय नाशिल्ली... पुण येन्ना न्हय !

अशें आसलें तरी चलून येतल्याची वाट कोणाच्यान आडावं येत ?

ती रात पुनवेची आसली. मान्नी पुनव. अशोक रुपा दोगांय जाळेक भायर सल्लीं. दोगांनीय राखून दवरिल्ली मुस्तायकी घातिल्ली. रुपान मोगरेची आटी माळ्ळी. दोगांनींय वांगडा अुबें रावन हारशांत पळयलें. आनी खोशयेन हांसून घेतलें.

ती दोगांय देवळाकडेन वचपाचो रस्तो फाटीं वडयतालीं. मळबांत माथ्यावयर चंद्रीम चकचकतालो. दोगांचेय हात अेकमेकांत घुसपल्ले. चलतना गोड नाजूक धक्के बसताले. रुपाच्या माथ्यांतले मोगरे आटयेच्या वासान दोगांचीय माथीं धुंद जावन गेल्लीं. रस्तो केन्ना सोंपलो आनी देवळाच्या प्राकारांत ताणी पांय दवल्लो कोणाकूच कळ्ळें ना.

प्राकारांत तरेतरेच्या पसऱ्यांच्यो लायनी लागिल्यो. सगलेकडेन दिव्यांचो चकचकाट... गिरायकांचो बोवाळ देवळाचो अुंच घूड लायटिच्या बारक्या अुजवाडांत चमचमतालो. दोगांनीय देवळांत वचून देवलेची व्होंटी भल्ली. पुजारी वळखीचो

आशिल्लो. ताणें आशिर्वाद दिलो. 'सौभाग्यवती भव..सुपुत्र प्राप्तिरस्तु ?' दोगांनींय अेकमेकांच्या तोंडाकडे पळयलें आनी तीं मनांतल्यामनांत हांसलीं. अशोकाच्या तर जिबेपोंतार आयिल्लें... 'भटमाम तुजो आशिर्वाद खरो जावप न जावप आमच्या हातांत आसा.'

देवीची भेट घेतल्याउप्रांत दोगांय देवळाभायर सरलीं. जात्रेची खरेदी म्हणून रुपान कांकणाचो चुडो भरून घेतलो... मोगरेचे आटये भायल्यान आनीक अेक आबोल्यांची फांती माळपाक घेतली. आनी थंडपणान पावली मारीत अेकेक पसरो नियाळीत पासय मारूंक लागलीं...

... अितल्यांत त्या लोकांदर्यांत अवचीत तुफान अुसळळें. लोक धांवक लागले ... बोबाबोब अुठली. धांवतना लोक अेका मेकांर आदळूंक लागले. कोणाचीं कपलां फुटूंक लागलीं... तर कोण जमनीर आडवे पडले. धांवणारे लोक तांकां माडुयत फुडें धांवक लागले ; बायलां-भुरग्यांच्या किलांटीनी मळब भरून गेलें... अेका कुटुंबांतलीं भिऱ्यान भोंवपी मनशां जळीमळी शिपुडलीं... वाऱ्यावांगडा सुक्यो खोलयो हुबून वच्च्यो तशीं, अितलो वेळ रूपा आनी अशोक अेकमेकांचे हात धरून गर्देतल्यान भायर पडपाचो यत्न करतालीं पुण तें जमलें ना. अेक धटिंगण त्या दोगांय मदल्यान मुसुंडी मारून फुडें धांवलो आनीं त्या धपक्यान रूपा अशोकापासून पयस शेंवटलें.

"अशोक !"

रुपान किळांचून अुलो माल्लो.

"रुपा !"

अशोकान आकांतून आवाज काडलो. पुण कोणाचें अुतर कोणाकूच आयकूंक गेलें ना आनी तीं दोगांय अेकमेका पासून पयस पयस जायत गेलीं.

रूपा ते गर्देतल्यान पिशासारकें धांवतालें...ताच्या हातांतलो चुडो केन्नाच फुटून गेल्लो.. माथ्यांतल्यो फुलांच्यो आटयो पांयापोंदच्या धुल्लांत खंय माडुताल्यो कोण जाणा... आनीं देविच्या प्रसादाचो नाल्ल केन्ना खंय पडलो हाचें भानूच अुल्लें ना. ताचो जीव वांटोवपाखातीर यत्न चालू आशिल्लो आनी तो म्हणचे गर्देतल्यान भायर पडपाखातीर धांवप...

रूपा धावतालें... धडपडत... आडखळत.. पडत... धके खायत... ह्यावेळार तर तें अितल्या नेटान मुखावेल्या मनशाचेर आदळळें कि, ताणें ताका घट धल्लें, नाजाल्यार कपल नाक फुटपाचेंच... त्या मनशाक आपल्याक घट धल्लां तें पळोवन रूपा अेकदम आडुलें...

"सोड म्हाका; नाजाल्यार जीव घेतलें;"

आनी ताणें नेटान सुटपाखातीर हिसको माल्लो...

"कोण रूपा तूं.. भियेंव नाका. हांव तो मनोहर !"

वळखिचो आवाज रुपाच्या कानांत रिगलो.

"मनोहर !"

"रूपा, तूं एकलेंच ?"

"अशोक आयिल्लो. पुण हे झुंडींत आमी वेगळावलीं."

"चल म्हज्यावांगडा. हांव तुका गर्देतल्यान भायर काडटां."

मनोहरान आपल्या हातांच्या विळख्यांत रूपाक घेतलें आनी अिल्ली अिल्ली गर्दी कापीत तो ते झुंडींतल्यान भायर पडलो.

"आतां कितें ?"

मनोहरान हाताचो विळखो सोडीत विचाल्लें.

"आतां अशोक कसो मेळटलो ?"

रुपाच्या दोळयांत घोवाचे यादीन उदक भल्लें.

"हे गर्देंत तुका साबाळून, ताका कसो सोदपाक मेळटलो ? तूं काळजी करूं नाका. दादलो तो, येतलो घरा."

मनोहर उलयलो.

"पुण हांगा अकस्मात दंगल जावपाचें कारण ?"

"खबर ना. आयकला कोणें तरी एकल्याच्या पोटांत सुरो रोमलो म्हुण. खुनी संवकला खंय –"

"आवयस !"

रुपाच्या आंगार कांटो उबो जालो. भंयान ताची कूड थरथरल्ली.

"रूपा, आतां तूं म्हज्या रुमार येता ?"

"कितें करूं ?"

"यो तूं, हांव एकलो आसलों तरी तूं म्हाका भयणी समान आसा."

अितलें उलोवन मनोहर चलूंक लागलो, तशीं रूपाचीं पावलां ताज्याफाटल्यान पडूंक लागलीं.

मनोहराचो रुम बरो अस्कळ विस्कळ आशिल्लो. बसपाक दोन कदेलां, मेज, कुशीन खाट. भितल्ल्यान रांदची कूड. सोप्यार स्टोव आनी हेर सामान.

रुमांत पावल उडयतना रूपाचें मन कचल्लें. एका परकी मनशागेर रातची वेळ काडपाची म्हणचे.. बरो विस्वासू आसलो तरीय... तें संकोचून कदेलार बसून रावलें...तेवटेन अशोकाल्या हुस्क्यान तर ताचो अर्दो जीव जाल्लो. मनोहराचें रुपाचेर लक्ष नाशिल्लें... रूपाक भायर बसोवन तो रांदचे कुडीत स्टोव पेटोवन काफी करपांत गुल्ल जाल्लो.

थोडयाच वेळान मेजार काफयेचे दोन ग्लास हजर जाले. मनोहराच्या आगऱ्याक लागून रूपान कशेंतरी काफयेचे दोन घोंट ताळया सकल देंवयले. मनोहर एकाद्रया विशयाचेर मुद्दाम प्रस्न करतालो आनी रूपा एका यंत्राभशेन

थरावीक सांच्याचो जाप दितालें. ल्हानपणांतल्यो गांठी-भेटी... शाळेंतले दीस, पिकनिकेच्यो यादी... पुण रुपाचें अुलोवण्याचेर लक्षूच नाशिल्लें. ताचो जीव अशोकाखातीर आकूळ पिकून जाल्लो. मनोहरान तें हेरलें. वोगीच तकलेक शीण नाका म्हणून ताणें रूपाक शेंदरी-उशें दिले आनी तो आपूण खाटेर न्हिदलो.

रूपा हातुणार आडवें जालें. पुण रातभर ताका न्हीद लागली ना. सकाळ जाली आनी मनोहराचे उपकार मानून तें घरा परतलें. घरांत अशोक चिंताग्रस्त जावन रूपाची वाट पळयत बशिल्लो. रूपाक पळयनाफुडें ताचें काळीज खोशयेन भरून आयलें आनी रूपाचें लेगीत.

"आगो रूपा, तुज्याखातीर हावें ते गर्देतल्यान कितल्यो फेरयो माल्ल्यो..."

"म्हाका कल्पना आशिल्लीच ती पुण कितें करूं ?"

"मागीर सगळी रात खंय काडली तुवें ?"

रुपान दोगांय विस्कडावल्याउप्रांतची सगली खबर अशोकाक सांगली... आयकतां आयकतां अशोक मास्सो गंभीर जायत गेलो. निमाणें ताणें अेकूच अुतर काडलें.

"तुवें मनोहराच्या रूमार रावंक नाका आशिल्लें !"

"पुण हांव अेकलें कितें करूं आसलें, खंय वचूं आसलें त्या वेळार ?"

रूपान काकुळटेच्या सुरांत विचाल्लें.

"आसूं; जाल्लें फाटीं पडलें. चल, आतां रात्रीकडलें पळय !"

सामको नाका आशिल्लो दुबाव अशोकाच्या मनांत येवन गेला हें तेन्नाच रूपान पारखिलें पुण चड अुलयतलें कशें ?

कांय दीस फाटीं पडले आनी सगलो वेव्हार पयलींभशेन चालू जालो. त्या दिसाचो अशोकाचो रागूय पुराय निवळ्ळो. पुण योगायोगूच कितलो विचित्र आशिल्लो...

त्या दिसा रूपा न्हिदून आशिल्लें... जिवाक हुशारी नाशिल्ली. पोटांत परतून परतून मळमळून येतालें... मदींच ओंकारो येतासो दिसतालो... हीं लक्षणां कित्याचीं तें ताका समजून आयिल्लें. पुण अशोकाक कितें कशें सांगचें तेंच कळ नासलें. सांजचो अशोक घरा आयलो. रूपाची दैना पळोन तो दोतोराक हाडपाक भायर सल्लो. रूपान ताका समजायलो.

"म्हजी ही रोग पिडा न्हय... हांव आतां थोडया तेपान आवय जावपाचें आसा."

ही खबर आयकनाफुडें अशोक गंभीर जालो.

"तूं आवय...? शक्य ना."

"कित्याक शक्य ना ?"

"तुज्या म्हयन्याच्या सुरक्षीत दिसाबगर हांव तुका आफुडलों लेगीत ना. मागीर

हें कशें शक्य आसा ?"

"तें सगळें तूं जाण. म्हाका कांय कळना."

"मागीर दर म्हयन्याक तूं भायर बसतालें ताचें कितें ? "

"फक्त दुबावान."

रूपान लजेत जाप दिली.

रूपाची जाप आयकली तसो अशोक चड तिडकलो. रागान ताचें मुखामळ तांबडें-निळें-जालें,

"रूपा, तूं फटींग... तुका ते राती मनोहर सांपडलो."

"अशोक, वोगीच तूं मनोहराचो दुस्वाव घेवं नाका. तो म्हजेकडेन भावाचे वागणुकेन वागलो... जायजाल्यार देवतेचो सोपूत घेवन सांगतां..."

"म्हजो सोपुतांचेर विस्वास ना. आज वर्स जालें, सुरक्षीत काळाचे पद्धतीन आमकां धोको दिलो ना. म्हजो विश्वास ताचेर."

"पुण अपवाद म्हणून..."

"दोन आनी चार हो गणिताचो सिद्धांत आसा, थंय पांचूय जांवचे ना जावं तिनूय जांवचे ना."

"अशोक, हांव आजून तुजेकडेन फट अुलोंव ना. जर मनोहराकडल्यान कितें अतिरेक जाल्लो जाल्यार हांव तुका सांगून ताका शासन करूंक लायतलें आसलें."

"पुण सगल्यो गजाली अेकामेकांचे संमतीन जाल्यो जाल्यार ?"

"अशोक. तूं हें कितें अुलयता ?... तुवें तर म्हज्या शिलाचेरूच घालो घालो."

"रूपा, आजवेर हांव तुजेकडेन बिस्वासान वागलों...पुण तूं म्हजी बायल न्हय..चेडी तूं चेडी... पातकी... हें पातक पोटांत घेवन तूं ह्या घरांत रावतलें ! पुण त्या ल्हेंवटचा मनोहराच्या पोराचो बापूय म्हणून म्हाका हंगा रावपाचें ना."

"अशोक, असो तकलेत अुजो घालून घेवं नाका. मात्सो थंडसाणीन विचार कर. हें अशें जांव शकता काय ना हाचो दोतोराकडल्यान सल्लो घेवंया"

"गरज ना."

अशोक व्हडल्यान आडुलो.

"हांवें जें पुस्तकांत वाचलां तेंच खरें ; सुरक्षित कालांत दादलो बायल एकठांय आयलीं तर गर्भधारणा जावप शक्क नासता... ज्या अर्थी तो जालो त्या अर्थी हांव म्हण्टा तेंच खरें... तू अब्रू व्होगडायल्लें... अुरटेवाऱ्यांतलें सुणें..."

"अशोक, हावें खूब आयकलें... आतां म्हाका हें सहन जायना. हांव खंयीं तरी वतां..."

"तूं कित्याक वता ?...तूं त्या मनोहराक घेवन पड. हांवच खंयीय तरी तोंड काळें करतां..."

अशोक घरांतल्यान भायर सल्लो. तिनसांजचे कात्रीर... रूपान रातभर वाट

पळयली... सकाळ अुदेली, तरी अशोक घरा परतलो ना.

दीस गेले... म्हयने गेले, तरी अशोक घरा आयलो ना. ताची वाट पळयतां पळयतां रूपाचे दोळे फोणांत गेले. अुपास–तापास करून जिवाची बडी जाली... आपणेंय जिवाचें कितेंतरी बरें वायट करून घेवचें असो विचार रूपाची तकली पोखरूंक लागलो... पुण आपल्या वांगडा पोटांतल्या जिवाचीय हत्या ?.. ताणें बाबड्यान कसलें पातक केलां ?... जल्माक येवपाच्या ताच्या हक्काआड हांव कशें येंव ?... म्हाका तो कसलो अधिकार ? ताका ह्या संवसारांत येंवदी... जियेंवदी... ताची जीण तो जगतलो... मागीर म्हज्या जिवाचें म्हज्यान जायतें करू येता... !

रूपा दीस मेजतालें. तो दीस आयलो. तें आपल्या पांयानीं नर्सिंग होमांत आयलें... चल्याक जन्म दिलो. सुटलें. आतां ताच्या नशिबाचो तो... म्हजें हांव...

"अुं ऽऽ वां ऽऽ"

पाळण्यांत तो निकतोच जल्माक आयिल्लो जीव रडलो. ताका दिसलें काय ?...हो रूम ह्यो मोवमोव गादयो.. रंगीबेरंगी चादरी, जाळयेचे पड्डे कितले सुंदर आसा..आनी जनेलांतल्यान दिसपी ते रुखांचे अिल्लेशे शेंडे तांच्या फाटल्यान तो निळोच चकचकीत मळबाचो! कुडको सगळेंच भुलभुलायणें.. आनी त्यापरस आपले कुशीक खाटेर पडिल्ली आपली आवय... सगलें ब्रम्हांड तिचे भोंवतणी ओवाळून उडोंवचें... अितली बरी !

रातचीं धा जालीं. नर्सिंग होमांतली लायट पालवली. कोनशाक अेक तांबडो बल्ब जळटालो. सैतानाच्या निळ्या दोळ्यांभशेन. सगल्याक शांत जालें... घड्याळाचो अेकेक सेकंद रात वाडयत वतालो. दोनांचे ठोके पडले. रूपा अुठून बसलें. सगळे पेशंट गाड न्हिदेंत आशिल्ले.. भितल्ल्या रूमांत ड्युटीवेली नर्स वल्तेरार घोरेताली. रूपान स्वास कोंडून घेतलो. आनी मांजरा पावलांनीं तें आयल्या दाराकडेन आयलें.

रूपा दाराकडेन पावलें. ताणें दाराची खिळी ल्हवूच काडली. 'कर्' आवाज जालो. रूपान बेठेंच आंग काडलें. तें दाराभायर पावल उडयतलें अितल्यात ताच्या चल्यान पाळण्यांत कुसूमुसू केलें. आरे ! ती नर्स येदोळ म्हण्टाली चलो गोरोधवो आसा. पुण हांवें पळोवंना... अशोकासारको जाला काय तो ? ... काय म्हजेभाशेन ? पळोवंचो ––

रूपा फाटल्या पावलांनी परत आयलें. पाळण्याचो पड्डो कुशीक सारून चल्याक नियाळ्ळो. त्या अंधुऱ्या अुजवाडांत चल्याचे अिल्लेले दोळे टुकुटुकू करताले... हाताचीं बचकुलां उंचखाला जातालीं. आवयच्या स्पर्शाखातीर काय कितें नकळो... आनी ताचें तोंड... थेट अशोकाचें रूपडें. अशोक, कितलो दुबावी आनी अविचारी तूं... हें रूप पळोवन तरी तुजी खातरी जातली आशिल्ली किं हांव तसलें न्हय !

रूपान दोळे भरून चल्याक पळोवन घेतलो. . . आनी मनांत म्हळें. . . कितलो अभागी तूं. . . तुजी माया करपाक कोण आसा. . . बापूय केन्नाच अुजवाडलो. . . आनी आतां हांवूय चल्लें. . . रूपान पाळण्याचो पड्डो सोडलो आनी तें चलूंक लागलें. . . पुण परतीं ताचीं पावलां जमनीक खिळ्ळीं. निकत्याच जल्माक आयिल्ल्या कंवळच्या भुरग्याचो स्पर्श कसो आसता तो जल्मांत अणभविल्लोना ताचो अणभव घेवची इत्सा जाली. ताणें सकल बागोवन चल्याक उखलून तांच्यो पटापट पापी घेतल्यो. चल, पुरो. . . आयुश्याच्या निमाण्या तोंकार आसतना हो आनी कसलो मोह. . . ? पिशेपणा खंयचीं. . . रूपा नेटान परतें दाराकडेन पावलें.

कोणाचो स्पर्श जाल्ल्याची जाणवीकाय जाल्या बराबर त्या चल्यान हातपांय शेंवटून रडपाक सुरवात केली. आरे, चुकलेंच म्हुजें. आतां ती नर्स उठटली आनी सगलेंच फसतलें. त्यापयलींच पयस गेल्लें बरें.

रूपा नर्सिग होमाक प्रदक्षिणा घालून रस्त्यार आयलें. आज़्नूय ताच्या रुमांत रडपी चल्याचे सूर रस्त्यामेरेन पावताले. रूपा खिणभर रस्त्याचे देगेक अुबें रावलें. रातकिडयांची किरकीर कानांत बुराख मारताली. सुरुचे रुख यमदूताप्रमाण मांडवीचे देगेर उबे आशिल्ले. आनी मांडवीचें पात्र हजारांनीं जिबल्यो चाटीत लांबच्या लांब पातळिल्लें.

फांतोडेचो वारो आंग कातरीत ज़ळींमळीं धांवतालो. रूपाच्या काळजाची धडधड वाडन वताली. त्या धडधडींतूय त्या नर्सिग होमांत रडपी भुरग्याचे सूर ताका स्पश्ट आयकूंक येताले. ते सूर रूपान फाटल्यान आपयताले तर फुडल्यान मांडवी ताका आपले कुशींत घेवपाक खळखळटाली. ते न्हंयच्या पात्रांत अेक व्हडें अेकसारखें फाटींफुडें जातालें. . . खिणांत तें पयस वतालें आनी खिणांत तें तडीक आपटतालें. रुपाच्या मनाचीय अशीच कितेंशी अवस्था जाल्ली.

अशेच अेके चान्न्याचे राती होडयांत बसून अशोकावांगडा रूपा मांडवीची भोंवडी करून आयिल्लें. . . त्या वेळार आपल्या आंगाखांद्यार घेवन नाचोवपी मांडवी आनी आज आपल्याक गिळपाक उबी मांडवी हीव. . . ? जियेवप आनी मरप हाचीं दोन तोंकां. . . आसूं, आपणाक कितें करपाचें आसा तें येवजून अात ह्या खोल अुदकांत अुडकी घेतली म्हणचे. . .

अुं वां ऽऽऽ ! नर्सिग होमांत सोडून आयिल्ल्या चल्याची आर्त किलांट मांडवीचे देगेमेरेन पावली असो भास जालो. आजून ती नर्स जागी जांवना काय ? काय मेली बी ! पैशे खावनूय सारकें काम करीनात. चल्याची भुकेची वेळ जाली दिसता. तिणें चल्याक बोंथी दिल्ली. पुण आतां उठून परत दिवपाचीं न्हय. . . ? आपल्या सुखाफुडें त्या जिवाचे भुकेचें कांयच कशें दिसना तिका ? . . . ती आतां उठटली आनी थोडया वेळान. . . रूपा वाट पळयतालें. . . !

तो जीव भुकेन जिवाच्या आकांतान् रडटालो. घोंटभर दुदाखातीर... निदान अुदकाखातीर... पुण थेंबभर उदक लेगीत त्या जिवाच्या तोंडांत घालपाक न्हीद सोडून कोण अुठ नासलें... कसलीं ही मनीसपणां... रूपा येवजितालें... हांगा अथांग अुदक निरपराधी मनशांचे जीव गिळपाक तत्पर आसा जाल्यार तांचेच कुशीक थेंबभर अुदकाखातीर जीव वचपी मुरग्याचेर नदर घालपाक कोण तयार ना. कितें विचित्र हो संवसार !

तो अनाथ पोर भुकेन कासावीस जाला. आनी दोन मिणटां गेल्यार काळ ताचेर घुरी घालतलो. कितें निबर हीं भोंवतणचीं मनशां... पुण हांव लोकांक दोश कित्याक दिवं...? तीं मनशां तरी सान न्हिद घेतात...! आनी हांव ज्याका णव म्हयने पोटांत सांबाळ्ळो ताची माया तोडून ताका अुगडयार अुडोवन... तो भुकेन तडफट्टा तें पळोवन म्हानिद्रा घेवपाक चल्लां...!

'अुं वां ऽऽऽ' आरे देवा ! आळस परतिलो काय ताणें ? आता सोंपतलोच तो... ताच्यापयलीं...?

रूपान धांव माल्ली... तें कितें करता तें ताकाच भान नाशिल्लें...तें धांवतूच नर्सिंग होमांत आयलें आनी तितल्याच बेगीन चल्याक अुखलून हड्डयाक तेंकयलो.

※※※

६.

ध्यास

तो सत्तरींतल्या अेका दोंगरामुळासांत ताच्या सदांच्या खडपार बशिल्लो. मुखार पांचवीचार रुखावळ आशिल्ली. पेल्यान अुंचेल्या निळ्या दोंगरांची रांग अुबी आशिल्ली. तांतुतल्याच अेका दोंगराच्या मदेकाक तो कामाक वतालो ती मिनाची खण आशिल्ली. त्या दोंगरापेल्यान मळबाची निळी देग दिसताली. आनी ताची नदरुय पावनाशिल्ली ताच्याय पेल्यान अंत्रुजेंत ताचो धाकटुलो गांव आशिल्लो ; जंय अेका चुट्टांच्या खोपटांत क्षयाचे पिडेन सुकून गेल्ली ताची म्हातारी आवय आशिल्ली.

आवयची याद जायनाफुडें ताचें काळीज मायेमोगान भरून आयलें. आयज म्हयनो जायत आयिल्लो. ताका तिची खबर मेळूंक नाशिल्ली. ताका घरा वचपाचो ध्यास लागिल्लो.

"प्रकाश."

कोणेंतरी ताका अुलो केलो. ताणें वळून पळयलें. ताचो जिवाचो मित्र सदा आशिल्लो.

"कितें प्रकाश, मेळ्ळी तुका घरा वचपाक सोड ?"

सदान विचाल्लें.

प्रकाशान सुको स्वास सोडीत ना म्हणपाची मान हालयली.

"कितें म्हण्टा ?"

"म्हाका सोड दिल्यार खंय खाणीवेले सगळे लोक बेकार पट्टले."

"ते रे कशें ?"

"— म्हणचे हांवें ब्लॅस्टिंग केलें ना जाल्यार मीन कोंसळचें ना. आनी मीन कोसळळें ना जाल्यार लोक काम कसलें करतले ?"

"तें खरें रे ! पुण म्हयन्यांतल्यान एकूय दीस सोड दिवप ना म्हणजे कितें ? तूं सरळ सांग मेळना जाल्यार चल्लों म्हणचे नोकरी सोडून."

"नोकरी सोडून ?"

प्रकाशान अजापाचे नदरेन सदाच्या तोंडाक पळयलें.

"कितें ? नोकऱ्याक कितें पाड पडल्या काय कितें ?

"पुण ना–म्हाका ही नोकरी सोडपाची ना."

"कित्याक ?"

सदान परतून विचाल्लें.

"तें म्हाका सांगूंक येवचें ना."

अितलें अुलोवन तो आपल्या गवळांत गेलो. कोणशांतलीं शिरपुटां चुलींत धुकळून ताणें अुजो केलो. त्या अुज्याच्या तांबसार अुजवाडांत ताचो तोंडावळो चडूच काळसावलेलो दिसूंक लागलो. तो हुस्क्यान एकसारको त्या अुजाच्या ज्वाळांनी पळयतालो. तातूंतल्यान ताका आपल्या संसाराचें भिरांकूळ अुदास चित्र दिष्टी पट्टालें. वखद– अुदकाचे धांदळीन ताची आवय मर्णाचे देगेर पाविल्ली. भुरग्यांची आनी मायची सेवा–चाकरी करतना ताचे घरकान्नीचो सुकून कांटो जाल्लो ; आनी अन्न–अुदकाक आशेल्लीं ताचीं तीं काचीं बुचीं देवा, देवा ! दैन्य दु:ख आनी दुर्बलताय. त्या अुजाच्या ज्वाळांनीं ताच्या प्रयत्नांचो गोबर जातालो. केन्ना सोंपतलें हें सगळें ?

हें सगळें सोंपचें म्हणूनतर तो हांगा अितले पयस आयिल्लो. सुरींग फोडपाचें – ब्लॅस्टिंग काम ताणें घेतिल्ले ; वताशिताची पर्वा करीनासतना तो दीस रात कश्टतालो. जिवाची काकळूत पळय नासताना दारवे गुळे मारून खणीवेल्या अुंचेल्या देगणांचेर चडून सुरींग भरतालो. ताचें दळडिरा वांगडा झूज नाशिल्लें. तें केन्नाच वच्चें ना हें ताणें थारावन दवरिल्लें. ताचो अेकूच ध्यास आशिल्लो. चार पैशे चड जोडप आनी ते खर्चून आवयक बरी करप.

पुण मनीस येवजिता तशें जाताच अशें ना. तो पैशे जोडून घरा धाट्टालो. ताची घरकान्न मांयच्या वखदाचें जिस्ताजूस्त पळेताली. पुण अितलें करुनूय प्रकाशाचे आवयचें दुखणें लागीं ये नासलें. उरफाटें तें वाडतूच वतालें.

नित्याप्रमाण काम करून प्रकाश ऑफिसांत आयलो. येना फुडें ताच्या हातांत अेक चीट पडली. ताणें अधिरतायेन ती फोडून वाचूंक सुरवात केली. चिटयेंत चड कांय नाशिल्लें ;

"–आईचे चड जालां. . तुमचो ध्यास धल्ला... बेगीन घरा येयात –"

चीट कसली? तारूच आशिल्ली ती. वाचीनाफुडें हातांतल्यान गळूंक पावली. तो ती तशीच हातांत घट्ट धरून मॅनेजरा कुडींत पावलो.

अेक चेपट्या नाकाचो आनी खापड्या गालांचो मनीस मेजासरी कदेलार बशिल्लो. पळेल्याबराबरूच ताच्या तोंडावेल्यान ताच्या दुश्ट स्वभावाची कल्पना जाताली. ताच्या हातांत अुंची सिगार जळटालें आनी म्हऱ्यांत व्हिस्कीन भरिल्लो ग्लास आशिल्लो.

"बाब,"

प्रकाशान भीतभीत अुलो केलो.

"कितें रें कितें काम आसा ?"

करडी नदर प्रकाशाचेर खिळोवन मॅनेजरान धेंकसून विचाल्लें.

"बाब, ही चीट आयल्या घराकडल्यान आईचें दुखणें चड जालां. म्हाका आपयला."

"तुका आफैला ? तूं घरा वचून कितें तिका बरी करतलो ! हे घे धा रुपया ; हे घरा धाडून दी. आनी बायलेक बरय तिका वोखद सारकें कर म्हण."

"हें सदाचेंच जालें बाब, पुण आज तशी परिस्थिती ना. आज म्हाका पैशे नाका फक्त घरा वचून तिचेर नदर घालून येतां. तिणें म्हजो ध्यास धल्ला ज्ञातलो."

"तशें आसा जाल्यार खुशाल वच. पुण ऑफिसाची सगली बाकी फारीक कर आनी वच. परतो तूं ना आयल्यारूय जाता."

"तशें न्हय बाब ; म्हाका फाल्यां एकाच दिसाची सोड दी. हांव पायां पट्टां. अितलेच उपकार कर म्हजेर !"

प्रकाशान काकूळतेक येवन मॅनेजराच्या पायांर घालून घेत म्हळें. आनी कितें कोण जाणा मॅनेजराच्या फातरा–काळजाक मात्शी ओलसाण आयली.

"बरें आसा ; तुका सोड दितां. मात फाल्यां न्हय परां."

"पुण म्हजी आई थंय –"

"मरना."

मॅनेजर तापलो.

चड वायटपणाक गेल्यार मेळील्ली सोडूय मॅनेजर ना म्हणत आनी वेल्यान गाळीं आयकुंच्यो लागत ह्या भंयान प्रकाश ल्हवूच कुडी भायर सल्लो. कितेंय आसूं घरा वचपाक अुतर मेळ्ळें हें कितें थोडें न्हय ; ताणें मनांत म्हळें.

तिळसान जाल्ली. खणीचेर कीडमूंय नाशिल्ली. प्रकाश अेकलोच खणीच्या देगणार अुबो रावन सकल्ले वाटेन पळयतालो. हुस्क्यान ताचो जीव आकूळ पिकूळ जाल्लो. ताच्या फुडयांत जिलेटिनां बी कांय सुरींगाचें सामान आशिल्लें. जें

दिसाचें लेगीत आफिसांतल्यान खणीमेरेन हाडपा व्हरपाचें धोक्याचें आशिल्लें. तें सामान हाडपा व्हरपाखातीर नित्याक आफिसांतल्यान अेक जीप येताली. पुण आज आजुनूय तिचो पत्तो नाशिल्लो. काळखाच्यो सांवळचो लांब जायत वताल्यो तशो ताच्या काळजांतली धडधडूय वाडत वताली.

ते गोंय विमोचनाचे दीस आशिल्लें ; क्रांतिकारकांचे चळवळीक नेट आयिल्लो. वचत थंय सुरींग फुट्टाले आनी खंय पूल कोंसळटाले. खंय पोलिस चौक्यो अुध्वस्त जाताल्यो, तर खंय पोलिसांच्या गाडयांचो खुर्दो जातालो. सुरंगाचें सामान क्रांतिकारक खणीच्या गुदावांचेर धुरी घालून फारयताले. तांचो पोर्तुगिजांवांगडाच मिनेरांचेरूय दोळो आशिल्लो. कारण ताणींच पोर्तुगेज अर्थवेवस्थेक घटसाण आयिल्ली आनी स्वातंत्र्य पयस वतालें. ताकालागून मिनेरांकूय ना करप होय क्रांतिकारकांचो अुद्देश आशिल्लो. ह्या खातीर ते रातचे खणींचेरूय भोवताले आणि थंयची मशिनरी ; आगि सामान सुगान मोडून फोडून अुडयताले.

हें सगळें येवजनाफुडें प्रकाशाच्या काळजांत भयाची धडकीच भल्ली. भायर सगल्याक काळोख जाल्लो. मनशाक मनीस दिश्टी पड नाशिल्लो. पयसूल्यान सुण्यांच्या भोंकपाचे अस्पश्ट सूर आयकूंक येताले. येदोळ जाल्ल्या सुरींगाच्या स्फोटा अुप्रांत थंय आतां भिरांकूळ मसंड शांतताय पातळ्ळेली. कुशीची रुखावळ स्तब्ध जाल्ली. खंय कसलीच हालचाल नाशिल्ली. प्रकाश दोळे फोडून आनी कान फांकारून खंय जिपीचो अुजवाड जांव आवाज येता काय पळयतालो. पुण आजूनय तिचो पत्तो नाशिल्लो.

आनी अितल्यांत कुशीचीं झिलकुटां सळसळ्ळीं. प्रकाशान कच्च करून आंग काडलें ; ताच्या आंगार भंयान कांटो अुबो राविल्लो. चक करून ताणें मान परतून फाटी पळयलें. अेक व्हडलो रानदुकर चोंचेत ताच्या पायांक बखांदी दिवन गेलो. प्रकाशान सुटिल्ल्याचो स्वास सोडलो.

निमाणो एकदांचो पैस मोटारीच्या दिव्यांचो अुजवाड दिश्टी पडलो. आयली जीप ! सुटलों अेकदांचो ; ताणें मनांत म्हळें आनी सुटिल्ल्याचो स्वास सोडलो.

जीप सामकी ताच्या म्हऱ्यांत येवन अुबी रावली. तो ताकतिकेन दोन पावलां फुडें सल्लो आनी एकदम पायांक खिळे मारिल्ल्यावरी थंयच घट जालो. ती जीप आफिसची नाशिल्ली. क्रांतिकारकांची आशिल्ली.

"वरें जालें तूंच सांपडलो तें. चल दी तें सामान तुजेकडेन आसा तें."

जिपींतल्यान हुकूम सुटलो.

प्रकाशाक थरथरो भल्लो. ताचीं कानसुलां अकस्मात हून जालीं अडखळत ताणें तांचेकडे मागलें.

"बाब, पायां पट्टां अुपकार करात. पुण तें सामान व्हरूं नाकात."

"कित्याक ?"

घोघऱ्या आवाजांत प्रस्न आयलो.

"कारण म्हज्या आवयच्या प्राणांकडेन तांचो संबंध आसा."

"म्हणजे ?"

"तें सामान तुमी व्हेलें जाल्यार म्हजी नोकरी वतली. आवयचें वोखद बंद जातलें. शिवाय म्हाका बंदखण भोगची पडटलीं, मागीर कोणाचो आसा तिका आधार ? कोण दितलो तिका वोखद ?"

"तूं तुजें आनी तुज्या आवयपुरतें पयळता. पुण तुजी म्हजी अशी एक सगळयांची आवय आसा कीं जी आपल्याक मेकळी करची म्हुण मोठे आशेन आमचेकडें पळयता. तिका मेकळी करपाच्या येत्नांत जर तुजी आवय सोंपली जाल्यार ती हुतात्मा ठरतली. तिचें भांगर जातलें. दीं तें सामान आमचेकडेन. ह्या सामानान आमकां आमचे मायभुयेंच्या आंगावेलें परक्यांचे पाश तोडपाक मदत जातली."

ताणीं प्रकाशाच्या हातांतल्यान तें सामान झोंबून घेवन जिपींत दवल्लें.

"देव बरें करूं ; तुजे आवयक खूप आयुष्य दिव."

क्रांतिकारकांचे जिपीन रस्तो धल्लो.

प्रकाश आफिसा वाटेन परतलो. आफिसाची जीप दारांतूच मोडून पडिल्ली.

❑

"मॅनेजर सायब, हांव खरेलोच तांकां फितूर ना."

प्रकाश काकूळटेचे नदरेन मॅनेजराची समजूत घालतालो.

"तूं म्हाका कांय सांगूं नाका. तुवें तांचो प्रतिकार कित्याक केलोना ?"

मॅनेजर कुपांवरी गडगडलो.

"राव, तुका मोंतेरीच्याच हातांत दितां. मागीर तूं आपशींच कबूल जातलो."

"मोंतेर."

शब्द आयकनाफुडें प्रकाशाच्या आंगात अेकदम वागरेंच भल्लें ताचो गळो सुकून गेलो ताणें काकुळटेन म्हळें ...

"सायबानों पायां पडटां पुण अशें करूं नाका ..."

प्रकाशाच्या अुलोण्याकडेन मॅनेजराचें लक्ष नाशिल्लें. ताणें टेलिफोनचो डायल घुंवडायलो ... दुसऱ्या तोंकावेल्यान आवाज आयलो –

"रोकडो आयलों ... तसोच धरून दवरात."

"जालें. सोंपले."

आवयचो ध्यास धरिल्या ताच्या मनान म्हळें.

"खंय आसा तो ?"

मोंतेरीन आफिसांत पांय दवरतनाच विचाल्लें.

"हो पळय ; होच तो."

मॅनेजरान प्रकाशाकडेन बोट दाखयत म्हळें.

"हो फिजेतापूत. मालक्रियाद."

त्या पोर्तुगीज सोल्जर मोंतेरीच्या तोंडान अुतरां आयलीं. ताणें प्रकाशाचे गोमटेक धल्लें आनी कमरार एक खोंट घाली. प्रकाशाच्या दोळ्यामुखार काजुले चकचकले. दोगां सोलदारांनी अुखलून ताका जिपींत व्हरून दवल्लो.

जीप सुरू जाली. प्रकाश पडिल्ल्या जाग्यावेल्यान भायर पळयतालो.

ताच्या दोंळ्यामुखार ती सदांचीच निळ्या दोंगरांची रांग आशिल्ली. तो काम करतालो ती मिनाची खण आशिल्ली. ताच्या पेल्यान मळबाची निळी देग दोंगराक तेंकिल्ली आनी ताच्याय फुडें–ताची नदर पावनाशिल्ली थंय – अंत्रुजेंत ताची म्हातारी आवय आयुश्याचे निमणे खिण मेजीत अर्धवट साबुद्दींत फुड्यांत बशिल्ले सुनेक विचारताली –

"म्हजो प्रकाश आयलो काय ?"

※※※

७.

तिची नदर

नाटकाचो निमाणो पड्डो पडलो आनी पळोवप्यांची झूंड माटवांतल्यान भायर सल्ली. सगल्यांचेच दोळे जागरणान जड जाल्ले. दरएकल्याक घरा वचपाची ताकीद लागिल्ली. ताका लागून बखांदी मारून लोक फुडें फुडें वचपाचो यत्न करताले. हे गर्देत गणू भटजीक कितल्याशाच लोकांनीं बखांदी माल्ल्यो. पुण ताका घरा वचपाची मातय तिश्ठत नाशिल्ली. एकाद्या पिशाभशेन तो माटवांत उबो आशिल्लो आनी लोकांच्या हुंवारांत फाटीं फुडें व्हांवत वतालो. इतल्यांत ताचे फाटीर नेटान एक थापट बसलें.

"कितें गणूभटजी, घरा येवपाचें मनांत ना काय कितें ?"

चितून विचाल्लें.

"येंव जाय तर !"

गणूचे जिबेर वयल्यावयर उतर घुटमळ्ळें.

"कोणूय येवपाचें आसतलें – मनीस !"

चितून दावो दोळो मारून विचाल्लें.

"ना रे !"

इतलीच जाप दितना गणू गडबडलो. ताचेर चितू खंवचटपणान हांसलो. गणू लजेन रोकडोच धत्रो पडलो. तो थंय आनीक थांबलो ना चितूच्या चपाट्यातल्यान सुटपाखातीर ताणें आपल्याक गर्देत धूकलून दिलो.

खंयच्या काळांत तिची आपली परतून भेट जायत ही गणूची आस्त पालवत गेल्ली.

पुण गणूचें नशिबूच खर ! कारण एक दीस उदेलो आनी एके फांतोडेच्या झिळमिळटचार ती ताचे मुखार उब्री रावली.

त्या दिसा नित्यनेमाप्रमाण गणू देवाची राखण करपाक देवळांत न्हिदिल्लो. फांतोडेवेली साकरन्हिदेची वेळ आशिल्ली. इतल्यांत 'टकटक' अशा जाल्ल्या आवाजान गणू जागो जालो- फडफडत उठलो. 'रांडेचे सारके न्हिदूंक लेगीत दिनात' अशें मनांत म्हणत ताणें देवळाचें दार उकतें केलें आनी अजापान तो थंयचे थंयच सुकलो. ताचो आपल्या दोळयांचेर विस्वासूच बसना जालो. दोळे पोशेवन परतून बारिकसाणेन पळयलें. खरेलीच ती 'ती' आशिल्ली.

उदेंतेचो झिळमिळटो उजवाड तिच्या फाटल्यान फांकिल्लो. त्या मंद उजवाडांत तिच्या दोळयांचीं निळीं शेवणीं पाखांटे फाफुडटालीं. ती धवें फुल्ल पातळ न्हेशिल्ली. माथ्यांत खोंचिल्ल्या ताज्या टवटवीत गुलाबांचो वास तिचे भोंवतणी फेरयो धरतालो. तिच्या हातांत एक ल्हानसो फुलांचो झेलो आशिल्लो. खूब गोड आनी नाजूक आवाजांत तिणें गणूक लेखून उतरां काडलीं.

"म्हज्या येवपान तुजी साकरन्हीद इबाडली जातली—रागार जावं नाका हां – "

तिचीं हीं उतरां गणूक आपल्या आंगावेल्यान गुलाबपाणी शिंपडावन गेल्ल्यावरी जालीं.

"शे—शे ! तशें काय ना. हांव जागोच आशिल्लों."

गणून ठोकून दिलें.

"येदळूच उठपाचों हांव–तू आयलें, बरें जालें - म्हणचे ... तशें न्हय ..."

आनी फुडें ताका उलोवंकूच येना जालें. उतरांचे पाय एकामेकांत घुस्पटूं लागले. गणूची ती दशा पळोवन तिका हांसपाक आयलें.

"हांव येद्या वेळचें सदां येवं हांगा ?"

तिणें विचाल्लें.

"यो. कांयच हरकत ना."

"पुण हांव हांगा कित्याक येतलें तें विचारिना ?"

"आगो, तें कितें विचारूंक जाय ?"

"तरी पुण म्हाका सांगचेशें दिसता."

तिणें म्हळें.

"हांगा हांवें एका नाटकाचें आमंत्रण घेतलां. ताचे येसायेखातीर हांव हांगा उरतलें. घरा हांव सदां फांतोडेर गाण्याचो अभ्यास करतां. पुण म्हज्या बिराडार म्हाका तो जमना. लोकांक त्रास जाता. तेन्ना मनांत आयलें, तुका मानता जाल्यार हांगा सदां येद्यावेळार देवळांत येवचें आनी गाण्याची उजळणी करची. म्हाका

लागून तुका मातशे त्रास जायत. पुण प्लीज. फकत पंदरा दीस —"

"कांयच हरकत ना. पंदरा दीस न्हय. सदांच जरी तूं येत रावलें तरी म्हजी 'ना' ना. पुण तुजें नांव कितें ?"

"चंद्रीका."

"वा ! सुंदर ! पयरूच पेडावयल्या नाटकांत तुजें काम पळयलें."

"खरेंच ? तूं आयिल्लो नाटकाक ?"

"हय तर ! सगल्यांत फुडें बांकार बशिल्लों ; तुवें पळे.वंक ना ?"

"ना बाये ! कांय येवजय ना. पुण म्हजें सवंग कशें जालें ?"

"बेस बरें ; एक नंबर !"

"बरें तर, हांव फाल्यांच्यान हांगा येतां."

तिणें म्हळें. हातांतलो झेलो देवाक दवरून ती पायां पडली आनी उदकाच्या ल्हाराप्रमाण परतून गेली. गणू तिका फाटलेवाटयां पळयत रावलो.

नाजूक विशयाचेर बायलां मुद्दामच फट उलयतात अशें गणून एका पुस्तकांत वाचिल्लें. तशी ही चंद्रिकाय फट उलयताली. त्या दिसा तिणें एकदा न्हय हजारदां गणूकडेन पळयल्लें. गणून तिचेविशीं जें कितें थारायिल्लें ताका तिच्या फट उलोवपान चडूच घटसाण आयली आनी आतां तिणें फाल्यांपसून जैखातीर येतां म्हुण सांगलां तें तरी खरें कित्यावेल्यान ? पळोवया.

दुसऱ्या दिसा सांगिल्ल्या प्रमाण ती आयली. गणू देवळाचें दार उकतें करुनूच बशिल्लो. तिणें एक ल्हानसो तंबूरो वांगडा हाडिल्लो. देवळांत येनाफुडें ती देवाक पायां पडली आनी तिणें चौकार बसून गावपाक सुरवात केली.

ती सदांच येवंक लागली. देवाक पायां पडपाखातीर ती फुडें आयली म्हणचे तिचेखातीर सांबाळून दवल्लेली नाजूक फांती तो तिच्या हातार दवरतालो. ती मोटे खोशयेन ते फांतयेचो स्वीकार करताली. तिणें गावपाखातीर तंबुऱ्याक हात घालो म्हणटकूच गणूच्या काळजाची तार छेडिल्ले भाशेन जाताली. ती गावपाक लागली म्हणचे तो आपणाक विसरून वतालो. तिणें एकादी भिरभिरतीं तान घेवन गणूकडेन विचारपाचे नदरेन पळयलें म्हणचे गणू तोंडार चडांत चड हांश हाडून तिका मान हालोवन 'बरें आसा' अशा अर्थाची परती जाप दितालो.

एक एक दीस फाटीं पडटालो. ती येताली आनी वताली. केन्नाय चार दोन उतरां गणूकडेन उलयतालीय. पुण गणूक जाय आशिल्लो प्रस्न अजून तिणें उकतो करूं नाशिल्लो.

तिणें आपल्याकडेन खूब उलोवचें, गजाली करच्यो, मौज मस्करी करची, हांसचें खिदळचें अशें ताका दिसतालें. पुण तिचेफुडें आपल्या निजाच्या भेसांत रावपाक ताका लज दिसताली देखून ताणें सुंदर जावपाखातीर, तिच्या मनांत भरपाखातीर एकेक उपाय सुरू केलो. गायच्या पावलायेदी आशिल्ली शेंडी कापून

वडयली. मडवळा घडयेचे वाले न्हेसपाक सुरवात केली. हातांत मुदी, गळयांत सरपळी चकचकूंक लागली. कानांत अत्तराचे बोंथयेन घर केलें. उंची शाब्बान आंग निवळ जावंक लागलें. पुण अितलेंय करून ताचें समाधान जालें ना. शाबू आंगाक लावन आंग धवें जायना म्हुण ताणें फातरीक शाबू लावन तिचेर आंग घांसून पळयलें. पुण फुकट. ताजी चामडी गोरी जावपाबदला तांबडीकाळी जावपाक लागली आनी ती बुड्डिल्ल्यासारकी दिसूंक लागली. 'चंद्रिका' ह्या नावामुखार ताका 'गणू' हें नांव लेगीत आवडनाशिल्लें. ही दोनूय नांवां एकठांय केलीं म्हणचे पिकिल्ल्या सफरचंदा म्हऱ्यांत सुको नाल्ल दवल्ल्यावरी ताका दिसतालें. पुण ह्या गजालींक उपाय नाशिल्लो.

गणून कांय दीस तिचेकडल्यान विचारप जातलें म्हुण वाट पळयली. आनी अखेर एक दीस ती गाणें सोंपोवन वचपाक परतली तसो गणून तिका उलो केलो – 'चंद्रिका!' तिणें फाटीं वळून पळयलें. गणू जमनीर नदर लावन उबो आशिल्लो.

"तुवें म्हाका उलो केलो?"

तिणें विचाल्लें.

"हय"

गणून जाप दिली;

"तुका एक विजारपाचें आसा."

"विचार मूं; ते खातीर लजूं जाय कित्याक?"

"तुका राग येवंचो ना मूं?"

"ना रे! तुका जें विचारूं जाय, तें फाटीकुडें न येतां विचार."

तिच्या उतरान गणूक बरोच धीर आयलो. थोडो थांबून ताणें धडधडटचा काळजाक विसव दिलो. आनी मागीर अपुरबायेच्या सुरांत ताणें विचाल्लें –

"चंद्रिका, म्हजेविशीं तुज्या मनांत कितें आसा गो?"

ह्या अकस्मात विचारिल्ल्या प्रस्नान ती गोंदळ्ळी. मात्शी चांचरत तिणें म्हळें ––

"म्हणचे तशें विशेश काय ना."

"विशेश कांय ना म्हुण अजून फट कित्याक उलयता? हांव सगलें समजलां."

"कितें–कितें समजला तूं?"

"तुजो म्हजेर मोग आसा हेंच!"

"म्हजो तुजेर मोग?"

तिणें वयल्या सुरांत प्रस्न केलो आनी ती पोट धरधरून हांसली. तिचें तें हांसप गणूच्या काळजांतल्यान चरचरत गेलें. ताणें परतून विचाल्लें ––

"मस्करी न्हय? खरेंच तूं म्हजेर मोग करिना?"

"आरे, पुण तुका हें कोणें सांगलें?"

"तुजे नदरेन. त्या दिसा नाटकांत तुजी दृष्टभेट जाल्ली तेन्ना."

"अशें ?"

तिणें प्रस्नार्थक नदरेन मान हालयली, आनी म्हळें --

"देवा म्हज्या! गणूभटजी, नाटकांतल्या एका कलावंतान आपली कला पळोवप्यांक कितली रुचता हें समजुपाखातीर जर पळोवप्यांकडेन पळयलें जाल्यार तो ताचो गुन्याव जायत ? त्या दिसा हांवें त्या अर्थान पळोवप्यांकडेन नदर फिरयली जायत. पुण तातूंत तुका जावं दुसऱ्या कोणाकूय पळोवपाचो हेतू नाशिल्लो. पुण म्हज्या पळोवपान तुजो तसो चुकीसमज जालो जायत आनी ताका हांव कारण जालें जायत जाल्यार म्हाका क्षमा कर. पुण म्हजी तशी भावना नाशिल्ली."

अशें म्हणून तिणें मान बागोवन गणूभटजीच्या पायांक हात लावन नमस्कार केलो आनी ती चलूंक लागली.

गणू कितलोसोच वेळ मोन्यांनी आशिल्लो. तिका उलो करून थांबोवची आनी दिलगिरी पर्गटांवची असेय विचार ताच्या मनांत आयलो. पुण ती गेली. नदरे आड जाली.

चिंतेस्त अवस्तेंत गणू म्हादेवाचे तळयेर पावलो. तळी निळया उदकान तुडूंब भरिल्ली. लागसार कोणूच नाशिल्लो. कुशिचे धडेर तो उबो रावलो. ताणें दोळे धांपले, हात जोडले आनी 'हर गंगे' अशें म्हणून तळयेंत उडी घेतली.

बऱ्याच वेळान तो उदकाभायर आयलो तेन्ना ताचें सगलें आंग निवळ जाल्लें; भायलें आनी भितल्लेंय.

※※※

८.

मोरया !

फाल्यां चवथ. सगळेकडेन अुमेदीचें वारें पातळ्ळां. वचत थंय गणपतीच्या येवकाराची तयारी चल्ल्या. मखरां रंगोवप ... माटोळी बांदप . . लाडू नेवऱ्यो करप ... गणपती हाडप ... फोगोटचो मारप . . !

धाकटुलो सोनुलो वाडयार भोवन घरा आयलो. घरांत चवथीचो कांयच बोवाळ नाशिल्लो. बाप्पा कुळागरांत गेल्लो. आई तांदूळ निगूत करताली. सोनुलो धांवत आई फाटल्यान गेलो आनी आपल्या अिल्ल्याश्या हातांची वेंग तिच्या गळयाक घालीत ताणें विचाल्लें –

" आई आमगेर चवथ ना गे ? "

ताची समजूत कशी घालची हें येवजिता आसतनाच ताणें चडूच लाडांत येवन फुडें सांगपाक सुरवात केली –

" जाणा मगे आई, त्या बाबूगेर बेसबरें मखर रंगयलां, नानुगेर घरभर बनेरां लायल्यांत. आनी त्या पुंडीन जाणा मगे, पंचीस मारानांचो दाळो लावन दवल्ला. "

वाडयार चवथीखातीर कोणे कोणे कितें कितें केलां तें सांगता आसतना अकस्मात तो थांबलो आनी परतो ताणें आईक तोच प्रस्न केलो.

" आई, आमगेरूच गणपती कित्याक पुजीना गे ? "

पुताच्या ह्या प्रस्नान आवयच्या दोळयांमुखार पोरूंचो प्रसंग उबो रावलो. पोरूंय चवथी दीस गणपती हाड म्हुण सोनुलो हट्ट धरून बशिल्लो. आनी ताची

समजूत घालूंक तिका जमूंक नाशिल्लें ! त्या उपरांत तो हट सोडीना जावन बाप्पान ताचेर एक चुरचुरीत थापट मारतकीच जेविनासतना रडतरडत तो न्हिदिल्लो.

सोनुल्यान आतां तर तिचे मांडयेर घालूनच घेतलें, ताणें आवयचे हात धल्ले.

" सांग गे अुयनना कित्याक तूं ? "

" आरे सोनुल्या, नव्या घरांत सुरवातेक गणपती आपुण जावन हाडिनात. "

" मागीर कितें गणपती आपुण जावन येता ? "

" हय. "

" आई, तूं फट सांगता. गणपती आपुण जावन कसो येतलो ? ताका तर म्हाणायेर दवरून अुखलून हाट्टात. हावें कितें पळोवना ? "

सोनुल्यान म्हळें.

" तसोच कोणेयतरी चवथीच्या आदल्या राती गणपती आमगेर हाडून दवरूंक जाय. मागीर आमगेर चवथीक सुरवात जातली. "

" मागीर आमी कोणाकूय सांगूंया आमगेर गणपती हाडून दवर म्हुण. "

" अुं-हूं ! तशें सांगपाचें आसना. कोणाच्यायतरी मनांत वचून ताणेंच तो हाडून दवरूंक जाय. "

" आई, तूं म्हाका कितेंय सांगता. पैशे खर्चता म्हुण तुमी चवथ करिना. हांव जाणा ! "

" ना रे म्हज्या सोनुल्या. "

आईन अपुर्बायेन ताका लागीं करीत म्हळें. "

" आमी खर्चाक भिनात. पुण गांवार चाल आसा ती आमी कशीं मोडटलीं ? त्या गणपतिकूच आमची हातची सेवा घेवची येवजना आनी कितें ? "

आईन दोळयांक पदर लायलो. आनी तें पळोवन सोनुलो ल्हवूच थंयच्यान कडसलो.

तो दारा फुडल्या आड्यार येवन बसलो. म्हाणायेर बसून रंगीत कागदाची खोळ घेतिल्ले गणपति लोकांच्या घरांनी वताले. पुण एकलोय गणपती ताच्या घरावशीन पळय नासलो. भुरगे फोगोटचो मारीत नाचताले. पुण सोनुल्याक कोण अेक फोगोटीय घे म्हणनासलो. शेजारच्या घरांतल्यान नेवऱ्यो मोदकांचें तळप चालिल्लें. तांचो घमघम सोनुल्याच्या नाकांत भरतालो . . पुण कित्याक जाय आशिल्ली ताका फोगोटी आनी नेवऱ्यो ? तागेर तर चवथूच नाशिल्ली !

तिळसान जाली तसो निर्शेवन सोनुलो घरा परतलो. तो जेवणाक पानार बसलो. आवयन ताच्यो आवडीच्यो केळ्यां – फोडी तळिल्यो. पुण ताची जेवणार वानसाच नासली. तो तसोच अुठलो आनी न्हिदूंक गेलो. पुण ताका न्हिदूय येना जाली. ताच्या दोळयांमुखार फकत चवथ येताली.

—फाल्यां दर अेकल्यागेर मखरांत गणपती बसतलो . . भट येवन पुजा सांगतलो . . मागीर घांटेचो किणकिणाट . ताळांचो खणखणाट . . . फोगोटचांचो घडघड . . आनी आमगेर . . ? येवजितां येवजितां सोनुल्याक न्हिद लागली.

"आरे सोनुल्या, ऊट, ऊट बेगीन आमगेर गणपती आयलो."

आवयच्या ह्या अुतरांनी तो जागो जालो. तो धडपडत अुठलो आनी दोळे चोळीत ताणें विचाल्लें —

"खंय गे तो ?"

आईन ताका हाताक धरुन ओडितूच फुडल्या दारांत व्हेलो. दारांतूच म्हाणायेचेर अेक अिल्लोसो गणपती सोनुल्याची वाट पळयतालो. सोनुल्याक पळयनाफुडें तो भितल्ल्या भितर हांसलो.

"आई, कितलो बरो गे गणपती !"

सोनुल्यान ताळयो पेटीत आनंद अुक्तायलो.

"आरे फाटीं सर."

आईन सांगले.

"राव गे, म्हाका गणपतीक सारखो पळोंवदी."

आनी तो गणपती म्हऱ्यांत बसून ताका पळयतच रावलो. ताजे अिल्लेशे निळे दोळे सोनुल्याकूच पळयताले. आपलें अिल्लेंशें सोंड हालयत तो सोनुल्याक म्हणटालो —

"तुवें म्हज्याखातीर हट्ट धरिल्लो न्हय ? देखून हांव आयलों."

सोनुल्याचो आनंद आतां त्या दोन कुडिच्या घरांत थारप कठीण जाल्लो. ताणें धांवत खर्शेत ही खबर सगळचा वाडचार सग्गली. "तुमगेर चवथ ना" म्हूण हिणसावपी सगले भुरगे आतां ताचें परते दोस्त जाले. एकेकलो येवन गणपती पळोवन गेलो. अभिमानान आनी आनंदात सोनुल्याचें काळीज भरून आयलें.

बाप्पान गणपती पुजलो. आईन अेकवीस लाडवांचो निवेद दाखयलो. वाडचावेलें लोक येवन आरती जाल्यो आनी सोनुल्यान मारांद लायले.

कोण नासलो तेन्ना सोनुलो एकलोच येवन गणपती मुखार अुबो रावतालो. नदर लावन ताकाच पळयतालो. मनातल्या—मनांतच ताचे कडेन कितेंतरी गजाली करतालो . . . हांसतालो . . . पुटपुट्टालो . . . आनी कोणेंय पळयलें की लजून व्हवूच थंयच्यान पळ काडटालो.

चवथ सोंपून पंचमिची सांज अुदेली. लोक गणपती पळोवन घरा परतले. सोनुलोय घरा आयलो. ताणें पळयलें, बाप्पा पुजे तयारी करता आनी आई चार पांच फोडिल्ले नाल्ल घेवन आदोळेर कांतूक बसल्या.

सोनूल्याच्या मनांत पाल पडली. ताणें आईक विचाल्लें —

"आई, हे अितले नाल्ल कित्याक कांतता गे ?"

"आरे, आता गणपती पावोवपाचो न्हय ? ताका पांच नाल्लांची पंचखादय दाखोवपाची आसता."

"आई, कित्याक पावोवंक जायगे गणपती ? आसलो म्हण कितें जाता ?"

"तें हांव नकळ रे ! तूं ताका विचार."

गणपती वतालो म्हणपाचें तिकाय वायट दिसता जांवये. कारण तिचीय अुतरां जड जाल्लीं.

सोनुलो बाप्पासरीं आयलो.

"बाप्पा, गणपती आज पावयता ?"

ताणे मेजा कुशींच्यान विचाल्लें.

"हय !"

बाप्पान सकयले मानेन जाप दिली.

"नाका, आमी दवरुंया गणपती !"

"ना रे सोनू, अंदू दवरुंक येना, फुडल्या वर्सा पळोवया !"

"कित्याक ?"

"हे पळय सोनू, अंदू आमचें चवथीचें पयलेंच वर्स. तेन्ना आमी अंदू करता ती फुडेंय चाल पडतली. अंदू चड दीस दवल्ल्यार मागीर फुडेंय चड दीस गणपती दवरचो पडटलो."

"मागीर खुबूच मजा जातली न्हय !"

सोनुलो शेपडी कसो बाप्पा फाटल्यान लागलो. पुण बाप्पान अेकदां ना म्हळें कि थंय कांय चलना. निमाणो तो सोनूल्याचेर तापलो.

"चल पळवया हांगच्यान. हांव काम करतां तातूंत बेश्टोच कटकटी करूं नाका."

सोनुलो घरा येवन शेंदरेर पडलो.

गणपती पाववपाचो. देव म्हुण ज्याची आमी पुजा केली ताका अुदकांत बुडोवपाचो कितले निर्दय आमी ? गणपतीक कितें कांयच कळना ? आनी उदकांत बुडयल्या अुप्रांत ताची कितें अवस्था जातली ! ताच्या नाकां तोंडात अुदक वच्चें ना ? ते निळे निळे दोळे बंद जांवचे नात ? ताच्या गळयाक पानसोरोप वेटाळे घालचे नात ? बापडो गणपती ! फुडें सोनुल्याच्यान येवजूंकच जायना जालें.

बऱ्याच वेळान तो गणपती मुखार येवन अुबो रावलो. ताणें गणपतिच्या तोंडाकडेन पळयलें. तें दुखान आनी हुस्क्यान धवें पडिल्ले वरी दिसतालें. ताचेर अेकाद्रे जीवघेणें संकश्ट कोसळळां !

"गणपती बाप्पा, ह्या जांणटेल्यांक दया माया कांयच ना रे ! हांवे कितलें

सांगलें, तुका दवरून घे म्हण पुण बाप्पा आयकना. आईक काकळूत येना. सांग, तुजवेलें संकट ना करपाक हांव किते करूं ? "

सोनुल्याचे दोळे दुकांनी भरून गेले. त्या दुकांच्या हुंवरात ताचो गणपती व्हांवत वतालो. आनी आपल्याक सोडपा खातीर सोनुल्याक आकांतून साद घालतालो. सोनुल्यान दोळे धांपून घेतले.

"मंगल मूर्ती मोरया ! "

गणपतिचेर अुत्तर पुजेचें तांदूळ पडले. मखरांतल्यान गणपतीक सकल देंवयलो. आईन ताच्या हातांत पंचखाद्येची पुडी दिली. बाप्पान अगांरल्ल्यो घाल्ल्यो. सगल्याचींच अंतस्कर्णां जड जाल्लीं. अशें दिसतालें कि त्या घरांतल्यान मोगाळ मनीस भायर सरून वचपाचो आसा. आनी तोय सासणाचो ! सोनुल्याची अवस्था तर विचित्र जाल्ली. अंतस्कर्णांतल्या भावनांचो बांद केन्ना फुटत हें ताचें ताकाच कळ नासलें. ताच्या मतान गणपती पावप म्हणचे घरांतल्यान प्रेतयात्रा भायर सरपा अितलो दुखदिणो प्रसंग आसलो. काळजांतलो ओघ एकदां भायर घालून मेकळो जांवचें अशेंय ताका दिसलें. पुण जमल्यात ते लोक हांसतले – पिसो म्हण्टले !

"आरे सोनुल्या, तुजे ते मारान लाय मरे ! केन्नाच्यान दवल्या ते ? "

आईन याद केली. सोनूल्यान घरां वचून मारानांचे बंडल हाडलें आनी तें खांकेक मारून संथ पांवलां उडयत तो गणपती फाटल्यान चलूंक लागलो.

वाडचावयले सगले गणपती बाजारांतल्या पेडार जमले. मुखार लोकांचे धुमशेण चलिल्लें ; लोक ताळ धोडयताले. पखवाज बडयताले . . . तोंडान बोबो मारताले. बारकेलीं पोरां फुलबाजाच्यो अुज्या किटी गणपतिचेर सोट्टालीं. हें निर्दयपणाचें कृत्य पळोवन सोनुल्याक लोकांचो तिटकारो आयलो.

" आरे, लाय मरे ते मारान. तुका भंय दिसता जाल्यार दी हांव लायतां."

अेका पोरान सोनुल्याच्या खाकेंतलें बंडल ओडीत म्हळें. पुण ताणें बंडल सोडलें ना.

सगले गणपती न्हंयचे तारीर आयले. अेका व्हडल्या होडचार सगळ्या गणपतींक बसयले. दर घराचो अेकेक मनीस होडचार चडलो. होडचाच्या दोनूय कुशीत दोन पेट्रोमेक्स बांदले आनी होडें न्हंयच्या मध्यार खोल अुदकांत धुकळ्ळें

" गणपतीबाप्पा मोरया, फुडल्या वर्सा बेगीन या ! "

गणपतिच्या कपलार अेकेक नाल्ल फुट्टालो आनी ताची अुदकांत रवानगी जाताली. सोनुल्याल्या गणपतिची पाळी आयली तसो तो एकदम फुडें सल्लो.

"आरे, सोनुल्या तूं ? आनी गणपती पावचो जालो तरी मारानाचो सुवार्थ सोंपना ? "

खाक्यांतलें बंडल पळोन बाप्पान तापून विचाल्लें.

" गणपती बाप्पा, तूं आमकां सोडून चल्लो ? न्हय चुकलों. आमीच तुका सोडून चल्ले.रागार जांव नाका."

सोनुल्यान निमाणे अेकदां गणपती कडेन पळयत मनांत म्हळें आनी तो पायां पडलो. बाप्पान नाल्ल फोडून गणपतिचेर अुदक कातली घाली आनी ताणें गणपती अुखल्लो. सोनुलोय बाप्पाक तेंकून होडयाचे कडेर आयलो.

" मोरया ! "

अुंच सुरांत बाप्पान म्हळें आनी ताच्या हातांतल्यान गणपती सुटलो. सोनुलो होडयाच्या कांठार पाय दवरून अुदकांत बावगलो आनी घरच्यान हाडिल्लें मारानाचे बंडल ताणें गणपती फाटोफाट अुदकांत सोडलें आनी तोंडान म्हळें –

" मोरया ! "

सोनुल्यान अितलो वेळ दामून दवल्लेलो अुमाळयांचो बांद फुटलो. ताच्या नाका तोंडात हुंदक्याचो खळखळाट जालो; दोळयांतल्या दुखांचे घोगे भायर पडले आनी तातूंत ताणें म्हणिल्लीं "मोरया" हीं अुतरां खंयच्या खंयच व्हांवन गेलीं. नाच जालीं !

※※※

९.

सुखाच्या सोदांत....

सदांभशेन सुंदरबाबा खडवांचो टिक् टिक् आवाज काडीत मठयेच्या भायल्या कटचार येवन अुबो रावलो. कमराक गुलाबी लुंगी, त्याच रंगाचो सदरो. 'हरे कृश्न हरे राम' छाप आंगार अुपरणी. गुबगुबीत गोमटें तोंड. मानेमेरेन होमकळपी केंस. कपलार भस्माचे आडवे पटे, मदीं रेखिल्लो नकसूद शेंदुरी तिळो, गळयांत बोरांयेद्या रुद्राक्षांची माळ आनी गुळगुळीत तोंडार प्रसन्न भावना...

ताची वाट पळोवपी कटचार बशिल्ले लोक अेकदम उबे रावले. हात जोडून मस्तकां नमलीं. सुंदरबावान तोंडार हाशें हाडून आनी अुजवो हात वयर करून नमस्कार पावल्याचें दाखयलें.

खडावो दाराभायर दवरून सुंदरबाबा मठयेंत गेलो. लोकांनी खडवांक हात लावन तांचो धुल्ल माथ्याक पुसलो ... आनी अेकेकलो आयिल्लो तसो लायनीन बसलो. मठयेचें मदलें दार आड केलें.

मठयेचे मदले कुडींत चवायेर एक पाशाणी लिंग आसा. ताच्याफुडचांत तेकणें आसन. आसनावयर वंटीर कांय देवाचीं, साधुंची आनी संतांचीं पायनेलां. पायनेलांक हात जोडून सुंदरबाबा ओठांत कितेंतरी पुटपुटलो. शिपायान दवरिल्ल्या अिगळचावेर धूप घालो. पोसो भरून फुलां घेवन तीं लिंगार सोडलीं. हातजोड केली. कांय मिनटां थंड बसलो. आनी आसना कुशीन आशिल्लो बटन दामलो.

कर्र ऽऽऽ... आवाज येना फुडें शिपायान कुरू केली. सगल्यांत पयलीं आयिल्लो एक म्हातारो मठयेचे मधले कुडींत भीतर सल्लो. आनी सुंदरबाबा मुखार आशिल्ले शेंदरेर बसलो सुंदरबाबान विचारलें –

"कोण तूं – कितें प्रस्न ? "

"चेडो काल तिळसना घरा भायर सरतपासून बसता थंय कडकट्टा. रातीं न्हिदल्याउप्रांत किळांची मारीत कितल्याशाच खेपो उठलो. ताका आरोग्य मेळचें."

म्हाताऱ्यान हातजोड करून विनंती केली.

सुंदरबाबान अेक तांब्याचो तांबयो कानाकडेक हालयलो. खळखळ आवाज जालो. तांबयांत हात घालून मूठभर घुलो काडून चवायेर मांडल्यो. तांचे कांय वांटे केले. घुलो मेजल्यो. परत्यो तांबयांत घाल्यो. तांबयो कानाकडेक हालयलो. मूठभर घुलो चवायेर मांडल्यो. वांटे घालून मेजल्यो. परत तांबयांत घाल्यो. अशें तीन खेपो जाल्या उप्रात सुंदरबाबान म्हळें –

"तुज्या चेड्वाक दिष्टबाधा जाल्या."

"कोणाची दिश्ट ? "

म्हाताऱ्यान भीत भीत विचाल्लें.

"तें तुकां कित्याक ? चेडो बरो जातलो. ही बिबूत घे, चेडवाक तीन दीस लाय. चल."

सुंदरबाबान दिल्ली बिबूत म्हाताऱ्यान बोल्सांत दवल्ली. एक नोट थंयचे परातींत दवल्लो आनी पायां पडून भायर सल्लो.

दुसरे खेप बेल वाजली. अेक बायल भीतर गेली. सुमाराची वयावेली आसली. तिच्या प्रस्नाचो विचार करपाक बाबाक मात्सो वेळ लागलो. भायर येतना तिका पिंजरीची पुडी मेळ्ळी. परांतींत तिणेंय नोट वडयल्ली. असो क्रम चलत रावलो.

अेक दादलो अेक बायल असो भीतर वचपाचो क्रम. देखरेक करपाक दारार शिपाय. कोण कसलो प्रस्न घेवन आयला ... तांचीं भीतर कितें उलोवणीं जातात, भायर आयकुपाक येनासलीं ... प्रस्नाक जाप दिवपाची तरा तीच. तांबयांतल्या घुलांचो आवाज ... ती अद्भूत शक्त आनी सुंदरबाबांच्या हातान मेळची बिबूत, पिंजर, दोरो, फूल, पान, अक्षता, फळ, नाल्ल हांतूतल्यान प्रत्यशाक येवपी दैवी चमत्कार आजमेरेन कांय वर्सांसावन चलत आयला. घरांत कसलीय बरी वायट घडणूक जांव लोक सुंदरबाबाकडेन धांव घेताले ...

आनी कितेंय जांव ! सुंदरबाबाचें नशीब बरें. लोकांक गूण मेळ तशें गिरायक वाडत गेलें, परातूय भरूंक लागली. परातींतल्या पैशांचेर सुंदरबाबा आनी ताच्या शिपायाचें पोट चलतालेंच. त्याभायर मठयेचो खर्च, जिर्णोद्धार, मठये भोंवतणच्या पोरसाची कुयदाद, मठयेंतल्यान भायर वचपा येवपाचो गाडयेचो खर्च, वर्सांतल्यान एकादद्या दिसा म्हासमराधन आनी जायतें !

सुंदरबाबाची शिस्तूय तशी कडक. दादले – बायलो सगली ताचेकडेन

येतालीं वतालीं. पुण वेळ ठरिल्ली. अुलोवप जाय तितलेंच. बायलांकडेन मात्शें अुणेंच. आनी तेंय खंयींतरी तिसरेच सुत्रातेर नदर दवरून. सांजेच्या वेळार ताचेकडेन कितेंय अुलोवपाक, चर्चा करपाकय मेळ. पुण आदी दीस आनी वेळ ठरोवची पड.

बोटचावेले लोक सोंपिल्ले. एकच वयावेली बायल अुरिल्ली. तिचो व्हदळ नंबर आशिल्लो. पुण शिपायाक तिणें सांगलें, हांव निमाणी मेळटां. भितल्ल्यान बेल आयली तशी ती अुठली. धडधडटें काळीज साडयेच्या पालवान धांपून धरीत तिणें दाराभीतर पावल वडयलें. मन कांचवेल्लें. नदर भिरभिरताली. अधोमुखी अुबी रावन तिणें सुंदरबाबाक पळयलो. ताचीय ओजरती नदर तिचेर पडली. एकूच खीण सुंदरबाबान येवजिलें, सैमाची खाण सामकी फाटल्यान पावल्या काय येवन मुद्दाम रावल्या ! सुंदरबाबान बस म्हणून शेंदरी दाखयली. ती शेंदरेर ठाकठीक बसली. तिच्याकडल्या प्रस्नाची वाट पळयत तो तिच्यो नाजूक हालचाली बारिकसाणेन पळयतालो. ती बसली तरी जाप ना. तशें ताचें मन अधीर जालें. अितल्यांत ताका शिवाची याद जाली. अेकाद्रे आपलो प्रस्न शिपायाच्या कानार पडत म्हणून ती कांचवेल्या जायत. ताणें बेल माल्ली.

शिपाय भितर आयलो. सुंदरबाबान विचाल्लें –

" भायर कोण अुल्ला ? "

कोण ना अशा अर्थाची तकली हालली.

" मागीर अशें कर. घराकडे वच आनी जेवण करपाचे तयारेक लाग. चुलीर दाळ दवर आनी भाजी नासत जाल्यार फाटल्यान वांयगिण भल्या तिचीं दोन हाडून भाजी कर. "

मांदरेवेले बायलेन अकस्मात म्हळें.

" हें पळयात हांव जेवणाक रांवचीं ना. "

सुंदरबाबान हांसत म्हळें –

" तुका राव म्हणना. पुण आमकां दोगांक पोटां आसात काय ना ? "

" तें जालें. पुण हांव वोगीच समजलें. "

" आमीं बायलांक हांगा दवरून घेना. "

तिच्या भियोवपाचें कारण सुंदरबाबान ना केलें. शिपाय – शिवा – शिष्य रांदपी – राखणदार आनी सहकारी असो अेकमेव मठांत वावुरपी, मात्सो हांसत थंयच्यान भायर गेलो. उपरांत सुंदरबाबान विचाल्लें.

" कोण तूं ? "

कसल्याय कारणान जांव, तिका अुलोंवचें पडलें. आनी त्या सांगाता तिच्या मनांतली दुगदुग अिल्ली अुणी जाली.

" म्हजें नांव केतकी ... "

ती थांबली.

केतकी ? सुंदरबाबाचें भितल्लें मन हवेंत हुबूक लागलें. केतकी म्हणचे 'हातो.' हात्याचो वास कितलो आसता. ताका तर खुपूच आवड. आंग चोरून बशिल्ल्ले केतकीच्या हातांकडेन सुंदरबाबान पळयलें. नावां सारखेच हात. धवो पुण हळदुवसार रंग. नितळ – पातळ कात, हात अितले सुंदर जाल्यार मुख कितलें आसतलें. पुण आजून तें स्पश्ट दिसनासलें. पदर वोडून घेतिल्लो न्हय ? आरे तिणें नांव सांगलें पुण हांव फुडें अुलोंवच ना. आनी ती चोर नदरेन म्हज्याच प्रस्नाची वाट पळेत बसल्या. आपल्याक सांवरून घेत ताणें विचाल्लें, सामकें ल्हवूच.

"कितें येवजून आयलां तूं ?"

आतां केतकीक बरोच धीर आयलो. सुंदरबाबा बायलांक आपलेपणान वागणूक दिना अशें तिणें आयकल्लें. पुण आतांच्या अुतरांत तशी तिखसाण मातूय नासली. तिका खुपशें ल्हव जालें. तिणें मोकळेपणान अुलोवपाक सुरवात केली.

"हांव आनी म्हगेलो घोव. आमी दोगांय दोनापावला बिराड करून रावतां. घोव शिर्वीस करता पणजे ..."

ती आपली व्यथा सांगताली. पुण सुंदरबाबाचे तकलेंत आयली दोना आनी पावल हांची कथा. दोना आनी पावल एकामेकांचीं प्रेमिकां. दोगांकूय घरच्यांचो विरोध. ताका लागून ताणीं ते सुवातेवेल्यान दर्यांत अुडी मारून जीव दिलो. ते सुवातीक लोक दोनापावल ह्या नांवान वळखूंक लागले.

सुंदरबाबाचें आपल्या अुलोवपार लक्ष ना अशें समजून केतकी अुलोवपाचें थांबलें. तेन्ना ताची तनरी देंवली. कितें तरी विचारप म्हणून ताणें विचाल्लें –

"तुमचें लग्न केन्ना जालें ?"

"पोरूं. म्हजेकडेन शिक्षण ना. ताचेकडे खूप आसा. तो खंयतरी वयल्या पांवडयाची शिर्वीस करता. ताच्या व्हडपणाक हांव माळ्ळें. तो म्हज्या रूपाक."

सुंदरबाबान ताचें रूप नियाळ्ळें. खरेंच. कोणूय भाळून वचसारखें आसा.

"मागीर फुडें ?"

अुमळशिकेन तिका पळयत विचाल्लें.

ती अुलोंवक लागली. मदींच गळो भरून येतालो. दोळयांत बोलसाण देंवताली. आवाजाचो तोल बदलतालो. सुंदरबाबा मदीं अुमळशीक दाखयतालो. मदींच धीर दितालो.

"लग्न जालीं तेन्ना तो म्हजेर खूब मोग करी शिर्विशेवेल्यान बेगीन घरा येतालो. येतना म्हज्याखातीर कितेंय तरी हाडटालो. दीसभर म्हजी फाट सोडी नासलो. ऑफिसाचो टायम जालो म्हणवे हावेंच ताका वेळेचो अुगडास करचो. पुण ह्या दोन म्हयन्यांत –"

केतकी थांबलें.

" सांग तूं – हांगा येवपी दर अेकल्याचो प्रस्न आमी गुपित दवरतात. "

सुंदरबाबान आश्वासन दिलें. तशी तिणें फुडें सुरवात केली.

" हालीं तो वेळार घरा येना. येतना भरून येता. म्हाका अडाणी म्हणून घोरोता. म्हाका समजिकाय ना. मनीसपणा ना म्हणून खुबळटा. आनी पयर रातीं मध्याने अुप्रांत आयलो. ताच्याखातीर हांव जेविनासतना वाट पळयत बशिल्लें. हावें मात्शे तापून पळयलें. पुण तितल्याचेर ताणें म्हजेर हात अुखलून – "

ताका हुंडक्यानीं रडें फुटलें.

सुंदरबाबा गोंदळ्ळो. अुठून ताचे फाटीवेल्यान हात भोंवडावन सांतवन करचें अशें मनांत येवन लेगीत गेलें. पुण ... ताका सहानुभूती जाय, मार्गदर्शन जाय काय आनी कितें, अजून ताच्या मनाचो थाव खंय लागलेलो ?

हात्याची झांक वतान करपून काळी पडिल्ली. ती दुखांच्या रूपान दोळ्यांतल्यान गळटाली.

" तूं कितें येवजिता ? "

सुंदरबाबान विचाल्लें.

" आनी कितें ? आदले दीस परत येंवचे. अितलेंच "

सुंदरबाबान तांबयांतल्यो घुलो खळखळयल्यो. चवायेर पुंजो घाल्यो. मेजल्यो .. अशें दोन तीनदां जाल्याअुप्रांत निर्शेल्ल्या तोंडान म्हळें,

" तुज्या घोवाक अेके चलयेन आपल्या मोगांत घुस्पोन घेतला. तांचो मोग वाडत वतलो. तुका ताच्या सांगातांत सुख मेळपाची आस्त ... "

तो थांबलो.

" आसा काय ना ? "

" ना. "

" पुण म्हाका तें जाय. तुमीं ते दैवी अुपायन मेळोवन दिव शकतात. "

" मेळत. पुण तुज्याखातीर देवाक सांगडें घालूंक जाय. आनी म्हाका तर आतां वेळ ना. फाल्यां सकाळीं वशीकरण यंत्र मंत्रून दवरतां. हांव अशें कोणाक दिना. फक्त तुज्याखातीर. कोणाक समजूंक जायना. म्हण्टकुच एकटेंच यो. "

" केन्ना येंव ? "

" आयच्यान तिसऱ्या दिसा परां सांजेच्या पांचांक ! "

" बरें येतां. "

म्हणत केतकीन सुंदरबाबा नाका नाका म्हण्टा आसतना अेक धांची नोट परातेंत वडयली आनी पायां पडपाक बाग घेतली.

सुंदरबाबा सट करून अुठलो. तिका भुजांक धरून अुबी केली. आनी परातेंतली नोट तिचे मुठींत दीत म्हळें –

" काम जाल्याअुप्रांत पयशे. अितलेंच न्हय तर तूं पुराय खोशी जालें जाल्यार

हांव धन्यताय मानीन चल तूं ! "

भुजांवेलो हात फाटीवयल्यान दॆंवतना सांगलें.

केतकी मठीचीं सोपणां देवन तरतरीत चलूंक लागली. सुंदरबाबा तिका पावोवपाक सोपणांमेरेन पावलो. तिच्या तरतरीत चलपावेल्यान सुंदरबाबाक दुबाव चाटून गेलो. हावें तिचो हात धरून नोट परत केली. भुजां धरून फाटीवेल्यान हात ओडलो. म्हजे हे वागणुकिची पाल तिच्या मनात येत ? चे : ! तशें आशिल्लें जाल्यार ती शॉक लागिल्ल्यावरी फाटीं सरतली आसली !

पुण अजापाची गजाल. केतकीक त्या दिसा सांजेचें घरांतल्यान भायर वचपाक कारण सोदचें पडलेंना. सादेपणान संद चलून आयली. घोवान पयल्या दिसा सांगलें, आमचो सायब रिटायर जालो. फाल्यां सांजे सगळ्या ऑफिसान ताका निरोपपार्टी दिवपाची थारयल्या. तेन्ना .. तो घुसपलो.

"तुका जातीन हजर रांवचें पडटलें."

"हय. निरोपाचीं उलोवपां – आभार. उपरांत डीनर."

"डॅन्स लेगीत आसतलो ?"

"हय !"

"हांव येंव ?"

"नाका. तुका मॅनर्स ना. चार चौगांत घोत्रावांगडा कशें वावुरचें, लोकांकडे कशें उलोंवचें हें लेगीत तुका कळना !"

"पुण तुवें म्हाका केन्ना व्हरून पळयलें ?"

"पळोवपांक कित्याक जाय ? घरांत दिसता तितलें पुरो !"

चड घासगिस करपापरस वोगी राविल्लें बरें. केतकीन फाटीं घेतलें.

केतकी वचत पासून सुंदरबाबाच्या मनांत फक्त केतकी. सांगलां त्याप्रमाण ती परां येत ? आयली जाल्यार तिका कितें सांगचें, कशें उलोवचें ? ती आयली म्हणचे तिचें मन दुखसारके कांय उलोवप ना. मठयेचे भक्त केन्नाय येवन नाका जाल्ले त्रास दितात. परांचो सगलो दीस विसवाचो दीस म्हणून दवरपाचो. ताणे शिवाक सांगलें,

"परांचो दीस हावें विसव घेवपाचो थारायला. त्याप्रमाण गेटीर पाटी लाय. आनी फाटले कितले दीस तूं घरा वचून येवपाक जाय म्हणी. तूं परां सकाळीं वच आनी दुसऱ्या दिसा सकाळीं हजर जा."

बरें म्हणून शिवा मिस्किलपणान मुमुरको हांसत कुशीन सल्लो.

बरोबर पांच वरांचेर केतकी पिटिपिटि मठयेकडे पावली पुण गेटीकडे पावतकूच एकदम धसकोच लागलो. गेटीचेर पाटी लुमकळटाली. सुंदरबाबाचो आज विसव दीस आशिल्ल्यान ते कोणाची भेट घेवची नात. केतकीच्या मनात आयलें, कोणाची भेट घेवचे ना जाल्यर म्हाका कित्याक आपयलें ? येवजीत

तिणे गेटी भितल्ल्यान नदर माल्ली. पैस सुंदरबाबा फुलझाडां सांसपितालो ताणे धवीफुल्ल लुंगी आनी सदरो घातिल्लो. खंयी सुकून पडिल्ल्यो खोल्यो दिसल्यो जाल्यार कोयराच्या बल्लांत वडयतालो. आपुण दिसची अशे भशेन केतकी गेटी भायल्यान अुबी रावली.

सुंदरबाबाची केतकीचेर नदर पडपाक वेळ गेलो ना ... तो झाड! सांसपिल्ल्यासारके करी पुण पळयतालो गेटीकडेन. गेटीकुशीन केतकी अुबी आसा अशें पळोवन तो तुरतुरीत आयलो.

"आयलें तूं, यो!"

अशें म्हणत गेट अुकती करून तिका भितर घेतली आनी गेट परती बंद केली.

केतकीन गेटीभितर पावल वडयतना म्हटलें –

"मायली पाटी वाचून मनांत आयलें –"

"ती बाकिच्यांखातीर आसा. चल आमी मठयेंत बसून अुलोवंया."

सुंदरबाबा फाटल्यान केतकी चलूंक लागली.

दोगांय मठयेंत पावलीं. मठयेंत देवघराचे कुशीक अेक ल्हानशी बंद कूड आशिल्ली. खाजगी अुलोवपाचें आसत जाल्यार ही कूड अुघडपाची. सुंदरबाबान ते कुडीचें दार अुकतें केलें आनी केतकीक म्हळें,

"यो, मोपयार बस."

केतकी दारांतूच घुटमळ्ली.

"तुमी म्हाका यंत्र काय मंत्र अशें कितें दितां म्हणिल्लें. त्याखातीर आयलां हांव."

तिचें आयकल्याअुपरांत ताणें म्हळें –

"तें जाणा हांव आनी तयारूय आसा. पुण त्या पैलीं दोन अुतरां सांगपाचीं आसा. चल बसून अुलोवंया."

केतकी मात्शी नाखोशेन भीतर येवन बसली. तिच्याफुडें वेगळया कदेलार बसपाची ताणेंच निवड केली. बसतना ताणें म्हळें –

"हांगा बसतना तूं मनांतल्यान अनमली जायत!"

"ना तशें न्हय. पुण –"

"नव्या मनशाक तशें दिसपाचेंच. पुण तुवें भिवपाची गरज ना. म्हाका तुज्याकडल्यान एक – दोन जापो जाय. सामको मनांत पड्डो दवरी नासतना सांगपाचें!"

"हूं!"

"त्या दिसा हावें तुका सांगिल्लें. तुजो घोव अेके चलयेच्या मोगांत पडला. खरें?"

थोडो वेळ रावन सकले मानेन तिणें म्हळें –

"हय."

"ती चली ताच्याच ऑफिसांतली ?"

"हय !"

"... तूं घोवाचे आवडिचो एक तरी नग जेवणाच्या डब्यात घालता ?"

"अं ... हय !"

"तुजो घोव आनी ती एका मेजार जेवतात. हॉटेलांत वतात. सिनेमाक वतात आनी एकादी रात भाडयांचे कुडींत मनयतात."

"तें सगलें हाव जाणा ..."

"मागीर तूं ताच्याविरूद्ध बंड कित्याक करिना ? म्हजो संबंध तोड अशें सांगना ?"

"तो तोडीत. मागीर म्हजें कशें ?"

"तुजी वाट तुका मोकळी."

"हांव अशिक्षित. म्हाका कोण पोशीत ... ? म्हाका कोणागेर वचून वावराडेपण नाका !"

खरें आसा. पुण तो जर तुका धर्मपत्नी मानून दुसरेकडे वचून आपल्याक जाय तें सुख मेळयता जाल्यार तुकाय ताची धर्मपत्नी म्हणून रावन तुका चड सुख मेळटा थंय वचून घेवं येता."

"ना."

तिणें नेटान तकली हालयली. सुंदरबाबान सांगिल्ले विचार फापुडले ...

"हांव ताची धर्मपत्नी ... बापायन म्हजें शास्त्रान कन्यादान केलां ... धर्मेच अर्थेच कामेच नातिचरितव्या त्वयेयं अशें सांगून ताचे कडल्यान 'नातिचरामी' असो सपूद घेतला. आनी हांव कुमारीपणा कडकडीत पाळून पतिव्रता जालां. तें व्रत मोडप म्हणचे शिनळकी करप ... पातकांत पडप ..."

"चे ; चे ; हांव तुका तें कर म्हणूक सांगना. धर्म मनशाच्या सुखाखातीर सांगला ... आनी काळ बदलता तसो तोय बदलता, अशें धर्माचे निर्मातेच सांगतात."

"तुमचेकडल्यान अशें आयकूंक मेळत अशी म्हजी कल्पना नाशिल्ली. तुमी म्हजें आयकून घेतले आनी कांय दैवी प्रभावान म्हजे दुख सोंपयतले अशें मनांत आशिल्लें. म्हाका सुधारीत धर्म नाका. वतां हांव !"

"हें पळय तूं मान, जांव मानूं नाका. पुण ही लग्नसंस्था हो बायलांचेर गुन्याव करता. तो दादले करतात. आनी तुमी बायलो तो मानून घेता. हो देह तुजो. देहाचो दर एक अवयव तुजो. तूं स्वास घेता तो तुज्या नाकान. तुका जगपाखातीर तूं जेवता तुज्या तोंडान. पुण तुजे रुचीक बरें लागता तें. मागीर कांय

अवयवांचेर घोवाचो अधिकार कसो ? व्यक्तिस्वातंत्र्याचेर तर ही घुरीच ! तो आपल्या सुखाखातीर जाय थंय वता तसो तुकाय अधिकार आसा."

"पुण म्हाका ते वाटेन वचपाचें ना."

"बरें आसा. पुण तूं आयलां तशी एक खबर सांगतां. दुसऱ्याची न्हय, म्हजी. तुज्यासारखेंच ब्रह्मचर्य पाळून हावें एके चलयेकडेन लग्न केलें. म्हज्यासारखें तिणेंय म्हजेकडे एकनिश्ठ रावचें अशें म्हाका दिस. पुण तीं तशी रावना. तिच्या मनासारकें सुख मेळोवपाक ती भायर वता अशें कळ्ळें ... हांव तिचेकडे झगडूं ना. देव देवस्की करूंना. तिका सांगलें. तुका चड सुख मेळटा थंय सुसेगाद वच ... हांव तुज्या सुखाआड ना ..."

सुंदरबाबा थांबलो.

"आनी ती गेली ?"

"हय. आजून म्हाका तिची याद येता."

सुंदरबाबान तोंडार हात धरून हुंडको दिलो.

"तुवें म्हज्या दुखावेली खवळी काडली म्हणून सांगचे पडलें."

"मागीर तुमी दुसऱ्या सुखाच्या सोदांत कित्याक वचूंना ?"

"सुख सोदूंक वच्चें पडना. पायाकडे चलून येता."

तो भावनावश जालो. ताचो तोल गेलो. बायलेविरयत रावपाचो तट कोसळ्ळो. लोकांची आपणावेली भावना विसल्लो. एकदम उठलो आनी केतकी म्हऱ्यांत वचून तिचे दोनूय हात घट्ट धल्ले आनी हुंडक्यानी रडूंक लागलो.

"तुज्यासारको हांव एक दुखेस्त सामान्य मनीस. तुज्या मोगाळ पदरान म्हजें दुख ना करशी ?"

ताणें विचाल्लें.

"पुण तुमचें व्हडपण ?"

"व्हडपण ?"

तो फक्त हांसलो.

केतकी येवजीत उल्ली. आपुण ज्या सुखाचो सोद घेवपाक आयलें तें सुख हातांत आसा. सुंदरबाबाच्या हातांत बांदून पडिल्लें. तिचें अंतर्मन फुलून आयिल्लें ... सुंदरबाबाय बेहोश जालो. चड विचार करीनासतना ताणें तिका कडकडून वेंगेंत घेतली.

थोडचा वेळान केतकी थंयच्यान भायर सल्ली. तिचें मुखामळ जायेचे टवटवीत कळयेभशेन फुलिल्लें.

※※※

१०. □

बनखण

शीलाचें लग्न थाल्लां.

लग्नाखातीर माटोव घाला. माटवांत हातरी पातळ्या. नवी ताल्ल. हळदी गान वेलबुट्टी काडिल्ली. सोब्रीत बरी. हातरेर दांतें मांडलां. दोगी सवाशिणी दळपाक बसल्यात. तोंडांन व्होबयो गायतात. कांय बायलो भोंवतणी अुब्यो रावन दुलपद म्हणटात.

फाटले आठ दीस जाले, घरांत बोवाळ चालू आसा. पापड – लोणचें, मीठ – मसालो, वरव – गोटो, साखर – गोड. कोठ्येकूड भरत आसा. फाल्यां शेव, चिवडो, लाडू जातले.

बाप्पा शीलाखातीर कांकणां, माळ, तोडो, मुदी बी हाडपाक शेटीगेर गेला. येतना तो धडवत हाडपाचो आसा.

ह्या सगळ्या वातावरणांत शीला गोंदळून गेलां. लोकांक चड करून वांगडच्याक तोंड दाखोवपाक ताका लजशी दिसता. लग्न म्हणजे कितें आनी तें कित्याक करतात तें ताका आजून उमजूंक ना. पुण आपल्यापरस जाणटीं लग्न जाल्यांत तेन्ना आपणांकुय तें चुकचें ना अशी कितेंशी समजूत ताणें करून घेतल्या. थोडीशी अुमेद आनी चडशें भंय अशें तावें मन झोंप्यो खायत आसा.

तशें शीला सामकें नेण्टें न्हय. आंगलटीन इल्लें चड वाढाव अितलेंच. काल पयर येद्देशें दिस. पुण हायस्कुलांत पांय दवरून दोन – तीन वर्सांभितर ताका

न्हाण आयलें. आनी मागीर शीलान गरगरीत वाड धल्ली. पयलीं परस कितल्या तरी पटींनीं तें सुंदर दिसूंक लागलें. हड्डें रसरशीत आनी रूंद दिसूंक लागलें. चलपांत मोहकता आयली. दोळे ताका पळयणाराच्या काळजाचो थाव घेंवक लागले. ताची सुंदरताय आनी जुवानी कितल्याशाच तरणाटयांचें लक्ष ओडून घेंवक लागली.

शीला S. S. C. जालें. आता ताका फुडें शिकपाक घालपाचें ना. खंय तरी बरोसो जागो पळोवंचो आनी शीलाक अुजोवन काडचें हे येवजणेंत ताचो बाप्पा आशिल्लो. अितल्यांत अेक दीस खुद्द भाटकाराचीच शीलाक मागणी पडली

बाबा भाटकाराचो मदन लग्नाचो जाल्लो. अेक दीस बापायवांगडा नाल्लांचें पाडप करपाक तो भाटांत आयिल्लो. त्यावेळार ताणें शीलाक पळयलें. अितलेंच न्हय, नाल्ल पुंजोवपाच्या निमतान तो ताच्यावांगडा भाटभर भोंवलो, उलयलो मौज – मस्करी केली. हांसलो. त्या दिसा भाटांतल्यान घरा वतना ताचे पांय जडशे जाले.

मदनाक बऱ्यो बऱ्यो सोयरीगती आयिल्ल्यो. मान – पान जायसारख्यो, पुण मदनान स्पश्ट सांगलें, हांव लग्न करपाचें जाल्यार शीलाकडेनूच करतलों. अेकलो अेकेसुरो चलो. ताच्या मनाप्रमाण सगलें करपाचें. बाबान थारायलें.

मदन भाटकारालो चलो. शीला मुंडकारालें चली. अशें आसलें तरी जातीचो प्रस्न नाशिल्लो. दोगांयमदीं अंतर आशिल्लें तें गरीब श्रीमंतीचें. पुण तोय प्रस्न बाबा भाटकारानूच सोडयलो. ताणें दोनूय वटेच्या खर्चाची सगली जबाबदारी आपणें घेतली. अितलेंच न्हय ताणें हेंय सांगून वडयलें, लग्ना अुप्रांत हांव भाट पाडूंक येवपाचो ना. तें तुजे धुवेच्याच नांवार जातलें.

अितली बरी दारांत चलून आयिल्ली सोयरीगत कोण परतीत ? शीलाचे आईन शीलाक विचाल्लें – ‘ तुका मदन मानता मगो ? त्यावेळार ताच्या हांसत्या मुखार लजेचें साळीक फुलिल्लें. हीच ताची मान्यताय.

लग्न ठरतसान घरचीं सगलींच ताका फुलाभशेन ल्हवपीक जपतालीं. ताका खंयच्याच कामात हात घालूंक दी नासलीं. मोठ्या मनशाली सून जावपाचें आसलें न्हय तें आता ?

“ कितें बाये, तूं आतां आमकां वळखता ... ”

वांगडच्यो अिश्टिणी म्हणटाल्यो.

“ कित्याक गो ... ? ”

शीलान विचारचें.

“ आगो तूं आतां भाटकान्न जातलें न्हय गो ! ”

तांचे कुछिद्री बोल.

तें आयकतना शीलाच्या काळजाक खंयीं तरी घाय जावंचो. ह्या घायाच्यो वेदना सोंसून ताणे फटींचें हांशें तोंडार हाडचें.

"आतां बाये तुका कितें उणें ? वस्ती – दागीने, साडयो ब्लावज, रेडियो, टी. व्ही. मोटार, सिनेमा. मज्जा ! "

एका फाटोफाट कोडू गुळयो गिळच्यो तशीं तीं उतरां शीलाक लागचीं.

"हें पळय शीला, आमकां मात विसरूं नाका."

अेकादें अिश्टिणीन ल्हवूच ताच्या गालार चिमटी मारून म्हणचें.

शीलाक जाब फुट नासली. ताच्या दोळयांच्यो देगो वोल्यो जावंच्यो.

आतां आतां ताका दिसूंक लागिल्लें, लग्न जाल्या उपरांत हें सगलें सोडून वच्चें पट्टलें. कुळारचीं मनशां, घरदार, शेजारी – पाजारी, अिश्ट – अिश्टिणी, गोरवां – वासरां, झाडां – पेडां, तळी – दोंगर ल्हानपणासानचे तांचे आपले संबंद, माये मोगाचे धागे तुटपालागीं पावल्या हाची दिसपट्टी जाणीव वाडत वताली. लग्नाचो दीस लागीं येतालो तशी ताची ही अस्वस्थताय ताच्या मनाक खंयच्याखंय ओडीत व्हरताली.

कितें कोण जाणा. ल्हानपणासान ज्या मनशांचेर, ज्या वस्तूंचेर ताणें मोग केलो तांचेर नदर पडना फुडें ताका रडूंक येतालें. मागीर तें काळखाकुडींत धांवतालें आनी कोणाक कळनासताना पोटभर रडून घेतालें. मनांत म्हणटालें, चली मनशाचे जिणेंत लग्न ह्या उतराक अितलोच अर्थ आसूंये ... आसा तें तोडप, आनी नवें जोडप हाकाच भाग्य म्हंटात जाल्यार कोण जाणा !

कितेंय जांव घडपाचें घट्टलेंच. लग्न जाल्या उपरांत आपले जिणेंतली मनशां हीं. परतून तांची आपली भेट केन्ना आतली देव जाणा ! अेकेकल्याचो दोळे भरून निरोप तरी घेंवचो ! शीला सगल्याची नदर चुकोवन ल्हवूच गोठयांत गेलें. गोठ्यांत घाण जमिल्ली. गवणी रिकाम्यो जाल्ल्यो. शीलाक पळयल्याबराबर गोरवां दाव्यांक हिसके मारूंक लागलीं. सकाळसान तांकां सोडूं नासलीं. शीलान गोठो नितळ केलो. तांकां तण – उदक केलें. मायेमोगान तांकां सांसपिलीं.

स म्हयन्याआदीं लाली व्हिल्ली, पाडो जाल्लो. सोमाराचो, माथ्यार धवो चांद. शीलान ताचें नांव सोमो दवल्लें. सोमो भोव मोगाचो. शीला ल्हान आसतनां ताका नाजूक हातान भरयतालें. ती ताची गोडी आजून सुटूं नासली. फुडयांत सुकें तण आशिल्लें पुण ताणें हुंगून पळयलेंना. तो शीलाक पळोवन तकली हालोवंक लागलो. शीलान ताका पोटभर धांवां घालीं. अपुरबायेन ताका गळयाकडेन धल्लो. आनी भरिल्ल्या दोळयांनीं त्या चौखुऱ्यांचो निरोप घेतलो.

गोठ्यापेल्यान व्हडलो वोंवळिचो रूख आसलो. शियां दिसानीं मुळार वोवळांचो पावस पट्टालो. व्हडले फांतोडेर शियाची पर्वा करिनासतना शीलान हे वोवळीचीं वोंवळां पुंजयल्यांत. पोड गुंथल्यात. देवाक घाल्यात. आपणें माळयात.

आपणे भावनेन देवतेक वोवळां पोड ओंपले देखून म्हाका येदो व्हड जागो फाव जालो, शीला वोंवळी पोंदा बसून येवजिताले ... अितल्यांत अेक वोंवळिचो खादी हाल्ली. शीलाच्या माथ्यार चार वोंवळां पडलीं.

"शीला, लग्नाचो दीस लागीं आसा. तूं शेळें अुदक न्हांव नाका."

अशें आई म्हण्टा आसतना शीला झरीर गेलें. भुरगेपणांत वांगडच्या भुरग्यांवांगडा कुशिचे धडेवेल्यान ताणें अुडयो घेतल्या. तांच्या वांगडा तें पेंवलां ... एकामेकांचेर अुदक शिपलां. ल्हानपणांतलें तें चित्र शीलाच्या दोळ्यांमुखार अुबें रावलें. तेन्नासारखें आतांय थोडो वेळ ल्हान जांवचें, आसा त्या कपडयांनी अुदकांत अुडी मारची. वयर सरचें, परतीय अुडी मारची पुण ... !

व्हडपण आड आयलें ; शीलान पांय झरीच्या अुदकांत भिजोवन घेतले. चूळ भल्ली. दोळ्यांर अुदक मारून घेतलें. कितलें अुपकारी हें अुदक ! मनशाचें जीवन खरें ! पुण त्या अुदकाचो तळयेक कितें फायदो ... त्या अुदकाकूय दुसऱ्यांची जीण फुलोवपाक व्हांवक जाय ... म्हजें कशें जातलें ? शीलाचीं दोन दुकां तळयेच्या अुदकांत भरसून गेलीं.

सांजेची च्या जाल्याअुपरांत लिपचोरयां शीला घराफाटले दोंगुल्लेर गेलें. सकाळच्या पारार गोरवांक चरवाक पावोवपाक तें हांगा मेरेन येय. त्यावेळार निकतोच सूर्य पुर्वेकडल्यान वयर सर. ह्या सुर्योदयाचे नित्य नवे नवे रंग नियाळतना तें आपल्याकूच विसरुन वतालें. हे दोंगुल्लेवेल्यान म्हाळशेचें देवूळ दिसता मंगेशाच्या देवळाचो घूड आनी शेजो दिसता. त्याभायर पूर्वेवटेन ल्हान ल्हान दोंगर सर अस्तेमतेवटेन लांबच्यालांब शेतां. आनी तांतूतल्यान वांकडीं तिकडीं मोडणां घेत वचपी पुंडलिकाचो व्हाळ. गिमांत अशें जाल्यार पावसांत थंयचे सुवातेर तांबडोगुंज दर्या.

आरेच्या ! पुण हें कितें ही अितली मंडळी म्हाकाच पळेंत रावल्या आसतना हांवें तांकां हटकप ना म्हणचे कितें ?

"आयलें – आयलें."

म्हणत शीला ताकतिकेन एकेकल्याची वासपूस घेता. पयल्यान पयलीं तें काजीर चट्टा. अॅ ! कितें तांबडेच म्हुट्टे पिकल्या ! शीला खांदी हालयता. चार – दोन म्हुट्टे सकल पट्टात. मागीर शीलाय अुडकी मारता. म्हुट्ट्यांचो गोड रोस चोखता. कितलो गोड ! अशीच ती कान्नीण. कितलीं गोड तिचीं काण्णां ! भार जालो म्हणचें बुटीभर काड. काडटना कांटे तोंपतात. पुण काण्णांचे रूचीफुडें काटयाच्या वेदनांची जाणविकायूच जायना. ती चुन्नीणुय तशीच – हो रथ कशी भरता. चुन्ना म्हणजे मोतयांवरी. धवशीं तामशीं. शीलान व्होंटभर खुंटचीं आनी मोव मोव तणाचेर बसून वांगडच्यांक घेवन खांवचीं. हाच्या भायर चारां, चिटकळां, भेडसां, कणेरां. शीला दोंगरार आयलें म्हणचे झाडां – वाली आपलो

नजराणो फुडें करपाच्यो. शीलाचे जिब्रेक अुदक काडपाच्यो. सदां तीं वाऱ्याच्या तालार हालपाचीं – धोलपाचीं. पुण आज स्तब्ध आसात. जंगलाचे राणयेक सलामी दिवपाक अुब्या आशिल्ल्या शिपयांसारखी !

शीलाचीं संथ पावलां वडाकडेन पट्टात. ह्या वडाची सांवळी म्हणचे कितली थंडगार. सामकें मे म्हयन्यांत हांगा येवन बसचें. कितलेंय पुरो जावन येंव. अेका खिणांत जादूची कांडी फिरयल्याप्रमाण मनीस ताजोतवानो जाता. खोशयेन अेकाद्या खडपार बसकण मारची आनी दोळे धांपून घेंवचे.

ल्हानपणांत शीला आनी वांगडची हांगा येवन आपालिपा खेळटालीं. दोळे धरपाचें काम शीलाकडेन. शीलान दोळे घट्ट धरचे आनी म्हणचें,

'आपालिपा सायलिपा, सायचो गोंडो जिकून धर.

कानांत कितें ? मू ऽ ऽ दि चल धोवाक सो ऽ दित'

चलो आसल्यार –

'चल बायलेक सो ऽ दित' अशें म्हणून अुतराचो शेवट करपाचो.

सगल्यांत चंदा शीलाक आवडटालो. शीलान ताच्या दोळयांर वयल्यावयर हात धरचे ... कोण खंय लिपता तें ल्हवूच कानांत सांगचें. आजूनूय ती केन्ना केन्ना हांगा एकामेकाक मेळटात. शीला त्यो यादी दोळे धांपून येवजिताले.

" शीला, "

शीलान दोळे अुगडून पळयलें. मुखार चंदा अुबो आशिल्लो.

" शीला, कितले दीस जाले तुका भेटन म्हुण्टां पुण तुजे सावळेचेंय दर्शन ना. "

चंदाक पळयल्याबराबर शीलाक अुलोवंकूच येना जालें.

" शीला तुजें लग्न थल्लें ? "

शीला थप्प !

" शीला, अितल्या बेगीन लग्न जावप तुका पसंत आसा ? "

शीलाची नदर जमनीर !

" शीला तूं अुलयना कित्याक ? "

शीला काकळूतेन चंदाक पळयता.

" शीला, तुका म्हजो राग आयलो ? तशें जाल्यार हांव बतां. "

" नाका. चंदा राव. "

" कितें ? "

" तूं म्हाका विसर. "

" शीला तूं फाटीं म्हणटालें. आमी खूप खूप शिकुंया. आपुण दोतोर जातलें ... तूं आदवोगाद जा. मागीर आमी लग्न करूंया. "

" आतां नाका त्यो यादी. कितेंय जालें तरी आवय – बापायचे अित्शेभायर वचूंक येना म्हाका. "

" बरें आसा. "

चंदान सुस्कारो सोडित म्हळें.

" हांव तुका फोर्स करीना. तुज्या नशिबान श्रीमंत घोव दारांत चलून आयला. लग्न कर. सुखी जा. "

शीला अुचंबळून आयलें.

" चंदा, तूं म्हाका क्षमा कर ! "

शीला रडकुऱ्यां पावलें.

" आगो, तांतून कितें व्हडलेशें ? राव. हांव तुका गोडशीं कारानां काडून दितां. "

" नाका चंदा. म्हज्या गळचासकल वच्चीं ना तीं. "

शीलाचो स्वर दुखेस्त जाल्लो.

" शीला. "

" अं. "

चंदान शीलाचे हात आपल्या हातांत धल्ले आनी ताचे नदरेक नदर मेळोवन म्हळें,

" आतां केन्ना परती भेट ? "

शीला लजलें. लजेचे रोपयेपरस चड. आनी दुसऱ्या खिणाक चंदापासून कुशीन जालें. चंदा कितें तें समजलो. तो परतो शीलालागीं गेलो ना.

" शीला, तुज्या सुखांत म्हजें सुख मानीन हांव, येतां हांव ! "

चंदा दोंगुल्लेची वाट देवन चलूंक लागलो.

शीलाक ताचेकडे खूपखूप अुलोंवचेशें दिसतालें. पुण कितें तें येवजनाशिल्लें. बरोच वेळ तें चंदाक पाठमोरयां पळेत आशिल्लें. निमाणें ताणें आक्रस्तून अुलो केलो.

" चंदा, "

पुण तोवेळमेरेन चंदा पेल्या रूखानीं दिसनासो जाल्लो.

अेक दीस चौगुडचाच्या वाजपांत शीलाच्या आंगार हळद चडली. हात पांचव्या चुडचान भल्ले. देवतेची खणा – नाल्लानीं होटी भल्ली आनी अेका शुभ म्हुर्तार शीलाच्या माथ्यार मंगलाक्षता पडल्यो.

तांदळानी भरिल्लें माप हुपून लक्ष्मीच्या पावलांनीं मदनाचो हात धरून शीलान नव्या संसारांत प्रवेश केलो.

शीलाचे पयले चार दीस आपलें कोडकौतुक आयकुपांतूच गेले. येतल्या वतल्यान शीलाक पळोवन खोशी जावपाचें. मदनाच्या इश्टांनी तर म्हणचें,

" मदन, बायल म्हणचे कशी नखेत्र कशी सोदून हाडली तुवें. अभिनंदन हां ! "

शीला घरचे दर अेके गजालीन भारावन गेलें. घर कसलें राजवाडोच तो. .

स्वतःचें रूप पळोवचें अशो लादयेच्यो तुकतुकीत जमनी. दिव्यांचो घरभर लखलखाट. अुंची फर्निचर, शिवाय टी. व्ही. रेडियोग्राम, स्कुटर, अँबासिडर ... आनी ह्या सगल्यांची देखमाल करपाक घरभर मानाय कामेरीं. मोठया मोठया लोकांचे येवप – वचप दिसभर आसतालें. ताकां मेळप आनी मानाय कामेऱ्यांक कामां फर्मावप हातूंत मदनाचो दीस सोंपपाचो. शीला खंयीं तरी अेके कुशीक बसून रावतालें. दिवाणखान्यांत जांव ताच्या पेल्यान व्हरांडयामेरेन बायलानीं वचप ना असो घराचो रिवाज आशिल्लो. बसून बसून शीलाचो जीव घुसमदून वचचो. घरांत भोंवतना लेगीत ताका आंखुडिल्ल्यावरी जावंचें. खंयच्याय कामांत हात घालो जाल्यार अेकादें चेंडू धांवत फुडें येयी आनी म्हण – 'वैनी. तूं बस. काम करपाक आमी आसा. तुका काम करतना धनयान पळयलें जाल्यार आमचेर फोगोटी पडटली.'

देवान हातपाय दिल्या आनी काम करप ना म्हणचे कितें? ताका कुळागरच्या गोरवां – वासरांची, झरीची, वोंवळीची, दोंगुल्लेची सगल्या सगल्यांची याद येताली. पुण तांतूतल्या एकेय गजालीचें हांगा दर्शन जाय नासलें. लग्न जायतसावन सैमाची आनी ताची ताटातूट जाल्ली. खंयीं भायर वचपाचें म्हणचे गाडी. येवपाचें म्हणचे गाडी. बसून बसून पावलां जड जावंचीं.

त्या बंगल्यांतलो वारो ताच्या जिवाक थंडाय दी नासलो आनी नळाच्या अुदकाची धार ताची तान निवोंवक शकनासली. घरांतल्या द्राक्षांक कारानांची रूच ये नासली. फांतोडे पारार कोंब्याचो साद आनी त्या अुपरांत दीस अुदेता तशी वेगवेगळया सुकण्यांचीं गीतां मनाची करमणुक करपाक नाशिल्लीं. दिसभर रेडियोग्रामाचेर 'डिस्को' संगीत. मदनाक तें अितलें मानचें कि त्या तालार तो नाचूंक लागचो. शीलाची मात त्या संगीतान तकली अुसळुंक लागची. निसर्गाच्या तालार नाचपी, गावपी सुकण्याक भांगराच्या पांजऱ्यांत कोंडून दवरचें तशी शीलाची अवस्था जाली. मदनाची आनी ताची नदरभेट खुपूच कमी वेळा जावची.

केन्नातरी शीलाक पळोवन मदन मुमूरख्यां हांसलेशें करुन अेकाद वेळार विचारी.

"कितें खोशी आसा काय ना?"

त्या दीनवाण्या सुकण्यामशेन शीलाच्या मनाचीं पाखां फडफडचीं.

घरांत शीलाचो घोव, माय, मांव आनी नणंद अितलींच मनशां. जेवणा-वेळार सगलीं अेकठांय जावचीं ... हेवटेच्यो तेवटेच्यो गजाली जावंच्यो. तांतून खूप वेळां शीलाच्या खेडवळपणाचेर आनी कुळारचे गरिबकायेचेर टीका आसताली. शीला मोन्यांनीं आयकतालें. मनांत दुख जावचें पुण अुकतें करपाचें साधन नाशिल्लें.

आज सकाळींच शीला वेगळें बसलें. तें पळोवन ताचे नणंदेन मीरान ताका

पिशांत काडलें.

"त्यो कुळारच्यो वेडगळ चालीरिती सोडून दी म्हूनी, जग आतां खूप फुडें पावलां. म्हाका पळय आतां दोन वसां जालीं. हांव तें मातूय पाळिना."

"पुण देव – धर्म राखपाखातीर ..."

"तें आमी अिल्लेंय पाळिना. तरीपण देवान आमचें कितें वायट केलां ?"

ताचेर शीला ओगीच रावलें.

शीला वेगळें बसपाचे गजालीचें घरांत रोकडेंच फों फों जालें. आनी एके वेगळेच गडबडीक सुरवात जाली.

शीलाच्या मावांन पुरेताक आपोवन हाडलो. आनी फळसपनाचो म्हुर्त ठरोवन वडयलो.

अेका अनवळखी विश्वांत पावल वडोवपाचो दीस अुदेलो. शीलाच्या काळजांत भंय आनी हुरहुर घेवन. नात्यांतलीं चार लोकां जमलीं. शीला दनपरां मदनाच्या म्हऱ्यांत बसलें. होम जाळ्ळो. निमाणो मदनान शीलाचे नाकपुडयेंत हरयाळेचो रोस पिळ्ळा. शीला घुस्मटलें. रोस अुस्तरयां गेल्लो.

खरें म्हणचे मदनाक ह्या वेळार लज दिसपाक फाव आसली. पुण तोय बाकिच्यांवांगडा हांसतालो. तेन्ना मात शीलाच्या मनांत मदनाविशीं अितलो राग, अितली घृणा, अितलो तिरस्कार निर्माण जालो ! पुण तोंडार हांशें हाडून ताणें सगळें गिळुन वडयले. आनी करतलें तरी कितें ?

मदनाची कूड सजयली. मध्यभागाक पलंग. ताचेर मोव मोव अुशीं, कुलच्यांव, चारी वशींनीं मोगरेच्यो शिरकोळचो. जमनीर अत्तराचो शितोडो. शीलाक नवी साडी – ब्लावज न्हेसपाक दिलो. माथ्यांत आबोल्यांचो झेलो माळ्ळो. ताच्या हातांत मसाल्याच्या दुदान भरिल्लो ग्लास दिलो. आनी ताका मदनाचे कुडींत कोणें तरी धुकलून दिलें. आनी फाटल्यान अुब्या आशिल्या बायलानीं दार धांपून घेतलें. कशी मजा केली हे खोशयेंत मायल्या बायलांनीं पुरोशें हांसून घेतलें.

शीला दुदाचो ग्लास हातांत धरून मात्शें थांबलें. पेल्यान मदन मेजालागी बशिल्लो. डिस्को संगीताचे मन अुबंबळावपी सूर कुडींत घुमताले. शीलान दोळयांच्या कोणशाकडेंतल्यान मदनाक मात्सो निरखिलो. मदन फुडें आयलो आनी ताणें शीलाचीं भुजां धल्लीं. शीलाचे काळीज नसत्या भयान धडधडूं लागलें. लजेन ते चडूच बावगलें. शीलाच्या हातांतलो दुदाचो ग्लास ताणें कुशीन दवल्लो.

"चल शीला, आमी शांपेन करूया."

ताणें म्हळें आनी बळयां बळयां आपल्या शेजारच्या कदेलार बसयलें. शेजारच्या कत्रेलांतल्यान अेक बाटली आनी दोन ग्लास काडले. शीलाच्या काळजांतली धडधड चडूच वाडली.

"पळय शीला, फॉरेन आसा. हें पिल्यार रातीक आनीक मजा येतली."

मदनान म्हळें. शीलान तकली हालोवन न्हयकार दाखयलो.

"कित्याक ?"

"म्हाका हें मानना."

"सगल्योच गजाली सुरवातीक माननात. अेकदां रूच घेतली म्हणचे ..."

मदन वेगळयाच अर्थान हांसलो.

"पुण हें अळशीकावणें व्यसन घरादारावेल्यान नांगर फिरवपी !"

"शीला, तूं घरादाराची काळजी करूं नाका. आगो, आमच्या धा पिळग्यांक पावतली अितली संपत कुसता आमचेकडेन."

"पुण मनशाची मनीसपणा ना करपी हो सोरो पिवपाकूच जाय ?"

"ना जाल्यार आजचो सुवाळो कसो साजरो जायत ? चल ग्लास भर !"

शीला वणटीक तेंकून अुबें आशिल्लें. आपणे घोव म्हणून जिणेचो जोडिदार म्हणून जाका माळ घाली तो अेक बेबदो ह्या धक्यान ताची अर्धी अुमेद ना जाल्ली.

"शीला, ग्लास भर."

चडिल्लो सूर शीलाच्या कानांत रिगलो. शीलान तितल्याच नेटान मान हालयली.

"शीला, अेका भिकमाग्यालें पोर तूं. ह्या बंगल्यार पावलें म्हण मोठे जालें अशें समजूं नाका. तुज्या लग्नाखातीर पैन-पै आमी खर्च केल्या. जायजाल्यार हांव तुका बायल समजन नाजाल्यार वावराडी."

मदन उलयतालो आनी ताच्या अुतरा अुतराक शीलाचो स्वाभिमान गळून पडटालो. काळजाक वेरो वताल्यो. पायंगसकयली भूंय फुटून दोन कुडके जांवन आपुण तातूंत गडप जाल्यार बरें जायत अशें शीलाक दिसलें. ताणें रडत म्हळें —

"हांव तुज्या पायां पडटां. तें वीख नाका. हें काय बरें दूद आसा. तें घे !"

"हाड तें हेवटेन."

अशें म्हणून मदनान दुदाचो ग्लास हांतात घेतलो आनी जमनीर शेंवटून माल्लो. ग्लासाच्यो कंवच्यो खळ्ळ करून कूडभर फांकल्यो. शीला दोळयांर हात धरून हुंडक्या हुंडक्यानीं रडूंक लागलें. ताच्या मोगाचो जणूं कितें मदनान पिठोचूर केल्लो.

"तूं म्हाका गिन्यानां शिकयता ?"

अशें म्हणून व्हिस्कीन ग्लास भरून घेतलो आनी एका दमांत गटागटा पियेवन सोंपयलो. अेका खिणांत ताचे दोळे तांबडेच जाले. अांग घामशेलें.

"आतां तुजी पाळी."

अशें म्हणून ताणें दुसरो ग्लास भल्लो आनी शीलाच्या तोंडालागीं व्हेलो.

शीला वाघिणीभशेन चवताळळें. ताचो तोल सुटलो. आपल्यामुखार कोण अुबो आसा हाचेंय भान ताका अुल्लेंना. तिडकीन ताणें तोंडालागी आयिल्ल्या

ग्लासाचेर हात माल्लो. त्याचवेळार मदनाच्या हातांतल्यान ग्लास सुटलो आनी ताच्या नाकार आपटून ताचे दोन कुडके जाले.

"आवय गेय ऽऽ"

मदनान नाक मुठीन दामून धल्लें ; नाकांतल्यान रक्ताची पावळी लागिल्ली.

भितल्ली गडबड आयकून कुडिचें दार अुकतें जालें. शीलाची मांय आनी तिच्यावांगडा आनी दोगीजाणी आयल्यो.

"कितें जालां सूनबाय ? "

तिणे कांचवेन विचाल्ले.

"म्हाका कांय विचारूं नाकात, कितें विचारपाचें तें तुमच्या पुताक विचारात. म्हाका ह्या नरकांत अेक खीण रावपाचें ना. "

आनी विजेच्या वेगान शीला त्या बंगल्यांतल्यांन भायर चलूंक लागलें.

※※※

११.

थोंटो बाळकृष्ण

शालीन कुळागरांतल्यान पुंजावन हाडिल्ल्या तांबडया रसरशीत बेडयांची वल्ली आंगणांत ओतली आनी तें घरांत वचपाक परतलें. तितल्यांत ताच्या बापायचें कोणातरी परकी मनशावांगडा चालू आशिल्लें उलोवणें ताच्या कानार पडलें,

"हरिदाद, म्हजो विचार कसो कितें आसा ?"

"विचार बरो आसा. पुण असले नाजूक गजालींत भुरग्यांचेंय मत पळयल्लें बरें."

हरिदादान – शालीच्या बापायन जाप दिली.

"पुण म्हाका दिसता, आमी जाणटयांनी थारायिलें तांकां दोगांकय अमानतें जांवचें ना."

आपल्या बापायवांगडा गजाली करपी, दुसरो तिसरो कोण नासून तो सदाचो बापूय – दत्तामाम आसा, हें रोकडेंच शालीन वळखलें. आनी तें फुडलीं उलोवणी आयकुपाखातीर ल्हवूच चोरयां पावलांनीं पडवेर येवन दाराकुशीन उबें रावलें.

– "तूं म्हणटा तें खरें दत्तामाम, पुण आतांच्या पोरांचें चित्र काडूं नज."

हरिदादान दुबाव उकतायलो.

"पुण शाली आनी सदा ह्यांच्याविशीं तशें म्हणूंक येना. तांचोय ल्हानपणासान एकमेकाचेर मोग आसा."

दत्तामामान म्हळें.

"हय पुण आमी हे गजालीचो सुशेगादीन विचार करून कितें तें थारावंया."

हरिदादान ताच्या उतरार सांगलें.

"बरें तर, हांव येतां आनी चार दिसांनीं. मागीर उलोवंया."

अशें म्हणून दत्तामाम वचपाक उठलो आनी ताच्या फाटोफाट हरिदादय उठलो.

ते दोगूय भायर येतात असो वास लागल्याबराबर शाली ल्हवूच थंयच्या एका खांब्याफाटल्यान लिपलें. तरीपुण तें दत्तामामाचे नदरेंतल्यान सुटलें ना. ताणें शालीक हटकिनाफुडें ताका खुपूच लज जाली. दत्तामामान मातशें हांशिल्ल्यावरी केलें आनी तो चलूंक लागलो. ताका फुडल्या आखाड्यामेरेन पावन परतल्या उपरांत हरिदादान शालीक विचाल्लें,

"आयकलीं मगो आमगेलीं उलोवणी पोरा ? सदा तुका मानता कांय ना ?"

बापायच्या ह्या अकस्मात केल्ल्या प्रस्नान शाली एकदम गोंदळ्ळें, लजलें. ताणें आपलें तोंड खांब्याफाटल्यान लिपयलें. आनी दुसऱ्याच खिणाक खांब्याक एक गिरकी घेवन ताणें घरांत धांव माल्ली.

त्या दिसासान शालीक आजून सदाची भेट जांव नासली, तें सदाक हुस्केताल्लें, ताका सदाकडे खूब खुब उलोपाचें भासलें. त्याखांतीर सदागेर एक पासय मारची अशेंय ताच्या मनांत येवन गेलें. पुण कितें कोण जाणा, ताका आतां लजशी दिसूं लागली.

आनी उपरांत एक दीस शालीच्या मनीं मानशीं नासतांना सदा ताच्या लागीं येवन उबो रावलो ! त्यावेळार शाली एकटेंच कुळागरांत शिपतालें. झुळझुळ, आवाज करीत पाटांतल्यान मागाचे फोंडयेंत जमा जावपी पावलभर उदकांत शाली उबें रावन माडयांमुळार उदक उस्पितालें. उदक उस्पितना, तें उसळून घागरो भिजचो न्हय म्हुण ताणें कासाटो मारिल्लो. ताका लागून केळीच्या गब्यांभशेन आशिल्ल्यो ताच्यो तुकतुकीत मांडयो उकत्यो पडिल्ल्यो. पुटाक आयिल्ल्यो माडयो आपलें तन्ने शिपट्याचें फूल पोंवलेच्या आवरणापोंदा घट्ट आंवळून धरतात तशें ताणें आपलें तन्नेपण एका आखूंड बुलुजापोंदा छातयेकडे घट्ट बांधून घेतिल्लें ! ताच्या काळसर रंगाच्या वाटकुळसर चेऱ्याचेर चार - दोन केसांची झुलपां वाऱ्यावांगडा भुरभुरतालीं. हातांतल्या कल्ल्यांत फोंडयेंतलें उदक उस्पितना ताची सडपातळ नाजूक कूड एकसारकी लवकताली, ताका लागून उदकांत आशिल्लें साळीक वाऱ्याच्या तालार जसें धोलता, तशें तें दिसतालें. कितलो तरी वेळ सदा, शाली फाटल्यान उबो रावन हें चित्र दोळे भरून पळयतालो पुण जेन्ना शाली फाटले वटेच्या माडयांक उदक दिवपाक परतलें तेन्ना ताची अकस्मात सदाचेर नदर गेली

आनी नकळटाना ताच्या तोंडांतल्यान आयलें –

"कोण सदा तूं ?"

"हय."

सदान परतें उत्तर दिलें,

"शाली, हांव त्या दिसा तुज्या आनी म्हज्या बाप्पाची कितें उलोवणी जाल्यां तें तुजेकडल्यान आयकुपाक आयलां."

"पुण तीं हांगा उगडचार कशीं सांगपाचीं ?"

"कित्याक ? कोण आसा हांगां आयकुपाक ? फक्त तूं आनी हांव !"

शालीन भिरभिरती नदर कुळागरांत चारी वाटानीं भोंवडावन पळयलें. खरेंच, कोणच नाशिल्लो. ना म्हणपाक शेजारच्या चांफ्याचेर मात एके बारीकशे खांदयेर एक चिमणेचें जोडपें बशिल्लें तितलेंच. एकमेकाचे चोंचीकडे चोंच व्हरून तांच्यो कसल्यो गुपित गजाली चलिल्ल्यो कोण जाणा ! शाली तांकांच पळयत रावलें, तसो सदान शालीच्या भुजाक एक नाजुकसो धक्को दिवन म्हळें –

"सांग गो शाली, वेळ कित्याक काट्टा ?"

"– पुण – पुण लज दिसता."

अशें म्हण शालीन मान सकयल घाली. सदान दाव्या हातान ती वयर उखल्ली, आनी उजव्या हातान ताच्या गालाचेर दोन नाजूक थापटां माल्लीं, आनी विचाल्लें –

"गेली आतां लज ?"

"चल, लज नाशिल्लो खंचो !"

शाली फाल्स फुरगटलें. –

"सांग गो शाली"

सामकोच लाडये – गोडये येवन सदान म्हळें.

"आतां सांगपाचें आनी कितें ? तें तुकाय खबर आसा, आनी म्हाकाय खबर आसा."

"पुण तें तुज्या तोंडान आयकुपाची म्हाका व्हड उमळशीक आसा." सदान म्हळें.

"मागीर आयक तर तुजो आनी म्हजो बाप्पा, आमचें दोगांचेंय 'सुमंगल' ठरयतले ; तुका पसंत आसा तें ?"

शालीन विचाल्लें.

"हें कितें विचारता शाली ? हें घडून येत जाल्यार दुदांत साखर पडली म्हणूंक जाय ; पुण तुका हांव मानतां मगो ? नाजाल्यार लग्न जाल्या उपरांत सदांच म्हजेकडे झगडशी."

सदान मस्करी करपा खातीर म्हळें.

"चल रे सदा, कसली मस्करी !"

" मागीर सांग हांव पसंत आसा तुकां ? "

सदान विचाल्लें.

" तेंय हांवेंच सांगूक जाय ? "

अशें म्हणून शालीन आपली नदर सदाचे नदरेक मेळयली. सदान शालीकडेन पळयलें. ताच्या गालार पातळ्ळेली गुलाबी झांक माडयांच्या कवळांतल्यान देंविल्ल्या सुर्याच्या तिरकस किर्णांत चडूच उठून दिसताली.

" शाली समजलों हांव कितें समजुपाचें तें. म्हाका आतां वचूंक जाय, पुण हांव तुका इतलेंच सांगून दवरतां, आमचे जिणेंत हांव तुका सुखी करपाखातीर म्हज्यान जाता ते यत्न करीन. "

इतलें सांगून सदा थंयच्यान वाटेक लागलो !

थोडयाच दिसांनी दत्तामामा आनी हरिदाद हांच्यो आनीक गांठी – मेटी जाल्यो आनी सगल्ल्यांचे मान्यतायेन शाली आनी सदा हांच्या लग्नाचें थल्लें ! तशीं दोगांचींय घरां आनंदी वातावरणान भरून गेलीं.

पुण हो आनंद खिणभरयाचो जालो. एक दीस सकाळींफुडेंच एक मनीस धांवत धांवत हरिदादागेर आयलो आनी ताणें आकांतून खबर दिली. सदा चांफयावेल्यान पडून आकांताचो दुखावलो आनी ताका हास्पिटलांत व्हेला !

हरिदादान खोमीस घालें आनी ताणें हॉस्पिटलाची वाट धल्ली. बाबडें शाली दोळयांतलीं दुखां मोठ्या कश्टान आवरीत बापायचे वाटेकडेन दोळे लावन बसून रावलें ! व्हड रातीक हरिदाद घरा आयलो. ताणें शालीक म्हळें.

" सदाचो एक पांय मोडला. आतां ताचो संसाराक उपेग जायत सो दिसना. "

आनी इतलें सांगून ताणें शालीक सदाक कायमचो विसरून वचपाचो उपदेश केलो. शालीन सगलें आयकून घेतलें. पुण तें काय उलोवंक शकलें ना.

मोठ्या सुदैवान सदा त्या दुखण्यांतल्यान मेकळो जालो. पुण ताच्या पायांक कायमची कुरू उल्ली आनी जल्माची एक कुबडी खाकेंत बसली.

एक दीस कुबडी तेंकयत लंगडत – लंगडत सदा शालीगेर आयलो. त्यावेळार शाली पानां कवळटालें, सदाक ते अवस्थेंत पळयना फुडें ताका रडूकूच आयलें.

" सदा, कितें तुजी दशा ही ! "

एका मोठ्या हुंदक्यावांगडा शालीच्या तोंडांतल्यान उतरां भायर सल्ली !

" शाली, हांव तुका सांगूंक आयलां. "

सदान म्हळें.

" तूं आतां म्हाका विसर. कायमचें विसर. "

पुण हें सांगताना ताचे दोळे आनी गळो भरून आयलो !

" सदा, अशें म्हणूं नाका. "

शालीन काकुळतेच्या सुरांत मागणी केली. पुण सदा थंय थांबलो ना ;

ताणें खाकेंत कुबडी बसयली आनी आयिल्ले वाटेन तो चलूंक लागलो ! शाली दीनवाणे नदरेन ताचे पाठमोरे आकृतीकडेन पळयत रावलें. आनी थोडया वेळान तोंड धांकून घेवन उमाळया – उमाळयांनीं रडूंक लागलें.

आनी त्याच दिसा तिळसना हरिदाद दोन – तीन मंडळीक वांगडा घेवन घरांत आयलो. ती मंडळी भीतर आयल्याबराबर, तांच्या फाटोफाट आयिल्ल्या सोऱ्याच्या बासान शालीच्या पोटांत धवळून गेलें. हरिदाद ल्हवूच शालीच्या म्हऱ्यांत आयलो आनी ताणें शालीक सांगलें,

"शाली, तुका पळोपाक आयल्यात."

तें आयकनाफुडें कोण तरी आपलें काळीज खरवतीन कापिल्ल्याचो ताका भास जालो. ते मंडळीन शालीक पळयनाफुडें पसंत आसा म्हणपाचें उकतें केलें. तें आयकून तर ताका थरथरोच भल्लो.

जेवण करून मंडळी न्हिदली. पुण शाली जागेंच आशिल्लें. नाना विचारांनीं ताका बेजारून वडयलें. अखेर एक विचार निश्चित करून तें उठलें आनी मांजराच्या पावलांनीं फाटलें दार उकतें करून तें चलूंक लागलें.

अस्तेमतेचे देगेर उब्या आशिल्ल्या चंद्रिमाच्या कुडुया उजवाडांत तें पायासकली वाट माडिताले. ताका आपल्या जिवाचेंय भान नाशिल्लें. दिसाचे ज्या जाग्यावेल्यान वतना ताच्या आंगार भंयान कांटो उबो रावतालो, त्या सांखळया देवचाराच्या झाडा पोंदच्यान वतना ताका कांयच दिसलें ना ! बरेंच चल्ल्या उपरांत ताका सदाचे पडवेर पेटलेले दिवलेचो उजवाड दिसलो. आनी थोडयाच वेळांत त्या उजवाडांत बसून चरख्यार सूत काडपी सदाय ताचे नदरेक आयलो.

शालीन सदाच्या आंगणांत पाय दवरिनाफुडें सदान ताका पळयलें आनी ताणें अजापाच्या सुरांत विचाल्लें,

"शाली, खंय तू येदे रातचें ?"

"हांगाच – तुज्या आलाशिऱ्याक. सदा, तुवें म्हाका आलाशिरो दिलो ना जाल्यार ते लोक म्हजे जिणेची धूळ-धाण करतले. सांग-सांग, तूं म्हाका घरांत घेता काय ना ?"

"आगो पुण ते कोण ?"

सदान प्रस्न केलो.

"तें मागीर सांगन, पुण पयलीं सांग तूं म्हाका आपली घरकान्न मानून घरांत घेवपाक तयार आसा काय ना ?"

शालीन विचाल्लें.

"शाली, हांव हो असो लंगडो–दुबळो. म्हजी घरकान्न जावन सुखाचो जीव त्रासांत घालपा परस दुसऱ्या कोणायकडेन लग्न करून सुखाचो संसार कर."

सदान सांगलें.

"सदा, तुज्याबगर म्हाका संसारांतल्या कसल्याच सुखाचो मोह ना."

"देखून तूं म्हज्या दुःखाचें वाटेकरीण जातलें. ?"

"तांतून वेगळें कितें आसा सदा ? जेन्ना आमीं मनोमन एकामेकाचीं जालीं तेन्नाच तुजें म्हजें सोंपलें !"

"पुण तेन्नाची परीस्थिती वेगळी आसली. तशें पळोवक गेल्यार तुजें म्हजें कितें लग्न जावना. म्हज्यासारखो घोव तूं मानून घेशी ?"

"न मानपाक कितें जालां ? लक्ष्मीचो नाशिल्लो थोंटो बाळकृष्ण घोव ? तसो तूं"

"पुण म्हज्या खातीर कष्ट उस्पितना तुका म्हज्यान पळों नज जातलें. शाली तूं हो विचार सोडून दी."

सदान सांगलें.

"मागीर वचूं हांव ?"

अशें शालीन विचाल्लें आनी दुसऱ्याच खिणाक सदावाटेन फाट करून तें चलूंक लागलें. आनी मागीर –

सदा लटपटच्यां चालीन मुखार आयलो आनी

"शाली, फाटीं सर,"

अशें म्हणून ताणें ताच्या हाताक धल्लें; पुण तशें करतना तो तोल वचून पट्टलो आशिल्लो. तितल्यांत शालीन ताका सांवरलो. आनी मागीर पडवेवेले दिवलेच्या मंगल उजवाडांत तीं दोगांय एकामेकाच्या हातांत हात दिवन घरांत भीतर सल्लीं.

※※※

१२. □

जेन्ना काळखी रात सोंपता

मंगळार. रातचीं पावणे णव जाल्लीं, टी. वी. चेर खबरो चलताल्यो.

" पंजाबमें कुछ उग्रवादियोंनें एक मकान में घुस कर गोलियां चलायीं और "

केशवाच्या घरचीं मनशां फुडलें दार आड करून खबरो आयकतालीं. इतल्यांत दार धुकलून दोग जाण भीतर आयले. आनी तांणी उल्लो माल्लो,

" केशव ऽ "

केशवान आंग काडून फाटल्यान पळेलें, नानू आनी तागेलो एक वांगडी उबे आशिल्लें. 'केशव, तुका देवळाची चावी घेवन आपयला.'

नानून सांगलें

" कोणे ? "

केशवान विचाल्लें.

"कोमिसांवान "

नानून सांगलें.

" कोमिसांवान ? कोण आयल्यात ? "

" देविदास, नामदेव बी. "

इतलें सांगून नानू आनी वांगडी गेले.

म्हणचे चड चौकशी कित्याक ? आमचेच लोक ! पुण इतले रातचे ? येवं – कितेंय विचारतले, चवाय दितले, वतले. केशव मनांतल्या प्रस्नांक मनांतूच जाप

दिवंक लागलो. तो ताकतिकेन उठलो आनी देवळाच्यो चावयो घेवन चलूंक लागलो. तागेलो पूत राघव. ताणे म्हळें –

"अशें रातचें चावी घेवन कोणूच आपयनात. कितेंय बरें वायट आसतलें!"

"तूं ओगीच दुबाव घेता. तुवें आतां पंजाबच्यो खबरो आयकल्या ताचो परिणाम हो. कितेंय जालें जाल्यार देवी आमकां राखपाक समर्थ आसा."

राघवाचे दुबावाचे जापे संबंदान केशवान जाप दिली. आनी तो हांसत घरामायर सल्लो.

"दादा, तूं बरो ना. तुका त्रास जायत. हांव येतां वांगडा."

राघवान म्हळें.

"आनी हांवूय बी."

केशवाच्या धाकटया पुतान म्हळें. आनी दोगूय ताचे फाटल्यान चलूंक लागले.

दुर्गादेवीचें देवूळ केशवाच्या घ रापसून चलून वचपाक पांच मिनटांचे वाटेर. पावलां फुडें पडटालीं तश्यो फाटल्यो कांय घडणुकांच्यो यादी फाटीं पडटाल्यो.

आतांच रकाद दिवन गेलो तो नानू एक भजनीमंडळाचो वावुरपी. वर्सभर जाले ते मंगळाराचे देवळांत येवन भजन करतात. मागीर हांव आरती करतां. पुण कसलें केस्तांव ना. नीत – नेम सगले थरिल्ले आसा. दीसभर देवूळ बंद म्हणटकच मंगळारा दिसा रातच्या साडे आठांक उगडपाचें आनी धांक आरती करून बंद करपाचें. कोणाकूय अडचण आयली जाल्यार मंगळार करप ना.

जरी अशेंच थरिल्लें तरी मंगळारकारांनी नेम मोडपाक सुरवात केल्ली. पांच – साडेपांचांक लाव्वडस्पीकराची करंदाय सुरू करपाची आनी रातच्या बारा उपरांत फोगोटचो गर्नेल हांच्या धुमधडाक्या सयत मंगळार सोंपोवपाचो.

देवळा भोंवतणीं कांय घरां आसात. थंयच्या कांय जाणांनी केशवाकडेन उलयतना म्हळें, ह्या मंगळारकारांची सेवा आमकां त्रास करता. सेवा करात पुण लावडस्पिकरा वेल्यान ताचें प्रदर्शन कित्याक? आमचे कान सामके फुट्टात. शिकप्याक अभ्यासांत अडचण. दुयेंतीक शांतताय मेळना. मुरग्यांक जागरणां.

केशवान ही चाडी मंगळारकारांक सांगली. पुण मंगळारकारांनीं फाफडून ती भायर उडयली.

एक दीस केशवाक वाटेर आडोवन एकल्यान म्हळें –

"तुवेंच मंगळारकारांक माथ्यार घेतल्यात. तूं थरिल्ल्याप्रमाण रातच्या धांक आरती कित्याक करिना? तुवें तशें केलें जाल्यारूच आमी लावडस्पिकराच्या तोंडांतल्यान सुट्टले."

फाटल्या मंगळारा केशवान धा वरांचेर आरती केल्यो. तेन्ना मंगळारकार मात्शे खुबळळे. पुण तोंडा तोंड काय जावंक नाशिल्ली. एकाद्री ताणी

कोमिसांवांकडेन चाडी केल्या जातली. पुण कोमिसांव जालें म्हुण कितें ? तांची बाजू मांडटले. आमी जाप दिवपाची. लोकांचे तक्रारीक वाचा फोडपाची. कोंमिसाव कितें आडांगी आसचें ना. कायद्याभायर तें कोणाचेर सक्ती करचें ना ... केलेंच जाल्यार वाटाघाटी – तडजोड !

देवळाचो प्राकार गुप्प काळखांत उरिल्लो. देवळाच्या फुडल्या दारांत कोण आसतलें कळ नासलें. केशवान खिडकेदार उकतें केलें. आनी लायट पेटयली. फाटोफाट फुडलें दार. गर्भकुडांत लामणदिव्याच्या मंद उजवाडांत देवी पिंडिकेर उबी आशिल्ली. केशव देवीक पायां पडलो. ताका देवीचें तोंड ल्हानशें दिसलें.

भायल्या काळखांतल्यान पंचवीस - तीस जाणांची झूंड एकदम भीतर आयली. कोणेतरी जमखानां सोडलीं. लोक भराभर बसले. केशव अजापान विचलीत जावन एके कुशीक वचून बसलो. कांय वेळ गंभीर शांतताय – पुण ते शांततायेक भयानकतेची गाज !

थोडो वेळ वाट पळोवन केशवान नानूक प्रस्न केलो.

"कोमिसांव खंय ?"

नानून देविदासाक कुरू केली.

"आज मंगळार कित्याक ना तें विचारपाक आमी आयल्यात."

देविदासान सुरवात केली.

देविदास खूब वरसांपयलीं पसून देविच्या उत्सवांत, देवळाचो जिर्णोधार करपांत वांटो घेवपी. पुण आपुण कोमिसांवांतलो अशें सांगून मोटेपण घेवपी न्हय. आपुण काम करपी. श्रेय दुसऱ्याक दिवपी. चारचौगांत उलोवपाक अनमनपी. वायट उतर दिवपी न्हय. पुण पाताळयंत्री. काळसुत्री बाऊल्यो खेळतात तसो आपुण वेगळो रावन खेळ करून दाखोवपी. पुण आज गणेशपुजेक ताणे सुरवात केली. ताजेर केशवान जाप दिली

"हांगा मंगळारकार बशिल्लें आसात तांकां विचाल्ल्यार तेच मंगळार कित्याक ना तें सांगतले."

"हय. ताणे सांगिल्लें आमकां सुयेर म्हुण. दुसरो भट मेळटा जाल्यार आपुण सांगतां. तें सांगपाचें न्हय."

नानून विचाल्लें.

"त्याच वेळार तुवें सांगिल्लें, फाल्यां रकाद नाका. आमी मंगळार दवरूंया."

केशवान विचाल्लें. नानू ओग्गी. तें पळोवन कांय जाण फाटल्या मंगळाराचेर घसल्ले. एकदम चार पांच आवाज.

"तुवें आमचें भजन सोंपपा आदींच आरती केल्यो. भैरवी लेगीत म्हणूंक दिलेना ..."

तांकां थांबोवन केशवान म्हळें,

"सगले धुमशेणां कांडूं नाकात. तुमच्या मुखेल्याक, जाणे नियम थारायल्या ताका उलोवंदी."

नानूकडेन सगल्यांनी पळयलें ताणे उलोवचें हे आस्तेन. पुण तो उलयलो ना. तेन्ना कांय दोळे केशवाक जळजळून पळोवंक लागले. केशव थंड बसून रावलो.

"लोकांची केस आसा, तूं तांकां मनाप्रमाण सेवा करपाक दिना."

नामदेवान शांततायेक वाचा फोडली.

नामदेव तसो दिसपाक गोमटो. वयान तरनाटो. सभावाचो गोड. पुण तिडकलो म्हणटकूच तांबडो गुंज जावपीं उलयतना मदीं मदीं मिश्यांक पीळ दिवपी. हातांत सदांच पास्त. पास्तांत कितल्याशाच सोसायटचांच्या अध्यक्षपदाचीं बिरुदां – दुर्गा देवळाचो आपुण अध्यक्ष म्हुण एकल्याक सांगलें जाल्यार दुसऱ्याक कानार केंस ओडून कोण जाणा, अशें फाटलीं धा वरसांपसून म्हणपी. केशवान ताच्या उलोवण्याचेर म्हळें,

"देवीची सेवा करपाक हांवें आयजमेरेन कोणाक आडखळ करूं ना. आतां एकूच, भजनाच्या निमतान रातचे बारा – एक मेरेन जी लावडस्पिकरी कानफोडी सेवा हे करतात ताका म्हजो न्हय तर खूब लोकांचो विरोध आसा. आनी मनशाप्रमाण देवाकूय शांतताय आनी विसव जाय. जात्रेचे दीस सोडून. हांवे हांकां तें सांगलां."

"केशव म्हणटा तें बरोबर आसा."

एक आवाज आयलो. तो आयकून दुसरो उबो रावलो. ताणे वांकडे तिकडे हातवारे करीत म्हळें,

"ना. ना. कितलीय रात जावं, मटान ब .. बसून रा ... रावपाकूच जाय आ ... आरती करूंक जायना. भ . . . भजन सों ... सोंपसर !"

ताका कोणेतरी चिडून सकल बसोवन तोंड दामलें. तरी ताची चुळबूळ चालूच उल्ली.

"तो x x x कितें सांगतालो. तो x x x x कितें सांगतालो, पुजारी असो करता तशें करिना, हें करता तें करिना, खंय गेले रे ते ?"

देविदासान साद घाले. जाप ना.

केशव मनांत हांसलो. तळयांत ना जाल्यार पाटांत खंयचें येतलें ! आपल्याचेर येवपी दर एका किचाटाक केशव सडेतोड जाप दिवन जमिल्ल्यांचीं तोंडां बंद करतालो. पासून पुसून आयिल्ले नवे तरसादीची धार बोथड जाताली. इंगळे फुकले पुण ज्वाळ फुटनासली. तोंडां वळ्ळीं. निराशा वाडटाली. एकलो उठून भायर गेल्लो. आनी नरशिव भार आयिल्लेवरी देवळांत भीतर सल्लो ताका पळोवन मंगळारकारांत स्फुरण चडलें. नरशिव केशवाक सहज फापसून वडयतलो. ताच्या तोंडाक गुद्दो मारतलो. दोळे फांकून सगळे नरशिवाक पळेत रावले.

केशवाच्या तोंडार काळसाण फांकली. एके खांपे शक्तिकडेन टक्कर दिवपाची.

नरशिवांची ताकत तशी दारासिंगाभाशेन न्हय. आंगान किरकोळ पुण उतरांनी खर. उतरांचो बोटार खेळ करपी. आदवोगादाक कोर्टांत क्रॉस करपी. नांव नरशिव पुण नरसू म्हुण सगळे वळखुपी. ताणें वीरभद्राच्या आवेशांत चौखार उबो रावन भाशणाक सुरवात केली. रोख केशवाचेर !

"हांगा फाटल्या वरसापसून जें कितें चलता त्या सगल्याचेर हांव कोंत्र. म्हणून हावें पयलींच येना म्हणून सांगलें .. हो पुजारी म्हणटा आपुण फुकट पुजा करतां. तुमकां खबर आसा तो फुकट करी ना. नाका प्रोपर्टी सोडिल्ली आसा. पुण तो म्हणटा तें आयकून आमकां वोगी बसचें पडटा. आमी कोमिसावांत आसून कांय करूं शकनात "

नरसू थोडो वेळ थांबलो आनी केशवा मुखार येवन ताणे विचाल्लें.

"कितें केशव, तुवें आपुण फुकट पुजा करतां म्हणून सांगलां काय ना ? "

"तुमी हो प्रस्न कोर्टांत व्हेला. थंय तुमकां जाप मेळटली. "

केशवान जाप दिली.

"आयकलें ? "

ताणे मंगळारकारांक विचाल्लें,

"आतां तुमच्या मंगळारच्या प्रस्नाचेर आमची जाप तुमी कोर्टाचो निकाल जायसर वाट पळयात."

चौखार गंभीर शांतताय परती एकदां.

"आतां हांव तुमकां सांगतां. "

नरसून म्हळें.

"कोर्टाचो निकाल लागसर आमी कितेंच करूं शकना अशें न्हय. केशव बेंस आपलें म्हणटा. देवूळ उकतें दवरपाचें म्हजेर पावलें. ताका केशवाचे मान्यतायेची गरज ना ! "

"म्हणचे पुजाऱ्याबगर मंगळार कसो जावपाचो ?"

एक दुबाव.

"भौजन माविकां खातीर दुसरो भट दवरप. अर्थांत पुजारी फुकट मेळचो ना. ताका पगार दिवपाक जाय. तुमीं दिवं शकता ? "

मंगळारकारांक नरसून विचाल्लें.

"आमकां हो पुजारी नाका अशें न्हय. फकत मंगळाराक चड टायम जाय. "

नानून सांगलें.

"चड टायम दिना म्हणून ताणें सांगलां. आनी तो बरो ना म्हणटकीच कोणाच्यानूच ताजेर फोर्स करूं नज. आतां प्रस्न आसा तो तुमकां जाय तितली देवीची सेवा करपाक दिवपाचो. कितें ?"

सगल्यांच्यो तकल्यो हालल्यो. केशव आनी ताजे भुरगे वोग्गी बसून पळेताले. नरसूय सकल बसलो. नरसूक देविदासान भायर आपोवन व्हेलो. फाटल्यान नामदेव आनी कांय मंगळारकारूय गेले. फस्काकाडयांच्या उजवाडांत आनी विडयांच्या धुंवरांत कसलें तरी कारस्थान शिजूंक लागलें.

केशवान चौखार सगळीं तोंडां नियाळून पळेलीं. सगळे वळखीचे. मंगळार करपी पांच - स जाण. बाकीचे धरून हाडिल्ले. जांव मूर्वतीक पडिल्ले !

भायर गेल्ले भीतर येवन बसले. नरसून गंभीर आवाजांत थाराव हाडलो.

" केशव भट आमका नाका. आमी आमचो दुसरो पुजारी देवळांत नेमपाचो. ताका पगार दिवंचो पडटलो. आमी दुडू एकठांय करून नव्या पुजाऱ्याक पगार दिवपाचो. दुडू चड जमले जाल्यार भरपगार दिवन दीसभर देवूळ उकतें दवरुंया, दुडू थोडे जमले, अर्दो दीस दवरुंया. आनी आमकां पुजारी दवरप शक्य जालें ना जाल्यार आठ दिसांनी एकदा मंगळाराची म्हज्यान जानवें घालून पुजा करपाक जाता. म्हाका अधिकार आसा." नरसून मंगळारकारांक विचाल्लें.

" तुमकां पसंत आसा ? "

ठरावाक कोणें संमती वा न्हयकार दिलो ना. नरसू उठलो आनी केशवाक सांगलें —

" तुजें काम जालें. चल तूं घरा. "

" आमी कशे वतले ? जोंवेर देवळांत तुमी आसात तोवेळ बसून रावप हें आमचे काम ! " केशवान सागलें.

" तशें जाल्यार आमी वचचे नात. रातभर हांगाच बसून रावतले. "

उठिल्लो नरसू परतो बसलो.

" बसात. आमीय बसता. "

केशवान म्हळें.

बरोच वेळ गेलो. परतें लोकांचें भायर — भीतर फस्काच्यो काडयो पेटवप. विडयांचो धुंवर. एकमेकांच्या कानांत फुसफुसप. केशव देवळांत बसून आशिल्लो. भायल्या काळया थारावाचो अदमास लागनासलो. मन येवजण्यांनीं ग्रासून गेल्लें.

भायर गेल्ले घस्स करून देवळांत आयले. नाम्यान पास्त खांकेक मारून केशवाक वोर्द दिली,

" तूं घरा वच. "

तमाम लोक उठले. नरसू दोन धेंगां मारून गर्भकुडा लागीं गेलो आनी दार ओडून कुलूप ठोकलें. नानून जमखानां कवळ्ळीं. आनी धा सेकंदांत म्हाजन कारवाय पुरो जाली. केशवाक कितें घडटा तें कळ्ळें ना. लोकांनी भरिल्लो चौक रितो जालो तेन्ना ताणे पळेलें गर्भकुडीची एक चावी आनी खिडके दाराची दुसरी चावी एकेच चेनीक आशिल्ल्यो. दोनूय बोल्सांत घालून नरसू गेल्लो.

केशव धांवत फुडल्या दारांत गेलो आनी पळेलें, फाटमोऱ्यो पंचवीस - तीस

मनशांच्यो आकृतायो काळखांतल्यान पयस पयस वताल्यो. तांचे फाटल्यान चावयो झगडून घेवपाची केशवाची तांक नाशिल्ली. आनी हेवटेन चौखार अशिल्लें देवतेचे मालकीचें सामान रस्ताद वडोवन. एक सुस्कारो सोडून केशव परतलो. आपणे गर्भकुडाक चावयो लावन दवरपाचें पिशेपण केलें हें ताच्या लक्षांत आयलें.

देवळाच्यो चाबयो नरसून व्हेल्यो. पंचवीस-तीस लोकांच्या फाटबळार, आनी तितल्याच लोकांच्या बळार केशवाच्या पांयांत गडगंज बेडी पडिल्ली. केशव चौखार उबो आशिल्लो. पायांतलें बळगें सोंपून तो कडकट्टालो. माथें जड जावन सगळो चौख आपल्या चारी वशिनी घुंवता असो भास ताका जावंक लागलो. कपलांतले कणकणीन जावन गेल्ले गजालीची याद पालवत वताली. खंयच्याय खिणाक आपुण कोसळटलों असो भास जायनाफुडें ताणे जमनीर घालून घेतलें.

लागीं आशिल्ल्या दोगूय पुतांनी धांवत येवन केशवाक उठयलो.

"दादा, तुका कितें जाता ?"

रामान ल्हवूच विचाल्लें. कांय वेळान केशवान गर्भकुडाचें बंद दार, उकतो चौक आनी जळींमळीं पडिल्लें देवीचें सामान हांचे वेल्यान नदर भोंवडावन म्हळें

"ही देवी हें देवूळ आमच्या हातचें गेलें. तें कितेंय करून परतें हाडूंक जाय."

केशवान आकांतून म्हळें.

"मागीर कितें करुंया ?"

भिरांकूळ पुतांनी विचाल्लें.

"पुलिसांच्या मदती बगर कांय जावपाचें ना."

केशवान सांगलें.

"हांगा देवूळ राखूंक जाय तेमेरेन पुलिसेंत वचपाक कशें जातलें ?"

कांय वेळ येवजिल्या उपरांत केशवान म्हळें,

"तुम्ी हांगा दारांत उबे रावन देवूळ राखात. कोणाक भीतर घेवं नाका. हांव पुलिसेंत वचून कितें करूं येता आमच्यांनी, तें पळोवन येतां."

पुतांची मान्यताय घेंवचे पयलीं केशवाच्या पावलांनी पुलीस ठाण्याकडेन धांव घेतली.

पुलीसचौकेर पावनाफुडें केशवाची वणटीचे घडयाळीर नदर गेली. पावणे अकरा जाल्लीं. पुलिसांनी न्हिदपाक हांथरुणा सोडिल्लीं. फकत दार धापपाकडेर पाविल्ले. केशवाक पळेनाफुडें तांणी विचाल्लें,

"कोण तूं ? खंयच्यान आयला ?"

केशवान सगलीं खबर सांगली.

ती आयकले उपरांत पुलिसान विचाल्लें –

"इतलीं वरसां देवळाच्यो चावयो कोणाकडेन आसताल्यो ?"

"म्हजे कडेन !"

"केन्नाच्यान ? "

"शेंकड्यांनी वरसां जालीं."

"पुजा सद्दां करता ?"

"हय."

"आनी कोण पुजा करता ?"

"कोण ना !"

"देवूळ दीसभर उकतें उरता ?"

"ना. पुजे पुरतें. आनी सांजवात लावपा पुरतें !"

"तूं केस बरोवन दी. तुजीं कुलपां देवळाक घाल आनी घरा वच. आमी वासपूस करतात."

"फाल्यांच सकाळीं वासपूस करून दनपार मेरेन चावी हाडात. म्हाका सदांभाशेन पुजा निवेद करपाक जाय."

पुलिसान मान हालोवन हयकार दिलो.

केशवाचे पूत दोळयांत जीव हाडून बापायची वाट पळेताले. केशवान घरच्यान तीन कुलपां हाडलीं. आनी नरसून ठोकिल्ल्या कुलपाभायर तिनूय खिळयांक घालीं आनी देवूळ बंद केलें. नरसूचें एक कुलप केशवाच्या तीन कुलपांनी बांदून पडलें.

ते राती केशवागेर कोणाक जेवण गेलें ना. न्हिदूय लागली ना. सगळीं चितेन उडत गेलीं.

सुवेर सोंपलो. शुचिर्भूत जावन केशव पुजेसामान घेवन देवळामुखार येवन बसलो. पुलिस सकाळीं धांवन नरसूगेर वतले. ताका चावयेसकट हाडटले. केशवाक घालपाक सांगिल्लीं कुलपां काडूंक लायतले. आनी नरसूक ताणें घाल्लें कुलूप काडूंक लावन पुजा करूंक मेळटली हे आस्तेन एक एक खीण काडलो. पुण दनपार उलगत गेली तरी कोणाचो पत्तो नासलो. रातीं देवीचे जे भक्त आनी कारभारी हांगा जमिल्ले तातुंतल्या एकल्याकूय देवीची पुजा जावंची अशें दिसलेंना. नरसू चावी उशाक घेवन न्हिदला काय ? पुलिसांची चौकशी जावंना काय ? काय सत्येक झगडपी आनी आमी व्हडली सेवा करतात म्हुण लावडस्पिकरावेल्यान आड्डून सांगपी काळखांत कूस मारून बसल्यात ? प्रस्ना फाटल्यान प्रस्न ... पुण काळाक थांबोवं येनाशिल्लो. दनपारची पुजा जावपी थांबवप ना. आपले भावने पुरती जाली तरी नित्यनेमांत खंड घालप ना.

केशवाची आस्त पालवली तेन्ना घरचें दुर्गादेवीचें पायनेऽ हाडलें. मुखेल दरवटयाक घट केलें आनी पुजा केले उपरांत हात जोड करून मागणें केलें.

'हे देवी, भूत भविश्य आनी वर्तमान तूं जाणां. सगल्याचीं मनां तूं वळखता. तूं सगल्या तरांचे शक्तीन भरिल्ली आसा. आजमेरेन हांव तुज्या पायांर गंध फूल

घालेबगर रावल्लोंना. पुण आज हांव तुजे लागीं येंव शकना. तेन्ना तूं ह्या पायनेलांत यो. आनी म्हजी बरी वायट सेवा मानून घे. हांव चुकतां जाल्यार क्षमा कर. आनी म्हाका तुजी पयलीं भशेन सेवा करपाची शक्त, बुद्द आनी प्रेरणा दी.'

मागणी सोंपतना केशवाच्या दोळ्यांतलीं दोन दुकां देवळाच्या हुमऱ्यार गळ्ळीं.

एक दीस गेलो ... फुडें अशेच धा दीस गेले. म्हयनो गेलो, वर्स गेलें ... तरी सारकेंच. पुलिसेंत केस दिली म्हुण सांगपाचें ना. देवीचेर अन्याय करप्यांक तर कशेंच शरण वचपाचें ना. ती देवी कोणाच्या मनीं मुखीं वचपाची तशी वतली आनी आपणाक मेकळी करून घेतली. हे भावनेन केशवान देवळा भायर पायनेलाचेर देवीची पुजा चालूच दवल्ली. दर दिसा आनीक लोक थंय येताले, पांयां पडटाले आनी देवीचो प्रसाद घेवन वताले.

एक दीस एका भाविकान फुडें येवन केशवाक विचाल्लें : गर्भकुडीक कुलूप घालून नरसून देवी बंद केल्या पुण भायलीं तीन कुलपां तुवें घाल्यांत तीं काडून तूं भितल्ल्या हुमरार पुजा कित्याक करिना ?

कांय वेळ येवजिले उपरांत केशवान सांगलें,

"जीं कुलपां हांवें घाल्यांत तीं पुलिसांचे सांगणेन. तांणी काड म्हुण सांगल्यार हांव तीं काडीन –"

"आनी नरसून तुजीं तिनूय कुलपां पुलिसांमुखार तोडून देवूळ उगडलें जाल्यार ?"

ताचो प्रस्न सोंपचे पयलीं केशवान जाप दिली :

"तो ह्या देवळाच्या कारभारी मंडळांत खरोच देवीच्या बऱ्या खातीर वावुरता जाल्यार ताणें अवश्य करचें."

... एक दीस पुलिसान केशवाक सांगलें ...

"त्या दिसा रातची खबर. आमचेकडेन त्यावेळार फोर्स नासलो. देखून तुका कुलपां घाल म्हुण सांगचीं पडलीं. पुण आतां तूं आनी कारभारी कशें तें मेकळें करात."

पंदरा – वीस दिसां उपरांत ही जाप आयकून केशवाक अजाप जालें. पुलीस केस पोकी जाली म्हणपाचें कळून आयलें.

दिसान दीस देवळाच्यो खबरी छापून येवंक लागल्यो. वातावरण तापत गेलें ... वचत थंय लोक हीच खबर उलोवपाक लागले. सगळो गांव मंगळारकारांक मेळ्ळा. तांणीं नरसूक तेंको दिला. देवळाचे कारभारी ताच्या उतरांत आसा. केशवान कारभाऱ्यांक शरण वचूंक जाय. ना जाल्यार केशव उसळटलो. दुसरो पुजारी येतलो. हें आयकून केशवान निर्शेवन इतलेंच म्हळें,

"निमाणे देवीक जाय तशें जातलें !"

तब्बल वीस दिसां उपरांत केशवाच्या हतांत एक लाखाटो येवन पडलो. फोडून चीट वाचून पळेली. आदमिनिस्त्रादोराची चीट आसली – तुवें देवूळ बंद दवल्लां ते संबंदान सांगपाक येंवचें तारीक x x x x x केस दिवपी – देवळाचे कारभारी.

हावें देवूळ बंद दवल्लां? चीट वाचून कपलार फातर आदळचो तशें केशवाक जालें. जांव, हरकत ना. कारभाऱ्यानीं हांवें देवूळ बंद केलां अशी केस दिली म्हणून कितें जालें? सत्य बुडटा? आदमिनिस्त्रादोराकडल्यान तरी न्याय मेळटलो. केशव खंबीर पायांचेर उबो रावलो.

आदमिनिस्त्रादोरान दोनूय पार्टीक अेकठांय हाडले. दोगांचींय निवेदनां घेतलीं. दुकुमेंत पळयले आनी निर्णय दिलो दुर्गादेवीचें वादग्रस्त देवळ आवल्या अधिकाराचे फास्केंत येना. देवूळ बंद उल्यार जाची लुकसानी जाता ताणें सिविल कोर्टांत दाद मागची. केशवाआड रचिल्लें शडयंत्र निकामी जालें.

तिनसानची वेळ. केशवान देवीच्या पायनेलामुखार सांजवात लायली. ती अुमाशेची रात आशिल्ली. काळरात. देवूळ बंद जावन कितल्यो तरी रातीं फाटीं पडिल्यो. आनी हे फुडें कितल्यो वचत ... कोण जाणां!

केशवान हात जोडून देवीक म्हटलें, हांव अेक दुबळो मनीस. हांवें अज्ञानान कितेंय केलें जायत. याद नासून केलें जायत. त्या संगल्यांची म्हाका क्षमा कर आनी प्रसन्न जा. हांव दिसाक हजारांनी गुन्यांव करतां. पुण तुजो सेवेकारी हें मानून म्हाका क्षमा कर. हे धर्तरेर पूत आसात तश्यो आवयो आसात. पूत वायट आसतात. पुण आवय वायट न्हय. तांकां वाट दाखय. जे मस्ती करतात तांकां भंय दाखोवन जाग्यार हाड. देवी म्हणचे सगल्या देवांची अेकवटीत जाल्ली शक्त. ती तूंच. तुवें दैत्यांचो शेवट करून देवांक तांचो अधिकार मेळोवन दिलो. आतां तुका अशी गुर्भकुडांत बंदिस्त रावपाक जाय जाल्यार हांव नकळं. तुका जाय तशें कर!

केशव घरा येवंक परतलो. पायनेला फुडयांत लायिल्ली सांजवात वाऱ्याच्या ल्हारावांगडा थरथरल्ली. मळबाच्या अेका पोंताक वीज कडकडली. देवळाचो वाठार विजेच्या अुजवाडांत चकचकून गेलो. मळब फुटून पावसाच्यो सरी कोसळूंक लागल्यो. सुसाटचाचो वाव देवळावेल्यान गेलो.

दुसऱ्या दिसाची सकाळ अुजवाडना फुडें खबर पातळत गेली. देवीच्या गांवांत अेके कुशीन चक्रीवादळ जालें आनी अेक सबंद वाड्याच्या वाडो कुळागरां भुंयसपाट जालीं. हे खबरे वांगडा देवीची सासाय वाडत गेली. गांवचे लोक चोंब्यानी जमून अुलोवपाक लागले. देवीची सहनशक्ती सोंपल्या. रातीं तिणें ल्हानसो प्रभाव दाखयलो. अितल्यार सावधान जावन जर तिका मेकळी केली ना जाल्यार सगळ्यांचो नाश जातलो. तुळंकार!

सांजे देवळाच्या प्राकारांत शेंकड्यानी लोक जमले. कारभारी, भावीक,

जाळवणदार, सेवेकार सगले. नरसूक देवळाच्यो चावयो घेवन आपोवन हाडलो. केशवाकय आपोवणें आसलें. सगल्यांनी अेकमुखान सांगलें, कारमान्यांनी पुरयतान कोटींत जायतितलें झगडचें. देवळांत नाका. देवीक कितेंच बादिकार ज्ञावंक जायना ... देवूळ आजूच अुकतें जावंक जाय. पयलीं नरसूक विचाल्लें,

"तुवें गर्भकुडाक पयलीं चावी घाल्या. तूं ती काडटा काय ना ? पुजारी केशव. दुसरो येवपाचो ना."

नरसू तयार जालो. मागीर केशवाक विचाल्लें,

"तूं तुगेलीं कुलपां काडटा ?"

"हय. पुण तीं पुलिसांचे सांगणेन घाल्यां. ते फुडयांत जाय."

केशवान म्हळें.

"पुलीस, सरपंच अितलेंच न्हय सगलो गांव तुजे फाटल्यान आसा."

कितलेशेच आवाज अुकते जाले. केशवान तिनूय कुलपां काडलीं. हेर दारांच्यो खिळयो काडून देवूळ अुकतें केलें. चौक लायटी अुजवाडांत लोकांनी भल्लो !

"गर्भकुडाक चावी घालपी नरसू खंय ? आपयात ताका फुडें !"

कोणेतरी म्हळें.

अितल्यांत अेकलो मनीस फुडें आयलो. आनी सांगूंक लागलो.

"तो म्हणटा – ताका रातीं सपन पडलें. सपनांत देवी गेली आनी सांगलें. तूं चावयेक आफुडशी जाल्यार अॅटॅक येवन पड्टलो."

कोणा अेकल्यान म्हटलें.

"जांव आसूं, जगूं बाबडयाक देवीचे कृपेन."

अेका भाविकान गर्भकुडाची चावी काडून दार अुकतें केलें.

"जय जगदंब अुदयोस्तु" चो जल्लोश जालो. देवीचें मुख दिव्यांच्या अुजवाडांत परजळ्ळें.

आनी अितलो तेंप काळखांत राविल्लीं वागोळीं पांखटां फाफडीत देवूळ सोडून रानांत गेलीं.

※※※

१३.

आवयली व्यथा

"माली –,"

आवयचो उलो कानार आदळनाफुडें मालीन हातांतल्यो घुलो भिरकावन दिल्यो. खेळ अदर्यार सोडलो आनी कांचवेल्लेशें जावन तें आवय मुखार येवन उबें रावलें. घुलांनी खेळपाच्या गुन्यावाची ख्यास्त भोगपाची ताणे मनाची तयारी केली.

"माली, चल भितल्ले कुडींत यो –"

हुकमाप्रमाण माली आवय फाटल्यान भीतर आयलें. आयची ख्यास्त कितेंय वेगळे भशेची भोगची पट्टा दिसता – भंयान मालीची गुळी जाली. ताचें काळीज सकयल वयर जावंक लागले.

"माली हात फुडें कर –"

भियेतभियेत मालीन आपलो थरथरतो हात फुडें केलो.

"हे घे माली आनी मोन्यांनीं खा. कोणाक दाखोवं नाका, बाकिचीं मागतलीं –"

आपल्या हातार सफरचंदाचें तांबडें लाल अर्दूक ... पळोवन माली अजापान थंयचे थंयच सुकलें ... आवयच्या तोंडाक तें पळयतूच रावलें.

"येवजिता कितें? म्हाका कामतबाबागेर दिलें; तुज्याखातीर म्हण घरा हाडलें हावें तें –"

येद्या व्हड गुन्यावाची आपल्याक कांयच ख्यास्त जावंची न्हय, आनी वयल्यान सफरचंदाचें अर्दूक बक्षीस मेळचें ? हे आईक आज जालां तरी किते ? कितलेंय काम केलें तरी केन्ना जिची तृप्ती जाली ना. जेंवंक बसल्या उपरांत – पोटणें धोसूक म्हण गाळी पड – त्याबगर एक दीस गेलो ना, ती आवय आयज एकाएक कशी परतली. इतलो आपल्याचेर मोग कित्याक करूंक लागली ? सफरचंदाचें अर्दुक खायत माली येवजितालें.

ओलीं उंबळून झाडप, मिरसांग वांटप, ताटां – वाटल्यो घांसप हीं मालीचीं सदांचीं कामां. पुण आवयन ताका आयज कांयच करूक दिलें ना. इतलेंच न्हय, तर आयज कोणाचेर वाजेली ना – फडफडली ना. रातीं पेजे बदला सगल्यांक शिताचें जेवण मेळळें, आनी वेल्यान नुस्त्याचें बेसबरें कालवणें. भुरगीं म्हाका वाड म्हाका वाड म्हण कलकल करतालीं. माली सकले मानेन जेवतालें. अशें आसतनाय आवयन ताका मुद्दामूच नुस्त्याचे चार कुडके चडूव वाडले.

आवयक आज अशी कसली खोस जाल्या, हाचो विचार करूनूय मालीक अंत लागलोना. मात तिचो चेरो सदांमशेनूच कष्टी आनी त्राशिक दिसतालो. तातूंत खोशयेची मातूय झळ नाशिल्ली.

जेवन न्हिदपाची वेळ जाली. आवयन मालीचें हाथरूण आपल्या म्हन्यांत घालूंक लायलें.

माल्ली पांगरूण घेवन हांतुणार वोग्गी पडिल्लें ; कुर्कुटांतल्या पेत्रोला दिव्याचो मिणमिणटो उजवाड चौखभर पातळळो. मालीचे कुशीक आवयचें हाथरूण आशिल्लें. ताच्या पेल्यान मालीचीं पांचूय भावंडां फाटक्या हातरपटयांचेर गोदडे कुडके घेवन अस्ताव्यस्त पडिल्लीं. सगल्याक सामसूम जाल्लें. भुरगीं न्हिदेन घोरेतालीं आनी ती आवय मात हांतुणार बशिल्ल्या जाग्यावेल्यान भुरग्याचेर नदर भोंवडायताली. कितेंतरी येवजिताली, आंवडे गिळटाली आनी दोळे पुसताली. बरोच वेळ गेल्याउप्रांत दुःखाच्या एका उमाळ्यासरशीं तिणें मालीक वेंगांत घेतलें आनी ती डळमळीत रडूंक लागली.

फाटल्या स म्हयन्यापयलीं ती अशोच रातीच्या राती रडून काडटाली. पुण त्यो घरकाराक लागून – घरकार सर्गार गेलो ह्या दुखान, त्या वेळारूय ती अशीच भुरग्यांक लागीं घेताली. मात मालीक आयचो हो प्रसंग नवोच आशिल्लो.

आवयचे हे वागणेन आपणें कितें करचें तेंच मालीक कळना जालें.

"आई, बाप्पाची याद आयली गे ?"

मालीन विचाल्लें. ताचो सूर कांपतालो.

"नागो पोरा –"

आवयन भरिल्ल्या आवाजांन जाप दिली.

"मागीर तूं रडटा कित्याक ?"

" नशिबाक म्हज्या ! "

" पुण अशें रडपाक कितें जालां आई ? "

" कितें सांगू पोरा, हांव आवय न्हय तुजी – कैदाशिण हांव – "

" अशें कितें उलैता आई ? "

" खरेंच – म्हाका मनीसपण ना – अन्तस्कर्ण ना – हांव तुका घराभायर काडूंक फुडें सल्लां, घराभायर ! "

" म्हाका कांयच कळना आई ? "

" मुंबै धाट्टां हांव तुका फाल्यां माली – "

" कित्याक ? "

" वावराक ! "

" कोणागेर ? "

" कामतबाबागेर "

आतां मालीक कळळें कि सकाळच्यान आपली अपूर्बाय कित्याक जाता ती.

सगली रात आवयक न्हीद पडली ना. हाथरुणार पडल्या थंय ती येवजिताली.

तिणे आयकल्लें मुंबै एक उपाट शार आसा. थंय व्होडलीं – व्होडलीं घरा आनी रुंद रस्ते आसात. दीसरात रस्त्यांचेर लोकांची आनी मोटारींची गर्दी आसता – अशें गर्दैत एकटें माली वाट चुकलें – जांव रस्तो हुपतना गाडयेपोंदा थू मेकल ! आवयन तकलेंतले विचार फापडून वडयलें

– पुण हांवतरी कित्याक ताका मुंबै धाडपाक तयार जातलीं आसलीं ? परिस्थितीन लाचार जालें म्हणूनूच न्हय ! नाजाल्यार अकस्मात जोट्टो घरकार भायर पडटा आनी संवसार उबंत पडटा -

घरकार जोडून हाडटालो तोवर कांयच कमी पडूं ना. सगलें कशें जुस्ताजुस्त चलतालें. पुण ताच्या फाटल्यान जियेवपाक कसलो तरी आधार आसा ? अनाथ म्हण शेजाऱ्यापाजाऱ्यांनीं चार दीस मदत दिली. सोयऱ्या धायऱ्यानीं ताका सांबरून धल्लीं. घरांतलें आशिल्लें नाशिल्लें विकून कांय तेंप फाटी पडलो. पुण फुडें –

त्या दिसा बुडकुलो रान्नीर चडोपाक आधार नाशिल्लो. सकाळसान मुरगीं भुकेन सतायतालीं. वाडयावेल्यान उश्णें मागून हाडपाक एकूय घर बाकी उरुंक नाशिल्लें. अशे परिस्थितींत आवय कामतीच्या दारांत पावली.

कामत सुटी घेवन बिराडासकट निकतोच गोंया आयिल्लो. मागल्यार कितेंय तरी दिल्याबगर रांवचो ना हे आशेन तिणें थंय धांव घेतिल्ली.

कामत भायले सदरेर वलतेरार बसून शिगार ओडटालो आंगणांत झळक पडना फुडें ताणें विचाल्लें –

" कोण गे ती राधा ? "

"हय"

अशें म्हणत राधा सदरेर खांब्याआड येवन उबी रावली.

"बरीं आसा मंगे ? ... सकाळीं फुडें खंय वताली ?"

"कामतबाब, एक पांच रुपये उश्णे मेळत ? भुरगी उपाशीं पट्टात"

"म्हणचे गे, घरकार जोडिना – "

आपली काकळुतेस्त नदर राधेन कामतीवशी फिरयली आनी तिणें सकल मान घाली. तिचें अुकतें कपल पळोन कामतबाब सगलें समजलो –

"वायट धरूं नाका हां म्हाका कांयच खबर ना"

अशें म्हणत तो उठलो आनी घरांत वचून धा रुपयांची एक नोट हाडून ताणें राधेच्या हातार दवल्ली.

दु:खाच्यो खवळग्यो हालयनासताना कामतबाबान राधेच्या संवसाराची सगली बारीक सारीक वासपूस घेतली. आनी सहज ताणें प्रस्न केलो –

"राधेव्हनी, मालीक मुंबैक कित्याक धाडिना ? आमच्यावांगडा जेवीत खायत रावत सुखान. आमचीय बारीकसारीक कामां जायत – तुकाय म्हयन्यांतल्यान कितेंय धाडूंक येत गरजेक !"

"पुण इतल्या पैस धाडणाचें म्हणजे – "

"पैस गे कसलें ? आमी रावना ... आज बोटीर बसलों म्हणजे फाल्यां सकाळीं पावता – "

"तें खरें; पुण – "

"हें पळय, फोर्स ना हां ! येवजी आनी सांग."

खूब येवजिल्या उपरांत राधेन थारायलें कितें – जायना – कामतबाब काय गांवाभायलो न्हय – गेलें ताच्या वांगडा जाल्यार उपासमार तरी चुकत एकल्या पोरा नशिबांतली. मालीक विचारशें अशें तिका दिसलें. पुण ताका भुरग्यांक संवसाराच्यो बऱ्यो वायट गजाली खंय कळटात म्हण विचाल्लें ना. ताणें वचना म्हळें तरी आपणे नेट केल्याउपरांत तें मायर सरतलें हाची तिका खात्री आशिल्ली. दुसऱ्या दिसा तिणें कामतीक उतर दिवन उडयलें.

कामतीन मालीखातीर नवो परकर पोलको आनी राधेक घर खर्चाक पन्नास रुपये धाडून दिले. आमी रकाद आयलो येत्या बिरेस्तारा सकाळीं आठ वरांचेर मालीक घेवन पणजे बोटी धक्यार यो.

मालीचो वचपाचो दीस तेंकलो. फाल्यां माली वचपाचें. सकाळच्यान राधेच्या मातृप्रेमाक भरतें आयिल्लें. ताचो शिवर मालीचेर जातालो.

मालीच्या वचपापरस तें अनाथ – अजाण पोर आवयचे मायेक तुटटा हाचेंच दुख ते आवयच्या काळजाक चड भोगतालें. ही एकूच वेदना तिका असह्य जाताली. आज मेरेन तिचें एकूय भुरगें तिका सोडून पैस वचूं नाशिल्लें. घरांत जेवंक नासलें

तरीं सगलीं भुरगीं आपल्या भोंवतणी दोळयांमुखार आसूंक जाय आसलीं ... तांचे सुखदुखांचे रागालोभाचे खीण पळयतना अतस्कर्णांतलें सगलें दुख तीं विसरूं शकताली. माली हें तिचें पयलें वयलें अपुर्बायेचें भुरगें. देखणें तशें गुणाचें –

माली वचपाचे तयारेन तिच्यामुखार आयलें तशें आवयच्या भावनांचो बांद एकदम – कोसळ्ळो. मनांतल्यो वेदना माली मुखार उकत्यो करूंक जाय आशिल्यो पुण गळयांतल्यान उतर फुट नासलें ... फक्त आंवडे आनी दुकां ... ताचो अभशेक मालीच्या मस्तकार जातालो.

माली गोंदळून गेल्लें, प्रवासाचे गोड कल्पनेत आनी मुंबैच्या रम्य सपनात रमून गेल्या मालीचें अन्तस्कर्णूय पाझल्लें.

"माली बरें करून वच, जिवाक सांबाळ. जेव खा; सुखी राव"

दुखाच्या उमाळयावांगडा आवयच्या तोंडातल्यान उतरां फुटलीं.

"म्हाजी काळजी करूं नाका तूं आई. हांव जेवीन खायन – पुण तुमचें कशें? तुमकां कोण दितलो?"

"आमचें बरें आसा; देव सांबाळीत आमकां –"

"आई म्हाका मुंबै पावतकीच बाबूची खूब याद येतली. ताका मारूं नाका हां –"

"ना गो पोरा, इतले हांव दुश्ट न्हय काळीज आसा म्हाका. ना तें नशीब. तुमकां सुख दिवपाचें –"

माली घराभायर सल्लें – ताका पावोपाक आवय बाकीच्या भुरग्यांसयत धक्यार आयिल्ली.

मालीन बाबूची 'पापी' घेतली. धाकटुल्या भावडांचे चेरे माये मोगान सांसपिले. आनी आवयक पळोवन दोळे पुशीत तें कामतीच्या कुटुंबा फाटल्यान बोटीर चडलें.

धक्यार आशिल्लीं मनशां बोटीर चडिल्या आपल्या मनशांक हातांन लेंस हालोवन निरोप दितालीं. मालीची आवय धक्याचे एके कुशींक उबी आशिल्ली. तिचे हांडीर देड वर्साचो बाबू आशिल्लो. बाकीचीं चौगांय भुरगीं तिच्या पायांकडे आंगाक चिकटून उबीं आशिल्लीं. मालीचेर निमाणी नदर घालपाखातीर तिचे दोळे बोटीर बिसवलेले. पुण माली तिका दिसलें ना.

बोटीन निमाणो भोंगो दिलो आनी तिणें धको सोडलो. राधा भुरग्यांक सांबाळीत धक्यावेल्या वतांत उबी आशिल्ली. तिच्या हात – पायांक गुळे चडिल्ले. गळो सुकून गेल्लो. दोळयांतल्यान दुकाचे पार व्हावताले. उबें रांव नज जावन विकल अवस्थेंत थंयच्या खांब्याचो तिणें आदार घेतलो.

बोट चलताली – उदकाचें न्हय – आवयचें काळीज चिरीत ती मुंबै वताली.

***

१४.

वीख चडलें, वीख देंवलें

"खंय चल्ले तुमी येदे सकाळीं ? "

राधाबायन घोवाक विचाल्लें.

" असो ऽऽघरा पासय मारून येतां. "

आंगार जुदी चडयतना गंगाधरान घरकाग्नीक जाप दिली.

" घरा ? आयज घराकडे कितें आसा. ? "

राधा सान्न मारताली ती थांबली.

" कितें करतलो ? घर – दार, भाट – बेंस, देव – धर्म पडलो थंय कुंडयत आनी आमची शिर्वीस चलता हांगा पणजे. सगळें सांबाळचें पट्टां न्हय ? "

गंगाधरान तोपी घालपाक उबाल्ली.

" खबर आसा. सोड आसली म्हणचे तुमकां कुंडयक वच्चेंच पट्टा. हांव जाणा तुमी घरा वचून कसलो अुजवाड घालतात तें. "

" वोगी राव गे. अुजवाड म्हणचे कितें ? "

" तुमी म्हाका विचारतात. म्हाका हांगा पणजेंत बसलां थंय सगलें आयकूंक येता. "

राधा कमरार हात धरून रखुमायशी गंगाधरामुखार येवन अुबी रावली.

भीत भीत गंगाधरान विचारलें,

" कितें आयकलां तुवें ? "

"सांगूंक जाय. सांगता तर."

आनी उतरा कणकणीं अभिनयासैत तिणें म्हळें,

"दर आयतरा तुमी देवाक पायां पडपाखातीर घरा वतात. पुण भटान देवाचेर गंदफुलां घाल्यां काय पळैतात ? हांगा पणजेंत हाटेलांतल्यान तुमी बटाटवडे घेवन वतात. थंय पावतकूच सगुणें म्हणून कोण आसा ताका आपोवन च्या करून घेतात. आनी मागीर दोगांय कुडींत बसून बटाटवडे भकीत बसतात."

गंगाधरान तोपी मेजार आपटीत म्हळें,

"सामकें फट, सामकें फट, तुजो सपूत, न्हय, म्हज्या हड्ड्यार हात दवरून खरें सागतां."

ताका फुडें अुलोवपाचो राधेन थांबयलो.

"सपूद घेवपाची गरज ना."

तिणें हातानूच नेटान न्हयकार दिलो.

"आगे पुण, म्हजें आयक मात्शें."

"नाका, तुमी म्हजें आयकात"

राधेन गंगाधराक तोंडान धोंगशे मारपाक सुरवात केली.

"सगुण्याची गजाल अेक जाली. ती वावराडी. भाटांत काम करून घेवपाक तुमी चार चार दीस वचून कुंडंयत रावतात. पुण मानाय काम करतात काय विडयो फुसकयत गजाली मारतात तें पळयता कोण ? कुशीन खंयींतरी कामेऱ्यां वावर करतात तांच्या मुखार अुबे रावन खिटखिट्टात."

गंगाधर सामको निर्शेल्यावरी जावन वल्तेराक तेंकलो.

"आनी कामेऱ्यां जाय तीं आंकवार तट्टीत दोळयांत भर सारखीं –"

गंगाधरान अितलो वेळ राग मनांत दामून दवल्लेलो पुण आतां तो फुटलो.

"आगे कामेऱ्यां जांव मानाय घटमूट आसल्याबगर कामां जातात ? हें कितें तुजें नाका जाल्लें ! हांव सगल्यांक सारखो पळयता. देवाक, भटाक, मानायांक, कामेऱ्यांक, आनी तुकाय बी"

"हें पळयात हांगा लेगीत म्हजो नंबर निमाणो."

"तशें न्हय गे. हांव जाणा तें शेजारचें चंद्रू आसा. ती म्हज्यां अप्रशीं तुका कुसां लायता. आमी गावांतल्यान नाल्ल भरून हाट्टात न्हय साकानीं. आनी बाजारांत विकून दुडू करतात तें पळों नज तिच्यान. दोळे फुट्टात तिचे. हांव कुंडयच्यान येतना मुजरत तुज्याखातीर आडसरां लेगीत घेवन येतां. चंद्रू तुजे कान फुंकता आनी तूं म्हजेर कसता."

"पुरो, तुमचीं सदचीं बंडलां आयकून कान विटले म्हजे. पुण आयज घरा कित्याक वचपाक जाय. खण्णी मारून घेवपाची आसा, काय भाट पाडपाचें आसा ?"

बायलेच्या तोंडाफुडें गंगाधर आदिंच गळसणलेलो. वलेराच्या तेकण्याचो आदार घेवन ताणें म्हळें,

"आयज नागपंचम. म्हूंटकूच भाटांत काम कसलें ? शिवाय शिरवणो सोमार. हांटेलांतल्या बटाटवड्यांक आफडलेगीत ना. आनी सगुण्याचें नांव घेंव नाका. तें सामकें फट ... फट ... फट ... "

लक्तुबायेन फुड्यांत येवन राधेन विचाल्लें,

"आयज घरा कितें आसा नाग पंचमीचें ?"

"नागांची पुजा."

पोल्यांचेर बोटां तेकोवन हात जोड करीत म्हळें.

"नागांची पुजा ? भट करतलो थरिल्या प्रमाण."

"पुण पायां पडून आयल्यार बरें न्हय ? केन्नाय प्रसाद घेवपाक गेलो, म्हणचे दयेची कळी जायना. आडखळ दाखयता. म्हूंटकूच देवाचो शींण अुरूंक नाका देखून भायर सल्लां. म्हळचार नागपंचमी दीस नागीण कशी तूंच विखारी अुतरां सोट्टा म्हजेर ! "

गंगाधरान तोंड धापून घेतलें.

राधाबायन मात्शें येवजिल्या अुपरान्त म्हळे,

"बरें, तुमचें न्हाण - धूण जालें ?"

"हय."

गंगाधरान भितल्ल्या आवाजांत जाप दिली.

"मागीर बेगीन सरात तर भायर. आनी दनपारमेरेन जेवणाक घरा येयात."

"बरें आसा"

घरकान्नीची संमत मेळना फुडें गंगाधरान सडसडीत टोपी माथ्यार दवल्ली आनी जोत्यांत पाय धुकलून चलूंक लागलो. राधेन म्हळें,

"रावात. माथें आसा मूं शितिदार ?"

"कित्याक ?"

"भायर पावस शिरशिरता. ही घेयात सत्री."

राधेन फुडें केल्ली सतरी घेवन परतलो.

"आमी हांव सांगतां तें मतींत दवरात. नागपंचम म्हूंटकूच भाटांत पाय अुखलून चलात. जिवाण्याचेरबी पडत. चाबत. आनी भूंय दुखोवपाची ना. भट सारकी पुजा करता काय ना ती पळोपाची. केन्ना केन्ना खंय तो पयले राती देवाच्या आंगार कळयो दवरता. आनी अुदेंत जायनाफुडें पुजा करिनासतना भटपणाक धांवता ... "

"आगे तें जाणा हांव. हांव कितें सामको मुरगो ?"

"मुरगो न्हय. पुण मुर्गेपणां वच मात ना."

"आसूं. आतां चड वाद कित्याक ? तुवें सांगलां तें सगलें सारखें करतां. तुज्या मनासारखें करतां तूं म्हणचे रहजी गृहलक्ष्मी."

राधा मुमुरखी हांसली. तसो गंगाधर धळधळीत हांसलो. आनी खरशेतखरशेत प्रासार येवन अेकदांचो कार्रेरींत जागो धल्लो.

कुंडय पावलो म्हण घर लागीं आसा ? कार्रेरींतल्यान देवनाफुडे पयलीं अर्दवर बैलगाडयेचो रस्तो चलून कापचेलो. आनी मागीर आडवाटेन पंदरा मिनटा दोंगुल्ली चडून देंवतकूच भाटांत पावपाचें.

दोंगुल्लेच्या मुळसांत पावनाफुडें जुदयेच्या गोलाक भांगराच्या कोरदांसावान बांदिल्ली बोल्सांतली घड्याळ भायर काडून गंगाधरान नदर माल्ली. अिकरा जाल्लीं. चे: भायर सरपाक हिसबाभायर अुशीर जालो. घराक पाय तेकोन भायर भितर नदर मारून परत जेवणाक घरा पावपाक जाय – नाजाल्यार तिगेली धुसफूस आयकुपाक जाय. गंगाधरान सडसडीत पावलां अुखल्लीं. पावसाची पीरपीर चालू जाली. पुडवें वयर खोवन घेतलें. सतरी अुगडून माथ्यार धल्ली. आनी झिरकुटां कुशीन सारून वाट काडीत दोंगुल्ली चडपाक सुरवात केली.

तेंगशेर पावनाफुडें पावस दाट जालो. आनी दुसरेवटेन वारो सुटलो. गंगाधराच्या हातांतली सत्री भावीण पालखे कुशीन चंवरी घुंवडयता तशी घुंवपाक लागली. वावजडीन कमरामेरेन भिजून गेलो. उदकाचे लोट वाटो भरून व्हांवपाक लागले. मदींच गंगाधराचो पाय खळयेंत पट्टालो. मागीर लंवडल्या अुपरान्त जीव आनी सत्री सांबाळटना नाका जीव जातालो.

हेर दिसानीं हीच दोंगुल्ली देवतना भाडांचे सावळेंत विसव घेत बशिल्लें गंगाधरालें घर दिसतालें. माटा सकल तळें. वर्सभरय तांबडया – धव्या साळकांनी भरिल्लें. ताच्या पेल्यान खाजन. हो सैम गंगाधराक सदांचोच. पुण दर खेप घरालागीं पावसर तो पळोवन ताचें मन सामकें अुचंबळून येतालें पुण आयज पावसान दाट पांगरूण घालून सगलो सैम धांपून वडयल्लो. खिणभर ताका अशें दिसलें वोगीच हावें आयज हांगा घालून घेतलें. जांव आतां घरांत वचून देवाक पायां पडपाचें आनी परतुपाचें. भट मात घरांत आसल्यार पुरो. मनांत आशिल्लें तशेंच जालें. घर अुकतेंच आशिल्लें. देवकुडांतल्यान भटा तोंडचे मंत्र फुडल्या दारामेरेन आयकुपाक येताले.

गंगाधरान जोतें काडून पावसाचे पावळेंत पाय धुले. सतरी जमनीर अुपडी निसकत दवल्ली. आनी सामको देवाकुडींत गेलो. पायां पडून अुबो रावलो. भटान 'कृष्णार्पण' म्हणून दारांत पळयता जाल्यार गंगाधर !

"वा. जुस्त प्रसाद घेवपाक पावलो."

ताणे म्हळें.

"दी मरे तर !"

रामचन भटान दोन फुलां काडून हातार दवल्लीं.

" नागां पुजा जाली ? "

" हय तर, नी किते ? "

देवाकुशींन वंटीर हळडी कुटांच्या गंधान काडिल्ले णव नाग दाखयले. जमनीर नेवेद धांपून दवल्लेलो.

गंगाधर पणजेच्यान मिठमिरसांगचे फोव खावन भायर सरिल्लो. पोटांत कावळे काव – काव करताले. ताणें नेवेदाचें पान पळयत म्हळें,

" नेवेदाक कितें केलां रे रामचन ? "

" वर्सामशेन पोळयो. "

" आमकां अिल्लो प्रसाद दी मरे "

रामचनान नागांच्या पानावेल्यो दोनूय पोळयो गंगाधराच्या हातार दवल्ल्यो. गंगाधरान अेक पोळी 'पटायंच' करून गळयासकल देंवयली. आनी दुसरी कागदांत गुठलावन जुदयेच्या बोल्सांत घाली ... मनांत म्हळें, तसो भट विश्वासू हां !

गंगाधर भटाक घेवन घरभर भोंवलो. खंय गळटा ना कितें तें पळयलें. रामचनाक वोगीच विचारपाचें म्हणून विचाल्लें,

" बरें चलता मरे तुजें ? भाटार नदर मारता मरे सारकी ? "

रामचनान दोनूय प्रस्नाच्यो वांगडाच जापो दिल्यो.

" हय. हय तर ! "

" घराचीं दारां, जनेलां, सारकीं धांप. वानर – सुणीं भितर सरत. "

" चे – चे दोळयांत तेल घालून पळयतां हांव हांगचें सगलें. "

" तें जाणो रे. आमची आपली सांगपाची संवय. बरें येतां हांव "

देवाक परतून अेकदां हात जोड करून गंगाधरान पणजेची वाट धल्ली. आतां पावस थांबिल्लो. दोंगुल्ली हुपून मानशेर पावलो. देवाधर्मान कार्रेरूय मेळ्ळी. आनी जुस्त जेवणावेळार पणजेंतल्यान बिराडार हजर.

"आयले अितल्यांत कुंडय वचून "

राधेच्या कसल्याय प्रस्नांत दुबाव नाक रोमतालो.

"आगे, तुका दुबाव आयलो ? हो पुरावो. "

गंगाधरान पुडी घरकान्निच्या हातार दवल्ली. पावसांत भिजिल्ली मुस्तायकी देंवयली आनी सुकें पुडवें गुठलांवक लागलो. राधेन पुडी सोडली आनी पोळी पळोवन विचाल्लें.

" हो कसलो प्रसाद ? "

"कसलो म्हणजे नागांचो. "

" नागांचो ? "

पुडी एकदम जमनीर वडयली.

"कित्याक – कितें जालें ? "

"नागांचो प्रसाद खायनात. तुमकां खबर ना ? "

हांव खंय जाणा ? भटान दोन दिल्ल्यो. अेक हावें खाली. अेक तुज्याखा
हाडली."

"भटान तरी सांगपाचें नागांचो प्रसाद खायनात म्हण."

"म्हणचे हांव असो नागपुजेवेळार केन्ना पावलोंच ना. आज पयलोंच. हां
प्रसाद मागलो ताचेकडेन "

"घात केलो तुमी; आनी खावन लेगीत मोकळे ! "

"म्हणचे कितें जाता खालो म्हणन ? "

"सरप म्हणजे विखारी देव. ताचो नेवेद्य म्हणचे अुश्टें अुश्टयांत वीख दें
तें वीख तुमी खालें ? आरे कर्मा भोगा. तुमी घात करून घेतलो."

राधेन कपलार हात मारीत गळयांतल्यान सूर काडलो तिचो तो
पळोवन गंगाधर सामको गळसणलो. गळो सुकलो. हातपाय कडकडूंक सुरव
जाली. पोटांत पोळी विरगळता आनी तिचें वीख आपल्या रगतांत भरसता अ
ताका भास जावपाक लागलो. दोळयांमुखावेलें सगलेंच ताका काळें – निळें दिसू
लागलें. विचित्र नदरेन घरकान्नीकडे पळयत ताणे विचारलें,

"आतां कितें करूया ? "

"आतां पयलीं दोतोर "

"देवाक आंगवण करूंया ? "

"नाका. आदीं विखाचें निस्तारूंदी. हांव शेजारच्या दोतोराक घेवन येतां
तुमी मात्शे पडून रावात."

राधा भायर गेली.

गंगाधराक चुळचुळीत मुतपाक जाल्लें. मान्न्यांत वचून बसलो. मुताचो रं
काळसो निळो जाल्यावरी दिसलो. संडासाक जाता काय दिसलें. थंय वचू
बसलो ... पोळी देंवल्यार बरें दिसतलें अशें मनांत. पुण संडासाक जालें ना
भितर पावतासर कुलकुलो आयलो. ताणे आंगार नदर घाली. कात निळी पडल्या

"देवा पाव सायबा " म्हणत गंगाधर खाटेर लंवडलो.

थोडयाच वेळाभीतर राधा दोतोर भुसकुटयाक घेवन आयली. भुसकुटयाक
पळयनाफुडें गंगाधरान म्हळें,

"दोतोर आदीं म्हज्या आंगातलें नागाचें वीख देवोवपाचें अिजेसांव मार ! "

"कितें सरप चाबलो ? "

"ना. पुण तांचो विखारी प्रसाद पोटांत गेला."

सांगतना गंगाधरालें आंग वळवळयासारखें जालें.

" बरें आसा. सारको नीट न्हीद. "

दोतोरान सांगलें. गंगाधरान बडबड सुरू केली. दोतोरान ताच्या तोंडार हात दवल्लो. नाडी तपासली. स्टेथोस्कोप भायर काडून पोट – फाट तपासली. तपासतना स्वास ल्हवू ल्हवू आनी मागीर फोर्सान घेवपाक लायले. दोळे पळयले. जीब नियाळ्ळी. स्टेथोस्कोप बोल्सांत घालो आनी म्हळें,

" तुका कांयच जावंना. बरो आसा तूं. "

" आनी म्हाका हीं दोळ्यां फुडें दिसतात तीं काळीं – निळीं गुठलां ? काळजांतल्यान थंच्यान काळाचीं पावलां आयकूंक येता म्हाका तुज्या त्या नळयांतल्यान कानांत वचूना ? "

" ना. "

" अजाप आसा. "

गंगाधरान सुस्कारो सोडलो. मागीर राधाबायन नागांचो प्रसाद खायनात आनी खाल्याउपरान्त कितें जाता तें सांगलें. हें कळना फुडें आपल्याक कितें कितें जायत गेलें तें मीठ मसालो लावन गंगाधरान दोतोराक सांगलें. पुण नागांचो प्रसाद खाल्याउपरांत ताचें विखांत रूपांतर जाता हें दोतोरान कशेंच मान्य करूंना. अितलेंच न्हय तुमकां जें कितें दिसता तो ' भैरो जळप ' अशें सांगूनय मेकळो जालो.

" साक्षात काळ मुखार उबो आसा तो आमकां दिसता आसतना तूं असो मुडदार कित्याक जाता दोतोर ? "

राधाबायन गळो सोडलो.

दोतोरान थोडो वेळ येवजिलें. मागीर आपलो विचार बदललो. अेक बारिकशें अिंजेसांव काडलें आणि गंगाधराच्या कुल्याक तोपून सोडलें. आनी सांगलें,

" आतां वीख चिड्डून दवल्लां. फाल्यां मूत रक्त बी तपासुंया. "

" नाका. नाका. आतांच "

खरशेत गंगाधरान म्हळें. आनी भरिल्ल्या आवाजांत हातजोड करून विनयलें,

" राती भितर जर म्हजें बरें वायट जायत जाल्यार फाल्यां तुका खंयचें मेळटलें रगत आनी मूत ... ? हा : हा : हा : हा : "

गंगाधर रडपाक लागलो.

" बरें चल दोन बाटल्यो हाड. अेके बाटलेंत रगत काडून घेतां आनी दुसरेंत मूत धरून दी. "

रगत दिवपाचें म्हळयार गंगाधर कांकू करूंक लागलो. आनी मुतूंक तर आतांच वचून आयलां म्हणून अडचण फुडें काडली. भुस्कुटचान म्हळें,

" तुका बरो जावपाचें आसा मू ? म्हंटकूच दोनय येजामी करपाची गरज

आसा."

राधा दोन व्हांडल्यो बाटल्यो घेवन आयली. आनी घोवामुखार दवल्ल्यो

"ह्यो दोनूय बाटल्यो भरपाच्यो ?"

गंगाधरान विचाल्लें.

"नाका रे. बोटभर बाटलेंत दोन दोन थेंबे मेळचार पुरो. आनी बाटल्यो म्हजेच कडेन आसा"

भुस्कुटयान दोन बाटल्यो बॅगांतल्यान काडल्यो. शिरींग मारून दोन थेंब रगत काडून बाटलेंत भल्लें. आनी दुसरे बाटलेंत फोर्सान दोन थेंब मूतूंक लायलें. आनी म्हळें,

"हीं सँपला आतां तपासून घेतां आनी अर्दवराभितर परतो येतां."

भुस्कुटो गेलो.

सांगून गेल्लो तसो आयलो. आनी गंभीरतायेन म्हळें,

"रगत आनी मुताचे बारीक तपासणे उपरांत अशें कळून आयलें कि तुका वीख चडलें ... व्हदळच्या अिंजेसावान तें चिडून उल्लें. म्हणचे चबूंक पावलें ना. आतां दुसरें अेक अिंजेसांव तुका मारपाक हाडलां ... "

"म्हाका मारपाक ?"

"तशें न्हय. वीख देंवोवपाक."

"मार तर."

गंगाधरान दुसरो कुलो उगतो केलो. भुस्कुटयान सूय तोपली.

"आवयस् ऽऽ"

गंगाधरान किळांच माल्ली. भुस्कुटो खतखतीत हांसलो. आनी म्हळें,

"आतां पोटभर जेव. राती ही गुळो घे. आनी सुस्त न्हीद. फाल्यां तू सदांभशेन सडसडीत जातलो."

"ही गुळी कसली ? आनी अिंजेसावां कसलीं केलीं ?"

गंगाधरान विचाल्लें.

"तें तुका कित्याक ?"

"पैशे दिवपाक जाय न्हय ?"

"आरे तूं म्हजो आमिग. दुडू कांयच नाका. तूं पयलीं भशेन बरो जालो म्हणचे जालें. आनी अेक सांगतां तूं फाल्यां सकाळमेरेन बरो जातलोच. म्हणचे वीख देंवतलेंच. दुबाव नाच. पुण मागीर रोकडोच कुंडय वच. आनी देवाकडे माग प्रसाद खालो ताचो गुन्याव मोगस म्हणून."

बॅग उबाल्ली आनी भुस्कुटो मुमुरख्यानीं हांसत भायर सल्लो. त्या हांसपांत खूप अर्थ भरिल्लो. पुण तो गंगाधराक आनी राधेक कळपाक जाय !

सांजमेरेन गंगाधराची तकली ल्हव जायत गेली. रातचे गुळयेन तर सुस्त

न्हीद पडली. दुसऱ्या दिसा सकाळीं जागो जालो तेन्ना तर ताच्या तोंडार आगळीच धादोसकाय दिसताली. अुठनाफुडें राधाबायची आनी गंगाधराची दिश्टा दिश्ट जाली. राधेन विचाल्लें –

“ कशें दिसता ? ”

“ बेफेत. ”

गंगाधरान सांगलें. मागीर सदांभशेन चूळ भरून आयलो. च्या घेतना ल्हवूच अुतर घालें,

“ काल भुस्कुटचान सांगिल्लें. बरो जालो म्हणचे रोकडोच कुंडय गात्रांत वच आनी देवाकडे नागांचो प्रसाद खालो ताचो गुन्याव भोगोस अशें मागणें कर म्हणून. ”

“ म्हणून कितें ? ”

“ आयजूच वचून येतां म्हंटालों. ”

“ गरज ना. ”

राधेन अुसळून म्हळें.

“ अितलो तेप तुमी वचून आयले .. आतां तुमी हांगा बसात. कुंडयत वचून हांव कितें करपाचें तें करून येतां. ”

गंगाधराच्या हातांतलें च्याचें कोप सुटलें. आनी तो धबयंच करून जमनीर बसलो.

※ ※ ※

१५.

आनी शंभू जीव दिता

शंभू पयलीं घरांतल्या देवाक पायां पडलो. उपरांत बापायच्या पायंजेलाक' आनी त्या उपरांत आपले आवयक. तें पळोवन आवयचें काळीज भरून आयलें. ताणे पुताक मायेन लागीं ओडलो. ताच्या माथ्यावेल्यान हात भोंवडायत म्हळें :

"पयस वता, बरो ऽ करून."

"बरें आई."

ताचोय ताळो भरून आयिल्लो.

"आनी हें पळे, सरकारी शिरवीस सांबाळून."

"भ्रश्टाचारा संबंदान म्हणटा मगे ? आई, हांव तुजो सोपूत घेवन सांगतां. हो तुजो पूत कायद्या भायर कोणाचो एक पयसो खावंचो ना."

"म्हाका खबर आसा रे ! पुण आयज थंय ह्योच गजाली आयकूंक येतात."

"हुसको करूं नाका आई. आमी गरीब खरीं. तरुय पयशांखातीर अक्कल घाण उडोवपाचो ना हांव. समजलें ?"

आवयन मोटया अभिमानान शंभूचें तोंड नियाळून पळेलें आनी म्हळें –

"बरें ऽ जांव तुजें."

इतलें म्हणपाक नंदू आनी नंदिनी खंयच्यान तरी धांवत आयलीं. नंदून तर येनाफुडें शंभुच्या पांयांक वेंग माल्ली.

"भाई, येतना म्हाका तूं काणयांचें पुस्तक हाडटलो मरे ?"

"हय, हाडटां आं."

"हें पळे, भुतांच्या काणयांचें नाका. भुतांच्यो वाचल्यो म्हणटकच स्वप्नांत भुतां मुखार येवन नाचूंक लागतात.

"बरें आसा. तुका मरे, हांव देवांच्यो काणयो आशिल्लें पुस्तक हाडटां ... मागीर जालें ?"

"ताका बरेंऽ पुस्तक हाडटलो. आनी म्हाका कितें रे भाई"

मात्शे गाल फुगावेन नंदिनीन विचाल्लें.

"तुका मुगो ?"

शंभू भयणीक नियाळीत येवजूंक लागलो. वयार येवंक लागिल्लें पोर. पुण कपडे धड नाशिल्ले. केन्ना – केन्ना पिंदको ब्लावज स्कर्ट घालून वतालें भिस्कोलांत. पोर फकाणां मारतात म्हणून आईक सांगी पयर.

"पळे नंदिनी, हांव तुका कपडे हाडटां आं. जाता मू ?"

"हय. पुण म्हाका सिंगल पावचे नात, डबल जाय."

"आगो हाडटलो, अशें कितें करतात. आजून तो शिरविसेक वता, म्हयनो जावंक जाय. पगार हातांत येवंक जाय. मागीर, एका फाटल्यान एकेक गजाली पुऱ्यो करीत तो. समजलें ?"

आई उलयली.

"आई, ल्हान आसात तीं, मोटीं जालीं म्हणटकच तुका आनी म्हाकाय शिकयत तीं शाणेपणा. पयलीं तांकां खूब खूब शिकोवपाक जाय. मागीर म्हजेसारकी बारीक नोकरी न्हय, मोटयांत मोटी नोकरी मेळोवन दिवंक जाय ..."

शंभू भांवडांक लागीं काडीत उलयलो.

"तूं कितें करशीत तें खरें"

आवयन आपल्या तिनूय भुरग्यांचेर नदर लावन म्हळें.

"बरें आई, वेळ जालो. बस चुकली जाल्यार गोंदळ जातलो. येतां हांव"

अशें म्हणून शंभून हात वयर करून तिगांचोय निरोप घेतलो. आनी तांणी हात उखलून दिल्लो परतो निरोप घेवन सामानाची पोती खांदाक हूमकळायली आनी आपली वाट धल्ली.

बस सुटपाचे तयारेंत आशिल्ली. शंभून एके कुशिचो सीट धल्लो. थोडयाच वेळांत बस चलपाक लागली. रस्त्यावेले फोंड खायत आनी मुखावेलो वांकडो तिकडो मार्ग गिळीत बस धांवंक लागली. भितल्ल्या पॅसिंजरांक धसके बसताले. पुण शंभूक ताचो जाणवीक नाशिल्ली. मुखावेल्यान वेगान येवन फाटल्यान ना जावपी फातर झाडां – पेडां आनी दोंगरा वांगडा ताचें मन धावतालें.

आपुण आशिल्लो खंय, येवजिल्लें किते. आनी पावलो खंय ! केन्ना चितूंक नाशिल्ल्यो एकेक गजाली घडत गेल्यो.

तीन वरसां पयलीं शंभू एस. एस सी. पास जालो. ताचो बापूय एके गिरणींत काम करतालो. भुरगो हुशार हें पळोवन ताणे आपली परिस्थिती नासतना शंभूक कॉलेजाक घालो. स म्हयने जाल्ले. एक दीस शंभुच्या बापायक गिरणीच्या पटयांत सांपडून अकस्मात मरण आयलें. आनी ताच्या कुटुंबाकूच वायट दीस आयले. शंभूचे आवयक पोरां खातीर लोकांगेर आयदना घांसचीं पडलीं. शंभूक केन्ना हातांत घेवं नाशिल्ली ती कुदळ – खोरें घेवन लोकांगेर दिसवाड्याक वच्चें पडलें. चार मनशांचीं पोटां भरपाचो होच एक सोंपो मार्ग आशिल्लो.

कोणे तरी सांगलें म्हणून ताणे अँप्लॉयमेंटांत वचून शिरविसे खातीर नांव दिलें. ताच्या वांगडच्यांक स म्हयन्या – वरसा भितर शिरविसो मेळळयो. पुण शंभूक सादो कॉलूय आयलो ना. खूबश्यो पावठी माल्ल्या उपरांत बऱ्याच तेंपान ताका एक कॉल आयलो. चेक नाक्यार शिपाय म्हणून काम करपाचो

जावं, सदांच लोकांगेर वचून दीसभर पांच – स रुपयांखातीर आंग धोडोवपा परस बरें. म्हयनो सोंपलो म्हणटकूच तिनशीं रुपयाक मरण ना. ताणे इंटरव्यू दिलो. आनी आज तो ड्युटीर वतालो.

आपुण वतां ती सुवात कशी आसतली, सायब सभावान कसो आसतलो, कितेंच अदमास नाशिल्लो. मन सामकें गोंदळून गेल्लें.

सूर्य माथ्यार पावन वताचो रखरख पडिल्लो. भोंवतणीं काळचाकुट्ट तळपाचो लांब रुंद सडो पातळळेलो. खंयूंय एकादें झुडूप वा रुख दिश्टी पडटालो. तोय बोडको, पानां करपून झडून गेल्लो. हुनहुनीत वाऱ्याची झोत जनेलांतल्यान भीतर येवन पॅसिंजरांच्या आंगाक दागीत वताली.

"हें पळय सतयां मळ."

कोणें तरी बशींत म्हळें तेन्ना शंभू भानार आयलो. ताणें पोती सांबाळळी. कंडक्टरान कर्कश पिल्लूक माल्ली. आनी म्हळें,

"सतयां मळार देंवात."

बस थांबली. शंभू देंवलो आनी चोंय वशिनी पळेत चलूंक लागलो.

चड वासपूस करची पडली ना. दोंगराचे देंवतेर एक गांवठी नळयाचो एक मांगर – सो आशिल्लो. थंय वचून ताणे पळेलें. मायरूच पाटी आशिल्ली

"सती – मळ चेकनाको"

हेंच ताचें आफिस.

भियेभियेत तो भीतर सल्लो आनी हातांतली ऑर्डर ताणे सायबा लागीं दिली. सायबान ताका पुराय निरखून घेतलो आनी विचाल्लें –

"तूंच शंभू पिरवळकार"

"हय."

"शिर्विसेचो अणभव आसा ?"

"नवोच लागलां."

"बिराड केलां ?"

"ना. लागीं कँटिन आसल्यार तुर्ताक थंयच जेवण करीन. मागीर घर मेळ्ळें जाल्यार बिराड .."

सायबान घरचीं मनशां कितलीं, कोण कितें करतात बी जायत्यो गजाली विचारून सांगलें –

"तें सकल दिसता तें ऑफिस. ती तुजी कामाची सुवात. थंयच्यान धा मिणटांचे बाटेर कँटिन आसा. साद्या च्याची वेवस्था ऑफिसांतूच जातली. तुज्यान थंय वचूं येता. थंय तुका हेल्प करपाक दोग मनीस आसात."

"सर, म्हजें काम कितें ?"

"मेटार उबो रावपाचें. येतली वतली दर एक गाडी आडोवपाची. आनी धाकटे गाडयेचे दोन, मोठ्या वाहनाचे पांच रुपया घेवपाचे."

"हय, पुण गाडयो तपासपाचें काम ना ? हालीं स्मगलिंग खूब फोफेलां म्हणटात ..."

"तें तुका लागना. तूं सांगता तें काम कर. कोणूय पयशे दिवंक फाटीं फुडें सरूंक लागलो जाल्यार ताका म्हजे सरीं धाडून दी."

"बरें सर !"

शंभू सोपणां देवन आपल्या ऑफिसांत आयलो. थंय आशिल्ल्या शिपायांक ताणे आपली वळख दिली. आनी त्याच दिसा शिपायाचो ड्रेस करून कामार रूजू जालो.

दनपारचो वेळ. रस्त्या वेल्यान चड येरादारी नाशिल्ली. शंभू ड्यूटीचेर आयल्या उपरांत गंगारामान ताका गरजेची म्हायती दिली आनी तो भायर सरून गेलो. उल्लो दामू.

"कितें दामू, तूं शिरविशेर येवन कितले दीस जाले" ?

"शिरविशेक बारा वरसां आनी हांगा येवन तीन."

"स्मगलिंग चड जाता रे मेटावेल्यान ?"

"खूब. पुण आमकां कितें ताचें ? सायब सांगता तें आमी आयकुपाचें. !"

"कसो –सो रे हो सायब आमचो ? म्हणजे समावान रे. कडक काय मोव ?"

"येदे बेगीन त्या विशयाचेर उलयल्लें बरें न्हय. येतलोच न्हय तुका अणभव. बरें, हांव च्या करून हाडटां ..."

दामू आतेपारा फाटल्यान गेलो. स्टोव भरमल्लो. शंभू घरच्यान हाडिल्ली भुति घेवन भितर गेलो. भाकरी आनी भाजी सोडली दामूनूय जेवणाचो डबो उकतो केलो. च्या तयार जालो ... दामून ग्लास भल्ले. एक शंभू म्हऱ्यांत दवल्लो. एक आपणे घेतलो.

"आरे हें कितें, जेवणार च्या ?"
शंभून विचाल्लें.
"ह्य च्या बगर उंडीच देंवना."
दामून जाप दिली.
"शी : विचित्र मरे तुजी खोड."
दोगूय हांसले.

इतल्यांत रस्त्यार एक धाकली गाडी येवन उबी रावली. दामून शंभूक सांगलें,

"आयचो दीस हांव काम करतां. तूं पळे."

दामू गाडयेसरीं गेलो. गाडयेंतल्या फुडल्या शिटावेल्यान एक धांपिल्ली मूठ भायर आयली. आनी दामुच्या हातांत रिती जाली. दामून रस्त्या वेलो आडसर कडेक काडलो. गाडी गेली. आडसर सकल उडोवन दामू परतो ऑफिसांत आयलो.

"कितें हाडलें रे ?"
"दोन रुपये !"
"आनी, गाडयेंत कांय नाशिल्लें ?"
"आसलें जाल्यारूय आमकां कितें लागता ?"
"म्हाका आवडनात रे बाबा ह्यो गजाली."
"तुका आवडनात असल्या जायत्या गजालींक तोंड दिवंचें पडटलें तुका हांगा ..."
"म्हणजे रे ?"
"तें हांव कित्याक सांगूं. अणभव घे."

दामू खूब जतनायेन उलयतालो. सटक करून शंभून ताची चाडी केली, जाल्यार ! एकमेकांचेर विश्वास बसापक दीस वचूंक जाय. शंभुनूय प्रस्नाची जाप काडून घेवपाचो आग्रो धल्लो ना.

"दामू हें अशें सदांच चलता ?"
"च्ये ! म्हयन्यांतल्यान चार–आठ खेपो कडक तपासणी करपाची. म्हाल धरपाचो. ड्यूटी फारीक करून घेवपाची. मागीर आयचे वरी. आरे, तशें केलें ना जाल्यार आमी हांगा मूस मारतात अशें वयल्यांक दिसचें ना ?"
"आनी एकाद्री घुस्पा – गोंदळाची केस आसत जाल्यार ?"
"वयर हेड – ऑफिसांत धाडपाची."
"बरें आसा, समजलें."

दुसरो दीस उजवाडलो. सकाळची पाळी शंभूची. दामूच्या ताब्यांत मेज आनी कदेल.

एक बस मेटामुखार येवन थांबली. कंडक्टरान धांपिल्ली मूठ फुडें केली.

शंभू तापलो.

" कोण समजता तूं म्हाका, हांव सगली बस चेक करतलों ... ! "

शंभून पंदरा मिन्टा खर्चून सामान तपासलें. सगलें वेवस्थित आशिल्लें, शंभून बस सोडली. 'चल, ओगीच पांच रुपये घेवप म्हणजे हरामपणा' मनांत म्हळें.

सांजमेरेन पंचवीस एक बसी मेटावेल्यान गेल्यो ... दर एक बस कंडक्टराचे मुठींतल्या धनाचो स्वीकार नाकारून शंभून वेळ काडिनासतना तपासली आनी वेवस्थित आसा हाची खातरी करून सोडून दिली. एकल्याय कडल्यान पांच रुपये घेतले नात. बसवाल्यांचो फायदो जालो. तरूय बस तपासपा खातीर वेळ लागिल्ल्यान ते शंभूचेर दाजेले. शंभू मात आपणे आयज मातूय भ्रश्टाचार जावंक दिलो ना ह्या समाधानांत आशिल्लो.

तो सायबा मुखार उबो रावलो तेन्ना सायबान ताका विचाल्लें,

" शंभू आयची वसुली कितें जाल्या ? "

" सर, म्हाका ती हात चोळून घेवपाक लज दिसता. "

" म्हणजे ? सगल्यांक फुकट सोडले काय कितें रे ! "

" हय. "

शंभून सकल मान घालून जाप दिली.

" पिसो तूं. असल्यांनी पोट भरून तूं संवसार चलयतलो ? "

" सर, हांव घराकडल्यान निश्चय करून आयलां – कोणाकडल्यान लांच घेवचों ना म्हुण. भ्रश्टाचाराक हातबोट लावपाचो ना म्हुण. "

" मागीर, तूं ह्या संवसारांत मरून वतलो एकदीस. "

" सगळेच मरतले. गरीबकाय उपकारता पुणून लांच घेवन नांव पेड्डचार करपाचें ना. म्हजे आईन लेगीत सांगलां ! "

सायब मोट्ट्यान हांसलो.

" शंभू तूं सामकोच बाप्पा. आयचो दीस फुकट होगडलो. फाल्यां अशें करूं नाका. हांव सांगतां तशें कर ! "

" सर, तुमी म्हणटात त्याप्रमाण हांव वागलों जाल्यार सरकाराचें लुकसान जावंचें ना ? "

सायब उसळळो,

" चलूंक लाग ; आनी असले नसते प्रस्न म्हाका विचारूं नाका. "

शंभू सायबाक सलाम करून मोन्यांनी फाटीं सल्लो.

पुलीस लोक लांच खातात, हप्तो घेतात ही गजाल तो आयकून आनी वाचून जाणा आशिल्लो. पुण सायबान लांच खावपाक आपल्याचेर दाब कित्याक हाडचो हें शंभूक समजनाशिल्लें. म्हज्या संवसारा खातीर म्हणचें जाल्यार, सायबाक कितें ? ताणें आपणे सत्यान चलचें. असलें पाप करप ना. शिवाय हांव आईक सपूत दिवन

आयल्लां.

पुण शंभुचें हें तत्व चड दीस तिगूंक पावलें ना. एक दीस सायबान शंभूक आपल्या केबिनांत आपोवन व्हेलो आनी सांगलें,

"शंभू, आज पंदरा दीस जाले तूं सारकें काम करिना. तेन्ना हांव तुजेर वयर रिपोर्ट करूं ?"

"पुण हांवे तर बिनचूक काम केलां सर –"

शंभून जाप दिली.

"त्या कामाबद्दल म्हणिना. वसुले बद्दल."

"सर, म्हाका लज दिसता"

"तुजे आनी म्हजे लजेचो प्रस्न ना. ती वसुली तुज्या आनी म्हज्याखातीर न्हय. तातूंतलो बरोच मोटो वांटो वयल्या सायबाच्या बोलसांत वता, तो जर वेळार पावलो ना जाल्यार आज हांव तुजेर जो रिपोर्ट करतां तसोच फाल्यां म्हजेर जातलो. तेन्ना हांव तुका परतून सांगतां, तुजें तें उदात्त तत्व गुटलावन दवर आनी फायच्यान नीट काम कर."

"पुण सर, फक्त नोकरे खातीर – पोट भरपा खातीर म्हज्यान हें पाप जावंचें ना. आनी सर, ल्हान तोंडांत व्हड घांस घेतां म्हणून रागार जावं नाका, तुवेंय हें करप बरें न्हय."

शंभुचीं उतरां आयकून सायब तापलो. तांबडो गुंज जालो. हातांतलें जळटें शिगार ताणे रागान भायर मारलें आनी शंभुचेर दोळे रोखून म्हळें,

"त्यो जाणवायो म्हाका शिकोवं नाका. तूं कितले दीस असो रावता तेंच पळेतलों हांव. चल वच. फाल्यां तुका दिसाची ड्यूटी ना. रातची एक गाडी जावं मनीस न तपासतां मेट उपून फुडें गेली जाल्यार याद दवर ! हांव पाळटेर रावतलों."

सायब तापलो. शंभू ऑफिसांत आयलो. कलेदार बसून ताणे दोळे धांपून घेतले आनी येवजूंक लागलो 'कसलो प्रसंग येत, देव जाणा ! तातूंत सायबाचें रागणें. कोणूय चोरयां – मारयां मेट उपून वतना सायबान पळेलो जाल्यार, जालें, सोंपलें, संकश्टूच ! कितें करतलों ? जागतो पारो दिवपाचो. शिर्वीस तिगूंक जाय. घरा कडेन आई आनी भांवडां वाट पळयत आसतलीं. हांव म्हयनो सोंपल्या उपरांत पगार घेवन घरा येतलों. येतना भांवडांक कबूल केल्ल्यो वस्तु हाडटलों. कितली आशेन बसल्यांत जातलीं तीं म्हजे वाटेर दोळे लावन.' तांची याद आयल्या बराबर शंभुच्या दोळयांत उदक आयलें. ताणे दोळे उकते केले. दामून कुडीत पेटोवन लायिल्लो लापयांव मणमणटालो. दामून एक सणसणीत गाळ शेवटिली 'आवय x x x पिडा माल्ल्या. पेटपाक येना ?' रागाच्या भरांत दामूक सजीव निर्जीव वस्तुंचो भेदूय लक्षांत ये नासलो. शंभुच्या तोंडार एक हांशाची

कोर येवन गेली.

भायलें जग काळखांत पुराय बुडून गेल्लें. रातकिडयांची किरकिर कानार मारताली. थंडगार वारो आंगाक सुयो कसो तोपतालो. शंभून जनेल धांपून घेतलें. आंगार कोट चडयलो. बोल्सांत बॅटरी दिवो दवल्लो आनी भायल्या रस्त्यार लक्ष दिवन पान्याक सुरवात केली. कांय वेळान रस्त्यान कोणीतरी चलत वतल्यांचो आवाज आयलो कांय – जनावरां धांवतालीं. तांच्या फाटल्यान वागूट बी लागलां जावंये. दामून दुबाव काडलो. शंभूक मात त्या भयाण काळखांत आपल्या फाटल्यान लागिल्ल्या सायबाचेच दोन दोळे दिसताले.

"आरे कसलें घेवन बसला पान्याचें ? कितेंय खांवया आनी सामकें ताणून दिवंया, दारां बंद करून. आनी हें पळय, रातचो वोगीच भायर वचूं नाका. त्या मुखावेल्या कान्यारुखार देंवचार आसा. तो खंय मनशाक लिपोवन दवरता आठ – आठ दीस."

दामूच्या तोंडांतली बत्तिशी कटकटताली. ताका बंद करून शंभून म्हळें,

"चल आदीं आमी खावन घेवंया. मागीर तूं जाय जाल्यार न्हीद. पुण म्हाका पारो दीत बसूंक जाय. ड्यूटी म्हणजे ड्यूटी !"

"बरें बाबा. तुका जाय तशें."

रस्त्यार कोणाची जाग नाशिल्ली.

दामू घोरेवंक लागलो. शंभुचेय दोळे झेमेताले. मोटचा कश्टान तो न्हिदेक परतून लायतालो. मध्यान टळ्ळी. शंभू रस्त्यार दोळे लावन बशिल्लो. अर्वाचित पयसुल्ल्यान गाडयेचो आवाज आयलो. उपरांत दिव्यांच्या उजवाडाचो हुंवार आनी फाटल्यान एक जीप येवन आडसा लागीं उबी रावली. शंभून रस्त्यार बॅटरेचो उजवाड मारून आपुण ड्युटीर आसा म्हणयाची कुरू केली जीपींतल्यान चार मनीस देंवन शंभू सरीं आयले.

"आमकां मेट क्रॉस करून वचूंक जाय"

तांच्यांतल्या एकल्यान हुकमी आवाज काडलो. चौगूय पुराय उंचायेचे आनी जिवान धडधाकट आशिल्ले.

"जीप तपासले बगर वचूंक मेळपाचें ना."

"तपासपाचो प्रस्न ना. तुजो आंकडो उलय."

"आंकडो ? हांव पयशे घेवपाक हांगा येवंक ना. म्हाका पयशे नाकात, म्हाका म्हजें काम करूंक दियात !"

"हें पळय इश्टा, म्हजें आयक, पांचशीं दितां. ते घे आनी जाब काडपाची ना. गडबड करशी जाल्यार एक पयसो लेगीत न दितां तुका आनी तुज्या न्हिदला त्या वांगडयाक बुटा पायांनी चिड्डून मारून वचपाची तयारी आसा आमची. कळ्ळें ?"

इतलो वेळ मोन्यानीं उबे आशिल्ले तिगूय मिश्यांक पीळ मारूंक लागले. तांच्यो नदरो आनी ते क्रूर चेरे पळोवन शंभूक दरदरून हूम सुटली. ताणें एक सुको आंवढो घोटलो. उलोवपाक येतालें ते उत्तर गळ्यांतल्यान फाटी घेतलें.

"हे पळे हांव – हांव –"

मोटी धिटाय हाडून उलोवपाचो शंभून यत्न केलो. ताची धडपड पळोवन मुखावेलो मनीस जैताचे मुद्रेन हांसलो. आनी शंबर – शंबरांच्यो पांच नोटी शंभुच्या हातांत चोंबून चलूंक लागलो. ताच्या फाटल्यान बाकीचेय जिपींत बसून बसले. रस्त्यावेलो आडसर वयर सल्लो जीप फुडें गेली.

दोळ्यां फुडल्यान सिनेमांतलो एकाद्रो प्रसंग भर्रर्र करून वचचो तशें शंभूक जालें. तो हातांत नोटी घेवन जिपीच्या फाटल्या तांबड्या दिव्याक पळेत रावलो. दामूक उलो करपाचेंय त्राण ताका उल्लें ना. इतलेंच न्हय, आपल्या मुखार आपलो सायब उबो आसा तोय ताका दिसलो ना.

"शंभू, तुज्या हातांत कितें ?"

सायबाचो आवाज आयकून शंभू भानार आयलो.

"पळेता कितें ? आपुण मार व्हडलो म्हात्मा गांधी म्हणून दाखयतालो मरे तू ! म्हाका लेगीत चकयतालो."

"पुण सर, हावें न्हय. ताणींच ..."

"हय, ताणीच दिल्यात ह्यो नोटी. हांव तेंच म्हणटां."

शंभुचे फुडलें अुतर सायबान पुरें केले.

"पुण चोरी धल्ली काय ना दी त्यो नोटी म्हजे कडेन."

शंभून नोटी फुडें केल्यो.

"ह्या नोटिंचे नंबर वयल्या सायबान आदींच बरोवन दवल्लेले आसात. ह्या पुराव्याचेर तुजेर वयर केस करतां."

सायबान नोटी बोलसांत घाल्यो आनी बुटाचे पांय वाजयत तो गेलो. शंभून पळैलें मुखार दामू उबो रावन आयकतालो.

"शंभू, फाल्यां कितेंय करून सायबाचे पांय धर. नाजाल्यार परिणाम वायट जातलो."

दामून म्हळें.

शंभू कांयच उलयलो ना. ऑफिसाक भितल्ल्यान खीळ घाली आनी कितें करचें कितेंना हे अवस्थेंत तो खाटेर येवन आड पडलो.

"सायब केस करतलो. फाल्यां म्हाका 'सस्पेंड' केल्ल्याची खबर येतली. ती संवसार भर पातळटली. म्हजें कशें जातलें ?"

तो येवजीत राविल्लो.

सकाळ जाली. दामू सदचे वरी बेगिनूच उठलो. च्या करून शंभूक

उठोवपाक गेलो. आनी मुखावेलो देखाव पळोवन ताचो आवरोच उडलो !

शंभून आपणाक गोळाक लावन घेतिल्लो ! मेजार एक चीट आशिल्ली –
"हांव मरणाक भियेना. फक्त दुर्लौकिकाक भियेतां."

बऱ्या चारित्र्यांत मरण येवप हाच्या सारकें व्हडपण ना.

म्हजे आवयक आनी भांवडांक हांव सुख दिवंक पावलों ना इतलीच खंत भोगता शंभू. ... "

दुसऱ्या दिसा पेपरांत खबर छापून आयली ती अशी :

घरच्या धोंशींक लागून तरणाटच्या शिपायाची आत्महत्त्या.

※※※

१६.

वोंवळ

सदांच्या नेमा प्रमाण वोंवळान म्हाळशेक पांच प्रदक्षणा घाल्यो. चौखार येवन आंगारो लावन घेतलो आनी तें देवळा भायर आयलें.

भायर धर्तरी काळखाचें पांगरूण आंगार वोट्टाली, रस्त्यार दिवे लागिल्ले. वोंवळान आशीकुशीक पळयलें, प्राकारांत पासयेक आयिल्ल्या कांय तरणाट्चांच्यो नदरो ताचेर झपय मारताल्यो. वोंवाळान मान सकल घाली आनी बेगबेगीन तें घरचे दिशेन चलूंक लागलें.

" आरे, आज इतली सांज कित्याक केली ? हांव येंव पावंक ? "

वोंवाळान कुशीन पळयलें. अेका गाड्या मुखार तीग तरणाटे सिगार फुंकित अुबे आशिल्ले. वोंवळान तांच्यावशींन पळयल्याबराबर त्या दोगांच्याय तोंडार धन्यतायेचो खोशी फांकली. फकत आपली नदरमेट जांवची या हेतान त्या दोगांनीय ही कृती केल्ली. वोंवळान रोकडेंच ताडलें ! तें उलयलें ना. सकले मानेन चलत रावलें.

वोंवळाक कितें हो आयचो प्रसंग नवो नाशिल्लो. तें घराभायर सल्लें म्हणचे कितलेशेच बेकार तरणाटे ताची नदर ओडपाक फाटीफुडें घुटमळत रावताले. कसलीं तरी पाचकट अुतरां ताणीं वोंवळाच्या कानार वचसारखीं अुलोंवचीं. चित्रविचित्र आवाज काडचे. कसले तरी तानेन जीव व्याकुळ जाल्याचो आविर्भाव करचो. भुकेन जीव गळयाकडेन आयिल्याचें नाटक करचें. आनी जायतें ! वोंवळ

त्या सगळया गजालींचो अर्थ वळखतालें, आपणे तांचेकडेन पळोवचें, हांसचें, दोन अुतरां अुलोंवचीं हाचे खातीर ती सगळी धडपड आशिल्ली. पुण वोंवळ मनान निबर आशिल्लें. ताकालागून खंयच्याच तरणाटयाक ताणें अपल्या लागीं येवपाची संद अजून दिली नाशिल्ली.

वोंवळ रूपान व्होड अप्सरा आशिल्लें अशें न्हय. चार चौगांभशेनूच तार्चे सौंदर्य सामान्य आशिल्लें. तरीपुण त्या सौंदर्यांत मादकपणा आशिल्लो. ताचे निमगोरे कांतींत अेक गोड स्पर्शसुखाचो आस्वाद लिपून बशिल्लो. ताचो रेखीव आंगलोट आनी ठसठशीत अवयव कोणाच्याय काळजाची तार सहज हालोवपा सारखे आशिल्ले. दोळयांतले निळसाणींत अेक अनवळखी जादू आशिल्ली. पुण ह्यायपरस ताचे कडेन चडशे तरणाटे ओढ्टाले ते तें तन्ने आनी शिवाय भावणीचें चेडूं आशिल्लें म्हणूनच !

बऱ्याच दिसांची अफवा आशिल्ली. वोंवळ घराण्याची परंपरा मोडून लग्न करतलें. पुण खूप जाणांचो हे बातमेर विश्वास नाशिल्लो. जातीर गेले ना जाल्यार रक्ताची वळखूच विसरत ! तरणाटयाची आपसांत चर्चा चलताली. पैजो लागताल्यो. वोंवळाच्या मोगाचो फायदो अुपटूंक चडाओढ़ी लागताल्यो. वोंवळाच्या मोगाचें नाटक करूक जाय ते जाण स्वार्थलंपट ताचे हुंमरे झिजयताले. कोण घराण्याची परंपरा मोडल्यार देवतेचो कोप जायत म्हण भंय घालताले, कोण लग्नाचें वचन दिताले. पुण आजून मेरेन वोंवळ कसल्याय आंयसाक जांव भंयाक बळी पडूंक नासलें. ताच्या भोंवतणी घुटमळपी तरण्यांची पातकी वासना ते बरेंबशेन वळखून आशिल्लें. अेकाद्रो मनाप्रमाणें न्हवरो मेळटकीच ताच्या वांगडा लग्न जावपाचो ताचो हेत आशिल्लो.

वोंवळ घरा आयलें. दारांत पांय दवरीनाफुडे ताका दिसलें. श्रीरंग ताचे आवयकडेन किते तरी फुतफुतता.

श्रीरंग हो लेगीत वोंवळाचेर वांकडी नदर दवरून आशिल्लो. हालिसरा वोंवळागेर येवप ताणें दाटूच धरिल्लें. वोंवळ ताच्या वाऱ्याकूय अुबें राव नासलें. त्याखातीर आवय मार्फत सूत जमोवपाचे ताचे प्रयत्न चलताले. वोंवळाक पळयना बराबर ताणें चडांत चड हांशे तोंडार हाडपाचो येत्न केलो. पुण वोंवळाचे शिटूक नदरेन तें हांशे खंयच्याखंय ना जालें.

श्रीरंगान आपलें अुलोवप सोपतें घेतलें आनी ल्हवूच अेक नोट वोंवळाच्या आवय म्हऱ्यांत अुडोवन तो चलूंक लागलो-

तो पयस पावना फुडें वोंवळ फुसफुसतूच भायर आयलें. –

"आई, कित्याक सद्दां हो मनीस येता गे हांगासर ? "

"कांय ना गो. वेळ वचना म्हुण गजालीक येता बाबडो घटका भर ! "

"घटकाभर न्हय, आनी बाबडोय न्हय तो. आई – हांव ताका पुरतो वळखता.

तूं ताका हांगा येवपाचो बंद कर."
"असो कसो तोडून घेव येता? गरजेक जायते फावट अुपकरा पडला तो -"
"आसत, पुण ताची नदर बरी न्हय. म्हाका तर ताची दोळे फोडून तिडक येता. बायल भुरगीं जाली तरी आजून शोक सोंपना."
"ना सोंपना आमकां कितें ताचें? तो हांगा येता, बसता, वता. तांतूत आमचें तर कितें वचना?"
"वचना कशें? आमची अब्रू वता तीं. आदींच लोक आमचे जातीविशीं नाना तें अुलयतात. मागीर असल्या मनशांचें सद्दां हांगा येवप सुरू जालें जाल्यार लोक म्हजेविशीं कितें म्हटले? म्हज्या लग्नाचो प्रश्न ताका लागून कितलो कठीण जातलो हाची कल्पना ना तुका आई -"
आवय मोन्यानी अुटली आनी घरांत गेली!
अशीच अेक तिळसानची वेळ आशिल्ली. आई देवळांत आंगारे दिवपाक गेल्ली. वोंवळ घरांत अेकटेंच आशिल्लें. आनी अशा वेळार श्रीरंगाची स्वारी दत्त म्हण दारांत हजर जाली.
"वोंवळ?"
श्रीरंगान नाजूक सुरांत अुलो केलो. विजेचो धक्को बशिल्यासारखें वोंवळ सोप्यावेल्यान अुठलें.
"कितें - कोण जाय तुका?"
"कोण जाय आनी कितें जाय - आयला तसो बस तरी म्हण आदीं -"
"पुण तुज्या वांगडा गजाली करपाक आई घरांत ना."
"नासूं - तूं आसा तितलें खूप पुरो -"
"म्हाका वेळ ना"
"जालें गो - पुण म्हजेकडेन दोन अुतरां अुलोवपाक तुजें तोंड अितलें वाकडें कित्याक?"
"तुका कितें अुलोपाचें आसा तें म्हजेकडेन अुलय एकदांचो, म्हणचें हुस्को तरी सोंपत."
"तशें खासा न्हय पुण केन्नाय तरी विचारीन म्हण्टां -"
आनी अितल्याचेर श्रीरंग थांबलो.
"अुलय, थांबलो कित्याक?"
वोंवळान सांगलें.
"तूं लग्न जाता खंय!"
"हय."
"भोव खोशी! पुण खंय जमलां म्हय तर?"
"ना, पुण हे गजालीकडेन तुजो कितें संबंध?"

"म्हणजे तसो संबंद ना ; पुण –"

"– पुण कितें ?"

"ना म्हणजे लग्न हें जांवचेंच मनशान. पुण केन्ना जायत कोण जाणा ? आपल्या हातांत थोडेंच आसा ? तो मेरेन लग्न सुखाचो अणभव म्हणजे अुघड न्हय – चोरून –"

"पुरो ; सगलें कळळें कितें तें ... हे चोरयेचे धंदे घरा वचून घरकान्नीक शिकय तुजे"

"हें पळय वोंवळ, म्हजे घरकान्नीची आनी तुजी सर एक न्हय. ती घरंदाज बायल. आनी तूं भावणीचें चेडूं –"

"आनी तूं घरंदाज घराण्याचो व्हडलो आर्य पुरुश न्हय ? मागीर अशें आसतना आमच्या हलक्या जातीच्या दाराचे हुंमरे तूं कित्याक अुपता ?"

"वोंवळ, तुजे जातीक आनी वयाक हें अुलोवप सोबना."

"ना सोबूंदी. पुण तुका आपली सोबा जाल्ली नाका जाल्यार तूं हांगा परतो येवंनाका."

"बरें आसा वोंवळ, तूं म्हाका सारखें वळखना – रेजिदोर आसा हांव ह्या गांवचो तुजो नेट जिरोवपाक देड घटका नाका म्हाका –"

श्रीरंग पावलां आपटीत सोंपणा देंवन काळखांतल्यान पसार जालो. वोंवळ विशण्ण मनान घरा परतलें.

आनी वोंवळाक कल्पनाय नासली अितल्या बेगीन ताचेर सुडाचें सांवट आयलें. जीणेंतली काल्पनीक सुखस्वप्नां वेरेलीं ! पोलीसांनीं वेश्याव्यवसायाच्या आरोपाखाल वोंवळाक अटक केलें. कोर्टांत खटलो जालो. वोंवळाचो लाब जायना जावन पिकार जाल्ल्यानीं ताच्या उरफाटचो गवायो दिवन आपल्या द्वेशाची खाज भागयली. आनी निमाणें अनैतिक व्यवसायाच्या आरोपाखाल ताका अेकवीस दिसांची ख्यास्त जाली.

ख्यास्त भोगून वोंवळ घरा आयलें. पुण जीण जगपाची अुमेद आतां सारकी धारेक गेल्ली. खूप खेपो ताचे तकलेंत विचार आयले असलें काळें तोंड घेवन जगपापरस खंय तरी वचून जीव दिवचो. ताकाय धाडस जाय !

दीसभर वोंवळ घरा पडून रावलें. लोकांकडलो संबंदूच ताणें लागींलागीं तोडून घेतिल्लो. देवळांत वचपाचो नेम ताणें आतां मोडिल्लो.

आवयन ताका खूप समजुवपाचो यत्न केलो. पयलीं तिचो लग्नाक विरोध नाशिल्लो. वेल्यान संम्मतीच आशिल्ली. पुण हालिसरा तो प्रसंग जावन वचतसान तिणेंय आपलें मत बदल्लेलें आनी आता नाइलाज म्हण नशिबांत आयल्या ती जीण जग म्हणपाचो अुपदेश तिणें वोवळाक करपाक सुरू केल्लो.

वोंवळ निर्विकार वृत्तीन सगलें आयकतालें. आनी ह्या कानाचें त्या कानान

सोडून दितालें.

हालिसरा खूपश्या छंगी – पंगी लोकांची येणावळ सुरु जाल्ली. वोंवळाचे आवयच्यो तांचे कडेन कितें तरी आड गजाली चलताल्यो. वोंवळ भायल्या भायर गजालींचो थाव घेतालें आनी मनांतल्या मनांत बेचैन जातालें, ते अळशिकावणे जिणेंपासून पैस वचपाची वाट सोदतालें ! ताच्या निराश अंतस्कर्णांत केन्नातरी अेकाद्री पिशी आस नदर मारून वताली – कोणतरी अेकाद्रो तरुण फुडें येतलो, आनीं –

"वोंवळ, तूं निष्कलंक आसा ; शुद्ध आसा"

म्हण हाताक धरून घेवन वतलो पुण तो दीस अजून येंवक नासलो आनी अेकाद्रो फुडें जल्मभर ?

वोंवळ सकले मानेन पाटार बसून अुंडयो गिळटालें. म्हऱ्यांत बसून आवय वाडताली.

"वोंवळ, खूप वाट पळैली. आतां तुका आपलो विचार बदलूंकूच जाय. त्या दामूशेटीक आपयला हावें. तुका देड हजाराच्यो वस्ती घालतां म्हळां ताणे सुरवातिक ! "

वोंवळांक धक्कोच बसलो. पोटांत कच्च जाले. हातांतल्यान शिताची अुंडी गळून पडली. दामूशेटीचो व्हड पोटाचो अस्कळविस्कळ देह ताच्या दोळ्यां मुखार अुबो रावलो. तें आवयक पळयतूच रावलें.

"म्हाकाच पळैता कितें ? भिवपाची गरज ना"

आवयन म्हळें, वोंवळ अदर्यार जेवण सोडून अुठून गेलें.

दीस धारेक गेलो. वोंवळाची जिणेंत काळरात अुदेली. राक्षशिणीच्या रुपान भकूंक आयिल्ली. वोंवळाचें चारित्र्य आनी पवित्र्य गिळून अुडोंवक !

आवयन दामूशेटीच्या स्वागताची सगली तयारी केल्ली. तिणें आपल्या हातान वोंवळाक नवी साडी न्हेसयली बाजे शेजरा स्टुलार तपकडेंत विडे तयार दवल्ले. धोल धोलत दामूशेटीची स्वारी कुडींत भीतर सल्ली. वोंवळाक पळोवन ही : ही : हीं : ऽऽऽ करून ताणे हांसत वोंवळाक वासनेचे नदरेन पळेलें आनी ताका लागीं घेवपाक हात फुडें केले.

– आनी अितल्यांत वोंवळान दामूशेटीक धुकळून वडयलो. ताच्या देहाचें धूड कुशीच्या पलंगार आपटलें ... वोंवळान जनेलाचें दार अुकतें केलें आनी ताणें घराभायर अुडी माल्ली.

भायर काळोख हांव म्हंटालो. मळब काळ्या कुपांनी भरिल्लें. वारो सूं-सूं करीत पिशांतरा भशेन धांवतालो. आनी वोंवळाचें अेकेक पावल फुडें पडटालें त्या वासनेच्या नरकापासून पैस ... पैस .. !

मळबांत कुपांआड दडून बशिल्लें जोगूल मदींमदींच आपल्या अुजवाडान वाट दाखोवंक ताका मदत करतालें.

✲✲✲

१७.

सत्याचो पुजारी

सकाळिफुडेंच ती खबर वाऱ्याच्या वेगान गावांत पातळ्ळी. बाबा सोंपलो.

खबरेन खिणभर सगळें वातावरण स्तब्ध जालें. उदेंतेचे दिकेन वयर सरपी सुर्यान आपले दोळे धांपले. वाऱ्यान चाल थांबयली. रुखांची हालचाल बंद जाली. फुलांचो सुगंध पाकळयांनीं लिपून बसलो. सैमाची ही विचित्र तरा पळोवन शेवणीं किळच्यो मारीत घोटेरांतल्यान भायर धावलीं. गायो – म्हशीनीं हांबेट्यो पेटल्यो.

लोक हातांतलीं कामां सोडून घरांतल्यान भायर आयले आनी एकमेकांक विचारूंक लागले.

"खबर खरी ?"

"रातीं तर बाबा रामाच्या देवळांत बसून सुरेल आवाजांत अभंग म्हण्टालो."

एकल्यान खबर दिली.

"तें कित्याक ? आज फांतोटे पारार न्हंयचेर न्हावंक वतना हावें ताका पळैला."

दुसऱ्यान आपल्या दोळ्यांनी देखिल्ली गजाल सांगली.

"मागीर अितल्यांत बाबा कसो सोंपत ?"

एक आवाज.

"देवाचें आपोणें तें. केन्ना कोणाक येत सांगूंक येना."

दुसरो आवाज.

"चलात. वचून पळोया तरी कितें घडलां तें"

तिसरो.

मागीर मात सगलेच लोक रामाच्या देवळालागी धांवत सुटले. 'च्या' चो घोट घेनासतना.

बाबाचें रावपाचें घर -- घर कसलें, चार मोडके पारे आनी तांचेर गांवठी नळयांचें पाखें. गांवाच्या मदों अेके सुपुल्ले दोंगुल्लेचेर आशिल्लें. घरालागीं रामाचें देऊळ. देवळा भोवतणीं बाबान तरेकवार फुलांचीं झाडां लावन तयार केल्लें पोरसूं, पेल्यान आंब्याच्या रुखांतल्यान व्हांवती ल्हानशी न्हंय !

बाबान सदां फांतोडेर न्हंयचेर वचून उदक न्हावचें. देवाचीं स्तोत्रां म्हणत पोरसांतलीं फुलां खुंटचीं, न्हंयतल्यान भरून हाडिल्ल्या नितळ उदकाचो रामाक अभिशेक घालचो ; आनी दनपारमेरेन पुजापाठ करचो.

फाटलीं तीस वर्सां बाबाचो असो नित्यक्रम चलत आयिल्लो. त्या काळांत ताणें घर, देऊळ, आनी न्हंय हांच्याभायर पावलूच काडूंक नाशिल्लें. अितलेंच न्हय तर सगले मनीस जातीकडेन ताणें उलोवणें बंद केल्लें ... कोणें ताका कितेंय प्रस्न केलो जाल्यार तो फाट फिरोवन चलूंक लाग. आनी देवाचे अभंग जांव स्तोत्रां सुरू करी.

पुण लोकांक बाबाचो राग येनाशिल्लो. बाबा असो कित्याक वागता तें सगल्यांक खबर आशिल्लें देखूनूच बाबाविशीं गांवकाऱ्यांच्या मनांत उपाट श्रद्धा आशिल्ली.

सगळो गांव रामाच्या देवळालागीं आयलो. बाबाचे निमणे मेटेक ...

देवळाच्या पयल्याच सोपणार बाबाची कूड निपचीत पडिल्ली. कुशीन खोटल्यांतल्यान भायर पडिल्लीं फुलां दुखां गाळटालीं. लागींच उदकाची गोली उपडी जाल्ली. तांतूतलें उदक व्हांवन मातयेंत भरसून गेल्लें.

दोळे पुशीत आनी काळजांतलें दुख आवरून धरीत बाबाचें निमाणें दर्शन घेवन लोक कुशीन सरताले.

"सकाळीं रामाचे पुजेक देवळांत वतनाच ताचेर काळान उडी घेतली जांवये !"

कोणे तरी म्हळें.

"भाग्यवान बाबडो ; देवाच्या पायांकडेन मरण आयलें."

आनी एक आवाज गर्दैतल्यान आयलो.

"आरे हो कोणे तरी बाबाचो घात घेतला. तें पळयात ... बाबाच्या कपलाक खोंक पडल्या. आनी कितलें रगत व्हांवलां !"

एक तर्क फुडें सल्लो.

अितल्यांत गर्दी कापीत अेक मनीस फुडें आयलो. ताणें म्हळें –

" बाबाचो घात कोण कित्याक घेत ? गावांत ताका कोण दुष्ट आसा ? बाबाक मारून कोणाक कितें मेळटलें ? "

" खरेंच ? बाबाक कोण मारचो ना ! "

गर्देतल्यान धा पंधरा अवाज एकदम आयले.

गजाल खरी आशिल्ली. बाबाक दुस्मान कोणूच नाशिल्लो. ताका कसली आस्तूय नाशिल्ली. सुख – दुखाची पर्वा नाशिल्ली. अेकाद्या तपस्व्याची जीण तो जगतालो. तीस वसांपयलीं ताणें मनीस जातीलागीं उलवप तोडिल्लें. आपणांकूच ख्यास्त म्हणून ...

त्यावेळार बाबान निकतेंच संसारांत पावल वडयल्लें. मनासारखी घरकान्न मेळिल्ली. राजा – राणयेचो संवसार चलतालो. दाणो – गोटो, दूद – दुबतें घर भरून दार वोत्तालें. सकाळच्या पारार नित्य नेमान रामाची पुजा करची आनी फाविल्ल्या वेळांत गावांत पुरयतपण करचें. जोड बरी आशिल्ली ...

बाबाचें मन हळवें – भावार्थी. येता – वतल्यांक च्या – उदक, जेवण - खाण मेळटालें. आपल्याकडेन आशिल्ली वस्त अडिल्ल्याक दिवपाक बाबा केन्ना फाटीं सल्लो ना. दुखेस्ताचें दुख हलकें करचें हो ताच्या सबावाचो धर्मूच आशिल्लो. दारांत आयिल्ल्याक वाकडचा तोंडान परतुवप बाबाच्या जिवार येतालें.

देवा अितलीच बाबाची सत्याचेर श्रद्धा आशिल्ली. जिवावेलो प्रसंग आयलो तरी मनशान फट उलोवंचें न्हय, हें ताचें तत्व आशिल्लें. तें तत्व तो भुर्गेपणापासून पाळीत आयिल्लो, पुण अेक दीस त्या तत्वाक वेर गेली आनी बाबाची संवसारावेली आस्त सोंपली. सगळयाचेर तिलांजली दिवन बाबा संन्याशी जालो.

अेक दीस रातचें जेवण करून बाबा आनी घरकान्न जया अशीं दोगांय फुडल्या दारांत पडवेर शेंदरी पातळावन बशिल्लीं. जोडें सामकें दिष्ट लागसारखें आशिल्लें. गजालींवेल्यान गजाली वाडत वताल्यो ...

मळबांत असंख्य नखेत्रां दोळे मिच्‌मिच्‌ करतालीं. एकाद्री धर्तरेवेली ही रोहिणी – चंद्रिमाची जोडी पळोन एकमेकांकडे कुजबुजतालीं जांवये.

बाबान अकस्मात मळबावटेन बोट दाखोवन म्हळें,

" ते पळय सप्तर्षी उदेले "

" पळोया – पळोया "

जयान बाबाच्या आनी लागीं येत म्हटलें.

बाबान जयाच्या हाताचें बोट आपल्या हातान मळबाचे दिकेन वयर उखलून म्हळें –

" ते पळय. आनी त्या सातांव्या मदीं लुकलुकता ती अरुंधती. "

" खरेंच ? "

जयान अजापान विचाल्लें.

"अरुंधतीचो वशिष्ठाचेर खूब मोग आशिल्लो न्हय ? "

विचारतां विचारतां जया बाबाक आनिकुय लागीं आयलें.

"खरें सांगूं जया. तुज्या आनी म्हज्या मोगाक त्या मळबांतल्या वशिष्ठ अरुंधतीच्या मोगाची सर येंवची ना."

बाबान जयाचे दोनूय हात आपल्या हातांत घेवन म्हटलें.

"चलात ... तुमचें आपलें कितेंय तरी."

जया लजेत पयस सल्लें.

बाबा हांसलो. जयान साथ दिली.

"भायर चान्नें कशें धवें फुल्ल पडलां न्हय ? "

जया उलयलें.

"अशें दिसता, मळबांतल्यान दुदाचो पावस पडटा."

बाबान म्हटलें.

"कितें काव्यमय उतरांत उलैतात तुमी ! "

जया.

"तूं लागीं आसलें म्हणचे कवित कोणाक येवजुचें ना ? "

बाबा.

"लागले म्हजी तुस्त करपाक ! "

"आगो तुज्या रूपाक कोण भाळचो ना ? "

"हय आनी तुमच्या उतरांनी कोण पिसांवचें ना ? "

दोगांय पोटभर हांसलीं.

"चलात ; थोडो वेळ त्या दुदाच्या पावसांत न्हावन येवंया"

जयान सांगलें.

"बरें चल."

दोगांय उठून आंगणाचे कडेर पावलीं. आनी त्याच वेळार आंगणाचीं सोपणां चडून शांतो वयर येतालो दिसलो.

"शांत्या, खंय रे तूं अितले रातचो ? "

बाबान विचाल्लें.

"मुद्दाम आयलां ; एक काम आसा तुजेकडे"

शांत्यान म्हटलें.

"म्हजेकडे कसलें काम ? "

"म्हाका तुजी मदत जाय."

फाटी फुडें जायत शांत्यान सांगलें.

"कसली मदत ? "

"आदीं दितां म्हण. मागीर सांगतां."

"शांत्या, आदींच दितां म्हणून कशें म्हणूं ... म्हजी शक्त आसूं नाका तितली. ? "

"बाबा, म्हाका खात्री आसा. तूं निश्चित दिव शकता ! "

"पुण पयलीं समजल्यार बरें ? "

"बाबा, तूं वचन दिता जाल्यार सांगतां."

"बरें बाबा हें घे."

"ना म्हणचो ना मूं ? "

"आरे शांत्या, अशें कितें ... तूं म्हजो जिवाभावाचो दोस्त. एकदां दिल्लें वचन फाटीं घेन अशें दिसता तुका ? म्हज्यान जाता ती हांव तुका मदत करतां ! हें घे वचन."

बाबान शांत्याच्या हातान हात दीत म्हटलें.

"चल तर घरांत ... हांगा उगडयार उलौणी नाका."

शांतो उलयलो. आनी तीं तिगांय घरांत आयलीं.

बाबा आनी शांतो पडवेरूच बसले. जया घरांत गेलें.

"हें पळय बाबा "

शांत्यान भितल्ल्या आवाजांत उलोवपाक सुरवात केली.

"तूं जाणा हांव सद्या अेका संकश्टांत पडलां तो – "

"कसलें संकश्ट ? "

बाबान विचाल्लें.

"म्हजे भावजयेचें म्हणजे रेवाचें प्रकरण."

"खंय पावल्या ती केस ? "

"रेवाच्या बापायन वसंताचेर केस सुरू केल्या कीं रेवाचो खून वसंतान केला म्हणून ... "

"– मागीर ? "

"वसंताक निर्दोश म्हणून सुटपाखातीर म्हाका तुजी गवाय जाय."

"म्हणजे फटींची गवाय."

बाबान सुस्कारो सोडीत म्हळें.

"कितें करतलो ? वसंत म्हजो भाव. केल्लें कर्म निस्तारपाक नाका ? "

शांतो.

"शांत्या आजमेरेन हांव केन्नाच फट उलोवंना. तांतूत वसंतान रेवाक बांयत धुकलून वडयल्लें जायत्या जणानीं पळयलें आसतना कोर्टांत उबो रावन फट गवाय दिवप ? छे: छे: ¡ लोक शेण घालतले म्हज्या तोंडांत."

बाबाच्या तोंडांतल्यान उतरां भायर पडलीं.

ताजेर काकळुतेक येवन शांत्यान म्हटलें,

"बाबा, आमचे अभ्रूतीचो हो प्रश्न आसा. म्हजो भाव खुनी थल्लो जाल्यार म्हाका ह्या गावांत रावप कठीण जातलें. खंयतरी तोंड घेवन वचपाचे, नाजाल्यार जीव तरी दिवपाचो प्रसंग येतलो म्हजेर."

"ना ना; शांत्या तूं म्हाका फट गवाय दिवपाचे मानगडींत घालूं नाका."

बाबान मागणी केली.

"बाबा, हांव पाय धरतां तुजे. म्हाका ह्या प्रसंगातल्यान राख. हांव जल्मभर उपकार विसरचों ना तुजे."

शांत्यान म्हटलें.

"आरे, पुण फट उलवप हें म्हज्या तत्वाभायलें आसा. जल्मापासून खरें उलोवपी हांव देवाचो सोपूत घेवन कोर्टांत फट उलयलो जाल्यार लोक थुंकतले म्हज्या तोंडार."

"ना बाबा, तशें जांवचें ना. तुजे पुण्यायेचेर म्हजो भाव सुट्टलो. आनी कांय दीस गेले म्हणचे लोक ही गजाल लेगीत विसरून वतले."

शांतो.

"ना. म्हज्यान हें जांवचेंना. खुनी मनशाक मदत करप म्हणचे पातक आपल्या माथ्यार घेवप ! म्हज्यान तें केन्नाच जांवचें ना."

बाबान आपलो निर्धार उकतो केलो. आनी तो घरांत वचपाक उठलो.

शांत्यान बाबाचे पाय धल्ले आनी दोळयांत दुकां हाडून म्हटलें –

"बाबा तुवें म्हाका मदत करपाचें वचन दिलां. आतां तूं म्हाका खोंट मारून धांवडायतलो ?"

वचन दिल्ल्याची याद जायनाफुडें बाबाची मुद्रा असहाय मनशासारखी जाली. आपल्या भोंवतणीं कांटयांची वय आसा आनी तिज्याभायर सरपाक वाट ना. अशें जायनाफुडें बाबान दुखेस्त मनान सांगलें·

"शांत्या, दितां हांव फट गवाय ! केन्ना येंव कोर्टांत तें सांग."

शांत्यान बाबाचे पाय सोडून म्हटलें,

"कोर्टाची तारीख हांव तुका रोकडीच सांगन ... त्यापयलीं आमच्या आदवोगादाक मेळूंक जाय. म्हणचे कोर्टांत कितें उलोवंक जाय तें तो सांगतलो."

शांत्यान सांगलें.

बाबान मान हालयली. परत अेकदां उपकार मानून शांतो पडवेचीं सोपणां देंवन आंब्या रुखांतले वाटेन फुडें वतां वतां दिसनासो जालो. आनी आपलें सर्वस्व होगडायल्यागत निस्तेज पावलानीं बाबा घरांत परतलो.

रात्रीकडलें काम सोपोवन जया न्हिदे सुवादीन जाल्लें. लागींच जयान घालून दवल्लेल्या हांतुणार बाबान फाट तेंकयली. पुण बरोच वेळमेरेन ताका न्हीद आयली ना.

कोर्टाची तारीख उदेली. साक्षीदाराच्या पांजऱ्यांत उबो रावन बाबान देवाचो सपूत घेतलो.

"देवासपूत खरे उलैतलो फट उलोंवचों ना."

सपुत घेतां घेतां बाबा बेचैन जालो. ताचो गळो आनी दोळे भरून आयले. दुसऱ्या खिणाक ताणें आपल्याक सांवरून घेतलें आनी आदवोगादान शिकल्याप्रमाण तो प्रश्नाची जाप दिवंक लागलो.

"तुजें नांव ?"

"बाळकृष्ण उर्फ बाबा गोविंद पुरोहित."

"तूं आरोपीक वळखता ?"

"हय"

"ज्या दिसा रेवाचो खून जालो त्या दिसा तू खंय आशिल्लो ?"

"म्हज्या घरा."

"त्या दिसा तुवें घराकडे कसलीं कामां केलीं ?"

"सकाळीं पुजापाठ केलो. दनपरां जेवलों आनी सांजवेळार आरोपी वसंत आनी हांव बुध्दीबळ खेळत बसले."

"आरोपी तुमगेर कितल्या वरांचेर आयिल्लो ?"

"सांजेच्या पाचांक."

"तुमी खेळ सोडून उठले तेन्ना कितलीं वरां जालीं ?"

"साडेसात."

"त्या वेळार साडेसात वरां जालीं हें तुका कशें कळळें ?

"आमचे पडवेर वंटीचें घडयाळ आसा... अर्ध्यावराचो ठोको पडल्याउप्रांत म्हजें घडयाळाचेर लक्ष गेलें. तेन्ना हावें साडेसात जाल्लीं पळैलीं."

"आरोपी तुज्या घरांतल्यान केन्ना भायर सल्लो ?

"रोकडोच."

"तुज्या घराकडल्यान आरोपीच्या घराकडे चलत वचपाक कितलो वेळ लागता ?"

"उण्यांत उणें अर्दवर."

बाबाचें तपासणेचें काम सोंपलें. शांत्याच्या आदवोगादान विजयी मुद्रेन जुविजाकडे पळोवन म्हळें–

"मिलॉर्ड, रेवाच्या खुनाची दोतोरान दिल्ली वेळ साडेसंची आसा. आनी आरोपी साडेसात मेरेन बाबागेर आशिल्लो. ह्या वेल्यान आरोपी वसंत हाणें तो खून करू ना अशें हांव म्हटां."

त्याउप्रांत बाबाची उलट तपासणी जाली. आनी बाबा कोर्टातल्यान भायर सल्लो. सकले मानेन. कोर्टांत आनी भायरूय बरीच गर्दी आशिल्ली. तो झपाझप

पावलां वडयतालो. ताका दिसतालें, सगले लोक आपल्याक बोट दाखोवन म्हणटात
'तो पळयात अेक मनीस. फट गवाय दिवपी. खूनी मनशाक मदत करपी. सत्याची
चाड नाशिल्लो !'

बाबाच्यान हें सोसू नजो जालें; वाटेंत तोंड वयर करून चलपाक ताका लज
दिसूंक लागली. केन्ना अेकदांचें घर येता आनी आपलें काळें तोंड लिपयतां अशें
ताका जाल्लें.

घरा पावनाफुडें ताणें खोमीस काडून खुंटयेर शेंवटिलें आनी तुवालो खांदार
वडोवन चलूंक लागलो. तितल्यांत जयान फुडें येवन विचाल्लें,

"काफी घेतात मूं ?"

बाबान आयकून न आयकल्या सारखें केलें ; तो चलूंक लागलो.

बाबा तडक न्हंयचेर पावलो. 'हर गंगे' म्हणत ताणें उदकांत बुडी माल्ली
आनी न्हावन तो वयर आयलो. जशें कितें फट गवाय दिवन केल्लें पातक ताणें
उदकांत सोडून दिल्लें.

त्याउप्रांत बाबा देवळांत आयलो. रामाचे मुर्तीच्या पायांक ताणें घट्ट वेंग
माल्ली आनी तो धोग्यानीं रडूंक लागलो.

"देवा म्हाका क्षमा कर. हांव चुकलों. फट उलैलों. म्हाका क्षमा कर."

रडयाच्या लोटावांगडा ताच्या तोंडातल्यान उतरां फुट्टालीं. ताच्या उतराचे
पडध्वनी देवूळभर घुमताले. 'देवा म्हाका क्षमा कर.'

उमाळ्यांचे वेग सोपल्याउप्रांत बाबान मान वयर करून रामाच्या मुखाकडे
पळयलें. क्षमा केल्याचो कसलोच भाव ताका थंय दिसलो ना

"देवा, तूं म्हाका क्षमा करचो ना ?"

बाबान विचाल्लें.

"ना. समजून उमजून चूक करतल्याक क्षमा ना."

आवाज आयलो.

बाबान चारी दिशांनीं पळयलें; हो आवाज खंयच्यान आयलो ? आनी
थोडयाच वेळाउप्रांत ताका कळ्ळें हो आवाज ताच्या अंतर्मनांतल्यान, जे
सुवातेचेर आमी देवाचें अस्तित्व मानतात थंयच्यान आयला.

"देवा तूं म्हाका क्षमा करचो ना जाल्यार ख्यास्त तरी दी. भयंकर ख्यास्त.
जल्मभर याद उरसारकी !"

"आरे मनशा, तूं जाणा जावन फट उलैला. ज्या तोंडान गुन्याव केलो ताका
तूंच कितें ती ख्यास्त दी."

ताच्या अंतर्मनान सांगलें.

कितें तरी निश्चय करून बाबा उठलो. रामामुखार उबो रावन ताणें हात
जोडले आनी रोकडोच रामाच्या पांयार हात दवरून ताणें प्रतिज्ञा केली,

"देवा, तुज्या नांवाशिवाय आनी तुजें गुणगान करपाशिवाय बाकीच्या गजालींक हें तोंड आतां कायम बंद ! "

फाटल्यान जया उबें आशिल्लें -- घोवाची ही प्रतिज्ञा आयकनाफुडें सगलें देऊळ आपल्याचेर कोसळून पडिल्ल्याप्रमाण तिणे किळंची माल्ली आनी दुसऱ्याच खिणाक झीट वचून तें जमनीर पडलें.

धांवतूच बाबा जयालागीं आयलो. जयाक उखलपाक ताचे हात फुडें आयले ...

"जया तुका कितें जालें ? "

अशें विचारपाक उतरां जिबे तोंकार आयलीं. आनी आनी बाबाक प्रतिज्ञेचो उगडास जालो. ताणें मोह आवल्लो. ताणे धांवत वचून गर्भकुडींतल्यान रामाचें तीर्थ हाडून जयाच्या तोंडार माल्लें आनी जया सावध जावपाची वाट पळयत बसलो.

कांय वेळ गेलो आनी जया उठून बसलें ... ताणें काकुळतेक येवन घोवाक विचाल्लें --

"तुमी म्हजेकडेन तरी उलयतले मूं ? "

ताचो प्रश्न आयकनाफुडें बाबा उठलो आनी फाट परतून चलूंक लागलो.

जयान परतून परतून तोच प्रस्न केलो पुण बाबान तोंड उगडलें ना तें नाच !

दनपरां जयान जेवणाचें ताट वाडलें. बाबा येवन जेवणाक बसलो. जयान कितले तरी प्रस्न केले. बाबा उलयलो ना. जेवलो; मोन्यानीं गेलो. रातीय तेंच. जेवल्याउप्रांत बाबान आपलें हातरूण भायले पडवेर हाडून सोडलें. आनी थंय तो न्हिदलो. बाबडें जया भितल्ले कुडींत एकटें न्हिदिल्लें. दुखां गाळीत, काळखाबगर ताका कोणाचो सांगात नाशिल्लो.

चार दीस गेले म्हणचे वाजेवन बाबा मोनेपणा सोडून दीत अशी आस्त आशिल्ली. पुण ती पोल जाली. दीस वताले तशी बाबाची प्रतिज्ञा घट जायत वताली.

बाबान सकाळीं उठचें – तोंड धुवन फुलां काडचीं. जयान तयार करून दवरिल्लो च्या घेंवचो. न्हंयचेर वचून न्हावन येंवचें. पुजापाठ – नेवेद करचो. दनपारां पाटार येवन बसचें; जयान वाडलें, जेंवचे, कांय मागपाचें ना कितें नाका म्हणपाचे ना. जयान बाबामुखार बसचें. दुखां गाळचीं. पुण प्रतिज्ञा ढळनासली.

अेक दीस जयान रडत रडत म्हळें –

"म्हज्यान हें सोसूं नज. तुमी म्हजेकडे उलोंवचे ना जाल्यार ह्या घरांत रावप म्हाका जड वतलें."

उतरां आयकलीं आनी बाबा गीता वाचीत बसलो.

दीस गेले, म्हयने फाटीं पडले. कितल्यो तरी चान्न्यो रातीं उदेल्यो आनी अस्ताक गेल्यो. सप्तर्षी आनी अरुंधती मळबांत आयलीं आनी धर्तरेवेल्या रोहिणीचंद्रिमाची वाट पळोवन क्षितिजा फाटल्यान गेलीं पुण तांकां त्या जोडप्याचें ते पडवेर परतें दर्शन जालेंना.

वर्साची चवथ आयली. जयान सगली तयारी करून दवल्ली. बाबान गणपती पुजलो. आरती म्हटल्यो भजन केलें. पूण येवपी मनशांकडे हां ना कीं चूं ना. कोणेंय कितें विचाल्लें तर फाट फिरोवपाची; उठून चलूंक लागपाचें, दिवाळी आयली. जयान पाट मांडलो भोंवतणी रांगोळी घाली. बाबा पाटार येवन बसलो. जया आरत घेवन उबें आशिल्लें, दोळचांत दुखांची माळ घेवन. फाटले दिवाळेक बाबान कबूल केल्लें फुडले दिवाळेक खडचांचीं कुडां भेट दीन म्हणून. बाबान आरतींत सुपारी घाली. उतरां सोंपिल्लीं. उगडास उरिल्ले. मोग मरतालो देह जळटालो.

आनी अेक दीस निराश जाल्ल्या जयान आपल्या घोवाक अेक चीट बरयली.

'म्हज्यान हो घुस्मटमार सोसूं नज. हांव म्हजी वाट धरतां.

तुमची घरकान्न जया.'

आनी तेच रातीं जयान घर सोडलें. कोण जाणा तें खंय गेलें आनी ताचें कितें जालें!

सकाळीं उठनाफुडें बाबाक उशाकडे चीट मेळ्ळी. तिच्यावेलो मजकूर ताणें वाचलो ... कितलो तरी वेळ ताजे दोळे 'जया' ह्या शब्दाचेर थिरावले. दोळचांतल्यान दुखांच्यो पांवळच्यो गळूंक लागल्यो ... ल्हवू ल्हवू ते चिटयेवेलें 'जया' हें नांव धुवन गेलें — सोंपलें .. उप्रांत तो कोरो कागद बाबान भावनावेगान काळजालागीं घट्ट आवळून धल्लो आनी ताची मुट्टी करून शेंवटून दिली.

"बरें केलें बाबडचान. वोगीच म्हज्याखातीर जळटालें!"

बाबाच्या मनाक विचार आफडून गेलो.

जया गेलें; बाबा एकलो. जेवणाचो आदार तुटलो. दोन दीस बाबान उपाशीं रामाच्या फुडचांत बसून काडले.

गांवकार लोक आयले. ताणीं बाबाची विनवणी केली. आमी देवाक शिदो हाडून दितात ताचो तूं नेवेद कर, प्रसाद तूं घे. जिवाचे हाल करूं नाका म्हणून सांगलें.

दुसऱ्या दिसापासून गांवातल्या अेकेका घरांतल्यान शिदो येवपाक लागलो. रामाचो नेवेद्य सुरू जालो. बाबाचे जिणेची गाडी फुडें वचूंक लागली.

रामाच्या देवळाभोंवतणीं पडींग मळ आशिल्लें. तळपां काटयो भरिल्ल्यो. बाबान तळपां फोडलीं. जमीन नितळ केली. बाबाचो वावर पळोवन लोकांनीं

तरेतरेच्या फुलांचे रोंपे हाडून दिले. बाबान ते रोयले, शिपले, ल्हानाचे व्होड केले. खोटल्यानी फुलां फुलूंक लागलीं. रंगीबेरंगी सुवासिक टवटवीत फुलांनीं राम सोबूंक लागलो.

फाटलीं तीस वर्सां हें अशें चल्लें. सैमाचे नीत नेम बदल्ले. पुण बाबान आपली प्रतिज्ञा मोडली ना. जिणेच्या निमण्या खिणामेरेन.

बाबाची निपचित कूड रामाच्या देवळा सोपणार पडल्या. भोंवतणी सगलो गांव अुबो आसा. बाबा वांगडा निमाणीं चार पावलां चलपाक ...

पेल्यान अंत्ययात्रेची तयारी चल्ल्या.

अेक सत्याचो पुजारी सत्यांत विलीन जावपाचो आसा.

※ ※ ※

१८.

चौगां आवय

सुकडो देवागेर गैलो तशी बायल–कावेरी आनी चौग भुरगे अकस्मात निराधार जाले. कावेरीचेर तर दुःखाचो दोंगरूच कोंसळळो. चोंय वशींनीं निर्शेवाचो काळोख. ताका जगचेंशेच दिस नाशिल्लें. एके वटेन घोवाच्या मरणाचें दुःख तर दुसरे बटेन धाकटुल्या भुरग्यांच्या फुडाराची चिंता. दुःखान व्याकूळ जाल्लें कावेरी येवजितालें आनी मुळुमुळु रडटालें. मेळपाक आयिल्ले कांय जाण म्हणटाले,

"जाल्लें जावन गेलें; आतां दुःख करून कितें जावपाचें आसा? भुर्गाकडेन पळोवन फाटलें सगलें विसर."

दुःख विसर म्हटलें म्हण विसरूं येता थोडेंच. आनी तें विसरूंक वच्चें तितलें तें चड जाणवल्याबगर रावना. कावेरीची तीच स्थिती जाल्ली. ज्या भुरग्याकडेन पळोवन विसर म्हणटाले त्याच भुरग्यांक लागून ताका चड दुःख जातालें.

"म्हज्या ह्या माणकुल्या पोरांचे फुडें कशें जातलें तेंच कळना."

तें म्हणटालें.

"कावेरी, भियों नाका. देवाचेर भार घाल आनी भुरग्याचो सांबाळ कर. तांका बरे भशेन व्होड कर. फुडारांत तांचोच तुका आदार."

लोक म्हणटाले.

कावेरीक हें पटलें. आपल्या चौगांय भुरग्यांकडेन पळोवन ताणें दुःख गिळळें. भुरग्यांक व्होड केलें, तांकां शिक्षण दिलें म्हणचे ती आपल्या पायार उबी रावत

आपल्याकूय जाणटेपणांत आदार जायत. कावेरीक थोडीशी आशा दिसली.

परत भुरग्यांक व्होड करप आनी शिक्षण दिवप ह्यो कितें वाटेवयल्यो गजाली नासल्यो. त्या खातीर पैसो आनी श्रम दोनूय जाय. कावेरीकडेन हे दोनूय नाशिल्लें.

कावेरीचो संसार चलतालो तो अेका खंडाच्या कुळागरार. सुकडचान आनी कावेरीन रातदीस कुळागरांत काम, कष्ट करचे– सुपारी पिकोवची – धनयाक खंड घालचो आनी अुरिल्ल्याचेर संसार भागोवचो. रिकामपण मेळ्ळे जाल्यार दिसोडयाकुय वच्चें. हेचमशेन संसार करून ताणीं अिल्ली मायाय केल्ली. पुण कावेरीचे अेका फाटल्यान एक अशे चार बाळंटेर आनी जाल्ल्या भुरग्यांची सेवाचाकरी हातूंत केल्ली माया सोंपली. आनी हालीसरा तर केन्ना केन्ना पसऱ्यार अुदारीय सुरू जाल्ली.

सुकडचाचे दीस जाले. आपल्या घोवाच्यो अस्थी अेकाद्या पवित्र तीर्थांत व्हरून सोडच्यो म्हणून ताणें काडून दवल्ल्यो. आनी त्याच दिसा आपलें रिकामें कपल पदरापोंदा धांपून घेवन आनी दुखाचो आंवंडो गिळून कामाक भायर सल्लें. ना सल्ल्यार कशें जायत ? घरांत तांदळाच्यो मुडयो दाळून दवरिल्ल्यो आशिल्ल्यो थोडयोच !

घरांतली कर्तीसवर्ती व्यक्ती सोंपली म्हळचाबराबर संसाराची घडीय बदलता. कावेरीच्या संसाराचें तेंच जालें. कुळागरांत काम धंदो नर जावं जाय आसलो. लोकांकडल्यान कामां करून घेवन तांका दिसोडो कारीक केलो जाल्यार आपुण खातलीं कितें ?

तरीपुण कावेरी डगमगलें ना. भुरग्यांची शाळा चालू दवरूनच तांचे मदतीन तें कुळागराची वसुली करूंक लागलें. ते स्वतः शिकूं नाशिल्लें, पुण तें शिक्षणाचें म्हत्व समजतालें. आनी ताका लागून कामाखातीर अेकाद्या दिसा शाळा बुडली जाल्यार ताका दुःख जातालें.

कावेरीचे भुरगे जात्याच हुशार आशिल्ले. शिक्षणांत तांची चड प्रगती जायनासली तरीपुण कामा अुपयोगांत ते सदांच फुडें रावताले. लोक म्हणटाले "कावेरी, तुजे भुरगे भांगराचो संसार करतले ... आवय बापायचें नांव वयर काडटले !"

हीं अुतरां आयकना फुडें कावेरीच्या आंगार मूठभर मांस चडटालें आनी अभिमानान ताचे हडुं भरून येतालें. ताचे जिणेत नवी आस्त आनी अुमेद घर करताल्यो.

कावेरीचे चौगूय भुरगे व्होड जावन कुळागरांत कामधंदो करूंक लागले. सारें–शेण आनी व्यवस्थित शिपणें खांपणें करून ताणीं कुळागराचें अुत्पन्न जायत्या वाटांनी वाडयलें. शिक्षणांत मात ते फुडें सरूंक पावले ना.

"जांव कितेंय हातपाय हालौन भुरगे हाता तोंडाकडे पावले हेंच समाधान."

काव्हेरी मनांत म्हणटालें

एकेक करून चौगांचीय लग्नां जालीं. काव्हेरीन समाधानाचो सुस्कारो सोडलो. जिणेंतल्या अेका व्हो्ड कर्तव्यांतल्यान तें मेकळें जाल्लें. आतां ताची अेकूच इत्सा उरली ... घोवांच्यो अस्थी व्हरून तीर्थांत सोडप.

हांलिसरा काव्हेरी खूप खर्शेल्लें. जाणटें खूप जाल्लें. संसारांतले धकचपाटे आतां ताच्यांन नज आसले. संसाराची अिल्ली जबाबदारी आतां सुना – पुतांकडे सोंपोवंक सुरवात केल्ली. पुतांनी कुळगरांतलें करुनूय आपापल्यापरी वेगवेगळे धंदे करपाक सुरवात केली. कोण बांदकामाचे कोंत्राद घेतालो, तर कोण नुस्त्या धंदो करतालो. तर तिसरो जोतीस फितीस करुन पैसे जोडटालो. दर अेकल्याली जोड वेगळी आसली. आवयकडे पैंशे वताले तो मेरेन तांका कांय दिसनाशिल्लें. पुण आतां व्होडलो पुत सून संसार पळोवंक लागल्या बराबर बाकींच्यांनी हात आंखुडतो घेतलो.

घरांत धुसफूस सुरू जाली. तातूंत दादल्यांचे कान फुंकूक बायलो अशिल्ल्योच. दरएकलो आपलो सुवार्थ पळोवंक लागलो. जोडिल्ले पैशे वेगळे सांबाळूंक लागलो. खर्चाचें तोंड आयलें म्हणचे फाट परतूंक लागलो. संसाराची ओडाताण सुरू जाली.

सांजेची वेळ आशिल्ली. सकाळसान काव्हेरीच्या जिवाक हुशारी नाशिल्ली. आपले चौगूय पूत एकठांय आयल्याशे पळोवन ताणें ल्हवूच सुरवात केली.

" मागीर तीर्थार केन्ना वचून येवपाचें ? "

" बाप्पाची अस्थी घेवन मगे ? अितली ताकीत कित्याक ? "

व्होडल्या पुतान जानुन म्हळें.

" म्हणचे ? आतां पंदरा वर्सां जालीं. आनी कितले दीस वाट पळैतलीं ?

काव्हेरीन म्हळें.

" आगे पुण तीर्थार वचून येवप म्हणचे फकणां कामां न्हय. कमी ते दोनशें रुपये जाय. "

नंबर दोन मनू उलयलो.

" म्हाका दिसता दादा शिवरात्रे वना न्हय हरवळचां ? थंय सोडच्यो अस्थी म्हणचे पांच धा रुपयांत भागतले. "

तिसऱ्या सोनून कल्पना काडली.

" पुण हांव म्हणटा तीर्थ, बिर्थ कल्पनाच फट. खंयचेंय अुदक हें तीर्थूच. घरा सकलो व्हाळ लेगीत ... थंयच अस्थी अुडोवच्यो म्हणचे मेकळें जाले ! "

धाकल्यान नानून आपली कल्पना मांडली. आनी बाकीच्या भावांनीं ती वयल्यावयर अुखलून धल्ली.

काव्हेरीन तापून म्हळें, -

"तुमी सगले नास्तीक आनी ढोंगी आसात, तीर्थार वचून येतलो जाल्यार तुमचेकडेन कितें दोनशें रुपये नात ? पैर चार मण सुपारी विकली ते चारशे रुपये कितें केले ?"

चौगूयजाण मात्शे गडबडले. दर अेकलो अेकमेकाच्या तोंडा कडेन पळोंवंक लागलो. जानून जाप दिली –

"ते पैशे मूं ? तांतूंतले शंभर हांवें कुळगरां खण्णी बेण्णी करपाक खर्चिले."

"आनी बाकीचे ?"

कावेरीन विचाल्लें.

"शंभर रुपयांचें हांवें शेणसारें हाडलें."

दुसऱ्यान सांगलें.

"शंबर रुपयांनीं हांवें पसरकाराचें देणें फारीक केलें."

तिसऱ्यान रिपोर्ट् दिलो.

"आनी शंभर रुपये हांवें एकल्याक अुष्णें दिल्या."

चौथ्यान खुलासो केलो.

चौगांचीय कैफियत आयकतना कावेरीच्या संतापाची धार वाडटाली. ताणें अुसळून म्हळें -

"तुमी चौगूय फट उलयतात. कुळगरांतलो सगलो कामधंदो घरा जाता. हांव नकळ ? हांव कितें पिसावलां ? काय हांव बोथयेन दूद पिता म्हुण समजल्या तुमी ? म्हाका खबर आसा तुमी दरअेकल्यान वेगळी चावी सांबाळ्ळचा आनी दुडू अेकठांय करूंक लागल्यात. पुण हांव म्हंटां – कोणाक विचारून तुमी पैशांच्यो चार वाटण्यो केल्यो ?"

चौगांकूक जाप नासली. चौगांनींय मानो सकल धाल्यो. कोणाकूच अुतर फुटना जालें.

"आवय फुडें फट अुलोपाक लज दिसना ? घरासकल्या व्हाळांत व्हरून वडौच्यो खंय अस्थी ! तुमचें हें अुतर आयकून स्वर्गांत तांचो आतमा रट्टा जातलो. ज्या व्हाळांत आमी दिसरात अळशीक धुतात तें तुमचे नदरेन तीर्थ. असल्या नास्तीक येवजण्यांनीं चड खातले तुमी. देवधर्म विटून वतलो, पोरांनो विटून वतलो !"

कावेरीन सामको फोग काडलो. पुण ताचो पुतांचेर कांयच परीणाम जालोना. सादी दिलगिरीचो भावनाय तांच्या मुखार दिसनाशिली. तांच्या मतान कावेरीचें अुलप म्हणजे बाळबुद्धीक आयिल्ल्या म्हाताऱ्याची बडबड आशिल्ली. तिची आनी कितें व्हडलिशी दखल घेवपाची ?

पावसाळो लागीं आयिल्लो. कावेरी जिवान बरें नाशिल्ले ... बारीक जोर येतालो. पुण ताची कोण चौकशी करीनासलो. फाटल्या दिसांसान ताचे पूत ताका

कूस मारपाचो यत्न करताले. हांतुणार पडलां थंयच्यान कावेरीची नदर चोंयवशीनीं धांवताली .. आज चार वर्सां जाल्लीं घरांचे आडें मोडपाक आयिल्लें. पुण कोण चौकशी करी नाशिल्लो. पावस तेंकलो तरी घरा शिवपाची वासपुस नाशिल्ली. जळोव भरपाचो तणाचो पुरूमेंत करपाचो – मिठ मिर्सांग घेवपाची सगळीं कामां तश्शीं पडून आशिल्लीं. त्यो खर्चाच्यो बाबी आशिल्ल्यान कोणूच वासपुस करी नाशिल्ले. कावेरीय स्वस्थ आशिल्लें – काय अुलोपाचें ना असो ताणें निग्रह केल्लो – पुताविशीं केल्यो आशा सामवयो धुवन गेल्ल्याची जाणविकाय ताका केन्नाच जाल्ली.

प्रत्येकाचो धंदो तेजींत आशिल्लो. भरपूर जोड आशिल्ली. पुण बापायच्यो अस्थी तीर्थार वडोपाची मात एकल्याकूय वान्सा नाशिल्ली.

कावेरीचें दुखणें वाडत वतालें. पुत ताचीं वासपुस घे नाशिल्ले. सुनों फुडघांत ये नासल्यो. ताच्या हांतुणांक घाणीं पडिल्यो. मदल्या वेळा घोटभर अुदक मागल्यार मेळप कठीण जाल्लें. ठराविक जो कितें पेज निवळ येतालो तितलो. त्या शिवाय कोण ताच्या भोंवतणी राव नासलो.

रातची वेळ आशिल्ली. कावेरीक तान लागिल्ली. ताणे सगळ्यांक अुलो केले. पुण कोण अुठलो ना. आपली म्हातारी जर्जर कूड सांवरीत कावेरी रान्नीकडेन गेलें. उदक तापोवचें म्हण ताणें चुलीक फूंक माल्ली. भौतेक अुजो गेल्लो. खंयीं तरी अेकादी अुज्या कीट आशिल्ली. पुण फूक मारिनापुडें ती खंयच्या खंय नाच जाली. कावेरी परतें येवन हांतुणार पडलें ताका न्हीद पडली ताचें विचारचक्र चालू आशिल्लें. एकाएक ताका कितें येवजलें आनी तें पडत धडपडत भायर आयलें.

अस्तमतेचे कडेर निस्तेज आनि फिकट जाल्लो चंद्रीम अुबो आशिल्लो. सगल्याक भिरांकूळ शांतताय पातळळेली. सगलीं झाडांपेडां मानो सकल घालून स्तब्ध अुबीं आशिल्ली. सगळे सृष्टीतलें चैतन्य जशें काय ना जाल्लें.

अस्थिचो करंड घेवन कावेरी चलूंक लागलें. ताच्या देहाच्यो झुकांड्यो पडटाल्यो. तेच अवस्थेंत तें दर्यार पावलें. दर्याचे देगेर अुबें रावन ताणें पळयले, रौद्र रूप घेवन जिबल्यो चाटीत दर्यो तडीक धांवत येतालो. कावेरी दर्याक पांयां पडले. धर्तरेवेलीं सगलीं तीर्था दर्यांत आसपावल्लीं आसतात. ह्या अेका हरदासान सांगिल्ल्या उतरांची याद केली आनी ताणें अुदकांत पाय दवल्लो. कमरभर अुदकात वचून ताणें घोवाची याद केली आनी अस्थींचो करंड दर्या स्वाधीन केलो. पुण तितल्यान दर्याचें समाधान जालें ना. अधाशाभशेन ताणें ल्हाराची अेक लांब जीब फुडें व्हेली आनी कावेरीक आपल्या पोटांत ओडून घेतलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं कावेरीचे मडें तडीक पडिल्लें लोकांक दिसलें.

एकल्यान म्हळें –

"चौगांचे आवयची पळयात ही दशा"

"एकल्या पुताची आवय जाल्ली जाल्यार येकाद्री म्हतारेची ही दशा जांवची नाशिल्ली"

दुसऱ्यान पुस्ती जोडली.

※※※

१९.

प्रेमनगरचो पावणो

आज सकाळसान प्रेमनगरांत व्हडल्या–व्हडल्यान लाऊडस्पिकर वाजूंक लागला. प्रेमनगरांत विशेश कितेंय दबाजो आसा म्हणपाचें तें पेगींव. रस्त्यान चलपी एकमेकांक दोळयांचे खुणेन विचारतात. कसलें पेगींव ? थोडचा वेळाभितर सगल्या गांवांत फाम जाता. प्रेमनगरांत आज गणिका समाजाचो वार्शिक सत्यनारायण.

ना म्हटलें तरी आंबटशौकी तरनाटयांकच न्हय, तर म्हाताऱ्यांक लेगीत ह्या सत्यनारायण पुजेचें आकर्षण. देवदर्शनावांगडाच नव्या नव्या गणिकांचे मुखडे पळोवंक मेळटात न्हय ? ताकालागून सदां वचपी सोडात तर केन्ना ते दिशेन पावल न वडोवपी लेगीत सांजेच्या वेळार प्रेमनगराक भेट दिवपाचें पवित्र कर्तव्य करतातूच !

गावांचे अेके कुशीक गणिकांची पंचवीस तीस घरां आसात. ताकाच प्रेमनगर म्हणटात. धा वर्साफाटीं हे सुवातेर गावांत मेल्लीं गोरवां हाडून वडयताले. दिसभर हांगा कुशिल्ल्या मांसाची घाण. सुणीं, कावळे अग्नी गिधां हांच्या बगर कोणाचें दर्शन ना. अशी ही मसण भूंय. हे भुंयेचें भाग्य फळाक आयलें आनी तिका 'प्रेमनगर' हें श्रृंगारिक नांव रूढ जालें.

आज हे सुवातेर आसा त्यो गणिका पयलीं गावांत कोणाच्या तरी आलाशिऱ्यान रावताल्यो तरण्या रगताक हें मानलें ना. ताणीं गणिकां आड बंड केलें,

गाव सोडपाक भाग पाडलें; सगल्यो गणिका एक जाल्यो. गांवाभायले मसणभुयेंत आयल्यो, साटल्या पोटल्यासयत. सत्यनारायणदेवाचें नांव घेवन खोंपटचो उब्यो केल्यो. संसार मांडले.

थोडचा तेंपान खोंपटयांचीं घरां जालीं. घरां मुखार रस्ते आयले. रस्त्यांफाटल्यान लायट आयली. ताच्याफाटल्यान उदकाचो नळ, अेक ल्हानसो थंड वाडो उबो जालो. गणिका देह भाडचाक दिवपी, जांव प्रेम विकपी बायलो. म्हुणून कोणेतरी मस्कऱ्यांनी त्या वाडयाक प्रेमनगर हें नांव दिलें.

प्रेम नगरांतल्यो गणिका एकठांय येवन ही पूजा करतात. ताच्या फाटले कारणूय हेंच. सामक्यो निराधार स्थितींत आशिल्ल्यो तेन्ना सत्यनारायण पावलो आनी ताचेच कृपेन बरे दीस आयले. फुडें ताचीच राखण आसची देखून ही सेवा.

आयचो दिस गणिकांचो देवधर्माचो पवित्र दीस. कोंणा दादल्याक आफडप लेगींत ना. कोणाक दोळो लेगीन मारप ना. मुखान फाजील उतर काडप ना. कुळशिळांतल्या बायलांभशेन कास घालून आनी कुकमाचो आडवो पटो ओडून पुजेच्या माटवांत वावरप. पुजा सार्वजनिक आशिल्ल्यान तिच्याखातीर मुद्दाम माटव उबारतात. सगल्यांकच मेकळेपणान देवदर्शन जांवचे हो हेत. पुजेची आरासूय बरी. रंगीत लायट, फोग भजन, आरती विचारूं नाका. खूबश्यां पैशावाल्यांचे हे पुजेक अप्रत्यक्ष हातभार लांगता न्हय ? हे पुजेची व्यवस्था पळोवची चंद्रामावशेन. चंद्रामावशी म्हणजे वारमुख्या. सगल्यो गणिका तिच्या अधिकारांतल्यो. तिचें उतर तें सगल्या गणिकांचें उतर.

सामके सुरवातीसान ते आजमेरेन हे पुजेच्या यजमानपणाचो मान विठुभटाक. सगल्यो गणिका तांकां गुरुजी म्हुणून पाचारतात. तांची देवाधर्माचीं सगलींच कामां गुरुजीच करतात. प्राप्तीय भरपूर. ताका लागून गुरुजींकडल्यान आनी कोणाचीय धांदळ जायत, पुण प्रेमनगरांत ते 'यथा वाचा तथा कृति' अशे आशिल्ले. वयल्यान लोक तांची टवाळी करताले, तरी मनोमन वळखताले. गुरुजींसारको साधोसरळ आनी अनवाळो मनीस संसारांत ना. आनी खरेंच फाटलीं धा वर्सां गणिकांकडेन गुरुजी ह्या नात्याबगर तांचो कसलोच संबंद येंवक नाशिल्लो. ताका लागून देवाखालोखाल गणिकांकडल्यान गुरुजींक मान मेळटालो. गुरुजींनी पाटार बसून पुजा करपाची. गणिकांनीं कुशीन बसून पळोवपाची आनी पुण्याच्यो भागिदारी जावंपाचें. पुजा सोंपमेरेन हेरांक माटवांत येवप बंद.

आज सकाळीं सुर्योदयावांगडाच गुरुजींनीं माटवांत हजेरी लायिल्ली. सामानाची जमवाजमव सुरु जाल्ली. चंद्रामावशी बशिल्ल्या जाग्यावेल्यान एकएकलेक सामान हाडपाक फर्मायताली.

"चंद्रामावशे, गन्ध खंय तें दिसना."

गुरुजीन म्हळें.

"आगो सुमन, तुवें गन्ध हाडूं ना गो ?"

चंद्रामावशेन विचाल्लें.

"आगे ऽऽ बाये, विसल्लें. हाट्टां हां"

सुमन.

"अशेंच तूं. हेरें म्हळचार भेरें करतलें !"

चंद्रामावशेन सुपारी कातरीत म्हळें.

"आनी कलशांत सवाय रुपयो"

"हो घेयात गुरुजी"

चंद्रामावशेन बोटव्यांतल्यान सवाय रुपया गुरुजी सुवादीन केलो.

"आनी हे सवाय पांच रुपया विडचांर दवरपाक"

चंद्रामावशेन पानाक चुनो लांवक सुरवात केली.

"आनी हें पळय शिऱ्याचें खंय पावलां ?"

"गुरुजी, तुमी काळजी करूं नाकात. तें काम मिलनाकडेन सोंपयलां. आजून वेळ आसा न्हंय ?"

चंद्रामावशेन विडो तोंडांत भल्लो. आनी अरंवट आशिल्ल्या दातांनीं चाबूंक सुरवात केली.

"आरती घाल्यो ?"

चंद्रामावशेचो पान मळपाचो घाणो सुरू जाल्लो. ती अुलयली ना. ताच्याबदला शैला आरत घेवन फुडें आयलें.

"आगो शैला, हाका कितें आरती घालप म्हणटात ? बांथयो कशो घाल्यात मगो तुवें वाती. तोंका बरीं पीळ पळोवया."

गुरुजींच्या ह्या उतरानी शैलाक धक्कोच बसलो. तें लजेवन आरत घेवन कुशीक सल्लें.

आपल्या अुतराचो विपर्यास जाला काय, अशें मनांत येवन गुरुजीन चंद्रामावशेकडेन पळयलें.

चंद्रामावशेन तोंडांतली पीक 'पचक थू:' करून माटवाभायर माल्ली आनी गुरुजींच्या अुतराचेर आपली नापसंती उकती केली.

"गुरुजी हे गजरे आनी तुळशी घेयात."

अेक अनवळखी तरणाटें गोमटें पोर गुरुजींक सांगतालें.

"आगो रूपा, कितल्या बेगीन गुंथले गो तुवे गजरे !"

कोणेतरी म्हळें.

"आगो, रूपा तें रूपा. ताची सर कोणाक येंवची ना."

दुसरो आवाज.

रूपा मुरगटून चंद्रामावशे म्हऱ्यां बचून बसलें. रूपाचें हें मुरगटप गुरुजींक

अेकदम मानलें. रूपासारको सुंदर चेरो आजवेर गुरुजींनी प्रेमनगरांत पळोवं
नासलो.

"बरें सुरवात करतां.'

गुरुजींनीं चंद्रामावशेची अनुज्ञा घेतली आनी 'केशवायनम : ' केलें.

"सगलींजाणां बोगी रावात गो."

चंद्रामावशेन धेंगसो घालो. धेंगशावांगडा तोंडांतली कांय पिक ओंठादेगेच्या
सकल गळळी. ती तिणे रोकडीच पदरान पुसून काडली. सगल्यो गणिका हा
जोडून देवामुखार बसल्यो. शांत वातावरणांत गुरुजींनीं पुजा सोंपयली,

"आतां सगल्यांनी वर्सपद्धतीप्रमाण देवाक गंधफुल ओपूंक येवपाचें."

गुरुजीन सुचोवणी दिली.

"चलात गो सगळीं. आंगार उदक वोतून ओल्या आंगार देवाक गंधफु
ओंपूंक येयात."

चंद्रामावशेन ऑर्डर सोडली आनी आपूणूय माटवातल्यान भायर गेली. देवा
गंधफुल ओंपप म्हणचें सामकें अनवाळचानीं. आनी ओंलें आंग म्हणचेंच ख
अनवाळें. अशी सगल्या गणिकांची भावना.

सगळचोजाणी माटवाफाटल्यान भायर गेल्यो. थंय अेक थंड उदकाचो हां
भरिल्लो. दर अेकलेन आपले पयलींचे कपडे दें यले. आंगाभोंवतणी अेक सा
गुठलावन घेतली. आनी माथ्यावेल्यान उदक ओतून घेतलें. मागीर तशा
थबथबत्या आंगान एकेकली पूजेच्या माटवांत येत रावली.

पयलो मान चंद्रामावशेक, तिणे सगल्यांत फुडें माटवांत पावल दवरलें.

माटवांत गुरुंजींबगर कोणूच दादलो मनीस नाशिल्लो. कारण सगल्या
गन्धफुल ओंपून जाल्याबगर भायल्या लोकांक माटवांत प्रवेश नाशिल्लो.

गुरुजींनीं गन्धफुलाचो हात फुडें केलो आनी चंद्रामावशेन तें देवाक ओंपल
आनी बागोवन देवाक पायां पडली.

सामकी मनांत अित्सा नासतना गुरुजींमी नदर तिच्या देहार पडली. ए
काळार आपल्या सौंदर्यान दुसऱ्याक पिसो करपी चंद्रामावशेच्या देहाच्यो का
कवळल्यो. कांय कडांनी चामडी लोमकळटाली. तोंडार शिरकुत्यांचें जाळें पडिल
तोंडाच्या बोळक्यांतल्यान जीब भायरभितर जाताली. आंगार जळींमळीं का
निळीं चकां अुदेल्लीं. तिका पळयतनाच गुरुजींच्या आंगा शिरशिरी आयली. पळ
नज जावन मान सकल गेली.

चंद्रामावशे फाटल्यान अेकेकली क्रमान माटवांत येवन देवाक गन्धफु
ओंपूंक लागली. चंपी, गंगी यसू, लक्शिमें, मंजुळ ... सगल्यो ओल्यो थबथबी
आंगावेलीं सगलीं सौंदर्य साधनां धुवन गेल्ल्यो.

ह्योच गणिका सांजेच्या वेळार घराच्या दारांत, जांव जनेलांत बसून नदरेक

तिरान गिरायकाक घायाळ करताल्यो. तांच्या देहार आतां नदर घालूं नज आसली सौंदर्याचे अॅटम बाँब फुटिल्ले. सगलो फुसको व्यापार, किळसवाणो. ओठांची लाली तोंडाची पावडर धुवन गेल्ली. दोळ्यांनी खोलाय घेतिल्ली. हड्ड्याची अुंचाय सपाट जाल्ली. पोटाच्यो बरगड्यो मेजूंक येताल्यो. माथ्याचीं गंगावन खुंटयेर हुमकळटालीं. रातच्या काळखांत झगमगपी स्त्रीवैभव गिलीट गेल्ल्या दागिन्याभशेन अुगडयार पडिल्लें. खंयच्याच अवयवांत आकर्शण नाशिल्लें. गुरुजी दोळे धांपून एकएकल्याच्या हातांत गधफुल दिताली. तें देवाक ओंपून एकेकली कुशीक सरताली.

"आगो रुपा, अशें लजता कितें गो ? फुडें यो मगो."

चंद्रामावशेन मेडीफाटल्यान अुबें आशिल्ल्या रुपाक पळोवन म्हळें तशें रुपा लजत मोडत फुडें आयलें. ताचे दोळे वोगीच भिरभिताले. दोनूय हात हड्ड्याकडेन पांगरून तें गुरुजींमुखार अुबें रावलें. गुरुजीनीं गन्धफुल फुडें केलें आनी तें घेवपाक रुपान हड्ड्यावयले हात सकल काडले.

सौंदर्याचो अमोल खजिनो गुरुजींमुखार अुबो आशिल्लो. ताच्या दर्शनान ते अवाक् जाले. ओह ! कितें रूपाचें रूप हें ! त्या रुपान गुरुजींचे दोळे खिणभर दिपून गेले. हातांतलें गंधफूल रूपाच्या पोशांत घालपाचें ते विसल्ले.

"गुरुजी."

अेक नाजूक आवाज गुरुजीच्या कानांत घुमलो. ते भानार आयले. अिल्लेशे खजील जावन ताणीं रुपाच्या पोशांत गंधफुल दिलें. गंदळलेल्या मनस्थितींत रुपाच्या तळहाताचो स्पर्श गुरुजींच्या हाताक जालो. तो स्पर्श गुरुजींक सुखावन गेलो.

रुपा परतलें, तरी ताची हात्याच्या बोंडाभशेन आंशिल्ली आंगकांती, साळकाच्या पाकळ्यांभशेन रुंदट आनी मोतयारंगाचे धवेशुभ्र दोळे, दांळबी ओंठ आनी साडयेच्या पदराफाटल्यान भायर बागोवन पळोवपी पारव्यांची जोडी गुरुजींच्या दोळ्यांमुखावेल्यान हालपाक तयार नाशिल्ली.

बरोच वेळ जालो तरी विचलीत जाल्लें गुरुजीचें मन जाग्यार येवपाक तयार नाशिल्लें. मंत्र अेकाफाटल्यान अेक येवज नासले. तरी बरें आरती वेळार ताणीं कापसाच्यो वाती तेलाच्या तांबयांत बुडोवपा बदला अुदकाच्या तांबयांत बुडयल्यो. कोणें पळयलेंना. प्रदक्षणा लेगीत उरफाटचो जाताल्यो. पुण चंद्रामावशे 'गुरुजी, तुमी कितें करतात ?' अशें म्हणनाफुडें तांकां आपली चूक जाणवली.

"चंद्रामावशे, म्हाका तुजेकडेन कितें उलोवपाचें आसा."

पुजा सोपल्याउप्रांत अेका कुशीक उबी आशिल्ले चंद्रामावशेक गुरुजीन म्हळें.

"कितें ?"

मुरको मारीत चंद्रामावशेन विचाल्लें !

"हें रूपा कोण ?"

"रूपा ? तें हांसऱ्या मुखाचें चली ?"

"हय."

"आसा अेक नवेंच पोर, भारी सुरेख. गिरायकां सामकीं जीव ओंवाळून वडवपाक तयार आसता. पुण हांवूच काळजी घेतां. ताका त्रास जांव नये म्हुणून."

"वा: वा: घेंवकूच जाय. ल्हान आसा. शिवाय नाजूकूय !"

"हय."

"चंद्रामावशे, अेक विचारूं ?"

"विचार !"

"राग येवचो ना मूं ?"

"राग येवपाक तुमी कितें परकी न्हय !"

गुरुजी संथपणान सकले मानेन अुलोवंक लागले.

"मावशे, आज धा वसाँ जालीं. हांव हांगा येतां-वतां. तुमचें पुरयतपण करतां. पुण केन्ना कोणा बायलमनशेकडेन वांकडे नदरेन पळवना. पुण कितें कोण जाणो, तें रुपा म्हज्या मनांत भल्लां. म्हजी अीत्सा पुरी जायत ?"

अेकाद्रो धक्को बशिल्ल्याप्रमाण चंद्रामावशेची मुद्रा गंभीर जाली. गुरुजींच्या तोंडाकडेन पळयत ती येवजितूच रावली. गुरुजींक धस्स जालें. रूपाची मागणी करपांत आपली चूक तर जावना मू ? चंद्रामावशेन न्हयकार दिलो तर जावपी अपमान सहन करूं येत म्हज्यान ? गुरुजींचे तर्क सुरू जाले. मनाची अस्वस्थता वाडली.

कांय खीण अशेच गेले. अखेर चंद्रामावशेन कितें तरी येवजण मनांत घट केली आनी आदरपूर्वक गुरुजींक म्हटलें,

"गुरुजी, हांव तुमकां ना कशें म्हणूं ? तुमचे पुण्यायेच्या बळार आमचें बरें जालां. तुमचें अुतर म्हज्यान मोडूं नज. तुमची अित्सा पुरी जायत. उलयात केन्ना ?"

"आयज राती ?"

"हय. आतां तुमी रावपाचें आनी सकाळीं फुडें पुजेचें सामान आनी रवानगी घेवन वचपाचें !"

चंद्रामावशेचीं हीं उतरां आयकून धडधडपी गुरुजींचें काळीज अेकाद्या पोराभशेन भितल्ल्या भितर उडक्यो मारूंक लागलें.

राती रूपान आपल्या हातान तयार करून दिल्लो विडो गुरुजींनीं खालो ... त्याउप्रांतचे रातीक कसो रंग भरत गेलो तें कळळेंच ना. सकाळ जाली आनी गुरुजी मुस्तायकी करून सोपयार येवन बसले.

पुजेचें सामान घेवन चंद्रामावशी फुडें आयली.

"हें पुजेचें सामान. ही दक्षणा. आनी हो नमस्कार. निमणो."

चंद्रामावशी गुरुजींक फाट करून उबी रावली. तिच्या आवाजांत कांपरे भरिल्लें.

गुरुजींक अजाप जालें. सदां ती हांसत्या मुखान गुरुजींक निरोप दिवपाची. पुण आज हो वेगळोच प्रकार गुरुजी अणभवताले. तांच्या तोंडांत अुतर फुटलें.

"निमणो नमस्कार ?"

"हय निमाणो."

आपली व्यथित नदर गुरुजीचे नदरेक भिडयत तिणें म्हळें.

"आजवेर तुमी आमचे गरुजी आशिल्ले. आतां तुमी ... न्हय, तूं आमचो पावणो जाला."

"म्हणजे कितें ?"

"हें हावेंच सांगूक जाय ? तुमी पुण्यवान मनीस म्हूणून आमी तुमकां श्रेश्ट मानीत आयलीं. अनवाळे मानीत आयलीं. तुमचे पुण्यायेचेर आमचीं पातकां धुवून वचपाचीं पुण तुमी आपलें वेगळेंपण सोडून आमचें उश्टें खरकटें खांवक लागले तर आमी तुमकां गुरुजी कित्याक मानपाचें ?"

चंद्रांमावशेच्या उतरांचे घाय घेत गुरुजी उबे आशिल्ले. तांकां उलोवपाकूच येनासलें.

"गुरुजी दुख मानू नाकात. रूपाखातीर तुमी जाय तेन्ना येंव शकतात !"

आपली व्यथित मुद्रा घेवन चंद्रामावशी केन्नाच घरांत गेली.

पुजेचें सामान फाटीर मारून गुरुजी चंद्रामावशेल्या घरांतल्यान भायर सल्लो. जाल्लो अपमान गिळपाचें धैर्य ताचेकडेन नाशिल्लें. अध : पतनान काळें जाल्लें तोंड लिपयत सकले मानेन ल्हव पावलां वडयत ते प्रेमनगराचो निरोप घेताले. मदीं मदीं तांकां भास जातालो. कुशीच्या जनेलांतल्यान रंगल्लीं तोंडां शूऽऽशूऽऽ करून आपल्याक आपयतात. आनी तितल्यान खंयच्यान तरी अुपहासान काडिल्लीं उतरां कान भेदून वतात, ‘कितें पावण्या, रात कशी गेली ?’

आयुश्यांत जें कितें जोडिल्लें तें एके रातींत व्होगडावन बसलों म्हणपाचें दुःखाचें वोजें माथ्यार घेवन गुरुजींचीं पावलां घराचे दिशेन पट्टालीं. पश्चातापान काळीज जळटालें.

※※※

२०.

नसती ब्याद

म्हाडोळच्या नाक्यार बस थांबली. पांच-पन्नास कावळ्यांनी आपल्या खाणाचेर एका नेटान उडी घालची तशें पॅसींजरांच्या चोम्यान बसीच्या दारार घालून घेतलें. थोडी चिड्डीमुड्डी जाली, पुण कसोतरी बसींत भितर सरून हांवें एका सिटार घालून घेतलें. अितली गर्दी आसूनूय म्हाका बसपाक सुवात बरी मेळ्ळी. म्हज्याफाटल्यान चडिल्ल्ले कितलेशेच पॅसींजेर बागोळघामशेन दांडयेक हुमकळटाले. भायर आशिल्ले सगले पॅसींजेर बसींत चोंदल्या उप्रांत कंडक्टरान पिल्लुकेक फूक माल्ली आनी बशीन पणजेची वाट धल्ली.

'तिकीट' कंडक्टराची आरड आयकली आनी हावें रुपया ताच्यामुखार धल्लो. म्हज्या तोंडाकडेन आनी त्या रुपयाकडेन आळयेपाळयेन पळयत अजापान ताणें म्हाका विचाल्लें –

"आरे वळखना ?"

"पळयला जायत खंयींतरी. उगडास जायना."

हांव पुटपुटलों.

"आरे हांव मधू, पेटकेमास्तराचे शाळेंत अेकाच क्लासींत आनी अेकाच बाकार बसून आमी शिकताले."

बसीच्या हॉर्नाप्रमाण ताचीं उतरां कानार आदळटालीं.

" कांय याद ना बाबा त्या वेळावयली. "

हांव.

" आरे, एक दीस शेनवारचे मारुतीच्या देवळाफाटल्यान वचून चोरून विडयो वोडूं नाशिल्ल्यो आनी त्या खातीर पेटकेमास्तरान आमचे पाय बांदून शाळेंतले पाटयेक हुमकळावन मार दिवं नाशिल्लो आमकां ? "

आनी इतल्याचेर थांबून तो फें फें हासूंक लागलो. कुशीचे पॅसेंजरूय ही खबर आयकून फिदी फिदी हासूंक लागले. म्हज्याफुडें एक तरनाटी बशिल्ली, ती तर तोंडार लेंस धरून दोळे मिच मिच करीत अशी म्हज्या तोंडाकडेन पळोवंक लागली, म्हाका मेल्ल्यासारखें जालें.

म्हाका ताचो असो राग आयलो विचारूं नाका. आपलो उणेपणा चार-चौगांत निर्लज्जाभशीन ताणें उकतो केल्लो. आनी त्या उणेपणाचो म्हाकाय भागिदार केल्लो.

" मेळ्ळी वळख ? "

ताणें विचाल्लें.

हावें ताचें तोंड बारिकसाणेन निरखिलें. ताच्यासारख्या चेपटया गालांच्या आनी दावेवशीं बागवल्ले खाडकेच्या मनशाक हावें केन्नाच पळोवं नाशिल्लो. मागीर पेटके मास्तरांचें तर नांवूच सोडात. आनी विडी ... तिका तर हांव धरूनच नकळ. हातांतय.

" आरे तूं विसल्लो जायत. धा वर्सां हावें गोयांभायर काडलीं. पुण हांगच्या फातरांक लेगीत विसल्लों ना. देखुनूच गोयांत येनाफुडें हे मेनकेन म्हाका दवरून घेतलो. "

तो.

" मेनका ? "

" हां – हें आमचे बसीचें नांव. मेनका, पळय फुडल्या आरशाचेर कशें पिताल्लां तें ! "

आमच्यो गजाली आयकुवपी पॅसींजर हांसले; हावेंय तांतूत थोडी भर घाली.

" तें कितेंय आसूं; तूं हो रुपया घे आनी म्हाका तिकिट दी. "

हांव.

" तूं इतलो म्हजो भुरगेपणांतलो मित्र. हांव तुजे पैशे घेंवचो ना. "

तो.

म्हजी नदर ते तरनाटेचेर गेली. ती दोळे मिचमिचोन परती हासूंक लागिल्ली; तिचे दोळे म्हाका विचारताले, विडयांचो धुंवर कसो येता ? पेटके मास्तराची बडी फाटीर उदेली जातली न्हय ! काकळूत ...

एका देडादमडेच्या मनशान म्हज्या विरूद्ध कितेंय तरी भकून म्हाका मान

सकल घालूंक लायिल्ली. म्हजो मान प्रतिष्ठा पायांतळा माडील्ली. म्हाका मित्र समजुपी मनशाविशीं मनांत तिरस्कार निर्माण जालो. प्रसंग आयलो तरी लेगीत अशा मनशावांगडा हांव मैत्री करपाचों ना. ह्या मनशावांगडा चड उलोवंक गेलो जाल्यार हो कोणाच्येय खंयच्येयगादी उलोवन वचत आनी म्हणत त्या दिसा आमीं खंयच्यातरी बारींत बसून यथेष्ट मारिल्ली. याद आसा ?

" हें पळय. हांव तुजो मित्र न्हय. हांव तुका वळख लेगीत ना. "

हांवें नेटान सांगलें.

" आरे दोस्ता मस्करी कसली करता ? बाकी म्हाका राग इल्लोय ना हां. " तो.

" तूं हो रुपयो घे पळोया. आनी तिकीट दी. "

हांवें रुपयो ताच्या बोल्सांत धुकल्लो.

" ना ! ना. तें जांवचें ना. "

अशें म्हणून ताणें तो रूपया म्हज्या बोल्सांत चिड्डीलो आनी बाकीच्यांक तिकीट दिवपाक फुडें गेलो.

हांवें भोंवतणीं नदर माल्ली; लोक मनांतल्या मनांत म्हज्यो केवल्यो बावल्यो करताले ... कुयऽऽ कुयऽऽऽ ! बऱ्यो चोरून विडयो वोट्टाले. मास्तराच्यो बडयो खाल्ल्यो काय ना. शिवाय पाटयेक उरफाटे हुमकळवन...

अितलो अपमान, अितली नामुष्की केन्ना जल्मांत अणभवली ना. फोटकिरे लजेन मान सकल घाली.

तो कंडक्टर सादो भाबडो आसत. ताचो उगडास सारखो नासत. देखून तो म्हाका मित्र समजतालो. पुण हांव तें बाकिच्यांक कशें सांगत रांव ? आनी सांगले तरी तांचो विश्वास कोणाचेर बसत देव जाणां !

कितेंय आसूं म्हजी अशी मानहानी करपी मनशाच्या अेका पैशाच्या लेगीत उपकारांत रावपाची म्हजी तयारी नाशिल्ली. मागीर ताचे सदिच्छेचेर अेका रुपयाचो न्हय, शंभर रुपयांचो प्रवास करूंक मेळळो तरी म्हाका नाकाच ! बसींतल्यान देवतना रुपया ताच्या बोल्सांत घालून चलूंक लागपाचें, म्हजो विचार पक्को जालो.

दुसऱ्या खिणाक अशें दिसलें, जायना कितेंय हावें कोणाक नागोंवक ना. रुपया चलत आयला बोल्सांत; कित्याक सोड ? निदान आयचें च्या-उदक तरी सुटलें. म्हजी मोगाळ नदर बोल्सांतल्या रुपयार गेली. तर तकली वयर काडून तोय छद्मीपणान म्हाका हांसतालो. 'कितें मित्रा, म्हज्या मोहांतल्यान कोण सुटला बाबा ?'

अितलो वेळ लोकूच म्हाका हांसताले. आतां रुपयान फाट धरिल्ली.

म्हजो निश्चेव चड घट जालो. हो रुपया कसोच दवरपाचो ना.

बस पणजेच्या स्टँडार थांबली. हावें रुपया कंडक्टराच्या बोलसांत धुकल्लो आनी चलूंक लागलो.

"आरे हें कितें ? '

अशें म्हणत तो म्हज्या फाटोफाट आयलो आनी रुपया म्हज्या बोलसांत घालून धांवत वचून बशीर चडलो. हांव ताच्याफाटल्यान चार पावलां उडयलीं जायत – अितल्यांत बस सुटली. हांवें राव, राव म्हळें. पुण बस दोळयांआड गेल्ली. हारिल्या सैनिकाप्रमाण हांव रस्त्याचे देगेक उबो रावन पळेतालों.

अेकाद्रें बेवारशी पोर गळ्यांत पडवें तसो तो रुपया म्हाका जड जाल्लो. म्हजो सगलो राग आतां त्या रुपयाचेर गेलो. हो परक्याचो रुपया म्हज्या बोलसांत कित्याक ? हावें ताका बोलसांतल्यान वोडून भायर काडलो, मुठीत धरून चिडुौलो, मुडुीलो आनी आतां ताका भिरकावन दितलों अितल्यांत त्या रुपयान किळांच माल्ली. 'बाब म्हजेर कित्याक तुजो राग ?... हांव तुका नाका जाल्यार भिकाऱ्यांक दीवन उडय. ताचें तरी बरें जायत."

रुपयाची म्हण्णी खरी आशिल्ली. आपल्या भोंवतणीं शेकड्यानीं भिकारी पाच–धा पैशांखातीर लाचारी करता आसतना येदो मोठो रुपया गटारांत शेंवटून दिवप खरेंच पिशेपण आशिल्लें.

हावें हो रुपया भिकाऱ्याक दान केलो जाल्यार ताची अेके वेळेची भाकरी तरी सुटत. शिवाय रुपयाची भीक पळोवन तो आशीर्वादूय दितलो. त्या आशिर्वादाचें पुण्य म्हाका मेळटलें. ह्या जल्मांत ना मेळळें जाल्यार फुडल्या जल्मांत. तशेंच अेक रुपया भिकाऱ्याक दान करपी दानशूर म्हणून फुटपाथावेल्यान वचपी म्हाका केद्या आदरान् पळैतले !

चलतां चलतां अेका भिकाऱ्या लागीं पावलों. बोलसांतल्या रुपयाक हात घालो. आनी तकलेंत विचार आयलो. हो रुपया म्हजो न्हय. जें म्हजें न्हय, तें दान करपाचो म्हका अधिकार ना.

भिकारी म्हज्या तोंडाक आशेन पळयतालो. हातांत येता तें नाणें भिकाऱ्याच्या बाडग्यांत वडोवन फुडें सल्लो.

ज्या रुपयाचो हांव स्वता भोग घेंव शकना. दुसऱ्याक दान दींव शकना, नाश लेगोत करूं शकना, ताचें करपाचें कितें ?

एका व्हडल्या प्रश्नचिन्हाचें वेटोळें म्हाका पडिल्लें. पायांसकलो रस्तो फाटी फाटी पडटालो. अखेरेक येवजलें बसीचो मालक शारांत रावता जायत जाल्यार ताका दिवन मोकळो जांवचें.

चार पावलां चल्लो इतल्यान 'मेनका' नावाची पाटी दिसली. चल सुटलो. एकदांचो कटकटींतल्यान. अशें मनांत म्हणत मेनकाघरांत भितर सल्लों.

भायरूच मेजासरीं एक वाटकुळीच झगेवाली बायल बशिल्ली. हांवें सांगून

उडयलें.

"हांव आतां तुमचे ट्रान्सपोर्ट कंपनीचे बशीर पणजे आयलां."

म्हजीं फुडलीं उतरां आयकुच्यापयलीं उंचेल्या आवाजांत ती 'खी: खी : हासूंक लागली. म्हाका कितें जालें तेंच कळना. थंयच्याथंय शेळेलों.

"आमची त्रांसापॉर्तू ?"

अशें म्हणून तिणें आनी एकदां हांसून घेतलें. हांव तिका पळयत रावलों.

"आरे म्हाका कितें चोयता ? आमगे त्रांसापॉर्त ना; आमी चोलोयता लोंद्री ... लोंद्री !"

"बाय चूक जाली."

हांव लजेल्लें तोंड घेवन थंयच्यान कडसलों. 'मेनका' नावांची ट्रान्सपोर्ट कंपनी शारांत आसल्यार विचारपाचें पुण तेंय भान उल्लें ना.

कोण ही ब्याद : सकाळीं कोणाचें तोंड पळयिल्लें याद जायना. ज्या कामाखातीर पणजे आयिल्लों तें काम झक मारल्लें आनी हें नसतें झेंगट मात चिकटलें. तानेन गळो सुकून गेल्लो.

"एक सोद दी."

गाडेवाल्याक वोर्द सोडली, सोदाचे घोट घेत घेत गाडेवाल्याकडे चवकशी केली.

"या शारांत मेनका ट्रान्सपोर्ट कंपनी बी आसा ?"

गाडेकारान बरेंच माथें बुडुीलें. मानेक अेक दोन हिसके दिले आनीं म्हटलें.

"मेनका ट्रान्सपोर्ट कंपनी ना, पुण मेनका नावाच्या बशीच्या मालकाचो राबितो मात हांव जाणां."

"अशें ? खंय रावता तो ?"

हावें खुशालभरींत जावन प्रस्न केलो.

"बरो पैस आसा. चलून वच्चें पडटलें !"

गाडेकार.

"आसना ? म्हजें गरजेचें काम आसा."

हांव.

मागीर ह्या रस्त्यान नीट वच. पयलो सोडून दावे वटेचो दुसरो रस्तो धर. त्या रस्त्यान मैलभर चलून गेल्याउप्रांत उजवे वटेन अेक चार मजली बिल्डिग आसा. थंय वळून फुडें वचपाचें. मागीर अेक पेट्रोल पंप दिसतलो. त्या पंपा फाटले चाळींत मेनकेचो पात्रांव रावता."

गाडेवाल्याच्या खाणोखुणां प्रमाण रस्तो कापूंक सुरवात केली. तकली वतान तापून गेल्ली. रस्त्यावेल्या गरमेन आंगाक हुलप बसताले. पुण करतलो कितें ? बोल्सांतलो रुपया काळजाक पिनी तोपतालो.

पेत्रोलाच्या पंपाफाटले चाळींत चवकशी केली. तें पळय. तांबड्या रंगाचें दिसता तें घर ! अेका पोरान सांगलें.

आनंदान उडयो मारपी पाडकाभशेन हांव सोंपणा चडून घरांत पावलों, दारार बेल नाशिल्ली. ल्हवू वळून भितर पळेलें. अेक मेज आनी कदेल आशिल्लें. पात्रांवाचो पत्तो नाशिल्लो. बरोच वेळ ताळो खांकाल्लो. दारार टकटक केलें. तसो अेक वोक्ल लायिल्लो किडकिडीत मनीस पँन्टीचे बुतांव लायत लायत भायर आयलो, एकाद्रो तो मोरयेंत वचून आयिल्लो जावंक जाय.

म्हाका पळोवन पळवं नाशिल्ल्यासारखें तो कदेलार बसलो आनी ताणें विडी तोंडात धल्ली.

ताणें आपोवपाची वाट पळय नासतना एकदम वचून ताच्यामुखार उबो रावलों, आनी विचाल्लें –

"मेनका बसीचो मालक तूं ?"

"हय."

ताणें जाप दिली.

"ते बशीर चपट्या गालांचो आनी दावेबटेन खाडकी बावगल्लो कंडक्टर आसा."

"हय; फुडें उलय रे."

म्हाका थांबोवन ताणें म्हळें.

म्हजो शेर्मांव सांगून जाल्या उप्रांत त्या किडकिडीत मनशान तकली वयर करून दाट भिगा आड आशिल्ले दोळे म्हजेर लायले. दोन तेजस्वी बॅटरे दिव्यांचो उजवाड म्हज्या तोंडार पडचो तसो हांव दिपकलों. हो कोण विचित्र प्राणी असो भाव तोंडार हाडून ताणें म्हळें –

"आरे सामको पिसो मरे तूं. रुपयार इतलो उदार जाला ? व्होडलो श्रीमंत जालो तरी लेगीत रस्त्यावेले घाणींत धा पैशांचें नाणें पडिल्लें दिसल्यार तें उखलून बोल्सांत वडयता ..."

"तांतूतलो हांव न्हय. म्हाका दुसऱ्याचो पैसो नाका. देखून हांव मुद्दाम आयलां."

"सॉरी ! म्हज्यान हो रुपया घेंव नज."

"कित्याक ?"

"त्या कंडक्टरान आपल्या अेका मनशाक फुकट व्हरपाहाडपाचो हावें कोंत्रादूच केला. ताणें आमचो विश्वास पेड्डचार केल्लो ना.

"पुण हांव ताचो कोणूच न्हय."

"तें तूं आनी तो पळोवन घेयांत."

पात्रांव.

पात्रांवाचो निकाल आयकून मेजार दवरिल्लो रुपया बोल्सांत घालो आनी जड पावलांनी परतीचो मार्ग धल्लो.

ज्या रुपयाचो भोग घेंवक येना. दान करूंक मेळना. नाश जांव शकना. असो अेक रुपया म्हज्या लागों आशिल्लो. ज्याणें म्हजो सगलो आनंद गिळून वडयलो. म्हाका वणवण भटकूंक लायिल्लो.

हेरवीं पैशाखातीर मनीस मनशाचो गळो घोटून रक्त पिता. पुण हो संबंध रुपया नाका जाल्लो. म्हाका, कंडक्टराक, बसीच्या पात्रावांक.

तकली कणकणूंक लागली. आशिल्लें तें काम सोडून घरा वचपाक परतलों.

स्टँडार बस उबी आशिल्ली; म्हाड्डोळ, फोंणें, बोरी. मडगांव. एक पोर आड्डतालो.

हांवें विचाल्लें,

"खंची रे बस ?"

"ती पळय. मेनका. पोपटी रंगाची."

पोर.

मेनका ... एकाकी शेणिल्ली मोलादीक वस्तू अकस्मात मेळची तशें म्हाका जालें. धांवतूच वचून बशीर चडलो. बरें जालें. आतां एकदम दोन रुपया दिवपाचे. एक येतनाचो आनी एक वतनाचो मनांत म्हळें.

पॅसींजर चडटाले. बस भरत आयली. पुण कंडक्टराचो पत्तो नाशिल्लो, पोलिसान पिल्लूक फुंकली. आनी तितल्यांत तोच कंडक्टर भितर आयलो. चेपटचा गालांचो, दावेवशीं खाडकी बावगल्लो.

बस सुटली. तो तिकिटां दीत म्हजेसरीं पावलो. म्हाका पळोवन मुमुरखो हांसलो... आनी तिकिट दिनासतना फुडें गेलो.

हांव वोगीच रावलो. वोगीच बसींत आमचें नाटक कित्याक ... देंवल्या-उपरात पैशे ताच्या बोल्सांत घालपाचें आनी मोन्यानी चलूक लागपाचें. परत तो म्हज्या बोलसांत घालूंक आयलो तर घेवपाचे ना म्हणजे ना.

बस म्हाड्डोळच्या चौकांत उबी जाली. सगले पॅसींजर देंवल्याउपरांत निमाणो हांव देंवलों. दाराभायर कंडक्टर उबो आशिल्लो. हावें जमनीक पाय लागनाफुडें हातातल्यो दोन रुपयांच्यो नोटी ताच्या बुशकोटाच्या बोल्सांत चिड्डून सोडल्यो. पुण सामको त्याच खिणाक त्या महाभागान आपल्या पँटीच्या बोल्सांतल्यान एक नोट काडून म्हज्या बोल्सांत दामली. जणूं कितें हांव कितें करतलो तें त्या कंडक्टरान पयलींच वळखून दवल्लेलें.

हांव ताची नोट ताच्या आंगार भिरकोन मारपाखातीर भायर काडटालो, अितल्यांत ताणें पिल्लूक माल्ली आनी बसीन एकदम वेग घेतलो.
हांव चार पावलां तिच्या फाटल्यान धांवलों. पुण बस म्हज्यापासून बरीच फुडें गेल्ली दारांत कंडक्टर उबो रावन वळून म्हाकाच पळयतालो. 'बाय्... बाय्' करतालो. ताची दावेवटेन बावगल्ली खाडकी चडूच वांकडी दिसताली.

बस दोळ्यांआड जाली, तशें म्हजें लक्ष हातांतले नोटेर गेलें. ती नोट धा रुपयांची आशिल्ली. हावें कपलार हात मारून घेतलो.

※※※

२१. □

आंबे आनी मोग

आनी ताणी तिगांनीय अेकले निलूचेर मोग करपाचो थाराव पास केलो.

गांववस्तीसान पयस शेताचे बांदावेले खोपींत आज बसका भरील्ली. खोपींत ते तिगूय कोंडाळें करून बशिल्ले. तांच्या दर अेकल्याच्या हातांत जळटी विडी आशिल्ली. त्या विडयांच्या धुंवरान खिणांत खोपींतलें वातावरण धुंवरमय जातालें तर खिणांत नितळ जातालें. अशा वातावरणांत 'निलूचेर मोग' ह्या, विषयाचेर तांची चर्चा चालू आशिल्ली.

"चलात. आतां फाटीफुडें येवजण ना. मोग निलुचेरूच करपाचो."

बाळून विडयेचें शेवट खोंपी भायर भिरकायत म्हळें.

बाळू त्या तिगांय मजगतीं अिल्लो जड्डोसो. नाकासकल काळसाण निकतीच अुदेल्ली. तोंडार मुंबर रोयणीर रुजिल्ल्या अळम्यांवरी. त्या मानान नानू मात्सो हाडकुटो. ताच्या हाडकुटया देहाच्या मानान तकली मात्शी मोठींच. अेकादे बडयेर अुमथो बुडकुलो. आनी केसांचें रान अिचारूं नाका. हांच्या दोगांय परस विसू मात्सो दिसपाक बरो. अुलोवपूय म्होंवाळ. आंब्याच्या रोसाभशेन. गांवच्या चलयांकडेन वळखी भरपूर. देखूनूच आयचे बसकेची यजमानकेची माळ ताच्या गळयांत पडिल्ली.

तशीं कितें ही तांची पयलीच बसका न्हय. हाचे आदीय ते खोपींत अशोच

जायत्यो बसका जाल्ल्यो. वाड्यावेले दर एके चलयेसंबंदान बारीकसाणेन चर्चा जाल्ली... पुणून मोग करपाक सोयिस्कर असो अंकूय जागो तांकां सांपडूं नाशिल्लो. निमाणें अेक दीस बाळून अुबगून म्हळे –

"हे अवदशेन–नानून जर ती गजाल आमचे तकलेंत भरूं नाशिल्ली जाल्यार आमी ह्या फंदांतूच पडचे नाशिल्ले."

आनी ती गजालूय खरी. कारण नानून जर त्या दिसा आपल्या दोळयांनीं पळयल्या दृश्याची वर्णनां बाळू-विसू हांच्या मूखार करूं नाशिल्लीं जाल्यार मोग हें खंच्या रुखाचें फळ हें तांकां येवजुचें पडटलें आशिल्लें.

अेक दीस बाळू आनी विसू शेताची राखण करपाक खोपींत बसल्या आसतना नानून ती गजाल हाडली. सामक्यो बोबो मारीत.

"अिष्टांनो, अेकदम खूब खूब सुंदर गजाल. नाटक सिनेमांत पळोवंक मेळना असली. - "

नानून सुरवात केली.

"सांग तर बेगीन."

बाळूची उत्सुकता जागी जाली.

"आरे कितें सांगूं तुमकां ... वसंताक सूंदऱ्याचेर मोग करतना ह्या दोन दोळयांनी पळयलो."

नानून नाटकी अभिनय करीत म्हळें.

"आरे पुण मोग म्हणचे ?"

विसून विचाल्लें.

"हॅः ! यंडो खंयचो! "

नानून मानेक हिसको दित म्हळें. आनी ताच्याच वांगडा ताच्या तकलेवेले केसांचें रान दोळयांर देंवलें. ते हातान फाटीं सारीत नानू उलयलो,

"आरे जनावरांक, सुकण्यांक लेगीत मोग म्हणचे कितें तें कळटा आनी मनशा-सारखे मनीस तुमी फुकट अितले व्हड जावन."

नानूच्या ह्या थोमण्यान बाळू- विसू खरेलेच शेळेले. आमच्यांत कितें तरी कमी आसा म्हणपाची जाणविकाय तांच्या काळजाक तोपून गेली.

"नानू, तुवें कितें पळयलां तें खरेलेंच सांगून वडय एकदांचें."

विसून शरणागत प्रार्थना केली.

"हय नानू."

बाळून आपलो जड्डो देह सांवरीत विसूक पालव दिलो.

त्या दोगांय मुखार अुब्या आशिल्ल्या नानून मागीर ज्ञेतान सांगपाक सुरवात केली.

" आरे, कितें सांगूं इश्टांनो, काल आमोरेवेळी, मनशाक मनीस दिसता न दिसता अशा वेळावेली गजाल. आमच्या अेका शेंगिल्ल्या पाडकाक सोदपाक हांव कुळागरांन गेल्लों. थंय अेके ठांय सरसरता म्हण फुडें वचून पळय जाल्यार चूट्टांचे माचयेर वसंत-सुंदऱ्याची जोडी. सामकीं अेकामेकांक वेंगेंत घेतिल्ले अवस्थेंत ... "

आनी मागीर नानून आपणे पळयिल्ल्या दृश्याचें रोसाळ वर्णन बाळू विसूच्या कानार घालें. नानूचे गजाली वांगडा ते तिगूय आज एका वेगळयाच राज्यांत अुडत गेले. त्या राज्यांतली दरएक गजाल तांकां अजाप करतालीं. कितलो तरी वेळ ते तिगूय कितें तरी येवजीत कांयच उलय नासतना एकमेकांक पळयतच रावले.

" कितेंय आसूं; पुण ही गजाल पळयत पासून आमचेय जिणेंत अशें कितेंय तरी घडून येवंचें अशें एकसारखें दिसूंक लागलां "

नानू उलयलो.

" खरें आसा तुजें नानू. "

बाळून घोगऱ्या आवाजांत म्हळें.

" आरे इश्टांनो, अशो गजाली घडून येवंक जाय अशें म्हळें म्हण थोडयोच घडून येतात. त्या खातीर प्रयत्न करूंक जाय. "

विसून गंभीरतायेन सांगलें.

" कसले प्रयत्न ... ? हांव तर मांडी ठोकून तपश्चर्या करपाक लेगीत तयार आसां. "

नानू.

" आरे तपश्चर्येन असलीं कामां जातात ? ताका जाय म्हज्या सारको धटिंगण बेधडक विचारपी. "

बाळू.

" पिशांनो, तपश्चर्या वो धटिंगणपणां करून असलीं कामां जावपाचे दिस फाटीं पडले. ताका जाय लाडीगोडी. "

विसू.

" मागीर तूंच घे मरे मात्शें मनार. "

" तुका बरें जमतलें तें – "

" आरे पुण – ? "

" तें कांय ना; तुका करचेंच पडटलें – "

" करीन. पुण अनवळखी वाठार ... भंय दिसता. "

" भियों नाका. आमी आसात धीराक. "

विसून विडी पेटयली. दोन झुरके नेटान मारले आनी ताणें म्हळें –

" बरें आसा. पावलें म्हजेर ! "

त्या दिसा सावन बांदावेले ते खोपींत तिगांच्योय गुप्त बसका सुरू जाल्यो . . मोगाच्या अुतरांचो वसंत ते खोपींत फुल्लो. गावांतल्या आंकवार चलयांच्या देह वर्णनाचीं कवनां सुरू जालीं. भावी कल्पनांचे खेळ तांणीं मांडले; पुण –

कितले दिस जाले उदरगतीचें पावल फुडें पड नासलें. दर दिसा अेक दोन चलयांक भेटपाचें अुतर विसून दिवपाचे, आनी दुसऱ्या दिसा त्या चलयांक भेट घेवप जावं तांवेकडेन अुतर घालप कितलें धोक्याचें आसा ताची ताणें फोडणिशी करपाची. आनी मागीर परतून दुसऱ्या खंच्याय तरी चलयांची निवड करपाची अशें सत्र चालू आशिल्लें. अखेरेक अेक दिस अुबगून बाळून म्हळें –

" आरे विसू तूं 'बें' तरी म्हण. मागीर हांव पळय बेधडक कशी गाडी सोट्टां तो."

" पुण तुजो बेधडकपणा आमकां नडलो जाल्यार क्रेडिट खलास जावचें ना आमचें ? "

विसून प्रस्न केलो.

" हय रे. गावांतल्यो सगल्यो चलयो म्हाताऱ्यो जाय मेरेन तूं हेंच सांगतलो."

बाळू.

" छे ! खूप दीस जाले पुण आतां कितेंय तरी सोक्ष मोक्ष लावंक जाय ... जाता कांय ना ताचो. ! "

नानू

आनी निमाणे विसून अेकदांची आपली असमर्थता अुकती केली.

" कितें सांगूं अिश्टांनो, फाटल्या काय दिसांसान म्हजी चमत्कारिक अवस्था जाल्या. खंयचेय चलयेकडेन दृष्टादृष्ट जाली म्हणजे काळीज धडधडूं लागता ... अुलोवंक गेल्यार ताळो सुकून येता ... चलूंक लागल्यार पांय भरून येतात- कितें करूं हांव ? "

विसून काकुळटेन पळयत विचाल्लें.

नाटकाचो हिरोच नर्व्हस आलो जाल्यार कितें करप ? नाटक सोडून दिवप ? छे .. छे ... ! केन्ना केन्ना नव्या हिरोओनीफुडें हिरो नर्व्हस जाता पुण संवकळीची हिरोओन आसत जाल्यार ? नानू येवजितालो. आनी त्याच वेळार तांच्या दोळ्यां मुखार आयलें निलू... आंकवार... सादें भोळें. विसुच्या सामकें संवकळीचें.

" आरे विसू, निलू कशें आसा ? "

नानून विचाल्लें.

" हय रे बाबा."

बाळून ताळी मारून खोस परगटायली.

" सद्दां तुगेर दूद व्हरपाक येता." नानू.

"पुण अेकां पानार तीग कशे जेवतले ?"

विसूचो प्रश्न.

"तांतूत किते ? द्रौपदीन करूं ना पांच पांडवांचेर मोग ? आमी तर फक्त तिगूच."

नानूचें मत.

"आरे, पुण निलू म्हणचे किते द्रौपदी, काय आमी म्हणचे पांडव ?"

विसू.

"अे विसू, तूं फातर तर मारून पळय. लागलो जाल्यार आमचें भाग्य अुदेत. लागलो ना जाल्यार फातर फुकट वचत."

बाळू.

"बरें आसा; निलूक हांव जाय तेन्ना हांगा आफयता"

विसू.

"हें पळय. दीस मात काडूं नाका."

नानून विनयलें.

"मागीर थाल्लें ? मोग निलूचेर करपाचो ?"

बाळून विचाल्लें.

"हय."

विसून हात वयर करून जाहीर केलें.

आनी त्या तिगांयनीं आपल्या अंतस्करणांत निलूदेवतेची मूर्त स्थापन केली.

"आमची ही देवता तीन-चार दिसां भीतर हे खोपींत येवंक जाय हां विसू."

नानून सांगलें.

"आरे डुबाव ना. आरे तें अितलें मानता म्हाका. हावें अुतर घालपाचीच फुरसत. यश हात जोडून अुबें आसा."

विसून आश्वासन दिलें आनी ताचेर नानू-बाळूची मुखामळां अुमेदीन अुजळून गेलीं.

"सांगात आमची ही देवता हांगा आयल्या अुप्रांत तुमी तिची पूजा कशी बांदतले ?"

विसून विचाल्लें.

"आरे पूजा कसली बांदपाचो ? ती किते मंगळागवर काय सत्य नारायग ?"

नानून हांसत म्हळें.

"आरे तशें न्हय; पुण तिच्या स्वागताक पार्टी बी कितेंय नाका करपाक ? निलू सामकें खूश जावंक जाय आमचेर !"

विसून सांगलें.

"हय. पुण निलूक कितें मानता ?"

बाळू.

"आंबे."

विसू.

"जमलें तर. आमगेर पिकून तयार आसात. हांव हाट्टां खोंटलो भर."

नानू.

"आरे खोटलोभर कित्याक ?"

विसू.

"म्हणजे आमी कितें तोंडा पळोवपाक्नें निलूच्या ?"

नानू.

"तेंय खरें; आरे, पुण निलूक हांगा आपोवपाक कारण कितें सांगतलो ?"

विसू.

"सांग आंब्यां-समराधना आसा म्हुण."

बाळू.

"समराधाना न्हय; पार्टी !"

नानू.

"बरोबर. चुकलें म्हजें आनी सांगून वडय तुजेभशेन खूब चलयांक आनी चलयांकूय आमी आपोवणें केलां म्हुण."

बाळूची आयडिया.

"म्हणचे हांव फट अुलोवं ?"

विसूचो प्रस्न.

"मोगाच्या राज्यांत क्षमा आसा ताका."

नानू.

"आनी एकदां निलू प्रसन्न जालें म्हणचे मागीर कोण अुलयता फट ?"

बाळू.

"सामकें थाल्लें तर ! मोग निलूचेर करपाचो."

तिगानींय एका सूरांत म्हळें आनी माकडावरी अुडक्यो मारीत ते तिगूय वेगवेगळ्या वाटांनी आपल्या घरा परतले.

हे गजाली अुप्रांत विसून निलूक जेन्ना बारीकसाणेन निरखिलें तेन्ना तें ताका आदल्यापरस कितलेंशेंच देखणें दिसूंक लागलें. आंकवारपणाचे शिमेर तें अुबें आशिल्लें. ताच्या देहाचेर वसंतऋतु फुलिल्लो... ताका पळयनाफुडें विसूच्या मनांतलें कोगूळ गावंक लागलें.

"निलू."

मोगाळ सुरांत विसून अुलो केलो.

"अं."

निलून तिरपे नदरेन विसूकडेन पळयत जाप दिली.

"आमचेर रागार ?"

विसूचो आवाज घोगरोसो जालो. आनी काळजाचे ठोके मात्शे जलद पडूंक लागले.

"राग कित्याक ?"

निलून म्हळें. आनी तें विसूच्या तोंडाक पळयतूच रावलें. केन्ना न विचारपी विसू आज आपल्याकडेन अितली आपुलकाय कित्याक दाखयता हाचें ताका अजाप दिसलें जावंये ! निलूचे नदरे तिरान विसू गोंदळ्ळो; घुस्पलो, फुडें कितें अुलोवंचें हाचें भानूच ताका जालें ना. ताचे जिबेर अेकूच अुतर आयलें.

"निलू."

ताचे हे अवस्थेक निलू मनांतल्यान हांसतालें. असोच कांय वेळ गेलो. विसूची आवय दूद घेवन भायर आयली. निलू दूद घेवन परतलें, आपले तिरपे नदरेन विसूक घायाळ करीत.

विसू आपल्याचेरूच फडफडलो. अेक हाताची संद गेली. आयुष्यांतलो अेक भांगरादीस चोवीस वरांनी फुडें गेल्लो.

विसून जेन्ना ही गजाल आपल्या अिश्टांफुडें मांडली तेन्ना तांणी अुलोवण्यांचो मारो करून विसूक सामकोच जाम केलो.

"कितें रे पापया विसू तूं. सदांचे निलूफुडें तूं अितलो आबूज जाता ?"

बाळून प्रस्न केलो.

"अुलोवं नाका आतां; फाल्यां जर हांवें निलूक आपोवणें दिलें ना जाल्यार मिशी काडून तुमच्या –"

विसून निकत्योच किल्लूंक आयिल्ल्या मिशांक पीळ दित नेट दाखयलो.

"पळोवया आतां तुजी बढ़ाय."

नानून म्हळें. दुसरो दीस आयलो आनी गेलो.

आनीकूय कांय दीस फाटीं पडले. नानूच्या माळ्यावेले आंबे सोंपत आयिल्ले. पुण निलूक अजून विसूकडल्यान आपोवणें दिवपाचें काम जायनाशिल्ले. म्हणजे तशें धाडसूच नाशिल्लें ताका ...

आंबे खावपाक खोंपीर यो अशें निलूक म्हणप सोपें आशिल्लें ; पुण जर ताणें मागणी झिडकारून आवय-बापायक खबर दिली जाल्यार ? परिणामाक शीममेर नाशिल्ली.

निलूचो बापूय म्हणचे एक म्हारू कसो. धरिल्ली फाट जल्मभर सोडपी न्हय . ताका जर ही गजाल कळत जाल्यार तो आपलीं हाडां खिळखिळीं केल्याबगर रावचोना. आनी हें येवजनाफुडें आपुण आपल्या अिष्टांक वोगीज अुतर दिवन

बसलों अशें ताका दिसलें.

"विसू, तुजी पावर कळळी आंतां तूं 'बें' म्हण ... हांव फाल्यां हाट्टां निलूक खोपीर."

नानून म्हळें.

"म्हणचे कितें करतलो तूं ?

विसूचो प्रस्न.

"तें आतां विचारूं नाका."

अशें म्हणून नानू तडक खोपींतल्यान भायर सल्लो:

सांजेच ताणें खोपीर गोड खबर हाडली. निलू फाल्यां हांगा येता. सामकें अेकलें.

विसूक हें बंडलशेंच दिसलें. पुण सगली खबर कळळी तसो ताणें कपलार हात मारून घेतलो. नानून फक्त विसूचो रकाद दिल्लो निलूक - तुका विसून फाल्यां खोंपीर आंबे खावपाक आपयलां असो.

विसूच्या दोळ्यांमुखार काळोख चिरीत अेक व्यक्ति ताचेकडेन येताली तो निलूचो बापूय आशिल्लो ... ताज्या हातांत अेक व्हडलो दांडो आशिल्लो ... ताचे दोळे तिडकीन तांबडे जाल्ले. तो म्हणटालो – आपले चलयेक फुसलावन तुमी तिची वाट लावपाचें थारायलां ? पुण हांव तुमकां तिगांकूय हे खोपींत धापून अुजोच लावन वडयता.

"आरे नानू, निलून तुका येतां म्हळां."

बाळून खुशाल जावन सांगले.

"हय."

नानून जाप दिली.

"आरे विसू, तूं असो काचाबूल जावन कितें येवजिता ?

बाळून विसूक कोपोर मारीत म्हळें.

"विसूबाब, कितें जालां तुजें ?"

नानू.

"कर्म म्हजें. पोरा घात केलो तुवें म्हजो !"

विसू कडकडलो.

आमोरेचेर विसून भियेभियेतूच घरांत पावल दवल्लें. सगल्यांचे कारभार सदां भशेनूच चालू आशिल्ले. अेकाद्री ती गजाल निलून वाऱ्यार घाली जातली आनी आपल्या घराचेर गाळीफस्तींचो पावस पड्टलो अशी ताणें समजूत केल्ली; ती फट जाली. निलूचो बापूयूच विसूच्या दारा मुखावेले वाटेन एकदां आयलो आनी गेलो. पुण ताणें विसूकडेन पळयलें लेगीत ना. विसूचो जीव धादोस जालो.

दुसऱ्या दिसा जेन्ना निलू दूद व्हरपाक आयलें तेन्ना ताणें विसू कडेन

तिरपे नदरेन पळयत गोड हांशें केलें. जणूं तें म्हणटालें –

" विसू, तूं फुडें सर; हांव आयलेंच फाटल्यान. "

निलू यंतलें म्हण आज खोंप कोयर-कचरो काडून निवळ केल्ली. दारांत आंब्यापानांचें तोर्न बांदचे अशें बाळून सुचयलें... पुण नानूक तें मानलें ना. खोंपीच्या मदल्या भागाक एका हातरपाटयाचेर दवल्लेला पिक्या आंब्यांचो खोटलो निलुची वाट पळयतालो.

" निलू आयलें. "

चिड्डुल्ल्या सुरांत नानून शेताच्या बांदावशीं बोट करीत म्हळें; आनी मागीर बाळू – विसूच्यो नदरोय ते दिशेन घुंवल्यो.

खरेंच निलू येतालें. ताणें गुलाबी पोलको आनी त्याच रंगाचो स्कर्ट घातिल्लो. कमरेंत बागवत आनी मान मोडीत ताचीं पावलां ताकतिकेंन खोंपीवशी पडटालीं.

निलून खोपींत पावल दवरलें तसो मोठे खोशयेन त्या तिगांनीय ताका येवकार दिलो.

खूब दिसांचें अेक सपन खरें जाल्लें. निलू त्या तिगांयमदीं बशिल्लें. अुलैतालें हांसतालें. मौज-मस्करी करतालें. आनी आंबेय खातालें, दुबावाविरयत. एकाच वेळार तीन धोरकावळयांच्यो नदरो आपल्या निष्पाप देहाचेर झोंपय घालपाक आशेल्यात हाची ताका कल्पनाय नासली.

अेकेक खीण फाटीं पडटालो. ते तिगूय अेकामेकाक दोळयांनीं खुणायताले. ल्हवूच चिमटे घेताले. अुलोवपाक फाटीं फुडें जाताले. आंबे सोंपत येताले. अखेरेक बाळून तोंड अुगडलें.

" जाणा मगो निलू, तूं आमचें अेक काम करशी ? "

" कसलें काम ? "

" आमचेर मोग करपाचें. "

नानून म्हळें.

" मोग म्हणचें रे कितें ? "

निलून हातांतलो काथो चोखपाचें थांबोवन तिरपे नदरेन पळयत विचाल्लें.

" हांव सांगूं मोग म्हणचे कितें तें ? "

नानून विचाल्लें आनी त्याच खिणाक ताणें आपल्या हाताचो विळखो निलूचे फाटी भोंवतणीं घालो.

विजेचो शॉक बसचो तशें निलू अुठलें. तिडकीन ताच्या दोळयांतल्यान इंगळे भांयर पडटाले. ताचे ओंठ थरथरताले. ताणें तिडकून विचाल्लें,

" घातक्यांनो आंब्यांचें हांयस दाखोवन तुमी म्हजें सावज मारूंक रावल्यात ? हांव कोण गांवावेलें फुलगें समजले तुमी ? आनी विसू, तुजो रकाद म्हण आयलें

हांव. पुण तूंय अितलो x x x x आसशी अशी कल्पना नाशिल्ली म्हाका. ”

निलूच्या अुतरांच्या मान्यान ते तिगूय शेळेले. तांकां अुलोवपाक अुतरूच फुटना जालें. निलून अुलैतां-अुलैतां थंयच्यो आंब्या साली आनी काथे काडले आनी त्या तिगांयच्या तोंडार शेवटून माल्ले आनी ताणें तडक घराची वाट धल्ली.

जणूं कितें ती खोंप कोंसळील्ली ... आनी तिचे सकल विसू, बाळू आनी नानू तिगूय चिड्डून गेल्ले... आंबे सोंपिल्ले... मोग पयस वतालो.

※※※

२२.

निकाल

गाडी स्टेशनार थांबली.

हांव हँडबेग घेवन गाडयेंतल्यान सकल देंवलों आनी स्टेशनाभायर आयलों. बसस्टॉप लागींच आशिल्लो. हावें चवकशी केली. म्हाका जाय आशिल्ली बस निकतीच सुटिल्ली. उपरांतची सुटपाक अर्द वर आशिल्लें.

म्हजे जिणेंत अशें बऱ्याच वेळा घडलां. सगलो प्रवास सुरळीत पार पडटा आनी निमाणे कडेन कितेंय तरी आडमेळे अुबे रावन फुडलो सगलोच बेत विस्कट्टा. आतांय तेंच जालें ... आसूं अर्दा वराची खबर. हेवटेन तेवटेन करतना रोकडे सोपतलें.

हांव कुशीच्या हॉटेलांत गेलो. थंडगार लिंबू सोद घेतलें. वैल्यान सिगार आनी पानपट्टी चाबीत बशीचो वाट पळोवपाखातीर स्टँडार येवन अुबो रावलों.

स्टँडार खूबच गर्दी आशिल्ली. पुण वळखीचो असो एक्कय मनीस नाशिल्लो. म्हजे कुशीक अेक चली आशिल्ली. म्हजी सहज तिचेर नदर गेली. तशी ती काचाबूल जाली. उपरांत तिणे म्हज्या मुखावल्यान अेक दोनदा पासयो मारल्यो आनी ती खंय नाच जाली.

म्हज्या मुखार दोन रस्ते आशिल्ले. अेक व्हडलीं व्हडली मोड्णां घेवन दोंगराफाटल्यान नाच जाल्लो आनी दुसरो लांबच्या लांब नदर पावना अितलो पयस गेल्लो. कोण जाणा म्हजी बस खंयच्या रस्त्यान वचपाची ? सगलोच

अनवळखी वाठार. अनवळखी वाट !

ज्या मुक्कामार म्हाका पावपाचें आशिल्ले थंयचो पत्तो एकदां बोल्सांतल्यान काडून वाचून पळयलो. त्या उपरांत सखारामाची चीट. आनीक एकदां सगली वाचून काडली. आतांमेरेन ही चीट हांवे कितले फावटीं वाचिल्ली देव जाणा ! पुण तरी लेगीत दर खेपेक म्हगेली कितेतरी शेंणिल्ली वस्त परती म्हजेकडेन येता म्हणपाचो भास जातालो. ते चिटयेनूच फाटल्या कांय दिसांत म्हजे रुक्ष – अुजाड जिणेंत अेक नवो आशेचो आंकुर निर्माण केल्लो.

कितें नशीब पळयात ? खंयचीय वस्त मेळयतलो म्हण धडपडचें जाल्यार हाताक कांयच लागना आनी जें मनीमानशीं नासता, तें अकस्मात वाऱ्याच्या पावलांनीं चलून येता. म्हजेंय तेच जालें.

संवसार अैन रंगार येवपाक भरिल्ल्या घरातल्यांन घरकान्न अर्ध्यारूच संसाराचो डाव सोडून गेली. फाटल्यान दोगां भुरग्यांची ठेव म्हजे सुवादीन करून. ती ठेव सांभाळपाक दुसरें मनीस तरी आसा ?

सगलोच गुपाट काळोख. आशेचें किरण ना. भुरग्यांनी दोन म्हयने आवयची याद काडून जीव विटयलो. भुरगींच तीं ! व्हडलो तीन वर्साचो प्रदीप आनी फाटलें देड वर्साचें शम्मी. समजूत तरी कशी घालपाची ? केन्ना प्रसंगूच ना. त्याशिवाय तांचे न्हावप, धुवप, भरोवप, बोंब पाजप –

कितें करतलो ? नशीब कोणाक चुकलां ? आपलीं म्हण करचेंच पडटा. दुसरे कोणूय आपुणसो थोडोच फुडें येता ? आनी एकादें आवयचे मायेन भुरग्यांक लागीं करपी मनीस हाडूं म्हळें तरी तें जमूं नाका ? लोक नांवां दवरतलें ताचे कितें ? कितेंय जावं, पुण आपणे त्याविशीं प्रयत्न करप ना. हांवें थारायलें.

पुण आपुण कितलोय वोगी रांवं म्हळें म्हणून भोंवतणचो संवसार ओगी बसूंक दितां थोडोच ! तांच्यो राटावळी तर दिसरात चालूच आसतात.

त्या दिसा हांव शम्मीक पांयार बसोवन बोमान दूद पाजतालों. कुशीक प्रदीप कोर्दीचें माजर घेवन खेळटालो. आनी अितल्यांन म्हजो अेक पोरणो मित्र – सखाराम 'दत्त' म्हुण दारांत अुबो !

"आरे प्रभा, हें किंतें ? तूं आपुणूच करता भुरग्र्यांचे ? त्या परस अेकाद्री बाई कित्याक दवरिना ?"

सखारामान विचाल्लें.

"बाई ?"

हांव तांका पळयतूच रावलों.

"तांतूत कितें ? भिता कित्याक असो ?"

"तशें न्हयरे पुण लोकचार आसा न्हय ? आपुण कितलोय अनवांळो रावलो तरी लोक नावां दवरपाचे रावतात ?"

" मागीर तशें जाल्यार लग्नूच करुन वडय. "

" आरे, तुका कितें पिशें लागला काय कितें ? लग्न करप म्हणजे रुयेची खांदी हाडून तिच्या वांगडा पाट लावपा अितलें सोपे आसा काय कितें ? "

" हें पळय प्रभा, तुजी तयारी आसा जाल्यार फुडलें म्हजेर पावलें – "

आनी निमाणें म्हज्या आड्यावेड्यांक जुमानिनासतना तो म्हजो फोटू घेवन गेलोच आनी म्हयन्याभितर ताची म्हाका ही चीट.

" हावें तुज्याखातीर एक चली पळयल्या. गरिबाची आसा. पुण खऱ्यानीच सुंदर आसा. हांवें तुजी सगली खरी परिस्थिती सांगल्या. आतां फुडें तुजेच पसंतीचेर अवलंबून. रोकडो यो. "

हांवेंय रोकडीच चिटीची जाप धाडून प्रयाण काडलें.

" मिस्टर, तुमी येदोळ चौकशी करताले ती बस आयली. "

अेका पोरान म्हज्यामुखार येंवन सांगलें.

हांव बॅग अुखलून बेगबेगी बशींत येवन बसलों.

म्हज्या फाटोफाट ती होदळची चली बशींत चडली. सगळया सिटांचेर नजर मालल्या उपरांत तिणें म्हजे कुशिची सीट पसंत केली.

बस प्रवासाक लागली. अेका फाटल्यान अेकेक गांवां फाटीं पडूंक लागलीं. धुल्लान माखिल्लीं आनी राकट तोंडाच्या मनशांनीं गजबजलेलो स्टॉप आयलो म्हणजे बस थांबताली. मनशां चट्टालीं-देंवतालीं. अनवळखी भास. अनवळखी प्रदेश बसींत जीव घुसमटतालो. हांवें वोगींच कडे-कुशीन पळयलें.

ती होदळची चली दुबावान म्हजेकडे पळयताली. अेक दोनदा तिणे म्हजेकडेन अुलोवपाचो यत्नूय केलो. पुण तिचो तो यत्न वोठातूच विरजलो. म्हांकाय अेकमुळेपणाचो वीट आयिल्लो. तिचो सकोंच नां करपाच्या हेतान हांवें विचाल्लें –

" खंय वतां तू ? "

" मंगळुरा. "

तिणें मंगळूरी कोंकणीत जाप दिली.

" तुमी गोंयच्यान आयल्यात ? "

तिणें विचाल्लें.

" तुका कशें कळ्ळें ? "

" तुमच्या भाशेवेल्यान ! "

" बरीच हुशार बाबा तुमी मंगळुरी मनशां ? "

म्हज्या ह्या अुतराचेर तीं गोड हांसली. आनी त्याच वांगडा तिच्या चेऱ्याचेर खोशयेची आनी अभिमानाची झांक फांकली.

येदोळ आमच्या मदली संकोचाचो वणत नाच्च जाल्ली. वतां वतां कितल्याच

विशयांचेर आमचीं उलोवणी जालीं. गोंयची सैम, भाशा, देवळां, शारां, गोंयकारांची राहाणी, सगळें कितें. येवं नाशिल्लो तो लग्न आनी मोग हो विशय. आनी येवपूय शक्य नासलो. कारण तिच्या म्हज्या मदीं आशिल्लें वयाचें अंतर. म्हज्या अदमासाप्रमाण ती अुण्यांत अुणी पंदरा वर्सांनीं म्हज्यापरस ल्हान जावंये.

अकस्मात आमचे बशीन ब्रेक लायले. मुखार रस्त्यार आडवें पडिल्लें अेक झाड कापून कुशीन वडोवपाचें काम चलिल्लें. पुराय काम सोपूंक वरभर तरी लागतलें जांवये.

हांव बशींतल्यान देंवन रस्त्याचे कडेन पासयो मारूंक लागलों. ती चली म्हज्या फाटल्यान फाटल्यान चलताली. हांव थंयच अेका खडपार बसलों. ती चलीय म्हजे कुशीन कांय अंतरार बसली. आमच्यो गजाली परत्यो सुरु जाल्यो.

आतां गजालीनीं वेगळें वळण घेतिल्लें. तिचे खासकी जिणेंत आतां तांचो प्रवेश जाल्लो. ती चली बरीच भावनावश आशिल्ली जांवये. कारण आपली एकेक काणी सांगतना तिच्या दोळयांतल्यान दुखां व्हांवताली.

दोन वर्सांपयलीं तिचें लग्न जालें. लग्न कसलें तिच्या वैवाहिक जिणेची होळीच आशिल्ली ती ! तिच्या गरीब बापायन हुंडचा शिवाय मेळिल्ले स्थळ म्हण अेका कुळाच्या नशिबाकडे तिच्या नशिबाची गांठ माल्ली. आपले दोळे अुकते आसतना चलयेक अुजवन काडली हे खोशयेंत आसतनाच ताणें कायमचे डोळे धांपून घेतले.

जाची घरकान्न जावपाचे नशिबांत आशिल्लें, तांचे पयलीं बायलेचे दोन भुरगे आशिल्ले. घोव म्हणजे तर दम्याचें घर ! दर्यांक भरती येंवची तशें दर म्हयन्याआड ताचें हुडडें भरून येतालें. तीन तीन दीस तो हांतुणार पडून अुरतालो. छाती म्हणचे कसो दीसभर दम्याचो फस्फस् ! घोव आनी भुरगीं हांची सेवा करपांतूच तिचो वेळ सोपूंक लागलो. मागीर खंयचें कितें ? आनी अेक दीस त्याच दम्यान तिचो कुकूम पुसून व्हेलो.

ती हिमटच्या हिमटयानी रडटाली. म्हजें काळीज पाझरलें.

" त्या मनशान लग्न जावन म्हजो सत्यानाश केलो. कितें अधिकार आशिल्लो ताका अशें करपाचो ? आतां त्या दोगांय भुरग्यांक कोण पोसत ? "

" पुण तुज्या बापायन हाचो विचार केलो ना ? "

" म्हजो बाप्पा अडिल्लो – पुण लग्न जातल्यान येवजुपाचें आपुण हाडटा तिचें आनी भुरग्यांचें आपल्या फाटल्यान कशे जायत ? तुमीं सांगात, हाचो विचार करीनासतना ताणें कित्याक लग्न जावचें ? "

" तुवें हें तांका विचाल्ले ना ? "

हांवे प्रश्न केलो.

" विचाल्लें; तेन्ना काकळुतेक येवन रडत ताणें सांगलें आपणें हें भुरग्यांखातीर

केलें. तो म्हाका पायां लेगीत पडलो ! पुण ... पुण आतां कोणाक सांगूं म्हजे दुख."

भावनांचो बांद फुटून दुखाचे पाट सुरु जाल्लें. हांव आयकतालों. पुण म्हजें मन वेगळोच विचार करतालें.

म्हज्या प्रमाणेंच ते चलयेचीय परिस्थिती आशिल्ली. फरक अितलो आशिल्लों हांव लग्नाची जीण अणभविल्लो आशिल्लो. तें सुख तिणें अणभंवक नाशिल्लें. तरी आसतना तिच्या माथ्यार दोन भुरग्यांचें वोजें आसलेलें. आज तिका दादलो मनशाच्या आदाराची गरज आशिल्ली. वास्तविक ती गरज भागवपाक हांव फाव आसलों. पुण तिच्याविशीं सहानुभूति दिसुनूय तिका मायेचो हात फुडें करपाक म्हजें मन तयार नासलें. जगाचे फाटिवेल्या खंयच्यातरी दोन पोरांचो बापूय जावपाक हांव राजी नासलों.

तिका फुक्याची सहानभूती दिवपाचे नदरेन हांव उलयलों,

"खरेंच त्या मनशाचोच सगलो गुन्यांव. तो जर लग्न न जाल्लो तर आज तुज्या नशिबांत हे हाल येंवचे नासले."

ते चलयेन दोळे पुसले. हांव बशिल्ल्या जाग्यावेल्यान अुठलों.

रस्तो मेकळो जाल्लो. बशीन फुडली वाट धल्ली. आतां ती चली बशींत फाटल्या सिटार बशिल्ली.

बस मंगळूरा पावली. हांवे देवतना पळयलें. ती चली केन्नाच देवून पसार जाल्ली.

" कितें पुण विचित्र ... अितलो परिचय जावन हटकीलें लेगीत ना."

हांवे मनांत म्हळें.

दुसऱ्या दिसा हांव आनी सखाराम म्हजे खातीर येवजिल्ले चलयेगेर पावले. चलयेच्या म्हाताऱ्या बापायन खोपटे दारांतसून अुमळशिकेन आमकां येवकार दिलो. कोणीतरी परोपकारी मनीस आपल्या घरा आयिल्ल्याचे भाव ताज्या तोंडार दिसताले. चार-दोन गजाली जायनाफुडें त्या म्हाताऱ्यान आपले धुवेक अुलो केलो –

"सरू,"

आनी उपरांत हातांत दोन च्याची कोपां धेतिल्ली अेक चली रानचे कुडीची मल्लाची कवडी अुगडून मायर आयली. हावें तिचेकडेन पळयलें.

पारजताच्या फुलाप्रमाण तिची कांत गोरी धवी आशिल्ली. जायेचे कळये भशेन तिचो अेकेक अवयव रेखीव आनी सोबीत आशिल्लो. तोंडार गुलाब फुलांची टवटवी आशिल्ली. पिराय सोळा वर्सां आसुंये. च्याचीं कोपां आमच्या मुखार दवरून ती कुशीन अुबी रावली.

हांवें परते तिचेकडेन पळयलें. म्हाका पळयनाफुडें, गरीब बोकडी वागा तावडींत

सांपडची तशी तिची दशा जाल्ली. तिच्या दोळ्यांच्यो पाकळ्यो भयान थरथरताल्यो. तांच्या कडांतसून दुखाचीं टिपां गळूंक सुरवात जाल्ली. तिच्या मुखावेली पारजताची कांत आनी गुलाबाचीं टवटवीतपणा नाचव जाल्लीं.

तें दृश्य पळयनाफुडें म्हाका तिची काकळूट दिसली आनी दोळ्या मुखार ते बशींतले चलयेचो जीवनपट अुबो रावलो ... पयल्या प्रथम तिचो घोव ! ताज्यासारकी म्हाकाय दोगां भुरगीं आशिल्लीं. म्हाका दम्याचो विकार नासलो. तरी हे चलयेपरस हांव वयान वीसबावीस वर्सांनीं तरी व्हड आशिल्लों. हें चलयेच्या मानान म्हज्या आयुश्याची वाटचाल अुणी आशिल्ली. नशीब कोणें सांगचे ! पुण जर ती वाट थोडयाच तेपांत सोंपली जाल्यार फुडें कशें ? हांव येवजितालों.

अितल्या सुकुमार, पवित्र, निष्पाप चलयेचें जिणें हांव मातीभरवण करूं ?

ना – म्हज्यान तें केन्नाच जावचें ना. म्हातान्यान सांगलें,

" चलयेक कितें विचारपांचे आसल्यार विचारा. "

हांवें ना म्हळ्ळ्या उपरांत चली भीतर गेली.

सखारामान म्हाका चिमटो काडून ल्हवूच कानांत विचाल्लें –

" कशी आसा ? "

" बरी आसा. पुण – "

" पुण कितें ? "

सखारामान विचाल्लें.

" निकाल मागीर सांगता. "

हांवे सांगलें. हांवे थंय तात्पुरती वेळ मारुन व्हेली, पुण म्हज्या मनान केन्नाच निकाल दिल्लो !

※※※

जल्म : ३० आक्टोबर १९३२ वर्सा. अंत्रुज म्हालांतल्या प्रियोळ गांवांत, अेका नामनेच्या वैदिक घराब्यांत जालो. पिरायेच्या पांचव्या वर्सा बापायक अंतरले. आवयन ल्हानाचो व्हड केलो. मुळावें शिकप मराठी भाशेंतल्यान जालें. चरितार्थाचें साधन म्हण घरांतूच वैदिक शिकप चालू केलें. संस्कृत प्रथमा आनी हिंदी प्रवेश ह्यो परीक्षा पास जाले. पुजारीपण आनी बागायती वेवसाय आपणायले.

अच्युत धारेश्वर तोटेकार

बाचपांतल्यान बरोवपाची गोडी लागली. गोंय पुर्तुगेजांच्या शेकातळा आसलें तेन्ना मुंबय रेडिओचेर तरेकवार कोंकणी साहित्यिक कार्यावळी जाताल्यो, त्यो आयकून कोंकणी भाशेचें सामर्थ्य होलमलें आनी कोंकणी बरोवपाची स्फूर्त लाबली. १९५९ वर्सा मुंबय रेडिओचेर नाटकुल्याच्या रुपान पयले बरपावळीची वितरावणी जाली. भौ. रवीन्द्र केळेकार हांच्या उत्तेजनान तांगेल्या लेखनाक पोसवण मेळ्ळी.

आजवेर आकाशवाणीच्या मुंबय आनी पणजी केंद्रावयल्यान नाटकुलीं, कथा, भाशणां वितरीत जाल्यांत. पणजी आकाशवाणीखातीर "व्हलकांवाचेर गजाली" सारख्या कौटुंबिक कार्यावळींचें लेखन सातत्यान केलां. सुमार बारा वर्सां गोंयांतल्या 'गोमंतक' आनी 'राष्ट्रमत' वर्तमान पत्रांखातीर थळावे वार्ताहर म्हुण काम केलां. थळाव्या दिसाळ्यांनी आनी नेमाळ्यांनी ललित आनी वर्तमानपत्रीय लेखन उजवाडाक आयलां. कथा लेखन हो तांचे चड आवडीचो साहित्य प्रकार. 'नवें गोंय' आनी 'राष्ट्रमत' नेमाळ्यांच्या कथा सर्तींत लाबिल्ल्या इनामांखातीर अदिकादीक कथा बरोवपाक तांकां उत्तेजन लाबलें.

कोंकणी वांगडा थोडेंभोव मराठीभाशेंतूय लेखन केलां.

"प्रसादा – फूल", "स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा", "कोंकणी कथासंग्रह" ह्या प्रातिनिधिक कथा संग्रहांत तांच्या कथांचो आसपाव जाला. कोंकणींतल्या पाठ्य पुस्तकांतुय तांगेलो बरपावळ घेतल्या.

ज्येष्ठ साहित्यिकामदीं 'कथाकार' म्हण ताणी नांव जोडलां. कोंकणी साहित्यांत ताणी घातिल्ली भर वैशिष्टयपूर्ण स्वरुपाची आसा.

सुरेखा प्रकाशन